# सांकव

वल्ली क्वाड्रसाचो वेंचीक कथा जमो



# आशावादी प्रकाशनाचीं पुसतकां (२००२ थावन)

२००२

**आशावादी** (वल्ली क्वाड्रस)

२००३

**च्यार मुखां** (वल्ली क्वाड्रस)

**जिविता सोभाण** (जोरजी पींत)

**खिळो** (वल्ली क्वाड्रस)

२००४

**कट्ट्पूतळी** (वल्ली क्वाड्रस)

**कयद्याच्यो कविता** (एच्चेम पेरनाल)

**व्हळू व्हळू व्हाळ व्हाळ्या** (आंड्र्यू डी'कुन्हा)

२००५

**विंचणार चिंताप अनी भगणां** (जेमम्मा पडील)

**सतां आनी खतां** (वल्ली क्वाड्रस)

**सरगाव्यली मांय** (रोनालड ओलिवेरा)

**कंगल आनी ताची कुक्केहळ्ळी** (वल्ली क्वाड्रस)

**मोतियां आनी तारां** (वेवेगळे कवी)

**कवितापाठ – १** (वल्ली क्वाड्रस)

२००६

**पार्टीं गांवाक** (वल्ली क्वाड्रस)

**बामुणांचें चेडूं** (एच्चेम पेरनाल)

**दरभारांतली पिंरगोण** (वल्ली क्वाड्रस)

**दरयाक उदाक** (वल्ली क्वाड्रस)

**सागोराच्या वाटेच्यो झरी** (वेवेगळे कवी)

२००७

**आडोसांतलीं फुलां** (आसटीन प्रभू)

**आटव्या रंगाचो धोणू** (मेलवीन जे. वास)

**शिंपड्लेलीं मोतियां** (वेवेगळे कवी)

**मुखां पाटलीं रुपां** (अनील पेरनाल)

**मोळबावयलीं स्वपणां** (वल्ली क्वाड्रस)

**कूलकुलो** (सीजयेस ताकोडे)

**तिंतरांत पिंतुरां** (वेवेगळे कवी)

**काळोक नातल्लो गांव** (वल्ली क्वाड्रस)

२००८

**म्हींव आनी मूस** (मेलवीन पिंटो नीरुडे)

२०१७

**बंध** (वल्ली क्वाड्रस)

**अपवित्र संबंध** (वालटर लसरादो)

**सरगाव्यली मांय** (रोनालड ओलिवेरा)

**बजार** (कानडी लिपी: वल्ली क्वाड्रस)

**मूगदनातल्लीं गितां** (वल्ली क्वाड्रस)

**मोनी बोब** (जोन सुंटिकोप्प)

**मुखामुखी** (वल्ली क्वाड्रस)

२०१८

**बजार** (नागरी लिपी: वल्ली क्वाड्रस)

**पार्टीं परतल्लीं ल्हारां** (वालटर लसरादो)

**तान** (प्रसन्न नीड'डोडी)


**बायील बम्मुणू** (वसुधा प्रभू)

**पडबिंब** (रीटा आलबुकर्क)

**सुकती भरती** (वल्ली क्वाड्रस)

२०१९

**कंगाल कुक्केहळ्ळी मत्नू कतेगळू** (कन्नड, वल्ली क्वाड्रस)



# सांकव

## वल्ली क्वाड्रसाचो वेंचीक कथा जमो

कोंकणगार प्रकाशन

***'Sankov' - A*** *collection of selected short stories written, transliterated and edited by Valley Quadras, published by* ***Konkonngar Prokoxon, H.No. 1320, Araddy, Candolim, Bardez, Goa - 403515.***

(C) KONKONNGAR PROKOXON

| | | |
|---|---|---|
| *First Edition* | : | 2020 |
| *Copies* | : | 500 |
| *Cover* | : | Ashawadi |
| *Layout* | : | Assisi Press, Mangalore |
| *Technical assistance* | : | Fr. Jason Pinto |
| *Pages* | : | 154+4 |
| *Price* | : | Rs.250 |
| ISBN | : | 978-81-944839-1-5 |

***Contact:***


| | | |
|---|---|---|
| *Email* | : | konkonngar@gmail.com |
| *WhatsApp* | : | 7021967880 |
| *Twitter* | : | @valleyquadras |

# मांडावळ


- **मनीस जीणेचो सोद** (महाबळेश्वर सैल)........ 4
- **कोंकणी लोकांक लागीं हाडटलो!** (फावुस्तो वी. द’कोस्ता)........ 6
- **मनश्या जिविताचो कथाजमो** (डो. एडवर्ड नजरेत)........ 8
- **मातसो वेगळोसो एक सांकोव** (शरतचंद्र शेणय)........ 11
- **काणयो सभार पूण ताळो एकच** (स्याम बोळिये)........ 13

१. बंद (२०१६)........ 15
२. सछ का सामना (२०१६)........ 26
३. घुंवचें पाळणें (२०१६)........ 29
४. उतरोण (२०१६)........ 34
५. संबंध (२००६)........ 44
६. माप (२००८)........ 52
७. बांद (२००७)........ 63
८. जिण्ये सूत्र (२००७)........ 73
९. मार (२००७)........ 79
१०. अज्जीकुंज (१९९७)........ 84
११. शनी (१९९७)........ 90
१२. रिणकारी (१९९९)........ 96
१३. एका पिंज्ल्ल्या पानाची कथा (२०००)........ 99
१४. बोंबोयच्या मामाची पेट (२०१९)........ 102
१५. एक अपरगटीत काणी (२०१८)........ 107
१६. मेट्रो बुल्लेटीन (२०१८)........ 114
१७. लक्ष्य (२०१७)........ 120
१८. एक्ये मरयादेची काणी (२०१८)........ 127
१९. एक बुलडोजर, बांय आनी नागू (२०१८)........ 131
२०. देड हजार रुपय आनी दुबळिकाय (२०१९)........ 134
२१. बोंबोयचो माम (२०१८)........ 138
२२. एक मोरनाचीट (२०१८)........ 142
२३. व्हडलिमांयची गुडाआंगड आनी इसकोलाचे पार्वे (२०१९)........ 145
२४. सयरीक (२०१९)........ 148
२५. शीण (२००३)........ 151

# मनीस जीणेचो सोद



सगळ्या कथाबार मनश्यांची एक जात्रा. ती मनश्या बरोबरच्यांचे बोट धरून भोवतात. ती खय वाट चुकून शेणनात, आपले गुण, अवगुण सोडनात. बरोवप्यांचोच शेक तांचेर. ती तांका बळगे दिता आनी दुबळे करून मात्येकाय लायता. तांची चिंतना, तांचे तत्वगिन्यान हे मुळांत बरोवप्याचे तत्वगिन्यान. तो ते त्या त्या व्यक्ति मदल्यान केळयता. मनशामानशा मदले ओगळ तत्वगिन्यान हे कथांचे म्हत्वाचे आयाम. ताका लागून दर एक कथेक उभारी येता. कथा वाचताना दिसता ह्या व्यक्तिमत्वाक हांवे आताच पळयल्या. ते म्हजे मुखावेल्यान आताच गेल्या. ताचेन कथाक साहित्याचे मुळावेपण येता. खरे तर खरी खरी व्यक्तिमत्वा आनी खऱ्यो वास्तव घडणूको हे साहित्याचे सत. घटिता भोव वास्तव. हाका लागूनच बाब वल्ली क्वाड्रसाच्यो कथा व्हड जाल्यात, वास्तव जाल्यात.

दुखा ही मनशाली निरंतन अवस्था. जांका चिंतना आसात, भावना, संवेदनशीलताय आसा, तांका दुखा आसतातच. ह्या सगळ्या कथातली मनश्याय तरतरांची दुखा घेवन जीयेतात. चड फावटी दुखा ही मनीस आपल्या चुकातून आपणार ओडून घेता. 'भांद'' हे कथेतली क्लियो आनी वियोलान अशीच दुखा आपल्यार ओडून घेतल्यात. संकश्टांक पुढो करूंक ती भियेतात आनी चुको करीत रावतात आनी आपणार दुखा ओडून घेतात. दोगाय बिजुट व्यक्तिमत्वा ती. अजून कांय अशींच व्यक्तिमत्वां आसात. ती एकतर संकश्टांक पुढो करतात ना तर संकश्टांक भिवन पळून वतात. भिरांत आनी धयर हे मानिसजीणेचे दोन आयाम. ते हांगा आसात.

भारतीय साहित्याचेर एक आक्षेप, कागाळ आसा, तातून चिंतना, तत्वगिन्यान दियना म्हण. बरोवपी वल्ली क्वाड्साक तत्वगिन्यानाचो भोव सोस, आपलेपण आसा, ताचे व्यक्तिमत्व तत्वगिन्यानी सोबावाचो. 'बंद' हे कथेत तो एकेकडेन म्हणटा, ''संसार रंगमंच न्हय, एक बजार. हांगासर जे दिसता तेच विटना. हांगा रंगाक मोल शिवाय आत्म्याक न्हय. 'सगळ्या कथांनी ही चिंतना फासपल्ली आसात. ती भोव मोलाची. बरोवपी किदेतरी सांगूक सोदता. सांगचे खातीरच तो लेखणी हातांत घेता. म्हण ताची लेखणी लाखाच्या मोलाची. 'संबंद' हे कथेत मोगाचो मोठो संघर्श दाखायला. मोग करप, काजार जावप सोपेपणान आसता पुण मोग शेवटामेरेन तिगोवन दवरप खूप कठीण आसता. घोवाक भायली सोबीतकायच व्हड दिसता पुण रंगान कुरूप बायल मोगान ताजे काळीज जीखता.

मोगाचो टाळणी, मनाचे चुरचुरे, भावना, संवेदना हांगा धर्माचे बंधन ना. सगळ्या लोकाली मना, काळजा एकेच जातीची. कथांनी हिंदू आनी किरीस्ताव दोनय धर्माचे लोक येतात. तांचे उलोवणे, वागणे, तांची चिंतना आनी भावनिक उचांबळ एकेच तरेची म्हण दिसता. तांच्या मदले नैतिक, अनैतिक आनी पापपुण्याच्यों कल्पनाय सारख्योच आसात. म्हण जाती धर्माच्यो वणटी फट म्हण कळटात. ही मूळ बरोवप्याची उंचेली बाजू. तो मूळाकच एक सेक्युलर मनीस म्हण गोमता.

तरीय तांची व्यक्तिमत्वां सगळी मोतया माणंकांची न्हय. तातून खडी, फातरय आसात. इस्कोलात नैतिक पाठ शिकोवक आयिल्ली कल्पना टीचर श्रीधर मास्तरावांगडा अनैतिक कर्तूप करता. 'सयरीक' कथेत सयरीक सोदतना व्हकल वेश्या म्हण संबंद दवरूंक सोदता आनी पयश्याक आशेता.

'व्हडलीमायची गुडाआंगड आनी इस्कोलातले पारवे' ही एक बेसबरी कथा. परिसराचे बेस बरे चित्रण केलां, काय मूळावी उतरांय मेळटात. काळबाण, पोत्री, गोळीरूख ही उतरा मंगळूर आपल्या लोकांक नवी. दर एक वाठाराची कांय प्रतीकां, रूपकां आसात. एक एक झाड अशे अभद्र आसता, ओडून व्हेल्लेवरी ते वाटसुर्‍याक आपणाचेर गोळ घे म्हण खुणायता! अशे सांगतात अश्या एक एक रुखार तीग चार जाणानी तरी गोळ घेवन जीव वगडायल्लो आसता!

'घुंवचे पाळणे' एक मूळावे तत्वगिन्यान घेवन येता आनी वाचप्यांक खोलायेन चिंतुंक लायता. पाळणे चडटा आनी देवता म्हटल्यार दोन विरोधाचे अर्थ. एकेक पावंडो चडप म्हटल्यार सोताची प्रगति करून घेवप– खूप शिकप घेवप, मोटो अधिकारी वा उद्योगपती कारखानदार, कलाकार जावप. पाळणे जेन्ना देवता तेन्ना काळीज भिरांतेन कलकलता. देवणी म्हटल्यार पयसो, मानभोवमान वगडावप, गरीब, दुर्बळ जावप. हे देवणेक मनीस थर्त भियेता. ते एक निरंतन सत. बरोवपी ते आमका प्रेक्टिकली सांगता.

बरोवपी मंगळूरी कोंकणीचे खाशेलपण घेवन जे किदे सांगता ते साध्या, सोप्या, सरळ भाशेत सांगता. अवघड उतरांचो, शृंगारी शैलीचो मोह ना, सोस ना. अशे सांगताना साधे सरळ बरवप बरेच अवघड. हे साधेपण वाचप्याक मोलाचे दिसता. कारण खयच्या कलेन तकलेक, काळजाक ताप दीवक फावना. ती पारदर्शी आसुंक फावं.

मोग, कंठाळो, भूक, मरण, सोताक जीवो दवरचो हावेस अशा जाय त्या संदर्भातल्यान बरोवपी जीणेचो अर्थ लावक पळयता. तरी खयच्याय प्रश्नाक, समस्येक पूर्णत्वान जाप मेळप अवघडच आसता. हांगाय बरोवप्यान सगळे प्रश्न सुटावे केल्यात. खयच्याय काळात खयचोय बरोवपी आयजवेर जीणेचो अर्थ लावक धडपडत आयला. तातलोच एक वल्ली क्वाड्रस.

सोपी सूडाळ भास, खुपशे बरे विचार, वास्तव घटिता आनी जिवीजागती मनशा हातूतल्यान आटापुन हाडील्ल्यो त्यो बेस बर्‍यो काणयो. कोंकणी भास आनी ताचो पूढार ताचेन परजळीत जाला.

कथांनी सगळे आयला. पुण सैमाची स्वरूप सुंदरकाय आनी पर्यावरणाक जावचे लुकसान चित्रित केल्यार आनीक बरे जावचेले.

**महाबळेश्वर सैल**
आलें राय, गोय

# साबार लिपयांतल्या
# कोंकणी लोकांक लागीं हाडटलो!



वल्लीबाबाचें 'सांकव' हें मोटव्या कथाचें पुस्तक प्रकाशीत जाता ही एक आनंदाची गजाल. ह्या पुस्तकांत म्हाका एक प्रस्तावन बरोवंक सुयेग दिलो, हें म्हाका एक भाग म्हण हांव म्हणटां. हाचे पयलें हांवें वल्ली बाबाच्या रुचीक काणयांचो आस्वाद घेतला आनी हांवेंय खेपेक ताच्या काणयांचो आस्वाद घेवपाचो सुयेग म्हका लाबलो. म्हाका ताच्यो कथा खूब आवडटात. विविध विशय, एक खेरीत शैली आनी काणयांतल्यान वाचप्याक एक बरो संदेश दिवप हें वल्लीबाब बेसबरें पाळटा.

सांकव ह्या पुस्तकांत ताच्यो २५ कथा आसात. त्यो जिनसवार तरेच्यो आसात आनी कथेच्या शेवटाक एक बरो धडो दिवपाचो ताच्या बरपांतल्यान यत्न जाला. उदारणाक ताची काणी 'बंद' ही मुंबयंतल्या जिविताचेर आनी संघर्शाचेर आटापिल्ली आसा आनी तांतल्यान तो एका साहित्यीक शिक्षकाचें डोंग *(hypocrisy)* व्यक्त करता. 'जिणये सूत्र' हे ताचे काणयेंत तो मुंबयंतली हकीगत व्यक्त करतना, एक कोलूग आपल्या पेत्यांक दूद दितना सांगाताक माजराच्या पिलांकूय दूद दिता तशें खरेलें चित्र पळोवन एका पत्रिकाराच्या जिवितांत कसो बदल घडून येता तें उगडापें करपाचो बरोवप्यान यत्न करता. 'शीण' ही काणी गल्फांतल्या जिविताचेर आटापल्या आनी हकीगत फुडो करतोच कशी प्रतिमा, नामनां आनी नांव उजवाडाक हाडपाक जाता ताचेर विचार करता.

'संबंद' हे कथेंतल्यान बरोवपी दाखळ करता कोणा परीं पश्चीम संस्कृतेचो प्रभाव एकूय व्यक्तीचीं मुळ्यां बदलपांत येशस्वी जातात. 'एका पिंदलल्या (पिंजलल्या) पानाची कथा' हे कथेंत दुडवांचे आशेक लबदल्ल्या एका मुंबयंतल्या शिक्षकाचेर परिणाम कसलो जाता तें स्पश्ट केलें. 'बोंबयच्या मामाची पेट' हे कथेंत बरोवपी भांवडांच्या नत्यांचेर लक्ष घालून, कोणा परीं आपलीं भावडांच आपल्य भावाच्या इमानदारेचो गैरफायदो घेतात तें दाखळ करता आनी कोणा परीं आज मनशां परस वस्तूंक अगळें मोल आसता तें दाखयता. अशी ताची दर एक कथा एकएके घडणेचें बरें चित्रिकरण करून शेवटाक बरो संदेश दिवपाचो यत्न जाता.

ह्या पुस्तकांत आसपावतात त्या पंचवीस कथारुचीक आसात आनी वाचप्याचें लक्ष केंद्रीत करून एके फाटल्यान एक कथा वाचूंक वाचप्यांक उत्कृश्ट करूंक जाता. हांतल्यो ताच्यो कांय काणयो कन्नड आनी इंग्लीशांतूय भाशांतर जाल्यात. 'माप', 'एका पिंदलल्या पानाची कथा', 'शनी', आनी रिणकारी ह्यो इंग्लीश आनी कन्नड भाशांनी उतरावन उजवाडाक हाडल्यात जाल्यार, 'बंद', 'बोंबयचो माम', 'लक्ष', 'घुंवचें पाळणें', 'एक बुलडोजर बांय आनी नागू' आनी 'अज्जीकुंज' कन्नड भाशेंत भाशांतर करून

उजवाडाक हाडल्यात. 'मार' ही वल्लीबाबाची काणी कन्नड तशीच तुळू भाशेंत उतरावन उजवाडाक आयल्या आनी हे काणयेक २००६ वर्सांत तुळू साहित्य अकादमीन आसा केल्ल्या साहित्यीक स्पर्ध्यांत इनाम लाबलां.

खरें म्हळ्यार वल्लीबाबान आपल्या साहित्यीक प्रवासाची सुरवाक कन्नड भाशेंतल्यान केली आनी उपरांतूच खरें कोंकणी भाशेंत ताणें बरोवंक धरलें आनी कोंकणी भास आपल्या साहित्या वरवीं सुरंगारायली. वल्लीबाबाचें कोंकणी भाशेक योगदान पुस्कळ. तो न्हयच फकत एक साहित्यीक बगर एक प्रकाशक. 'आशावादी प्रकाशन' हाच्या खला ताणें कितलींच कोंकणी पुस्तकां उजवाडाक हाडल्यांत, आपलीं तशींच हेर बरोवप्यांचीं. शिवाय वल्लीबाबाब साबार काणयांचीं दुसर्या? भासांनी भाशांतर *(Translation),* लिपयांतर *(Transliteration)* आनी संकलनां *(Compilation)* केल्यांत. साबार मळांनी ताणें कोंकणीचो वावर हाताळ्ळा न्हय फकत साहित्य रचून आनी पर्गटून, बगर कोंकणी चळवळीकूय ताचें पुस्कळ योगदान आसा. डिजिटल मळारूय वल्लीबाबाचें काम आसा: दायज. कॉम (२००३–२०११), आनी पयणारी. कॉम (२०१५ थावन आतां मेरेन) हांचो तो संपादपी, म्हण वावुरला आनी अजून वावुरता. कोंकणी माळार वल्लीबाब असो एक व्यक्ती, जाचो संपर्क सगळ्या लिपयांतल्या कोंकणी बरयणारां कडेन आसा. अशें आसल्यान तो न्हयच फकत कन्नड लिपयांतल्यानूच कोंकणी बरयता, अशें ना. तो आपलीं बरपां नागरी आनी रोमी लिपयांतल्या कोंकणींतूय करता. ताची रोमी लिपयेंत बरवपाची प्रमाण रीत मात वेगळी आसता आनी ती आसा तशी उजवाडाक हाडल्यार रोमी लिपयेंतल्यान कोंकणी वाचप्यांक अडचण जावंक शकता. हें हांव सांगता कित्याक ताचें कांय साहित्य आमी रोमींतल्या कोंकणींत आमच्या नेमाळ्यांचेर उजवाडाक हाडटात तेन्ना ताचे रोमी लिपयेंत बरोवपाच्या रितीचेर आमी संस्कार करतात. आनी फाल्यां हीच रोमी लिपयेंतले कोंकणीची प्रमाण रीत ताणें आपणायली जाल्यार ताचें साहित्य रोमी वाचप्यां सवें खूब लौकीक जातलें हांतूंत मातूय दुबाव ना.

वल्लीबाबाक आनी ताच्या 'सांकव' पुस्तकाक सगळें बरें आंवडोवन आनी कोंकणी मळार ताका अदीक परजळीत फुडार आंवडेवन.

**फावुस्तो वी. द'कोस्ता**
संपादक, गुलाब

# मनश्या जिविताचो कथाजमो



कोंकणेचो फामद बरोवपी आनी विशलेषक, मा. मेलवीन पिंटो, मोटव्या काणियांविशीं अशें बरयता: 'मोटव्या काणियांक कांय एक संविधान आसा तर अमेरिकाच्या ख्यात काणियांगार युडोरा वेल्टीन *(Welty, 1978)* सांगल्लेबरी पयल्यान जिण्ये आनी मर्णा मदलें संघरश; आनी दूसऱ्यान, सोदनां या अन्वेशण्ंच मोटव्या काणियांचे संविधान. पूण हें संविधान फकत काणियेच्या हाडांच्या घुडांत *(skeleton)* पळेल्यार पावाना, सगळ्या कुडिंत पळेजे पडता. एका लेककाक ताणें/तिणें बरोंवच्या विशयाचेर गूंड जाण्वाय जरूर आसुंक जाय. असल्या जाण्वाये सवें मनशा कालेतिचेर कांय थोडें अंतरज्ञान *(insight)* असुंकच जाय. तशें म्हळ्यार घडितां वरवन पळेंवचीं मात्र न्हय, मनशा संयब कशें आनी कित्याक त्या घडितांनी मेतेर जालां म्हळ्ळ्याची जाणतिकाय एका लेकका थंय आसाजे. हाका फकतअनबोग आनी गुमान *(observation)* मात्र पावाना. सर्व वरवणआपलेंच एक विवरण आनी विमर्सो दिंवच्या तसलें देणेंयी आसाजे.'

मानेसत वल्ली क्वाड्साच्या मोटव्या काणियांनी, विवीध कालेतिच्या, संयबच्या, समजणेच्या मनश्यां भितर वचून त्या मनश्यांक वाचप्यां मुकार जिवाळ करची सकत उग्त्यान दिसता. व्यक्तित्व उग्तें करून आनी व्यक्ती चित्रण दिंवच्यांत चत्राय, सन्निवेशांत वासतवीकता सांबाळची सकत आसल्ल्यान हर काणी वाचप्याक रुचता. हर काणियेंत एक चिंतप आसा, बरयणराची फिलोसोफी आसा. चीत दीवन वाचल्यार हें वाचप्याक नाटवता आनी चिंतुंक अवकास करन दिता. काणी वाचून जाल्लीच ती वाचप्याक नाटवता वा विषय ताका धोसता आनी आपणें बरें कितें वाचलें म्हळ्ळी तृप्ती दिता. ह्या संगृहांत आसच्यो पांचतीस कथाय, मोटव्या काणियांच्या, वयर दिल्ल्या मुळाव्या संविधनाक जोक्त्यान लग्ती जातात. हर काणी आपणासतकिंच विंगड तरयी, काणियां भितर मनश्या जिण्येचें संघरष लिपून आसा. थोड्याच उत्रांनी प्रभावीक थरान काणी सांगून वेतना, काणिये भितर आपल्ये विचार वाचप्याक नाटवाशें सांगची सकत आसच्या बरयणरांपयकीं वल्ली क्वाड्स एकलो म्हणच्यांत उत्परेक्षता ना. ताचो हो कथासंगृह ताका साक्स.

ह्या काणियांपयकीं चडताव काणियो मुंबयच्या धणसल्ल्या लोकांक लग्ती जाल्ल्यो म्हण्येता. उदेवन येंवच्या वेळार बरयणार असल्याच एका सन्निवेशांत वोळसल्लो जाल्ल्यान ह्या काणियांनी वासतवीकता उटून दिसता. मायानगरिंतलें जिण्येचें संघरष मतीक नाटवता. 'बंध' 'उत्रोण' 'रिणकारी' ह्या आनी हेर थोड्या काणियांनी मुंबयच्या मध्यम आनी सकयल्या वर्गाच्यांनी जिवीत भांदून हाडुंक पेचाडचें दिसून येता. काणियो सांगून वेतना बरयणार जिण्येचीं कांय सूत्रां दाकोवन वेता. 'आमच्ये जिण्येंत सर्व विंचवण्यो आमचे जावन आसानांत, थोडेपावटीं थोड्यो संग्त्यो आमी विंच्येता कोण्णा, पूण जायित्तेपावटीं ती एक मांडावळ, वा विधी वा नशीबाचो खेळ'(घुंवचें पाळणें) म्हण आमी पात्येतांव तरयी कितलेशेपावटीं विधीक बदलुंक आमी प्रयत्न करतांव. 'गायो जियेतात कोणे आपणाक

येवन खायजय म्हणोन. आनी तेच्च वाग जियेतात हेरांक खावंक; मतलब भोव संपो; जो धांवता, तो जिक्ता, जो रावता. तो संप्ता' (उत्रोण). मुंबय तसल्या शेरांत मात्र न्हय आमच्या ह्या जिवितांत कोण मुकार सरता तो जिक्ता. कोण रावता तो पाटिंच ऊरता. असल्या पयणार, व्हाळोन वचुंक नजो जाल्यार जायित्तेपावटीं आमी जिण्येंत सोडदोड करिजे पडता. थोड्या सन्निवेशांनी आमी खाल्ते जाल्यार मात्र वांचुंक सक्तांव. 'झाडां आवरांत व्हाळोन वचानांत, कित्याक म्हळ्यार तांकां बाग्वोंक कळीत आसा. पूण रुकाक बाग्वोंक कळीत ना. देकून ते अवरांत व्हाळून वेतात. (**शनी)**

मनश्या संबंधाकच लग्ती जाल्ल्यो थोड्यो आपूरबायेच्यो काणियो आसात. ह्या पयकीं यांत्रीक आनी व्यापारी जाल्ल्या आयच्या संबंधाक लग्ती, बरेंपण वळकोंक सकनातल्लें 'बंद'. आज आमच्या जिवितांत जाल्ली व्हडली बदलावण म्हळ्यार स्वार्थी जाल्लो लागशिलो, कुटमाचो संबंध: 'बोंबयच्या मामाची पेट' 'देड हजार रुपय आनी दुबळिकाय' असल्या काणियेंनी हें पिंत्रयलां.

चलियांचें आनी स्त्रियांचें शोषण आमच्या समाजांत संपल्लें ना. चलियांचें शोषण कितलेशेपावटीं आपल्याच मनश्यांथावन जावन, शोषणेक बली जाल्ल्यो चलियो जिवीत भोर कषटतात **(बोंबयचो माम).** जिणी जियेवंक वोद्याडच्ये स्त्रियेन आपल्या कुळाराच्या मऱ्यादीकयी गुमान दीवंक जाय (एक्ये मऱ्यादिची काणी). ह्या सर्व गजालेंचेर बरयणाराची निराशा 'घुंवचें पाळणे' काणियेंत व्यक्त जाता: 'अंकवार' आसताना, 'काजारी' जाताना 'विधव/वेगळाचारी' जाताना कितें ताचें वेक्तित्व/चिंताप/चरित्रा बदल्ता? सोसायटिंत एक्सुरीं चेडवां जियेनाये कित्याक म्हळ्यार काजारी दादल्यांक बासकळपणाची ताळणी येता म्हणून? तर तो गुन्यांव बायलांचो? तशें म्हण सर्व दादले येमकुळे न्हय. सुखांत्य आसची 'संबंध' कथा विंगडच चिंत्पाची तर, थोड्योपावटीं दादलेच गुन्यांवकार न्हय म्हणच्यो काणियोय आसात. 'भांद' ह्यापयकिंतली एक.

ह्या संग्रहांतल्यो आन्येक वर्ग, साहिती आनी बरयणरांच्या (स्वताः लेककाच्या) आनी प्रसतूत माध्यम सांबळणरां मधल्या संघरषाचो. 'एक अपरगटीत काणी', 'मेट्रो बुल्लेटीन', 'माप' असल्यो कांय काणियो प्रामाणीक बरयणार आनी प्रसतूत माध्यमाच्या धनियां मधें आसचो तफावत व्यक्त करता तर ह्या तफावतामधें उटोन दिसतेल्या थोड्यांचें पोकोळपण 'सच का साम्ना' काणियेंत आसा. 'तुज्या साहितीक जिण्येंत तुका जायते पुरसकार लाभल्यात, पूण सांग हांतलें कितले पुरसकार तुज्या प्रामाणीक (साहितीक) योग्यतेक मेळ्ळ्यात आनी कितले तुवें तुज्या लाभीक लोंच खाववन घेतल्यात?" बरयणाराचें सवाल आज काल प्रशसत्यो आपणायिल्ल्या जायित्त्यांनी जाप दीवंक सहजल्लें. बरयणरापरास साहितीक एक जवब्दारी आसा. 'बराप कोणाक हव्यास मात्र आसोंक पुरो, कोणाक पिसाय जावंक पुरो, आनी कोणाक खोरोज जावंक पुरो. पूण पत्रिकोध्यम तशें जायना. देकून बरयणार आनी साहिती वेवेगळे प्रकार. बरयणरान चिंतची रीत विंगड, मापचें माप वेगळें, देखची रीत अथवी. बरयणारान बेजवब्दार जाव्येता, पूण साहितीन न्हय. बरयणरान नैतीक मोलां होगडावन जियेव्येता, पूण साहितीन न्हय. बरयणारान पोळकुर्वाद वेंग्येता पूण साहितीन न्हय. बरयणारान फायदो–लुक्साण चिंत्येता, पूण साहितीन न्हय' **(माप)**. प्रसतूत


साहित्य, पुरसकार ह्या संबंधाथंय बरयणाराची बेजराय मेट्रोबुलेटीन काणियेंत व्यक्त जाता: ‘आजकाल आवाजाक संगीत, सब्धांक साहीत, आंग–पांग हालवणेक नाच म्हण चिंतचे चड, पात्येंवचे चड. मनशाजिण्येचो ताळो जांवचें साहीत फकत बुकांच्या पानांनी आसा आनी पर्गटचे बूक जांव मेळचे पुरसकार जांव तोंडां, बोलसां, जात, धरम, लोबी पळेवन लाभता शिवाय खरी प्रतिभा वळकोंच्या दोळ्यांक केदनांगी क्याटरयाकट जालां वा गूण जायनातलें दोळ्यांचें केन्सर आसुयेत ‘

‘व्हडलिमांयची गुडा आंगड आनी इसकोलाचे पार्वे’ आनी ‘एक बुलडोजर बांय आनी नागू’ आनी ‘एका पिंजल्ल्या पानाची कथा’ ह्यो कथा कुक्केहळ्ळेच्यो, पूण शिकोवपी आनी विद्यार्थिंक लग्ती. चार काणियेंचो विशय बोल्तोच, पूण उगडासांत ऊरचो. ह्यापयकीं ‘एक बुलडोजर बांय आनी नागू’ काणियेचें अंत्य मात्र समजुंक वाचप्यांक सोडलां.

तात्वीक चिंत्पाची ‘एक मोर्नाची चीट’ चिंतुंक करच्या काणियांपयकीं एक. ‘म्हज्या भावाडताचेर तूं सवाल कर्च्याधीं एक सत समजून घे, तुका देव म्हळ्यार कितें, धर्म म्हळ्यार कितें, भावाडत म्हळ्यार कितें म्हळ्ळेंच कळीत ना. हो धर्माचो बजार तूं आनी तुजेतसले चलया; जांवदी धर्माच्या नांवान वोलावणी, तेलावणी. कर्चें सर्व कर्न, करीत रावून हफ्त्याचो, मयन्याचो वर्साचो धर्मीक डोंग करुंक म्हाका नाका. तुजो धर्म तुजेसवेंच दवर आनी म्हजें कर्म म्हाका व्हरुंक दी’ **(एक मोर्ना चीट)**

हो कथा संगृह आपूरबायेच्या मोटव्या काणियांचो. मनश्या जिविताच्यो विवीध कोनशे दाकंवचो.

**डो. एडवर्ड नजरेत**
मंगळूर



# मातसो वेगळोसो एक सांकोव



'मनीश न्हय एक जुंवो, ताच्यांतूंच संपूर्ण कसो..' *(No man is an island, entire of itself....)* एका कविहृदयांतल्यान भायर सरिल्लीं हीं उतरां कांय शतकां पूर्विल्लीं जावन आसात. जाल्यार आजच्या कालांत हो विचार तितलोच खरो म्हूण सांगूक जायना. आजच्या संवसारांत 'प्रत्येक मनीश एक जुंवो, ताच्यांतूंच संपूर्ण असो.' म्हूण सांगल्यार लेगीत अतिताय जावंची ना. हे फाटभुंयेर, अश्या वेळाकाळार, साहित्य फकत समाजाचो हारसो म्हूण आसून उपकरना. ताणें मनशा मनशा मदीं एकवट सादपाची, जुंव्या जुंव्या मदलो सांकोव जावपाची गरज आसा. बाब वल्ली क्वाड्रस हांचो हो समग्र कथासंग्रह म्हणल्यार असलो एक सांकोव म्हूण सांगूं येता. मात्र न्हय, हें पुस्तक वाचता वाचतां रसिकांक हातूंत आनीक एक नमून्याचो सांकोव भासतलो. कालचो गांव आनी आजचें शार हांचो मदलो एक सांकोव. मागीर पळयल्यार ह्या सांकवाच्या एके तरफेन आमकां प्रत्याशा दिसतली जाल्यार दुसरे तरफेन निरशेणी. हांचेय भायर कांय द्वंद्वां दिसलीं जाल्यारूय अजाप ना. अशे भाशेन मातसो वेगळोसो एक सांकोव हो म्हणल्यार जाता.

ह्या संग्रहाची एक विशेषताय म्हणल्यार हातूंतल्या काणियांक एकठांय मेळोवन जशी आमी सहज साधारण करतात तशी अमक्या एक प्रदेशाच्यो काणियो म्हूण शिक्को मारूंक जायना. हांगा थांगा जावन आशिल्ल्या कितल्याशाच गांवां शारांतलीं तशेंच मेट्रोसिटींनी आनी विदेशांत लेगीत राबून आसचीं मनशां, जाणटीं आनी तरणीं, गरीब आनी गिरेस्त, निश्पाप आनी चालाक, अशी खूब तराचीं मनशां ह्या काणियांनी मेळटात. तश्या सगल्यांची काणी आनी जिणीय बी हातूंत आसा. एकले केरळकार बायल मनशेची लेगीत मोनी व्यथा हृदयस्पर्शी रूपान चितारिल्ली आमकां पळोवंक मेळटा.

ह्यो काणियो हांगा एकत्रित पळयतना हांचो लेखक हो एकलोच म्हूण आमकां कळटा शिवाय ह्यो जरी वेगळ्या वेगळ्या नेमाळ्यांचेर वेगळ्या वेगळ्या दिसांनी वाचूंक मेळ्ळ्यो जाल्यार ह्या सगल्या काणियांचो लेखक एकलोच म्हूण खात्रीन सांगप अशक्य. ते वरी विविधताय ह्या संग्रहांतल्या काणियांनी मेळटा. ह्या संग्रहाची ही आनीक एक विशेषताय म्हणल्यार जाता.

हातूंत घडितांक प्रामुख्य दिवंच्यो काणियो आसात ते वरी व्यक्तिचित्रणांक प्रामुख्य दिवंच्योय आसात. क्षणिक अणभव धरून सासणीक सत्यां मेरेन ह्या काणियांनी प्रभावी रूपान येतात. पूण सहज आनी निरायास जावन येतात. एक सरसामान्य कथापात्राचे जिबेवेल्यान फुटल्लो हो सहज उद्गार आयकात – 'कोण जियेता म्हळ्ळी फिकीर नासतल्यांक कोण मोर्ता म्हळ्ळी फिकीर कशी आसची?'

ह्या कथाकाराक सामाजिक स्पंदनांची निकट वळख आशिल्ल्याचें वाचकांक परत परत जाणवता. कांय सामाजिक समस्यंचेर उजवाड घालूंकूय थोड्या काणियांनी साध्य जालां. जाल्यार कथाकार कितेंच नीट सांगीना, फकत सुचयता इतलेंच. पूण तागेलेंय

लक्ष्य म्हणल्यार 'झेमेवंच्या समाजाक जागोवप आनी ताचे नदरेंत वैचारिक दृष्टी भरप..'

एकेक कथाय जीविताचो एकेक कुडको, एकेक परिच्छेद, आमचे मुखार सादर करता. जीवित म्हळ्या व्हडल्या पुस्तकाचीं हीं पुंजायल्लीं पानां म्हूण सांगूं येता. जाल्यार अश्या ह्या पानांनी कितें कितें आसा म्हूण वेंचून सांगपूच कठिन. म्हणटना, हातूंत कितें ना म्हूण सोदपांत व्हडलोसो अर्थ ना.

'उन्रोण, माप, एक अपरगटीत काणी, मेट्रो बुलेटीन' – अश्या कांय काणियांनी आदर्शवान पात्रांतल्यान बर्या आदर्शांची प्रस्तुती जाल्या तरीय ते तांचे आदर्श पाळूंक आशिल्ली संद हो आयचो संवसार वा समाज तांकां दीना जावन आसा. जाल्यार ताच्यानूच ते हारले म्हूण जायना. तांचें आपलेंच अशें एक जैत, तांणी परतून चलतना लेगीत तांकां मेळटा. तश्या तांच्या परतून चलपांतल्यान स्पश्ट जाता म्हणल्यार ह्या संवसाराचें वा समाजाचें पोकळपणूच.

बर्या कूड्याची बरी जाण आसूनूय वैयक्तिक दुबळेपणांक लागून, चंचल मतीक लागून, 'सगल्यांनी चलपी वाट ती हीच..' म्हूण स्वताक भासोवन घेवपीय ह्या पानांनी मेळटात. तांकां स्वताचेरूच लज दिसपी एक खीण, उज्यांत माड्डयल्ले वरी दिसपी एक खीण, अखेर येताच. तेन्ना घडये आमकां आमचेच जिणेंतलें एक खंयचेंय खीण यादीर येवंकूय पुरो! 'जिण्ये सूत्र, रिणकारी, एका पिंदल्ल्या पानाची कथा, एके मऱ्यादेची काणी, देड हजार रुपया आनी दुबळिकाय, शीण' आदी वाचतना, तशेंच 'शनी' ही काणी वाचतना, सर्गेस्त पी. जी. कामत हांगेले कवितेचें एक कडवें यादीर आयलें – 'हांवय तोच, तूवंय तोच!'

कायंच आदर्श नातिल्ले, दुश्ट, चालाकी, असलेय मनीश कांय पानांनी मेळटात. ह्या आमच्या संवसारांत जे जितले सुखी जीण जियेतात त्या प्रमाणान नात इतलेंच. 'सच का सामना, लक्ष्य, बोंबोयचो माम' अश्या थोड्या काणियांनी मेळचे हे मनीश म्हणल्यार, भायल्यान पळोवपाक जितले सुंदर, भितरच्यान तितलेच विद्रूप. 'बंध' काणियेंतल्या हृदयशून्य मनशाकूय ह्याच पंगडांत बसोवं येता.

प्रस्तावनेच्या रूपान बरोवंचीं हीं म्हजीं दोन उतरां मुखार चलून समीक्षात्मक जावंचेली गरज ना. पूण एक सांगन दिसता. कथानक, शैली, संवाद, फाटभूंय, पात्रचित्रण, असल्यांचें विश्लेषण, मापन, मूल्यांकन आदी करचे खातीर खंयच्याय समीक्षकाक स्वागत करपी अशें एक पुस्तक हें. तेंच न्हय, खंयचोय प्रामाणिक समीक्षक ह्या पुस्तका विशीं निरुत्साहित जावंचो ना हाची म्हाका खात्रीय आसा.

आतां साहित्य रसिकांक बाब वल्ली क्वाड्रस हांची हांवें वळख दिवपाची गरज ना. अजून कोंकणी साहित्यांत हांणी तोलामोलाची भर घाल्या, मौलीक रचनेंतल्यान घाल्या तशेंच साहित्य संपादनांतल्यान आनी पत्रिकोद्यमांतल्यान. राश्ट्रीय पावंड्यार कोंकणी साहित्याचे संकलित संग्रह तयार करून, आनी युवसाहित्यिकां खातीर साहित्यमत्सरां चलोवन, कोंकणी भाषेचें भविष्य उजळ करपा दिकान हांगेलो निरंत वावर बी आसा. अश्या तांगेल्या समस्त वावरांत तांकां परबीं सहित मना पासून यश आशंसितां.

**शरतचंद्र शेणय**

कोच्चीन, केरळा

# काणयो सभार पूण ताळो एकच



एक्ये काणये आनी काणयेगारा मदलो बांद कसलो म्हण कोणी विचारता तेर सभार जापी मतिंत येतात. पूण, काणयेगार वल्ली काद्राच्या ह्या जम्यांतल्या काणयां आनी काणयेगार वल्ली मदलो बांद कसलो तें एकाच उत्रान सांगुयेता: हांतली हरयेक काणी वल्लिचो ताळो. हरयेक्ये काणयेंतलो एक न्हय एक कीरदार वल्ली म्हणजे काणयेगाराचीं वेवेगळीं रुपां, चिंत्नां, भोगणां, दुविधायो, चडपड, राग, बीरमोत आनी यथारतपणा कुशिची वोड पाचारतात. ह्या काणयां मुकांत्र तांच्या रचणाराचे मतिच्ये खोलायेंत कितें शिजोन आसा तें उग्त्यान दिसता. काणयेगाराची जिणिये दीश्ट या दरशन *(Philosophy)* भोंवारिच्या संसाराविशीं तीक दीश्ट तशेंच स्वताःच्या कूरडेपणाचोयी ह्या काणयांनी दिसोन येता. एका उत्रान सांगचें तर, जशें एक न्हय सभार गांवाक आनी श्हेरांक एकवटायता आनी एक्ये अस्मितायेन गांटायता तशें एक विभीन जिणिये अनभोग आनी दीश्ट ह्या काणयांक गांटयता आनी आपलीच म्हळ्ळी अस्मिताय दिता. देकून ह्यो काणयो फकत ह्या काणयेगाराक मात्र रचुंक साध्य जाल्यात.

ह्या काणयांनी चडताव दिसोन येंवचो एकलो कीरदार गुरुदास. देकीक, उत्रोण काणयेंत गुरुदास ऐ.टी. सरवीस आडीट करचें काम करता तर, माप काणयेंत एका खबराळ्यांत (मेगझीन) बरवपी जावन खूद कंपणेच्या परफोरमेन्स अपरैजल म्हळ्ळ्या खेळाचो शिकारी जाता. तोच गुरुदास रिणकारी काणयेंत रीण दीवन रागान पुस्पुसचो पुग्गो जाल्यार एक अपरगटीत काणी नांवाच्ये काणयेंत यथारतपणाची जिणी अपेक्सुंचो साहिती ह्या बाजारी संसारांत कामाच्या सोदनेर सलवणेच्या तणीर आसचो निराशी बेकारी. तोच गुरुदास मेट्रो बुल्लेटीन नांवाच्ये काणयेंत परत पत्रिकोद्यमाच्या सोदनेर भायर सरता आनी काम आपणावंक सक्ता. ह्या अख्ख्या काणये शिंकळिची चिंत्पाझर या दीश्ट या दरशन समजोंक जाय तर ह्या काणयांनी पिंत्रायिल्ल्या गुरुदासाक नाजूकायेन पारकिल्यार पुरो. हो गुरुदास ह्या काणयांनी गुरुदास जावन दोळ्यां मुकार येता तर बाकिच्या हरयेक्ये काणयेंतल्या मुकेल कीरदांनियी होच गुरुदास आनी ताची जीणये दीश्ट (दरशन *Philosophy*) उगडापी जाता. तर गुरुदासाची जीणये दीश्ट कसली?

अख्ख्या काणयां शिंकळिंत दिसोन येंवचो गुरुदास एका नाजूक कालेतिचो, सुक्षिमायेन मनशांक पारकुंक सकचो, तांची गत, तांच्यो दुकी, तांचें असहायकपन वोळकोंक सकचो मनीस. ह्या सरवाक ताणें जल्मोन व्हड जाल्लें गांवचें वारें आनी कुटमांत ल्हान–व्हड जाल्ली रीत मोटायेचें कारण तें स्पश्ट दिसता. ह्या सुक्षीम स्वभावाचो गुरुदास एका थराचो आदरशवादी, स्परद्याक वोंबोंचो या वागाचो शेवोट गायरांक मारन

मोटो जांवचें म्हळ्ळ्या ग्रासून खांवच्या पूंजिवादाक (*Predatory Capitalism*) बली जांवचे तसलो बाजारी चिंत्पाचो न्हय. जेदना मनशांक अनीत जाता, जेदना सता–निती विरोध वचोन पोटाचे भुके या जीणयेची सुरक्षिताये खातीर हेरंच्या गळ्यार पाय दवरन वयर चडोंक आशेंवचो आबलेशी या आबस्वारती तो न्हय. ताच्या बदलाक, आपल्या कामाक, नांवांक तशें फुडाराक सयत परवा करिनाशें अनिती आनी स्वार्था विरोध उबो रावोंक तयार आसचो मनीस तो. हो गुरुदास दोळ्यां मुकार दिसचें मात पळेना बगार हरयेका मनशाच्या जीणयेंत लिपोन आसचें दूक, अंदकार आनी कावजेण पारकुंक सकचो मोवाळ काळजाचो मनीस तें ह्यो काणयो उगडापी करतात. ताचें मोवाळ काळीज आनी मनशा मोग ताणें घेंवच्या नीरदारांनी, ताणें करच्ये कुमकेंत तशें सारकें कितें तें पयलें पळेवंक सकनाशें उपरांत भोगचें दुकिंत आनी उमाळ्यांनी दिसोन येता. देकीक वाच काणी रिणकारी, बूद, घुंवचें पाळणें. अशें थोड्या काणयांनी गुरुदास अनितिच्या, पूंजिवादी संसाराच्या पासांत पडनाशें खुबाळोन भायर येता तर हेर काणयांनी बरेपण, मनशागत या खरिगजाल पयलें पारकुंक सकनातल्या खातीर चुर्चूरता. हांतली हरयेक काणी गुरुदासाच्या वेक्तित्वाची एकेक कूस उगडापी करता.

असल्या संवेदनान भरल्लो हो गुरुदास कोण? ह्या काणयेंतल्या गुरुदासा आनी काणयेगार वल्ली कादामदें कसलो गांच म्हळ्ळ्या सवालाक जाप ह्या काणयांनी लिपोन आसा. गुरुदासच वल्लिगी? तें वाचपांक काणयेगारा विशीं कितलें कळीत आसा त्या जाण्वायेचेर होंदोन आसा. पूण, काणयेगार वल्ली हरयेक्ये काणयेंत गुरुदासाचें दरशन आमकां दिता तर, आनी आख्ये शिंकळेंत ताचे वेक्तित्व, चाल आनी दरशन एकच म्हणटाना गुरुदासा आनी काणयेगार वल्ली मदें व्हडलो फरक आसल्ल्याबरी दिसना. पूण आयलेवार चाल्तेर आसच्या साहीत विमरशाच्या चिंत्पापरकार साहित्याचें रचन जाल्लेंच ताचो रचणार मोरता *`The author is dead'*. काणये रुपार जें कितें आमी वाचतांव ती कृती आपलीच एक अस्मिताय आपणायता आनी हरयेका वाचप्याक आपापल्या जीणये अनभोगाक सरिजावन अरथ दीवंक सक्ता. तशें आनी साहितीक रचनेंत साहितीक सोदचें आनी ह्या संसाराचेर दीश्ट लावन ताच्या पाटल्यान आसच्या रचणाराक सोदचें मनशा कुळाचें सादन एकाच थराचें म्हण्येत. रचणारा मेळ्ळोना तरी ही भुंय, आकास आनी तांतूं आसचें पळेवन, बोगून, जिणी सारतीक करुंक शिकल्यार रचणराची खंत कित्याक? गुरुदासाक वळकल्यार ताच्या रचणाराची झळकयी मेळता न्हय. बोवश्या, जायित्ते पावटीं रचनारा प्रास गुरुदासच खरो म्हण घेतल्यार पुरो. साहित्याचो शेवोटच तो.

**स्याम बोळिये**
यु.के.

# बंद

'बंद' जसो शब्द सांगता, एके रितीचें कुड्डेपण, जो एक मनीस आपले जिणयेंत, आपलेच लागीं आसून, आपणाचोच इतलोय निसुवार्थी मापान मोग करतल्याचो खरो मोग समजूंक शकनाशिल्ल्या एका साहित्यीक समजावंक प्रेतन करून जैत जोडिल्ले एके चलयेचे जिणयेचेर गुंथिल्ली काणी.

प्रस्तावनांत हीं उतरां दाट अक्षरांनी बरयिल्लीं.

'बंद' असलीच काणी. जो रानांत रुखा मदें जियेवनूय रूख म्हळ्यार कितें नेणा. गिन्यान वांटूंक उबो जावन खुद्द रितेपण भोगतल्या साहित्यीक शिक्षकाची काणी. कांय वीस पंचवीस वर्सा आदली ही काणी एका असभावीक पूण धैरवंत चेडवाची. जें सतान, नितीन जियेवंक आशेतालें. आपलें सोबीत चिंतप घेवन, ह्या क्रूर संवसाराक आनी ताच्या खराळ चिंतपाचेर हारसो धरूंक प्रमाणीक प्रेतन केल्ले एके चलयेची काणी. आज ह्या बुका रुपार तिका समर्पीत.'

बुकाचें उगतावण जातच 'लेखकाचीं दोन उतरां' उचारिल्ल्या म्हज्या उतरांक ताळयो सयत पडिल्ल्यो.

***

'पत्र समाजाचो दोळो तर, साहित्य मत'

अजून उगडास आसा म्हाका, साहित्य शिकोवचे पयले क्लाशींत सुरवात केल्ल्या उतरांचो.

'सर, मत न्हय दिश्ट'

म्हाका फाटीं जबाब दिवन तिदवण केल्ल्या त्या विदूप चेडवाचो कर्कश आवाज कित्याक गी चाबकाचे मार दिताले.

'मत नासली दिश्ट तीन कासांकूय उपकाराक पडनासची'

हांवेंय त्याच प्रकार जाप दिल्ली.

पयलेच क्लाशींत हो अकमान म्हाका नाका आसलो.

तें तोंड काळें करीत आपलेस्तकीं हांसून ओगें रावलें.

***

कामाचे सोदनेर मायानगरीक (मुंबय शार) पाविल्ल्या म्हाका काम जाय आसलें. तें सारकें शिकप जांव अनभोग त्या वेळीं म्हाका नाशिल्लो. हव्यासाक लागून कांय थोडें बरयिल्लें, जांव तें मुल्यमापाचे नदरेन पळयल्यार कांय तीन कासांचें म्हण म्हाका केन्नाच भोगनासलें. हां! व्हय. कांय थोड्या बरपांनी इनामां जोडिल्लीं. पत्रांनी तस्वीर छापिल्ली. गांवार वळखीचो जाल्लों.

''इतल्यांतूच पोट भरताय रे? ओंटार मिशयो फुटल्यो तरी तकलेर जबाबदारीचें वजें

ना. कितलो तेंप आवय बापायच्या खुस्तार जियेतलोय रे?"

जिविताचें मुल्यमाप 'मनशान कमोवचें दुडवान मेजच्या समाजाक' कितें पडून गेलां खंयचें नैतीक आनी खंयचें अनैतीक? वरजीक करूंक म्हजे लागीं कितेंच नाशिल्लें.

दीसभर काम करून सांजेर एक ग्लास सोरो पियेतच सदांय आनाचे पुरपुरे तडवूंक जाय नासतना, मांयन आपल्या हातांचीं कांकणां आडव घालून थोडो दुडू दिवन म्हळें "आळे पुता, आनाक चूक समजनाका, ताका तुजेर आसचे फिकिरींत हें सर्व सांगतां. रीत चुकल्या जावं येत, पूण तो नीत चुकयना. तूं हे पयशे घे आनी तुजो फुडार तूंच सोदून बरो जावन ये. तेन्ना कांकणां सोडय. मुंबयंत आमच्या विल्फीची आंगड आसा, आनी ताचीच म्हळ्ळी एक कोठरीय आसा खंय. तुकाय तो ते कोठरींत रावयतलों."

अशें मायानगरीक हजार सपनां घेवन देंवतल्या लाखों लोकां पैकीं हांवूय एकलो.

कांय संतान कुटुंबाचो न्हय. तरी, आमच्याच गांवचो विल्फी पिरायेन कांय म्हजे परस चार पांच वर्सां व्हड. पूण हंबाकी न्हय.

"भिये नाका रे... तुका काम मेळनासतना आनी कोणाक मेळचें.. धैर घे.. कसलीय गरज पडली तर हांव आसां"

विल्फीचीं धैराचीं उतरां म्हजे कुसकून वेचे मतीक नवें त्राण दिवंक शकलीं. देखून सदांय दिसाळीं घेवन खंयसर कामाचो अवकास आसा म्हळ्ळें सोदून आसलों. चडटावांनी म्हाका अनभोग ना देखून काम दिवंक जायना म्हणून तोंडार सांगलें तर, थोड्यांनी म्हाका फकत कमिशनाचें (सेल्समॅनाचें) काम करूंक सल्लो दिली. पुरतो नागडो आसच्याक एक सुतूय कांय इल्लो मान धांपूंक शकता म्हळ्ळ्या चिंतनान हें काम करुंया म्हळ्ळी येवजण करतना, एक जायरातीर 'संगीत, भास, साहित शिकोवंक टिचरां जाय' म्हळ्ळें वाचून भोव आतुरीत जालों.

"संवसारांत जायती विद्या आसा जी शिकून, समजून घेवं येता. पूण साहित्य एक देणें, जी त्या त्या व्यक्तीच्या चिंतपांत उदेता. आनी एक शिक्षक जावन, ह्या चिंतपाचेर हारसो मात घालूं येता शिवाय, कोणाचेंय चिंतप बदलूंक असाध्य. तुजो अभिप्राय?" जायरात दिल्ल्यान इंटरव्यूव करच्या वेळार म्हाका विचारलें.

कितें जाप दितलों? म्हाका काम जाय आसलें.

"व्हय.. व्हय.. जरूर... एक शिक्षक जावन, हांवें हें चिंतप मात दिवं येता, जशें घोड्याक उदक दाखोवचें, पूण उदक त्या घोड्यान मात पियेवंक साध्य."

म्हजो जबाब आयकून तो आपल्या मनांत कितें आठव करी लागलो तें नेणां.

"तुका हे आदीं साहित्य शिकोवन, वा साहित्या विशीं आसच्या अनभोगा विशीं मोटव्यान सांगशी गी?"

"हांवें येदोळ कोणाकूय साहित्य शिकोवंक ना. पूण कांय थोडें बरयलां, थोड्या बरपांक इनामां लाभल्यांत. साहित्य शिकची वा समजूंची उमेद आसा. देखून शिकोवं येत म्हळ्ळो भरवंसो आसा. कित्याक म्हळ्यार साहित्य म्हजो हव्यास."

"हांगासर वेगवेगळ्या पिरायेचीं भुरगीं साहित्य शिकूंक येतात. थोडीं दिसाक काम करचीं सकाळीं वेगीं वा सांजेर वेळ करून क्लाशीक येतात. देखून... तसल्यांक तुका साहित्य शिकोवंक आसतलें."

म्हाका भितरले भितर संतोस जालो. म्हाका काम जाय आसलें.

"तुका आमी एक हजार रुपय थावन सुरवात करतांव, थोडे म्हयने तुजें काम पळयतच उपरांत तुजो पगार कितलो चडोवंक जाय म्हळ्ळें उपरांत निघंट करुंया, कितें म्हणटाय?"

हांवें "जायत" म्हळ्ळ्या अर्थान गोमटी हालयली.

"केन्ना थावन काम सुरू करूं येत?"

"फाल्यां थावन"

***

मुंबयच्या पोवायंत विल्फीची आंगड आसली, आनी लागसरूच एक ल्हान कोठरी. ते कोठरींत, ताची आंगड चलोवपी, तशेंच हेर दोग रावताले. तांचे सवें म्हजीय रावपाची विलेवारी विल्फीन करून दिली. सध्याक भाडें म्हण कितेंच दिवंक नासलें. देखून मेळच्या एक हजार रुपयांत म्हजो खर्च काडूंक आसलो. तशेंच आवयचीं कांकणां सोडोवंक थोडो थोडो दुडू जमोवंक आसलो.

विलेपार्लेच्या इरलांत एक कमर्शियल बांदपांत साबार रितीच्यो क्लाशी जाताल्यो. कोण भायल्या गांवच्यो भासो शिकयताले, कोण विवीध रितीचें संगीत शिकयताले. हाकाच मायानगरी म्हणटात कोण्णा. हांगासर विकचेय धाराळ आनी घेवचेय धाराळ. त्या त्या मनशाचे गतीक सरी जावन.

बगलेन कॉलेजी आसात. इंग्लीश, हिंदी तशेंच मराठी माध्यमाच्यो. देखून साबारां त्यूशन दितालीं. म्हजी पयली क्लास सकाळीं सात वरा थावन णव वरां पर्यांत मात. आनी पयलें फकत तेगां आसलीं. थोडेच दिसांनी आन्येकलें भरती जालें 'सिंतिया दाबरे'.

***

म्हाका पयले क्लाशींतूच ह्या विद्रूप चेडवाचेर कंटाळो उदेल्लो. कांय पिरायेन पंचवीस वर्सांचें, सुकुन कांटो जाल्ली बारीक कूड. काळें विद्रूप तोंड, गोमटेर एक धवें शीब. दोळ्यांचेर दाट ग्लासाचें ओक्ल आनी विचित्र नडटें.

त्याच बिलडिंगाचे बगलेन आसली ऍंग्लो इंडियन चाल, आनी ते चालयेचे बगलेन एक ग्रोट्टो आसलो. हांव सदांय त्या ग्रोट्व्या समोर वचून हात जोडून, दोळे धांपून म्हजे आवयचो उगडास काडून तिचे पासत सदांय मागतालों.

बगलेन आसच्या एक सात माळ्येच्या बिलडिंगांत भोवशा रावतालें सिंतिया. म्हाका तें समजुंकूय नाका आसलें.

पयले क्लाशींत एकामेकाची वळख करच्या संदर्भार, म्हाका कळ्ळें ना. हांकां कशें उलो करचें म्हळ्ळें. देखून हांव मॅडम म्हणून उलो करूंक लागलों.

"सर. तुका कशें कळीत हांवूय टिचर म्हण?"

कसलें अवास्तवीक आनी पिशें सवाल? जितलें विदारोप, तितलोच कर्कश आवाज ताचो.

म्हाका ताच्या सवालाचेर मातसो राग आयिल्लो तरी, हांसून जाप दिली. "म्हाका रातच्या सपनांत आंज भोडवो दिश्टी पडलो आनी ताणें सांगलें की, फाल्यां सिंतिया दाबरे म्हळ्ळी टिचर साहित्य शिकचे क्लाशीक भरती जातली" म्हण.

सर्व हांसलीं. तरी ह्या लजमांडी चेडवाक लज ना. म्हाकाच पळयतच परत सवाल करी लागलें "आनी कितें सगट त्या भोडव्यान सांगलें?"

म्हाका कित्याक गी हें उलोवणें मुखार व्हरूंक नाका आसलें.

तें अजून म्हाकाच पळोवन आसलें. पूण ताची मत खंय गी आसली.

"साहित्याचे वेगवेगळे प्रकार, आनी एकेका प्रकाराचेर आमी समजोवं येता, चर्चा करूं येता. पूण हांव हांगासर कोणाकूय साहित्य रच्चें कशें म्हळ्ळें शिकोवंक शकचो ना. तें सृजनात्मक चिंतपाच्या व्यक्तीच्या अभिव्यक्तीचेर आसा."

म्हाका कित्याक गी कंटाळो येतालो. ज्या मापान हें विद्रूप चेडूं म्हजेर पळयतालें देखून.

दोन वरांची क्लास सोंपतच सर्व वेचे आदीं, एक सवाल विचारून गेलें. "सर, तुमकां कितले भाव भयणी?"

हांवें जापूच दिली ना.

***

अशें सकाळीं सात वरां थावन सांजेर चार वरा म्हणसर काम जातच, हांव बी. इ.एस.टी बस्सार पोवाय वेतालों. सकाळीं कांय हून च्याये सवें सुको ब्रॅड खावन येतालों. दनपारां जेविनासलों. देखून सांजेर गेल्लोंच परत एक ब्रॅड खावन उदक पियेतालों. उपरांत कांय इल्ली तरकारी हाडून, चिमणे तेलाच्या स्टोवांत पेज शिजोवन, तरकारी आनी लोणचें जेवतालों.

दीस सोंपले परींच ही म्हजी सदांची संवय, यांत्रिकृत जाली. जशें बगलेन जियेतल्या साबारां परीं. आपलीं सर्व कामां खुद्द करूंक शिकिल्ल्यान वांचलो हे मायानगरींत.

सकाळीं उठून डब्बो घेवन पब्लीक काकसाचे लायनीर उबो रावचें. उपरांत येवच्या धा मिनटांच्या उदकाच्या नळा सकला बसून न्हावचें. वेगीं वेगीं न्हेसून वचून बी.इ.एस. टी बस्साचे लायनीर रावचें.

म्हाका दिसाक फकत तीन क्लाशी घेवंक आसल्यो. सकाळीं सात थावन णव म्हणसर. उपरांत इकरा थावन एका पर्यांत, आनी एका थावन तीन पर्यांत.

ह्याच वेळार, सांजेर सात वरा थावन णव वरा पर्यांत क्लास आसा तर ते क्लाशींत येवंक म्हण दोगांनी विचार केल्लो. देखून, म्हाका विचारलें, जर हांव तयार आसां तर. म्हळ्यार सकाळीं सात वरा थावन सांजेर णव वरा पर्यांत काम.

येदोळूच  म्हजो पगार एक हजार आसलो देड हजार केल्लो, आनी आतां जर सांजेर सयत क्लास घेवंक शकतलों तर परत पांयशीं रुपय चडयतांव म्हळ्ळें आयकून म्हाकाय उमेद चडली आनी हांवूय खुशेन ओपवल्लों.

***

'जिवीत एक रंगमंच, मनीस एक कथपुतली, मोग एक रंग, संबंद एक गांच...'

'सर.. जायत्या बॉलिवूड फिल्मांनी हें आयकलां.. कांय नवें सांग'

म्हाका मदेंच कातरून, तेंय चाबुकाच्या मारा परीं तोंडारूच सांगच्या त्या विद्रूपी चेडवाचें धैर पळय कितलें?

एके घडये म्हाकाच अजाप  जालें. पूण म्हाका जें कितें बुकांत आसा तें सांगूंक आसलें.

......

आतातां संवयशी जाल्या..

हांवें कितेंय सांगलें तर.. सिंतियाचें उलटें उलोवप तयार आसलें. देखून कशें तरी एक पावटीं हाका बूद शिकोवंक जाय म्हळ्ळ्या इराद्यान सिंतियाक फाटीं सवाल केलें.

"सिंतिया, तूं सांग. मनीस जितलो विशाल जावंक आशेता, चंद्रेमाचेर चडटा, दऱ्याच्या गर्भांत रिगता, वारायार सयत उबता. तरी, आपलेपण, आपलीं पेलीं, हाचेर मनशाचें चिंतप संकीर्ण कित्याक जाता?"

"सर... मनशाच्या चिंतपा आनी अन्रेगा मदलो अंतर चडून वेता देखून."

*"What nonsense?"*. हांवें येदोळूच आयती केल्ली जाप ताका दिली. म्हाका जाप नाका आसली. सिंतियाक कशें सकला घालचें म्हळ्ळें जाय आसलें.

"सर. अन्रेग कल्पनीक, हाका विज्ञानाचो आदार घेवं येता आनी सुफळ करूं येता... पूण आपलीं पेलीं म्हळ्ळीं चिंतनां आनी विचार मात. भौतीक संवसारांत हांकां मोल ना. संवसार रंगमंच न्हय, एक बाजार. हांगासर "जें दिखता तेंच विकता", हांगा रंगाक मोल शिवाय आत्म्याक न्हय. हांगा भायलें रुपूच सोबाय, भितरलो आत्मो न्हय..."

ताचें राजांव म्हाका समजुंकूच नाका आसलें. कशें तरी ताका दुखोवन तरी चूप करूंक जाय म्हणच्या इराद्यान हांवें उचारलें.

"तुका शेर्मांव दिवंक सांगूंक ना. ते तुजे विचार. हांवें फकत एक निर्दिश्ट विशयाचेर सवाल विचारलें. तुवें जाप दिली, आनी म्हाका ती सारकी म्हण दिसूंक ना"

"सर, तर म्हाका तिदवून सांगा.. खंयचें सारकें?"

"समजूंक शकल्यांक समजावचें पिशेपण... समजनासल्यांक समजावन फायदो ना" सत सांगचें तर, म्हाकाच हांवें विचारल्या सवालाची जाप कळीत नासली. आनी सारकी जाप दिल्ल्या ताका, ताची जाप स्विकार करूंक म्हजे भितरलो 'ego' सोडिनासलो.

***

आयलेवार  नवो संगीत शिक्षक जावन केरळा थावन आयिल्लो टॉमास लूकस भरती जालो. संगीत शिकच्या भुरग्यांचो संखो व्हड आसलो. त्याच प्रकार टॉमासाचो पगारूय म्हज्याकूय दोडटो  आसलो. मुंबयंत तो नवो देखून म्हजें हांव दनपाराचें खंय जेवतां हें विचारतालो.

मायानगरींत हर रितीचे मनीस जियेताले. आपापले जिणये रितीन, आनी ह्या सर्व लोकांच्या सपनांक हकीकत करची शाती हे मायानगरीक आसली. देखून म्हयन्याक पांयशीं रुपय जोडचे जियेताले. तशेंच म्हयन्याक हजारांनी जोडटाले सयत जियेताले.

पन्नास मिटर अंतरार आसच्या मेन रोडार जायत्यो हातगाडयो आसल्यो. साबार लोक थंय वचून वडापाव, समोसा, वा हेर खाणां खातालो. सवायेंत तशेंच वेगीं खाण मेळटालें. देखून हांवूय तवळ तवळ चडटाव हांगाच वचून वडापाव खातालों आनी पोटभर उदक पियेतालों.

हाच्याकूय चडीत खावंक चिंतलें तर, गांवांत आडव आसच्या मांयचीं कांकणां सोडोवंक हरेका म्हयन्यांत जमो करूंक पयशे उरनासले म्हळ्ळें सत हांव जाणा आसलों.

थोडे दीस टॉमास सयत म्हजे सवें हे गाडयेर विकचे वडापाव खातालो. पूण ताका हें खाण कित्याक गी रुचनासलें. कोण रुचीक खातात. हांव मात भुकेक खातालों. सकाळीं सात वरा थावन सांजेर णव वरां म्हणसर हांवें रावूंक आसलें. देखून हाच्याकूय चडटीक खावंक म्हज्या बोल्सांक शाती नासली.

दीस गेल्ले परींच, कशें गी टॉमासाक सिंतियान वळख करून घेतली आनी सिंतियान टॉमासाक, लागशिल्या एका घरचो पत्तो दिलो. थंयसर म्हयन्याक शंबर रुपयांक बरें जेवण मेळटा म्हण सांगलें.

हांवें लेख घालें. दिसाचो एक वडापाव आनी एक च्या पियेलों तर, अडेज रुपय दिसाचे, म्हळ्यार म्हयन्याक सत्तर आनी पांच रुपय. पूण हांगासर शंबर रुपयांक जेवण मेळटा तर तें बरेंच. हांवें मतींत आठव घालो.

एका दनपारां टॉमास आनी हांव, सिंतियान दिल्ल्या पत्त्याचेर गेल्यांव. लागींच आसली ल्हान कोठरी, भितर भोवशा दोन कुडां. आनी ही कांय पन्नास उतरिल्ली मुसलीम बायल, आमकां हांसून येवकार दिलो, आनी म्हणाली...

"तुमकां फूल जेवण वा दाल रायस. फूल जेवणांत दोन चपात्यो, एक गोडशें, शीत, दाळ मेळटा. दाल रायसांत फकत  दाळ आनी शीत."

आमी एकामेकाक पळोवन चिंतूंक पडल्यांव. टॉमासान आपणाक फूल जेवण जायत म्हणटना तिचें तोंड फुल्लें.

तिणें मुखारलें "फूल जेवणाक अडयशीं रुपय, दाल रायसाक देडशें रुपय म्हयन्याचे."

टॉमासान आतांय जायत म्हळें, पूण हांव अजाप पावलों. पूण आमकां 'म्हयन्याचे शंबर रुपय' मात सांगिल्ले. देखून हांगासर आयिल्ल्यांव.

"आयचे म्हारगायेंत शंबरांत कितें जाता?आमी कांय चालू वर्गाचें तेल, तरकारी वापरिनांव."

हांवें जायत म्हळें. अशें आमच्या जेवणाची विलेवारी  जाली.

तॉमासाक पयली प्लेट, आनी पयलें जेवण. म्हाका उपरांत प्लेट आनी उपरांत जेवण. आमी दोगांय जेवन सांगाता वेताल्यांव.

एका दिसा अवचीत म्हळ्ळे परीं मुंबय बंद...

आमकां रजा नासली.देखून आमी हरशींचे परीं सदांच्या वेळार जेवणाक गेल्यांव. तिचीं काम करचीं भुरगीं आज रजेर घराच आसलीं. भितरल्या कुडांत बसून आसलीं आमकांच पळोवन आसलीं.

आज कित्याक गी आमकां दोगांकूय एकाच वेळार आयलें. तॉमासान आपली प्लेट घेवन एका कदेलार बसून जेवण सुरू केलें आनी हांवें म्हजी प्लेट घेवन एक घांस शीत तोंडाक घालतना कितें पळयतां? कालची दाळ दिसता, बेळशेल्ली... जितली भूक लागिल्ली, तितलोच निरासलों. पूण उलोवंक उपाय ना. कांय उलयलों तर, ती परत पुरपुरत 'तुवें दिवच्या शंबर रुपयांक आनी कितें जाय?' म्हळ्ळ्या भियान ओगोच जेविनासतना रावलों.

तॉमासान जेवण सोंपयलें. तरी हांवें जेविनासतना आसचें भितरल्या कुडांत, बँकांत काम करून आसचे तिचे धुवेन पळयलें, आनी भायर येवन 'सर तूं कित्याक जेविनाय? कांय हाडूं?' विचार केलो.

"म्हजें पोट कित्याक सारकें ना. भुकूच लागना. देखून म्हाका इतलें पुरो" म्हणून प्लेट तिच्या हातीं दिली. तिणें दोनूय प्लेट घेवन भितर वचून, म्हजे प्लेटीक हुंगून पळयतना तिका सत कळ्ळें. आमी दोगूय हात तोंड धुवन वेतना भितरल्या कुडांत आपले आवयचेर धेंकणो  घालचे धुवेचीं उतरां म्हज्या कानार पडलीं.

"तुका कित्याक असलोय आंगालाप?  तुका साध्य ना तर, शीदा सांग जेवण दिना म्हण. अशें कित्याक शंबर रुपयां खातीर अल्लाहचो शिराप मागून घेताय?"

तॉमासाक बिलकूल अंदज नाशिल्लो. तरी म्हज्या काळजाक हीं उतरां आयकतालीं.

दुसऱ्या दिसा थावन हांवें हांगासर जेवणाक वेचें रावयलें.

***

थोड्या दिसां उपरांत, हांवें तॉमासाक समजयलें हकीकत कितें म्हण. तोय हांसलो.. ही मायानगरीची हकीकत.

एका दनपारां हांव हरशींचे परीं हातगाडयेर विकचे वडापाव खावंक येवजितना, एक पोतें घेवन आयिल्ल्या सिंतियाक पळोवन अजाप जालों. सिंतियान आपणा खातीर भुती हाडिल्ली. विज्मीत पावलों. एके वाटेन अजाप, आन्येके वाटेन भूक.

"सर.. बेजार करिनाका.. कित्याक गी.. हांवें आज तुमकां जेवण दिवंक जाय म्हण

म्हाका भोगलें. देखून हाडलें, दया करून आतां नाका म्हण म्हाका निरास करिनाकात.''

हांव कितें करचें कळीत नासतना, जायत म्हण ताच्या हातांतलें पोतें घेवन, भितर वचून जेवंया म्हण भुती सोडयली. एका डब्यांत मास, आन्येका डब्यांत चपात्यो. मासाच्या परमळाक म्हज्या तोंडांतूच शिंपी गळूंक लागली. देखून चपात्यो काडटना, कितें पळयतां! दाट चपात्यो, पिटाचो मुदो, चडटाव करपाल्ल्यो भाकर्‍यो... कोण खायत असलें जेवण?

हांवें तें खाण व्हरून कचर्‍या डब्याक घालून, कोणाकूच कितेंच सांगिनासतना डब्बो पॅक करून पोत्यांत दवरलो.

दुसर्‍या दिसा सकाळीं क्लाशीक आयिल्ल्या सिंतियाक पळोवन म्हजे दोळे रागान तांबडे केले. तें कितेंच उलोवचे स्थितींत नाशिल्लें.

''बरें साहित्य रचूंक, एका साहित्यीक बरें वाचप जितलें प्रमूख, बरें चिंतपूय तितलेंच गरज. मनिसूय तसोच. बरें खाण खातले मात बरे भलायकेंत जियेवंक शकतात, करपल्ल्यो, भुकटेल्ल्यो भाकर्‍यो खावन न्हय. वाग कितलो भुकेल्लो जाल्यारूय, तण खायना. हें पयलें समजूंक गरजेचें.''

कित्याक गी म्हज्या ताळ्यांत आसचो राग, एकेका उतरांत सिंतियाक तोपतालो म्हळ्ळें ताच्या दोळ्यांनी देंवचीं दुकां साक्स दितालीं. सिसरीचीं दुकां.. हांवें मतिंतूच आठव केलो.

***

थोडे दीस सरतच म्हाका टॉमासा थावन आयकूंक मेळ्ळें की, सिंतियान दिल्ल्या पत्त्याचेर वचून बेळशेल्लें जेवण पळोवन हांव दनपारां सारकें जेविना. देखून आपल्या खुद्द हातांनी ताणें भाकर्‍यो करून हाडिल्ल्यो.भाकर्‍यां सवें ताणें आपले हात सयत लासून घेतिल्ले.

म्हाका हें आयकून ताचेर एके रितीन बिरमतूय दिसली. पूण ताच्याकूय चडीत रितीन अजाप भोगलें. हें कोण सिंतिया, कित्याक अशें करता? नाका नाका म्हळ्यारूय ताका एक साहित्यीक हव्यासी जावन एक पावटीं समजोवंया, म्हळ्ळीं चिंतनां मतींत आयलीं. त्या दिसा थावन कित्याक गी सिंतियाचेर इल्ली मोवाळाय दाखयली.

कसलें विपर्यास? हांव तिका कविता शिकयतालों आनी तें म्हाका जिवीत शिकयतालें.

एके सकाळीं क्लास जातच तें म्हजे लागीं उलोवंक आसा म्हण रावलें.

''सर.. येवच्या हफ्त्यांतल्या सनवारा आमच्या घरांत मारियेची इमाज हाडटात. देखून घरांत मागणें आसा. आमी तुमकां आपोवणें दिवंक आशेतांव. टॉमास सराक सयत आपोवणें दिलां. तुमी येशात तर तोय येता खंय''. म्हाका अजापशें भोगलें.

''तुजो गांव खंय आसा?''

''मनोरी आयलँडार... मलाड ओर्लेम उतरून वेतना तुमकां एके ल्हान बोटीचेर

उतरूंक आसा. आनी मनोरी आयलँडार आमचीं सर्व सोयरीं, सर पूण दया करून तुमी जरूर येयात."

सिंतियाक समजूंक हाच्याकूय वरतो अवकास दुसरो ना म्हळ्ळें चिंतप मतींत रिगलें. हांवें जायत पळोवंया म्हळें.

***

तॉमास आनी हांव दोगांय मेळून सिंतियाच्या गांवाक वेची येवजण करून थारयिल्ल्या दिसा तांच्या घरा पावल्यांव.

कांय पन्नास लोक येदोळूच हाजर आसलो, शेजारचो लोक, सोयरीं मेळून. सांजेच्या चारांक मारियेची इमाज हाडली आनी सर्व लोकांनी मागणीं, तेर्स भेटयलो. उपरांत गडदायेचें जेवण.

तॉमास आनी म्हाका सिंतियान आपले आवय बापायची वळख करून दिली. तें म्हालगडें चेडूं, आनी ताचे फाटलीं दोगां चेडवां आनी निमाणो भाव. आनी सांजेर आमकां तें आपल्या पोदोर्नीच्या घरा आपोवन व्हरतां म्हणालें.

एक गजाल हांवें पारखिल्ली, सिंतियाच्यो भयणी, भाव, आवय, बापूय सर्व इतलीं गोरीं, दाटीं मोटीं आसलीं. सिंतिया भोवशा पिडेंत आसूं येता म्हळ्ळो दुबाव आयलो. सिंतियाच्या बापायचो एक हात नाशिल्लो. एका अपघातांत हें घडलें म्हण सिंतियानूच सांगलें.

सांजेर जेवण जातच, सिंतिया आमकां ताच्या पोदोर्नीच्या घरा आपोवन व्हरून गेलें. भोवशा ताचो पोदोर्न आमचे विशीं पयलें सर्व जाणा आसलो. ताणें भोव मोगान आमकां स्वागत केलें. कांय पिरायेन पन्नास उतरतीत. जेन्ना सिंतिया आनी तॉमास भायर उलोवन आसच्या वेळार, ताचो पोदोर्न म्हाका भितर व्हरून गेलो.

"पुता... सिंतिया मोगाळ भुरगें... हांवें म्हजेंच भुरगें म्हळ्ळे परीं ताका पोसलां.. तुवें काम करच्या लागसार म्हजें एक फ्लॅट आसा. तातूंत सिंतिया एकलेंच रावता आनी लागशिल्या इस्कोलांत इंग्लीश शिकयता. म्हाका भोव संतोस भोगता तुमी आमचें आपोवणें स्विकार करून आज आयल्यात..."

"ताच्यो दोगी भयणी काजार जाल्यो.. पूण हें काजार जावंक आयकना.. ताका पसंदीचो चेडो येदोळ मेळूंक ना. अशें म्हणटा.. आमी दोती रुपार कितेंय दिवंक तयार आसांव... हांवें जीव आसतना ताचें काजार जावं म्हळ्ळी मात आशा..."

तो उलोवनूच वेतालो. पूण म्हाका कांय समजनासलें.

म्हजे मतींत कसलें गी चिंतप सतायतालें. सिंतिया रूपरूप आपल्या पोदोर्नी परीं दिसतालें. तोच बारीक जीव, काळी कात, इतलेंच न्हय, ताचे गोमटी सयत एक धवें शीब आनी तोय सिंतिया परींच दोळ्यांचेर दाट ग्लासाचें ओक्ल घालतालो.

म्हजी तकली घुंवताली हें सर्व चिंतून...

सांजेर काळोख जावन येतालो. आमकां फाटीं येवंक आसलें. देखून तॉमास आनी

हांव फार्टीं येवचे वाटेर, तॉमासान म्हाका सांगलें, त्या पोदोर्नीच्या घरा सिंतियाची आवय काम करून आसली.... आनी तिचें काजार सिंतियाच्या बापाय सवें करोवंक सिंतियाचो पोदोर्नूच कारण खंय.

म्हाका कित्याक गी हे सर्व गांच एकामेका घडून येताशें वेगवेगळे अर्थ दिताले.

......

आतां... साबार वर्सां पाशार जाल्यांत...

***

बुकाचें उगतावण कार्यें बरे रितीन सोंपोवन कांय हफ्ते उतरल्यात. एके सकाळींच कोणें गी एक फुलांचो बुको आनी सवें एक कागद धाडलां. येदोळ कोणेंय हे परीं करूंक नासलें. देखून हांवूय चिंतूंक शकलों ना ही कसली गजाल म्हळ्ळी. फुलांचो बुके भायल्या सालांत दवरून तें कागद घेवन भितर गेलों.

'शाबासकी पाटोवं, वा उपकार बावडूं कळना,

तुवें इतल्या वर्सां उपरांत तरी उगडास काडिल्ली गजाल म्हाकाच विज्मीत करता. पूण नेणा कोणा खातीर.

जी चली, जिका तुजे 'बंद' काणयेंत प्रमूख पात्र म्हण तुवें पिंतरायलां, तिची मोगाची काणी अधुरी कित्याक सोडल्याय, कांय दुसरो भाग काडचे तयारींत पुणी नाय मू?

बरें, तुका थोड्यो संगती कळयतां....

तुवें तुजे काणयेंत पिंतरायिल्ले चलयेची काणी, म्हजे व्हडले भयणीचे काणयेक ताळ पडटा. जी सदां आपणाक इनफिरियर म्हण समजताली. गरजे भायर आपणाक आपल्या भयण्यां समोर कुरूपी म्हण समजताली. पूण आमी सरवानी तिचो इतलो मोग केल्लो... केला. पूण जिणयेंत तिणें भोवशा मोग केल्लो एका परक्या शिक्षकाचो. जो कांय वीस पंचवीस वर्सां आदीं तिका साहित्य शिकयतालो.

हांव जाणां, हातूंत त्या शिक्षकाचो कांय गुन्यांव ना. कित्याक म्हळ्यार तो दोळे आसुनूय कुड्डो. इतलो तेंप ताणें 'समजावचें' प्रेतन केल्लें, पूण केन्नाच 'समजूंचें' न्हय. केल्लें तर, ताचे जिणयेंत येदोळ कोणेंच करिनासलो मोग करचें एकलें ताच्याच संवसारांत जियेतालें म्हण कळटें. तीच भयण म्हजी. ताचे पासत दीसरात गुपीत दुकां गळयतालें. ताच्या हरेका गरजां पासत खंत करतालें.

एक दीस तो आमगेर आयिल्लो. सर्वांक मेळ्ळो. आमकां सर्वांक तो पसंद जाल्लो. कांय ते अधुरे मोगाचे काणयेक परिपूर्ण करतलो म्हळ्ळो भरवंसो सर्वांक आमकां आसलो. ह्याच भरवंश्यान आमी आमचे भयणीक आपल्या काळजाचे उमाळे व्यक्त करूंक प्रेरीत केलें आनी तिणें ते एका ल्हान कागदांत बरोवन ताका दिले. तातूंत इतलेंच बरोवन आसलें 'जिणयेंत केदींच मोगार पडूंक ना, आतां तुजे शिवाय म्हाका संवसार दुसरो ना. तूंच म्हजो उस्वास, तूंच म्हजें जिवीत. एक अवकास दी. तुजे जिणये पयणाचे वाटेर

केदींच बावनाशिल्ल्या फुलांनी सजयतां.'

आनी त्या येमकुळ्यान दिल्ली जाप 'तूं म्हजें जिवीत तर, हांव मरण स्विकार करतां, तुजेर एका मनशापणाच्या चिंतपान उलयतां तरी, म्हाका तूं खंयचेय नदरेन मनीस म्हण भोगना. सत सांगचें तर, तुजे विशीं चिंतनाच म्हाका जिविताचेर कंटाळो येता. बरें हें... तूं म्हाका तें कागद बरोवच्या बदलाक कांय वीख घेतें.'

संवसारांत कितलें विपर्यास घडटा न्हय? तें भितर इतलें सोबीत आनी तो भितर इतलो कुरूप. पूण संवसारान देखची रीत वेगळी न्हय?

हाणेंय तेंच केलें. जें ताणें फरमायिल्लें. आपले जिणयेन समजून शकनासचें भोवशा आपलें मरण समजयत म्हळ्ळ्या पिश्यान वीख घेवन आपलें जिवीत सोंपयलें. आनी कित्याक गी म्हाका भोगलें, हें तुका बरोवंकूच जाय. न्हय हें वाचून म्हजी भयण जिवंत जातली, बगर तूं एक पावटीं तरी तुजें 'बंद' आसचें गिन्यान उगड म्हणूंक.

तुका, तशेंच तुज्या बुकाक बरें मागतां,

........

वाचून आतां हांवें म्हज्या कुडाचें दारूच बंद केलें.

◆◆◆

तिदवण= सुदारणी, सुदारणूक
कास = दुडू, पयशे
अनभोग = अनुभव, अणभव
हव्यास = छंद, आवड, पसंद
वरजी = पावणी, वाद, भासाभास
आन = बापूय, बाप
तडवी (तड.वी) = सोंस
आडव =उशणें दवर
आंगड = पसरो, दुकान
त्राण = सकत, शक्ती
अवकास = संद, संधी
विलेवारी = वेवस्था, मांडणी, मांडावळ
कोण्णा = कोण जाणा हाचें मोटवें रूप
नडटें = वागणूक
ग्रोट्टा = कांतराळ, घोल, गुंफा
ग्रोट्टो = कांतराळ, घोल, गुंफा
भोवशा = घडये, कदाचीत
आंज भोडवो = देवदूत
काकूस = संडास, कुमांव
येदोळूच = आदींच, पयलींच
ओपव (ओप.वा)= राजी जा, कबूल जा
आयलेवार = आज काल, हालीं, सध्या
दोडटो = दुप्पट, दुपेट
विलेवारी = वेवस्था, मांडणी
धेंकणो = धेंगसो, तापसाणी
आंगालाप = लोभ, अधाशीपण, आशेचो
साक्स = गवाय, साक्षी
सिसर = मानगें, सुसर
अवकास = संद, संधी
गडद (गड.द) = दबाजीक
कार्यें = कार्य, कार्यावळ

भांगार भुंय, अनन्य आनी जाग पत्रांनी परगटल्या

# सछ का सामना

“बिलकूल सत’.... व्हा! आनी तींच सवालां, तुजे आनी एक कोरोड रुपया मदें..”

सालभर भरिल्ल्या शंबरां वयर प्रेक्षकांच्या ताळयांच्या आवाजा मदेंच राजीव खंडेलवालान उचारणी केल्ली. हांव घामेल्लों मात न्हय, एके तरेचो अपराधी जिनस म्हज्या तोंडार आसचो लिपोवंक प्रेतन करतालों.

एक कोरोड... जिणी सारून सयत जायत्यांक कमोवंक अशक्य जाल्लो ऐवज, थोड्याच घडयांनी जोडूंक पावचो अवकास म्हज्या नशिबाच्या दारार उबो आसलो.

‘‘संवसारांत बरें वायट म्हळ्ळें वेळा काळाचेर आसता. सर्व क्षणीक, जें सासणीक, तें जैत आनी जीख. देखून हरेके स्थितींत म्हाका जिखूंक आसलें. तोच म्हजे जिणयेचो शेवट.’ हो संवसार फकत जिखतल्यांक वा जिखिल्ल्यांक मात उगडास दवरता शिवाय सलवल्ल्यांक न्हय. हींच म्हजीं तत्वां जावन आसलीं.

म्हाका पॉलिग्राफ मिशिनां खोवोवन कांय पन्नास सवालां विचारून जाल्लीं. तातूंतलीं कांय एकवीस सवालां भोवशा परत विचारूंक आशिल्लीं. कॅमरा समोर, आनी हांवें सतूच उचारूंक आसलें. जें सत म्हज्या पॉलिग्राफ तपासणे वरवीं मिशिनान समजल्लें... पारखिल्लें.

कांय सकाळीं थावन स्टुडियोंत ‘सच का सामना’ कार्याचें रेकॉर्डींग चालू आसलें. म्हजे सवें म्हजी बायल, म्हजी सासू मांय, म्हजी आवय, म्हजो भाव, आनी म्हजे खास इश्ट आयिल्ले. म्हजे सवेंच राजीव खंडेलवालाक फूड करून बशिल्ले. म्हजे जायते अभिमानी वाचपी लोकां सवें फाटल्यान बशिल्ले.

भोवशा एक फामाद साहित्यकार जावन कोणेंय इतलें मुखार पावचें पयले पावटीं.

पयल्या रांवडांत धा लाख, दुसर्‍या रांवडांत पंचवीस लाख येदोळूच जिखून जाल्ले. फुडल्या सवालाक सारको जबाब दिलो तर पन्नास लाख तशेंच अखेरेच्या सवालाक सारको जबाब दिलो तर एक कोरोड रुपय.

पूण हांवें दिल्ल्या सवालांत म्हजे सवें बशिल्ल्यांच्या तोंडांत सयत एके तरेचें अपराधी चिंतप म्हाका उठून दिसलें.

“भूक” म्हज्या थोड्या भोव फामाद बुकां पैकींतलो एक. कशें समाजांत काम नासतना वा काम वगडावन गेल्ले काम सोदूंक प्रेतन करतात म्हळ्ळ्याचेर हांवें बरयिल्लो बूक. आनी तें सवाल हेच बुकाक संबंदीत जाल्लें.

“तुजो एक खास मित्र जेन्ना परगांवांत काम वगडावन आसल्या वेळार, एके नोकरी दितले कंपनीक एक रॅफरेन्स व्यक्ती जावन रॅफरेन्स दिवंक विनंती केल्ल्या वेळार,

तुवें ताका कुमक करच्या बदलाक फाटल्यान ताचीं नकलां करून, ताचे थावन तुज्या पुरस्काराचो दुडू वसूल केल्लोय गी?" म्हळ्ळें सवाल.

हांवें सतूच उचारूंक आसलें. आनी हें बिलकूल सत जावन आसलें. हांव साहित्याक आयिल्लोंच नांव आनी दुडू कमोवंक, म्हाका दुडू जाय आसलो. म्हज्या इश्टां समोर, म्हजी प्रतिष्ठा स्थापीत करूंक. म्हज्यो काणयो हेर भासांच्या लोकां समोर पावोवंक म्हाका दुडू जाय आसलो. आनी ही भासावणी केल्लो तो संपादक आतां काम वगडावन म्हाका भासायिल्लो दुडू सयत दिनासतना म्हजे लागीं 'कामाचें रॅफरेन्स' मागतालो. हांवें हेरां सवें, हेरां परींच त्या संपादकाचीं नकलां केल्लीं ... हें सांगूंक म्हाका धैर आसा.

म्हजे सवें बशिल्लीं मात न्हय, लोकांनी सयत चिंतिनाशिल्ले परीं "व्हय" म्हळ्ळो जबाब हांवें दिल्लो, खिणाचें मौन... कोणाच्याच तोंडांत एक शब्द ना. एक फामाद बरोवप्यान उचारिल्लें प्रमाणीक सत तें जावन आसलें. शेवट सुडाळ आसलो 'एक कोरोड'.

***

राजीव खंडेलवाल फुडल्या सवालाक विचारूंक आयतो जाल्लो.

तुजो "निश्कळ जिणी" बूक दोन भासांनी अनुवादीत जाल्लो भोव फामाद बूक. तुका सवाल हें "तुज्या काजारी जिणये भायर तुवें हेर बायलां सवें लैंगीक संबंद दवरलाय?"

हें सवाल आयकून म्हजे सवें आसच्या सर्वांच्या तोंडाचो चारोच बदल्लो. हांवें दोळे धांपिल्ले तरी म्हजे मतींत म्हजे बायलेचें, म्हजे सासू मांयचें, म्हजे आवयचें रुपणें येतालें. ह्या सवाला थावन पळून धांवुंया म्हळ्ळीं भोगणां येतालीं. पूण 'एक कोरोडा'च्या शेवटान म्हाका कुड्डो केल्लो. म्हाका मोनो केल्लो. म्हाका केप्पो केल्लो. हांवें सत उचारूंक आसलें.

कॅमराचो फॉकस एकेकल्यांचेर घुंवून आसलो. म्हजे मतींत भोगणांचीं ल्हारां सयत घुंवून आसलीं.

एक फामाद साहित्यकार आनी सताची फूड. पूण म्हज्या साहित्यीक व्यक्तित्वाक नागडें करचें सवाल हें.

"व्हय" हांवें परत तोच जबाब दिलो.

आतां मिशिना लागीं कॅमराचो फॉकस गेलो. मिशिनान थोड्याच खिणांनी पाचवो दिवो जळयलो. परत म्हजो जबाब 'सत' जावन आसलो.

लोकांच्या ताळयांचो आवाज परत सालभर आयकून आयलो. पूण त्या आवाजा मदें म्हजे सवें बशिल्ल्यांच्या काळजांतलें मौन रुदन म्हज्या कानांनी गाजतालें. पूण हांवें म्हजो शेवट पावूंक आसलो.

"पन्नास लाख जिखिल्ल्याक तुका उल्लास..." आतां उरलां एक सवाल, तुका एक कोरोड रुपय दिवंक शकचें. पूण तें सवाल विचारचे आदीं एक ल्हान ब्रेक.

***

ब्रेक जावन फाटीं आयिल्लेंच मुखलें सवाल तयार आसलें.

"तुज्या चाळीस वर्सांचे साहित्यीक जिणयेंत तुका जायते पुरस्कार लाभल्यात. पूण सांग हातूंतले कितले पुरस्कार तुजे प्रमाणीक (साहित्यीक) योग्यतायेक मेळळ्यात आनी कितले तुवें तुज्या लाभाक लोंच खावोवन घेतल्यात?"

भोव कठीण सवाल हें. सत सांगचें तर सवाला परस हांवें दिवंक आसचो जबाब कठीण.

हांव मन घट करून बसलों. हांवें सत सांगूंक आसलें. तेन्ना मात हांव म्हज्या शेवटाक पावूंक शकतलों आसलों.

हांव फकत, हांव आनी म्हज्या शेवटा विशीं मात चिंत्तालों. जैतीवंत जावंक हांव कितेंच करूंक फाटीं सरचो न्हय. पूण ह्या म्हज्या जैताच्या शेवटाचे वाटेन म्हजे सवें आयिल्लीं, जीं म्हजे सवें जिणयेंत सांगात दिल्लीं, सांगात दिवचीं, म्हजे थावन कसले बांदपास भोगून आसात, म्हळळें चिंतप एके घडये म्हजे मतींत उदेलें.

येदोळ म्हणसर म्हज्या साहित्यीक प्रतिभेचेर, म्हजे जाणवायेचेर, म्हज्या गिन्यानाचेर अभिमान भोगिल्लीं, भोगचीं सर्वां आज म्हाका खरेपणीं वळखतात.

हांवें सत उचारिल्लें. कित्याक तेंच सत म्हाका त्या जैताच्या शेवटक व्हरून पावयतलें. पूण ह्या जैताक हांवें दिल्लें वा दिवन आसचें मोल कितलें?

म्हजे मतींत पयले पावटीं कावजेणी  उदेली आनी हांवें जबाब दिलो.

"हांव क्विट करूंक आशेतां"

◆◆◆

| | |
|---|---|
| प्रेतन = प्रयत्न, यत्न | कुमक = आदार, मजत |
| अवकास = संद, संधी | चारो = भायलें रूप |
| सलवल्लो = हारिल्लो | केप्पो = भेरो |
| भोवशा = घडये, कदाचीत | कावजेणी = भिरांत |
| येदोळूच = आदींच, पयलेंच | |

भांगार भुंय पतराचेर पर्गट्ल्या

# घुंवचें पाळणें

ल्हानपणार फिर्गजेच्या व्हडल्या फेस्तांनी येवच्या व्हडल्या पाळण्यांनी बसोवंक व्हरच्या पप्पा लागीं विचारतालीं? "पप्पा, हें घुंवचें पाळणें वयर वेतना आमकां संतोस जाता, पूण सकला देंवतना कित्याक कसली गी भिरांत दिसची?"

हरशींचे परींच पप्पाची जबाब, "मनीस वयर वेतना, ताका मतीचे दोळे दिसनात. पूण देंवतना मात चडटीक पळोवंक शकता."

आज म्हजो पप्पा ना. पूण ताच्या जबाबांत आशिल्लें सत जिवें जिवेंच आसा.

चडणी म्हळ्यार जैत. समाजाचे नदरेन सांगचें तर, सर्व 'सहज रितीन जावंक जाय आसलें.' जें समाजान थारायिल्ले परीं. म्हळ्यार, भुरगें इस्कोल सोंपतच कॉलेज, कॉलेज सोंपयतच काम, काम लागिल्ले परींच गाडी... बंगलो आनी काजार, काजार जाल्ले परींच भुरगीं जावंक जाय. आनी हीं भुरगीं परत इस्कोलाक वचूंक जाय... अशें हांगासरूय जिणये रितीचें पाळणें घुंवच्या पाळण्या परींच म्हण समाजान थारायलां. हांगासर देंवणी म्हळ्यार असहज, म्हणजे? शिकून काम मेळूंक ना तर ती देंवणी, काम मेळून काजार जावंक ना तर, काजार जावन भुरगीं जावंक नात तर, काजारी भेस मोडलो तर..ह्यो सर्व देंवण्यो... मनशाक, मनशापणाक 'बरीं... खोटीं' म्हळ्ळे प्रकार करूंक समाजान थारायिल्ल्यो देंवण्यो.

***

"तूं रेणूच्या बर्थडे पार्टीक कित्याक येवंक नाय?" हांवें अपेक्षिल्ले परींच अमोलान वाट्सापाचेर मॅसेज धाडिल्ली.

हांवें आज सकाळींच म्हजें मोबायल चालू केल्लें. चालू केल्लेंच थोड्यो मॅसेजी सयत डावनलोड जाल्ल्यो.

हांव जबाब दितां म्हणटच अमोलाची आन्येक मेसेज आयली.

"कॉलेजींत तूं आनी रेणू खूब क्लोस आसल्यात, देखून तूं येशी म्हण चिंतून आसलों."

अमोल आमच्याच कॲाअ बॅचांत आसलो.शाराच्या कॉर्पोरेटराचो पूत देखून दुडवाचो रुबाब दाखयतालो. म्हाका केन्नाय तो लागीं नासलो पूण रेणूचो खास जावन आसलो. बापायची दिसाक एक गाडी हाडची, हफ्त्याक एका चेडवाक भोंवडावंची ताची पोरणी संवय. म्हज्या काजाराक आपयिल्लें तरी येवंक नासलो पूण आयलेवार रेणू थावन म्हजो वाट्साप नंबर घेवन म्हजे लागीं संपर्क करतालो. तेंय मध्यान रातीक, पोजडे जोक्स धाडून दितालो. एक दोन पावटीं ताका वाट्सापाचेर ब्लॉक करूंक चिंतिल्लें आसा. पूण ह्या संवसारांत कोणा कोणाक म्हण ब्लॉक करूं?

***

आमकां *MBA*एंत *Operation Research* शिकोवचो प्राध्यापक अशुतोषाचें नांव आयकतानाच म्हाका एके तरेची चीड येताली. तो डायवोर्सी म्हण आख्खी कॉलेज जाणा आसली. देखून ताच्या हरेका उतरांनी, ताच्या हरेका नडव्यांत, ताच्या मौनांत सयत धंयांत फातर सोदचे परीं हांव चुकी सोदतालीं.

एक दोन पावटीं म्हाका समजावचें प्रेतन रेणून केल्लेंय आसा. “कित्याक तूं *judgmental* चिंत्ताय?कोणाकूय वेगळाचार घेवचो हावेस आसना. वेगळाचार एक अनिवार्य पावल, जें थोड्यांक पाशार करूंक पडटा. कोण हें पाशार करूंक शकता, कोण आपलें व्यक्तित्व वगडायता आनी कोण आपल्यांक वगडायतात.”

तेन्ना हांव विद्यार्थीण जावन आसलीं. रेणू सवें वरजीक करूंक नाका आसलें. जिणी म्हळ्ळ्या पाठाक तोंडपाठ करून जियेवचो काळ तो जावन आसलो. पूण जिणयेचें प्रॅक्टिकल सुरू जावचे उपरांत न्हय?

***

‘ही सोसायटी गृहस्तांक... कुटुंबादारांक मात शिवाय, एकसुरीं जियेतल्यांक न्हय.’

सोसायटीची सेक्रेटरी कुरियन आंटीन कितले कठोरायेन सांगिल्लीं उतरां, हे आदीं सयत भाड्याचें एक फ्लॅट सोदूंक कितलीशी म्हेनत केल्ली आसा? दिसाक एकेका ब्रोकरा सवें गली, मोहाल्ला, कॉलोनी, भोंवाड्यो काडल्यात. आनी कश्टांनी हे सोसायटींत एक भाड्याचें फ्लॅट मेळिल्लें. म्हजी मजबूरी समजून एजंटान गरजे परस चडीत भाडें विचारिल्लें. पूण मुंबय तसल्या शारांत हे ‘संवेदनांक’ कोण मोल दिता?

एकसुरींच जियेतालीं. सकाळीं आपल्या कामाक गेलीं तर सांजेर आयिल्लींच रांदप आनी नितळाय म्हण हफ्तो उतरल्लोच कळनासलो. कांय सोसायटीच्या हेर सांद्यांक पळोवंक जाय तर येता वेतना लिफ्टांत मात. तरी कुरियन आंटीन म्हजेर केन्ना दोळे दवरले आनी म्हजे विशीं सोसायटीच्या मिटिंगांत चर्चा केल्लीच कळ्ळी ना.

सोसायटीन एकसुर्यांक रावूंक आडवारलां म्हण नोटीस बोर्डार चिडकायिल्ल्या नोटिसा विशीं वॉचमॅन म्हाका म्हणालो. दुसरो कसलोच उपाय झळकलो ना. देखून रेणूक फोन करून सांगलें. रेणून अमोलाक सांगोवन, अमोलान सोसायटीच्या चॅरमॅनाक कितें समजयलें कोण जाणा.पूण ते उपरांत म्हाका कुरियन आंटीन उतरांनी न्हय दोळ्यांनी पळोवचे रितीन तिचे थंय लिपून आसचो राग झळकतालो.

***

मुंबय म्हाका परगांव, आनी म्हज्या मांय गांवांत म्हजीं शिकपी भाव भयणीं आसलीं. हांवें कॉलेजीचें शिकप सोंपोवन म्हज्या इतल्याक काजार जाल्यारूय तवळ तवळ घराक पयशे धाडटालीं. घरांत पिरायेस्त आवय बापायन काडिल्ले म्हेनतेचो फळ जावन म्हाका बरें शिकप लाभलें. देखून आतां म्हज्या म्हयन्याच्या पगारांतलो अर्दो पगार अजून घरा धाडच्यांत म्हाका कसलेच त्रास नासले.

कॉलेजींनी शिकचें शिकप आनी आमच्या घरांनी आमच्या समाजान चिंतची....

जियेवची रीत कितली वेगळी न्हय? कॉलेजीचीं विचारीक चिंतनां, तार्कीक विशय, तात्वीक नियाळ आनी समाजांत शिकप आसुनूय बौद्दीक दिवाळेपण, विचारीक पोकळपण कितलें खरें. देखून मोगार पडून भायले जातीच्या चेड्डा लागीं काजार जातना तरी आमच्या लागशिल्या थोड्यांक सोडल्यार आपलीं खास सयरीं म्हजे थावन पयस गेलीं. कांय तांचीं भुरगीं सयत म्हजीच देख घेतीत म्हळ्ळीं भिरांत खंय. म्हजी आवय जिवंत आसतना सांगताली.

एकाच वर्सांत म्हजी आवय सरतना मरणाक गेल्ल्या वेळार म्हजे आवयच्या मरणा परस म्हजे परके जातीच्या चेड्डा सवें काजारा विशीं जावचे खबरे विशीं आयकून दूख येतालें. आपलेच घरांत परकी म्हळ्ळीं भोगणां.

इतलेंच न्हय, म्हज्या भावांनी म्हजेर बदनाम घालो. म्हजी आवय कांय थोडीं वर्सां वांचती आसतली. एकादा वेळा म्हजें काजर भायले जातीच्या चेड्डा लागीं जावंक नासलें तर.पूण म्हज्या काजराक आनी म्हजे आवयच्या आवकाक संबंद घडिल्ल्यांच्या चिंतपाची बुन्याद फकत काळोख आनी अंधकार शिवाय हेर कितेंच न्हय.

आवयचें मरण जावन कांय तीन म्हयने उतरूंक नात.म्हज्या कामाक लागून म्हाका हेर शारांनी पयण करूंक आसलें. म्हजो पती सयत *Business Development Manager.* देखून ताकाय शारा भायर वचूंक पडटालें.अशें केन्ना हांव आसतना तो ना. तो आसतना हांव नां. आमी काजारी जावनूय एकेकलींच जावन जियेवंक पडटालें.

थोड्या म्हयन्यांनी म्हाका फोनार म्हज्या पतीन इतलेंच सांगलें 'शीत वचून पेज जाल्या, चडटीक कितेंच सांगूंक शकना. साध्य तर भोगशी, आमी वेगळाचार घेवंक जाय.' विचित्र म्हळ्यार ते उपरांत म्हज्या पतीन म्हजीं फोनां रिसीव करचीं, म्हज्या इमेलांक जाप दिवचीच रावयली. एके वाटेन कामाची जबाबदारी तर, आन्येके वाटेन म्हज्या काजारांत उदेल्लें विघ्न म्हाका देदेस्पोर करूंक लागलें.

म्हाका विचारूंक आसलें, जिणयेंत मरता पर्यांत सांगात दितां म्हण भास दिल्ल्यान आतां अवचीत अशें अर्दे वाटेर हात सोडून वेचें? हात सोडूंक घेतिल्लें मेट तरी कसलें? विचारूंक आसलें, पूण अवकास नासलो. थोड्या म्हयन्यांनी कळून आयलें की, ताच्याच ऑफिसाच्या एका कलीगा सवें दैहीक संबंद दवरिल्ल्या ताका त्या चेडवान ब्लॅक्मेल करूंक धरतना असच्यो सर्व वाटो धांपिल्ले परीं ताका जालें.

ह्या वेळार सोयर्यांनी जायतो पाठिंबो दिलो.ही कोर्ट केस म्हणून आमचे लागीं वेळ नासलो. येदोळूच देड वर्स सोंपोवन गेल्लें. देखून दोगांनी एकामेका परस्पर समजून वेगळाचार घेवंक निर्णय केल्लोच रेणून मदें पडून, आमचो डायवोर्स करयलो.

कितलें विपर्यास, एका कागदांत दस्कत करून जिणये सांगाती म्हणून भरवंसो दिल्ल्यानूच म्हाका आन्येका कागदांक दस्कत करून घडयेन परकी केल्ली.

***

येदोळ पर्यांत हांव जिणये रितीच्या पाळण्याचे चडणेंत आसलीं. देंवणी अजून सुरू जावची आसली.

हांवें वेगळाचार घेतिल्ली खबर जशें सुक्या करडाक उजो पेटिल्ले परीं, घडयेन काम करचे कंपनींत विस्तारली. गांवांत, घरांत सयत.

दिसान दीस हांवें सळावळेंत आसचे एकेकलेच तांच्या मेळांत म्हाका घेवन पार्टीक वेचें उणें जाले. आपले इश्ट म्हण चिंतिल्ल्यांनी म्हजे सवें खोटे नदरेन पळोवंक सुरू केलें. एकल्या दोगांनी शीदा उतरांनी सांगून सयत सोडलें.

'हांव डायवर्सी शिवाय बाजारी बायल न्हय' हांवें सोंसूंक जाय नासतना तोंडार सांगून सोडलें.

ते म्हजे विशीं नाका जाल्लें सांगून गेले. विचारीक बरगलांत आसच्या समाजाक सयत तेच सारके दिसले. समाज सोडुंया, म्हज्या घरांत म्हजे भयणीचें काजार जालें. पूण म्हाका आपोवणें आयिल्लें, जशें भोवशा संवसारांत कोणाकूय येवचें ना.

'बाये, तुजो खूब मोग करतां. तूं सयत म्हाका संतोसान जियेवंक आशेताय म्हण हांव समजतां. येवच्या हफ्त्यांत म्हजें काजार. पूण तूं काजाराक येनाका. तुजे विशीं येदोळूच गांवार खबर विस्तारल्या, आनी काजारा दिसा सयत कोणाच्याय कानांक तुजे विशीं खबर पडची नाका. देखून बाये, एक उपकार कर, म्हज्या काजाराक येनाका.'

हीं उतरां आयकूंक, सोंसूंक सकत जाय आसली. सोंसलें शिवाय उपाय नासलो.

***

हांव देंवणेचे तयारीन आसलीं. ल्हान भयणीच्या काजाराक वचूंक जालें ना. म्हज्या कुटुंबान म्हजे थंय विशाल चिंतप दाखयलें ना. पूण हांवेंय मन ल्हान करूंक नाका आसलें. काजाराची काणीक हाडली आनी सवें एक कागद बरोवंक बसलीं.

'मोगाळ भयणी,

पयले सुवातेर तुका तुज्या काजाराक उल्लास पाठयतां. तशेंच तुजे जिणयेंत केन्नाच देंवणी येना जावं म्हण मागतां.

आज सकाळीं म्हज्या फ्लॅटाचे बाल्कनींत एक पारवो मरून पडिल्लो.आदले पावटीं एक पाल मरून पडिल्ली. हांव ह्या मरणांक आनी म्हजे जिणयेक संबंद घडूंक वेचीं ना. मरचे आदीं ते पाली लागीं वा त्या पारव्या लागीं कोणेंय 'तुका मरण पसंद आसा?' सवाल केल्लें तर कितें आज ती पाल आनी पारवो जिवीं आसतीं?

कसलीं पिशीं सवालां न्हय?

व्हय. वेगळाचार सयत म्हजी विंचोवण न्हय. सत सांगचें तर आमचे जिणयेंत सर्व आमच्यो विंचवण्यो जावन आसनात, थोडे पावटीं थोड्यो संगती आमी विंचूं येतात कोण्णा, पूण जायते पावटीं ती एक मांडावळ, वा विधी वा नशिबाचो खेळ.

हांव देंवणेर आसां. चडणेंत जें कितें समजूंक शकनासलीं आतां समजूंक प्रेतन करून आसां. वेगळाचार म्हजी खायस न्हय, वेगळाचार म्हजी आवड न्हय. वेगळाचाराक म्हज्या चिंतनान सयत कंटाळटालीं. पूण आतां ती हकीकत देखून फूड करून आसां.

समजूंक प्रेतन करून आसां सवालां. वेगळाचार घेतिल्लीं सगळीं बाजारी गी? वेगळाचार घेतिल्लीं सगळीं पोजडीं गी? वेगळाचार घेतिल्लीं सगळीं नैतिकता वगडायिल्लीं गी? वेगळाचार घेतिल्ल्यांक आमच्या समाजांत जियेवचो हक्क ना गी? वेगळाचार तांचो गुन्यांव गी?

एक मनीस 'आंकवार' आसतना, 'काजारी' जातना 'विधवा वा वेगळाचारी' जातना कितें ताचें व्यक्तित्व... चिंतप... चरित्र बदलता? सोसायटींत एकसुरीं चेडवां जियेनात, कित्याक म्हळ्यार काजारी दादल्यांक बास्कळपणाची ताळणी येता देखून? तर तो गुन्यांव बायलांचो?

हो समाज 'चडणेचेर' आसच्यांक मात वळखता, 'देंवणेचेर' आसच्यांक जियेवंक दिना. जियेवच्यो वाटो बंद करता. वेगळाचार जातच म्हजे समोर दोन वाटो आसल्यो. पयली, अस्कत चिंतपाचो पाटलाव करून जीवघात करची वा धैराचो पाटलाव करून जियेवची. हांवें कांय अपराध केला म्हण तुका भोगता? आमचें कुटुंब आमचीं खास सोयरीं, आमचे इश्ट सयत चडटाव जावन आमचे 'चडणेंत' सांगात दितात शिवाय 'देंवणेंत' न्हय.

तुजे 'चडणेच्या' दिसांनी मतीक बेजाराय दिवच्याक बरयिल्लें कागद न्हय. बगर तुजे समजणेक विस्तार करूंक कुमक करूंक बरयिल्लें. पप्पा सांगतालो 'मनीस चडणेंत कुड्डो आसता, देंवणेंत मात दोळे सोडटा.' म्हाका समजलां. देंवणी सयत शाश्वत न्हय. देंवणी सोंपतच न्हय गी नवी चडणेची सुरवात जावची?

तुका आनी तुज्या न्हवऱ्याक सर्व बरेंच मागून हें कागद सोंपयतां.

तुजी बाय.

***

कागद आनी काणीक धाडून आजीक कांय वर्सां सोंपल्यांत. हांव म्हजे मतींत माजवून आयिल्ले म्हजे घरची वाट उगडासाक हाडचें प्रेतन करून आसां.

◆◆◆

चडटीक = चडीत, चड
आयलेवार = आजकाल, सध्या, हालींच
नडटें = वागणूक
वरजीक = पावणी, भासाभास, चर्चा
आवक = जीण, जिणी, जिवीत, आयुश्य
देदेस्पोर = उचांबळ, वळवळ
मेट = पावल, पांवडो
येदोळूच = आदींच, पयलेंच
सळावळ = लागसारपण, लागींपण
बरगल = दुकळ, दुष्काळ
भोवशा = घडये, कदाचीत
काणीक = भेट, इनाम
विंचोवण = निवड, वेंचणी
संगत = गजाल, विशय, मुद्दो
खायस = पसंद, आवड
बेजाराय = दूख
कुमक = आदार, मजत
आजीक = आज मेरेन, आज पर्यांत
माजव (माज.वा)= नाच्च जा, गायब

# उतरोण

''मळबार कितलीं तारां आसात?'' म्हळ्ळें सवाल तुका जर कोणेंय केलें म्हण चिंतुंया, जर तूं 'एक कोरोड अंयशीं लाख सत्तर हजार आनी पावणशीं' म्हळ्ळी जाप दिशी... तर तो कितें करीत? वा तो म्हणटलो, ''सारकें मेजूंक तुका कळना. देखून परत मेजून सांग. पूण जेन्ना तूंच ताच्या सवालाक आत्तां दिल्ली जाप दिवच्या बदलाक, ''म्हाका कळीत नात, तुका कळीत आसा तर म्हाका सांग'' अशें म्हणशी तर, तेन्ना तो कितें करतो?

पयली 'आय. टी.सर्वीस कंपलायन्स ऑडीट' करूंक वेच्या कॅबिनाक आपोवन ही जाणवाय दिल्ली गुरुदासाच्या बॉसान?– जगत किशोर दाबरेन.

आर्थीक दिवाळी परत्यान येवच्यार आसली. देखून जाता तितलो खर्च उणो करची येवजण मॅनेज्मेंटान घाल्ली आसतना, 'तेगांचें काम दोगांनी, दोगांचें एकल्यान करूंक, तेच परीं पांच वरांचें काम चार वरांनी करूंक, चार वरांचें तीन वरांनी करूंक कसल्यो वाटो सोदूं येता' म्हळ्ळे विशीं आयलेवार कामाक भरती जाल्ल्या गुरुदासान तरबेती दिवंकूय आसली.

***

बेळगांवचे 'सांत बोसत्यांव वाडी' म्हळ्ळे एके भोव दुबळे हळ्ळेंत जल्मून, भोव कश्टांनी शिकून व्हड जावन, लागशिले हळ्ळेक वचून कंप्यूटर क्लास शिकोवन आसचो गुरुदास, एके बरे कंपनींत काम मेळूंक कांय तेंपा थावन प्रेतन करून आसलो तरी ताच्या भाग्याचें दार मुंबयंत उगडिल्लें आयलेवारूच. एका *Outsourcing* लफ कंपनींत काम मेळटच उठा उठीं ताका मायानगरी (मुंबय) येवंक पडलें. कांय बारा वर्सां थावन शिकोवन अनभोग आसलो तरी, *Outsourcing* घेतले कंपनींत काम करून अनभोग गुरुदासाक नाशिल्लो. काम करून आसले परींच, तीन चार प्रॉजेक्टां मदें तीन म्हयन्यांची 'आय.टी. सर्वीस ऑडिटाची' तरबेती घेवंक पडली. तरबेती उपरांत ताका आपल्या मिसांवाची वळख करून दिल्ली, ताच्या बॉसान, दाबरेन.

कंपनी चडटाव जावन आवटसोर्सिंग काम हेर कंपनी थावन घेताली. चडटाव जावन बँकां, शारांतल्यो व्हड कंपनी, असलें कंप्यूटराक लगती जाल्लें काम हेर कंपनींक कॉन्ट्रेक्टर दिताले. आनी आपली कंपनी असलीं कॉन्ट्रेक्टां घेतालीं तशेंच वेगवेगळ्या कंपनींनी आपल्या इंजिन्यरांक धाडून आय.टी.सेवा दिताली.

कंपनीचो वेव्हार साबार रितीचो आसलो.साबार डिपार्टमेंटां आसलीं. 'सेल्स आनी मार्केटिंग', 'फायनॅन्स आनी ऑडीट', आन्येक जावन आसलें 'आय. टी.ग्राहक सर्वीस *(Information Technology Client Service Delivery Team)*. चडटाव जावन बँका, कंपनींत काम करतल्यांक कंप्यूटर सेवेची सवलताय दिवची आनी तांच्या दिसाळ्या कामांक आडखळ करच्या कंप्यूटराच्या समस्स्यांक परिहार दिवचे पासत आसचे ग्राहक

सेवा दिवचो विभाग. जेन्ना खंयच्याय ग्राहकांक कंप्यूटराचेर काम करून आसतना कसलेय समस्से आयले तर, तेन्ना ह्या सर्वीस डिलेवरी टिमाक कॉल करतच, इंजिन्यर येवन, ह्या समस्स्यांचेर जोकतो परिहार दिताले.

'ग्राहकूच देव' *(Customer is God)* आसतना, ग्राहकांक जोकत्या वेळार, जोकते रितीन सेवा दिली ना तर कांय वर्साचें कॉन्ट्रेक्ट रद्द करतीत म्हळ्ळी भिरांत. एकादा वेळार कॉन्ट्रेक्ट रद्द केलें तर, हे कंपनीक कामाक लायिल्ल्या साबारांक काम ना. आनी काम ना तर हांकां पगार कसो दिवचो? ही सर्व तकली फोडाफोड आमचे कंपनीक सदांची. इतलेंच न्हय, थोडे ग्राहक, तांणी दिवच्या दुडवाक प्रतिफळ जावन तांकां लाभची सेवा जोकत्या मापान ना' म्हळ्ळीं दुरां दिताले. देखून कंपनीन, तसल्या ग्राहकांक मेळून, तांचीं दुरां आयकून, जोकते रितीन तांकां सेवा उपलब्ध करच्याक घेवंक जाय जाल्ल्या मेटां विशीं रिपोर्ट करच्या इराद्यान एक विभाग आसा केल्लो – आय.टी. क्लायंट सर्वीस डिलिवरी कंपलायन्स' गुरुदास ह्या विभागाचो नवो मॅनेजर.

आयलेवार कंपनीक आयिल्लें असलेंच दूर मुंबय थावन कांय देडशें मैल भायर आसचे पुणेंतले एके कंपनीचें.ते कंपनींत कांय आपले कंपनीचे पसतीस जण काम करताले.

***

मुंबय थावन पुणेक कांय तीन वरांची वाट. हॉटेलांत रावपाची विलेवारी केल्ली देखून उठा उठीं पयणाची सुरवात करूंक पडली. पुणेचे वाटभर गुरुदासाचे मतींक ताच्या बॉसाची, दाबरेची शिकवण नियाळटालो. स्वॉट *(SWOT)* ऍनेलिसिसा विशीं हरेके संगतीक कशें स्ट्रेंथ (बळ), वीक्नेस (अस्कतकाय), ऑपर्च्युनिटी (संद), थ्रॅट (भिरांत)... 'ह्या संवसारांत जिखच्या घोड्याक मात मोल. देखून ह्या संवसारांत जियेवची रीत, जिखचो घोडो जावंक जाय.देखून आमी फूड करचे हरेक संदर्भ जर आपणाच्या, बळाचे खंयचे, आपले अस्कतायेचे खंयचे, म्हण पारखूंक जाय. तेच परीं हांच्या परिणामांचेरूय, 'खंयचो आपणाक अवकास आनी 'खंयच्यांत आमकां भिरांत म्हळ्ळें! अवकास आसचो उपकारूंक जाय, आनी भिरांत आसचें आडावंक जाय वा चुकोवंक जाय'

जिणयेंत केदींच येदोळ म्हणसर गुरुदासान हे विशीं बिलकूल चिंतिल्लें ना. आतां ताका समजता, दाबरे तसले मनीस कशे, इतले वेगीं उंचायेक पावतात म्हण.

कांय पांच फूट दोन इंच लांबायेच्या दाबरेचें व्यक्तित्व विचित्र. ताचीं जिणये तत्वां विचित्र. पयले पावटीं जेन्ना ताच्या कॅबिनांत एका मिटिंगाक गेल्ल्या गुरुदासाक पळोवंक मेळिल्लें. दाबरेन ऑफीस बॉयक आपोवन दोन च्या हाडूंक सांगली. आनी थोड्या वेळान आयिल्लो ऑफीस बॉय, एक कोप गुरुदासाक दिवन आन्येक कोप दाबरे समोर दितना, भोवशा हात कांपून इल्ली च्या शिंपयली. तेच घडये, राखून आसलो म्हळ्ळे परीं दाबरेन तें कोप घेवन बगलेचे वणटीक मारतना कोप फुटून जाल्ल्या आवाजाक गुरुदासा सवें तो ऑफीस बॉय सयत कांपलो. असो कांय थोड्यो घडयो मिटा खांबो जाल्ल्या ऑफीस बॉयक दाबरेन धेंकणे घाले. "कित्याक रावलोय? तुका कांय सांगलें हांवें? तुजें काम तुवें केलें,

म्हजें हांवें, आतां तूं वच..” आनी तो बावडो गेलोच.

“फक्स... म्हाका अशिस्त पसंद ना...” दाबरेचो ताळो अजून रागान कांपतालो तरी ताचे करणेंत म्हाका कसलोच पस्तावो नासलो.

गुरुदासाची पुणेची वाट मुखार गेल्ले परींच ताचीं चिंतनां फाटीं फाटीं वेतालीं. जेन्ना तो पयले पावटीं दाबरेच्या कॅबिनाक इंटर्व्यूक आयिल्ले वेळार?

“तुका ह्या कुडांत पयलें पळोवंक कितें मेळ्ळें?”

“......................”

गुरुदासाच्या मौन जबाबाक मोडून, दाबरेन सवाल केल्लें. “म्हजे फाटले वणटीचेर आसची तस्वीर पळोवंक नाय?”

तेन्नाच गुरुदासान गोमटी उखलून दाबरेच्या कदेला फाटले वणटीचेर आसल्या पायनेलाचेर दिश्ट घाली. एक वाग एके व्हडले गायच्या गळ्याक चाबून धरून आसचें तें पायनेल!!'

मुखारून ताणें सांगलें “म्हळ्यार तुजी मत तुजे तकले सवें ना, तुजें ध्यान खंय गी आसा.”

अपराधी भोगणां गुरुदासाच्या तोंडार उठून दिसतालीं.

“हाचें मतलब? गायो जियेतात कोणें आपणाक येवन खावंक जाय म्हण. आनी तेच वाग जियेतात हेरांक खावंक.मतलब भोव सोंपें. जो धांवता, तो जिकता, जो रावता... तो सोंपता.”

पयणा सवें गुरुदासाचीं चिंतनांय धांवतालीं.

कांय आदल्या हफ्त्यांत गुरुदासाक हें ‘ऑडीट’ करच्याक धाडूंक आपयिल्ल्या वेळार, एकलो तरणाटो इंटर्व्यूवाक आयिल्लो. ताकाय दाबरेन तेंच सवाल विचारिल्लें. “तुका ह्या कुडांत पयलें पळोवंक कितें मेळ्ळें?”

आनी ताची जाप आसली? “तुमच्या कदेला फाटल्यान आसचे वणटीचेर हुमकळचें पायनेल”

दाबरेन जबाब दिलो? “तर तुका कामाच्याकूय चड हेर संगतींचेर ध्यान आसा म्हण जालें”

कितें जाल्यारूय, कशें केल्यारूय, दाबरेचें जिणये तत्व एकूच? ‘एकूच हांवें जियेवंक जाय वा हेरांनी मरूंक जाय.’ विचित्र तत्व.बळ आसल्याचें बळगें.

वाट मुखार गेल्ले परींच गुरुदासाचे मतींत परत परत दाबरेचीं उतरांच यादींत येतालीं.

“आमचें जैत हेरांच्यो चुकी मेजच्यांत आसात. देखून केदींच हेरांक, आमचे

मुखार तकली उबारूंक अवकास दिनाका. आमकां जैतीवंत जावंक थोडीं सुत्रां आसात. तातूंत पयलें, केदींच हेरांच्या भावनांक मोल दिनाका. सिंतिमेंतांक बंडवाळ करूंक शीक. उगडास दवर – जो रावता, तो सोंपता. जो धांवता, तो जिखता.''

ए.सी.च्या थंड वाऱ्याचें कार पुणे तेवशीन वेतालें एक्सप्रेस हायवेचेर, एकेके गाडयांक फाटीं घालून मुखार धांवतालें... तेच परीं गुरुदासाचीं चिंतनां लेगून.

''हें तुजें पयलें 'ऑडीट'. तीन दिसां खातीर तुका ते कंपनीक वचून पयलें दूर दिल्ल्या ग्राहकाक मेळूंक आसा. दूर एक संदर्भ.... अवकास मात. थंय काम करतल्या पसतीस जणांक मेळूंक आसा. तांच्या कामाची रीत तांचे थावन समजूंक आसा. उपरांत हरेकल्यान दिवचे सेवेचेर ऑडीट करूंक आसा. तातूंत उणेपण सोदूंक आसा. ग्राहकांच्या दुराचें नीब दिवन उण्यांत उणें सात आठ जणांक तरी उणें करूंक शिफारस दिवंक आसा. देखून तुजो पयलो रिपोर्ट बरो जातलो म्हळ्ळ्या भरवंश्यान हें मिसांव  तुका दितां.''

हीं उतरां सांगतना, दाबरेन सात आठ जणांक उणें करचें म्हळ्ळे दांबून सांगिल्लीं उतरां गुरुदासाच्या गमनाक गेल्लें.

गुरुदासाक कामांत आळसाय ना. भिरांत ना. पूण हें 'ऑडिटाचें' काम पयले पावटीं करचें ताणें. देखून मतींत भरशिल्लीं भोगणां आसलीं.

गुरुदासाक खरेंच भोगलें, आपणाक उतरणेची गरज आसा. कित्याक म्हळ्यार समाज वेगवेगळ्या वर्गां

च्या दोऱ्यांनी फुटला, तुटला आसतना, ह्या वर्गां मदें परत फुटोवंक मात न्हय, ताचे थावन कसो फायदो जोडचो म्हळ्ळी मनोगत रुतां  करूंक जाय तर, खरेंच जावन मतींत एके रितीची उतरण गरजेची.

अशें, कशेंय आपलें कार हळटार.. पुणें पावलें... आनी शारांतल्या एका फायव स्टार हॉटेला कडे वेतालें.

***

सर्वीस डिलिवरी टिमाचे मतींत आसचें एक सत जावन आसलें? *'We are doing a thankless job. Sales Team* कस्टमरांक जायतीं आश्वासनां दितात. पूण सर्वीस डिलिवरीन तीं पाळूंक आसलीं आसतना, हीं उतरां कांय आथवीं म्हण भोगनात. ग्राहकूय थोडे पावटीं विचित्र रितीन आपलें नडटें  व्यक्त करताले. तीन चार म्हयन्याक एक पावटीं सर्वीस डिलिवरी टिमाचेर दुरां कंपनीक बरोवन धाडटाले. आनी हीं सर्व दुरां शीदा दाबरेक येतालीं. उपरांत दाबरेन आपल्या पंगडाच्या सांद्यांक त्या गिरायकांचे कंपनीक धाडून, सर्वीस कंपलायन्स ऑडीट करोवन, सेवेच्या सुदारपाक आसचे अवकास सोदून दितालो. अशें ग्राहक सेवा दितल्या पंगडाक तवळ तवळ दाग मेळटाले.

दुसऱ्या दिसा सकाळीं दाबरेचीं उतरां मतींत परत याद करून, गुरुदास आपले मती भितर चिंतूंक लागलो. ''आपणान बिलकूल सिंतिमेंताळ जाय नये. काळजांत चिंतचें

रावोवंक जाय. फकत मनान चिंतूंक जाय आनी कसलीच दाक्षेण  करची न्हय.” यदोळूच मतींत हें चिंतप दृढ केल्लें.

पयलें ग्राहकाक मेळून तांचीं दुरां आयकून जातच ग्राहक सेवा विभागाच्यांक मेळूंक आसलें. येदोळूच पंगडाक खबर आसली. मुंबय ऑफिसा थावन सर्वीस कंपलायन्स ऑडिटाच्या इराद्यान कोण गी आयला म्हण. पूण कोणाचेय मतींत दाबरेच्या ‘एका मारांत दोन सुकणीं’ लगाड काडच्या इराद्याचेर कोणाकूच दुबाव नाशिल्लो.

पसतीस जणां पैकीं पंदरा जणां दिसाक काम करतालीं आनी बाकीचे रातीच्या आठ वरांचेर ड्यूटीर आसलीं आसतना, सर्वांक एकूच पावटीं मेळूंक साध्य नासलें. अशें एकेकल्याक मेळचें प्लॅन तयार केलें.

पयलें सर्वीस डॅस्काच्या सुपर्वायजरा सवें मिटींग आसा केल्लें. मिटिंगाक येतना, सर्व जणांचे हाजिरीचो रिपोर्ट, सदांय येवच्या गिरायकांच्या कॉलांचो रिपोर्ट सगट मागिल्लो.

सुमार वेळ ते रिपोर्ट पळोवन गुरुदासान सुरवात केली?

“म्हयन्याक असल्यो चाळीस आनी स केसी आसात. कोण उशरां कामाक आयला वा वेळाच्याकूय पयलें काम सोंपोवन गेला, म्हळ्यार दिसाक दोन असले केसी.” कित्याक म्हण विचारूं येता?

सवाल आयकून चेडूं घुसपडलें. कितें सांगूं म्हण कळनासतना फकत दोळे सोडून पळय लागलें.

“तूं सर्वीस डॅस्क सुपर्वायजर ने?”

“व्हय सर”

“म्हाका जाप जाय, कित्याक अशें घडटा”

“सर थोडे पावटीं वेळार बस्सां येनात, देखून थोडीं चलून येतात, थोडीं चार मैलां, आनी कोण पांच मैलां चलून येतात. देखून थोडे पावटीं लॅट जातात.”

परत सुमार वेळ मौन, गुरुदास रिपोर्ट वाच्च्यांत मग्न आसलो.

“म्हयन्याक चडुणें साडे चारशीं ग्राहक सेवेचे कॉल्स येतात. म्हयन्याक साडे चारशीं म्हळ्यार दिसाक पंदरा... तुमचे लागीं पंदरा इंजिन्यर आसात, तर दिसाक एक कॉल एकल्या इंजिन्यराक, अशें म्हळ्यार हांगासर फकत दोन इंजिन्यर मात पुरो.. हे विशीं तुजो अभिप्राय कितें?”

आतां चेडूं पुरतें घामेलें. “सर.. तशें न्हय सर... इंजिन्यरांक हेर कामूय आसता. थोडे पावटीं ग्राहक सेवेचे कॉल नासतना सयत ग्राहक इंजिन्यराक आपोवन काम दितात. आनी आमकां इनकार करूंक जायना.”

"तर तसले कॉल्स कित्याक तुवें रिकॉर्ड करूंक नाय?"

"........"

"ग्राहकांक तुमी जोकत्या वेळार सेवा बरे रितीन दिल्या?" ग्राहक तृप्तेच्या सर्वेचो रिपोर्ट *(Client Satisfaction Survey)* पळोवन गुरुदासान सवाल केलें.

"व्हय सर"

"तर ग्राहकान तुमचे सेवेक धांत तीन मार्क दिल्यात कित्याक?"

"........"

"म्हाका जाप जाय.. तुमीं दिवची सेवा बरी आसली तर ग्राहकान कित्याक दूर दिलां तुमचे विरोध?"

चेडवाच्या तोंडाचो चारो बदल्लो पळोवन गुरुदासान विशय बदलूंक सवाल केलें.

"तुजें काजार जालां?"

"व्हय सर, म्हाका पांच म्हयन्याचें एक भुरगेंय आसा"

"बरें... तूं आतां वच... आनी दुसऱ्यांक धाड"

चेडूं कसलींच भोगणां नासले भाशेन उठून गेलें.

***

सुमार वेळा उपरांत...

इंजिन्यरांचो सुपर्वायजर आपलो रिपोर्ट घेवन आयलो.

गुरुदासान परत दाबरेचीं उतरां मतींत यादीक हाडलीं. आपलें मिसांव खंयच्याच हालतेर जिखूंक आसलें गुरुदासाक. कितलेंय मोल दिवन. जिखचो घोडो जावंक आसलें गुरुदासाक.

सुमार वेळ रिपोर्ट पळोवन गुरुदास विचारी लागलो.

"म्हयन्याक 'चडुणें ग्राहक सेवेचे साडे चारशीं कॉल्स येतात. तातूंत फकत तीन टक्के कॉल पांच मिनटांनी परिहार जातात. सतरा टक्के कॉल पंदरा मिनटांनी परिहार जातात. पसतीस टक्के कॉल दोन वरां भितर परिहार जातात. बाकीच्या पंदरा टक्के कॉलांक कित्याक पांच वरां लागतात?"

"सर तांकां थोडीं कारणां आसतात... कंप्युटराचे पार्टस पाड जाल्यात.ते ट्रबल शूट करूंक, ते रिप्लेस करूंक, वेळ लागता देखून घळाय जाता"

"पूण चार वरांचे कॉल तीन वरांनी कित्याक जाय नात? तीन वरांचीं कामां दोन वरांनी कित्याक जाय नात? दोनांचें एकांत आनी एक वराचें काम अर्द्या मिनटांनी कित्याक

जाय नात, म्हण तुवें लेख केलांय?"

"ना.. सर.." तो पुरतो घुसपडून जाप दी लागलो.

"कित्या? इतलेंच न्हय.आमचे इंजिन्यर कामाक सयत वेळार येनात म्हण म्हाका कळीत जालां." गुरुदासान ताच्या दोळ्यांचेर दोळे मेळोवन क्रूर सवाल केलें.

"सर, थोडे पावटीं थोडे इंजिन्यर वेळ करून येतात वा वेगीं वेतात. देखून तांचे कॉल हेरां ऍटेंड करतात देखून इल्ली घळाय जाता."

"कित्याक वेळ करून येतात?"

"सर... पुणेंत मुंबय परीं ट्रेनां नात. बस्सांनी चड गर्दी आनी थोड्यांक दोदोन बस्सां बदलूंक पडटात. आनी चडटावांक मेळचो पाग भोव उणो. देखून तीं चलून येतात.... आनी थोडीं दनपारां जेवणाची भुती हाडिनात. देखून सांजेर इल्लें वेगीं वेतात. पूण सर्व काम सोंपोवन." ताच्या ताळ्यांत खालतेपण आसलें.

"कोण उशरां येतात, आनी कोण वेगीं वेतात पळय, तांचीं सर्वांचीं नांवां म्हाका जाय... कळ्ळें तुका?" गुरुदासान दाक्षेण नासतना सांगलेंच.

"जायत सर.."

"केन्ना दिताय?म्हाका आज सांजे भितर दी... तुवें आता वचूं येता."

"जायत सर" म्हणून तो गेलो.

तो गेल्ले उपरांत एक घडी गुरुदासाक आपणानूय बेकारी सारिल्ले दीस उगडासाक आयले. पूण तो तरी कितें करतलो? ही पयली परिक्षा. हें पयलें मिसांव. देखून मिसांव पोंताक पावुंकूच जाय.

***

दोन दीस सोंपले..

रातीं दाबरेन गुरुदासाक कॉल करून 'ऑडिटाचें काम कशें चलता?' म्हळ्ळो विचार केलो.

गुरुदासान आपणान केल्ल्या कामांची मोटवी वरदी दाबरेक दितच दाबरेन परत शिकवण दिली. "हें सर्व तुज्या रिपोर्टार तुवें बरोवंक जाय... फाल्यां गरज पडली तर हॉटेलांत बसून, रिपोर्ट तयार कर. उगडास दवर तुज्या रिपोर्टाचेर तुजें प्रमोशन आधारून आसा. तुका वेगींच सिनीयर मॅनेजर जावंक आसा तर, तुवें कंपनीक उरोवणी करून दाखोवंक इंजिन्यर जाय... जितल्या जणांक तूं कंपनींत उणें करताय, तितलो खर्च उरयताय. जितलो खर्च उणो, तितलो मुनाफो कंपनीक उरता, आनी तितलेंच आमकां वयर वचूं येता.. समजलें मू?".

"व्हय सर" गुरुदासान जाप दितच दाबरेन फोन बंद केलें.

सकाळीं इल्लो वेळ करून उठलो.. वरां कांय णव जातीत कोण्णा. एकसुरो हॉटलांत बसून आसतना ताचे मतींत नाना रितीचीं चिंतनां पाशार जावंक लागलीं.

ताणें रिपोर्ट करूंक आसलो.. रिपोर्टांत कितेंय चडुणें जाल्यार दाबरे आपणाक सांबाळटलो म्हळ्ळो भरवंसो ताका आसलो. दनपारां तिनांक ताच्या हॉटेलाक कार येता आनी उपरांत फाटीं मुंबय वचूंक आसलें. देखून उपरांत रिपोर्ट तयार करूंक वेळ मेळना म्हण गुरुदास जाणा आसलो. देखून रिपोर्ट तयार करूंक बसलो.

ताणें आपले डायरीचेर सर्व नोट केल्लें. तशेंच ताचे लागीं सर्व गरजेचे रिपोर्ट आसले. देखून पयलो रिपोर्ट चडुणें तयार केलो.

उपरांत इल्लो वेळ पाशार करूंक आपलीं वस्तरां बॅगांत भरून बाल्कनीचेर रावून सकला रस्त्याचेर दिश्ट घालूंक लागलो.

सकला साबार रितीचे मनीस पाशार जाताले. कोण चलून वेतात, कोण सायकलांनी, कोण रिक्षांनी, कोण कारांनी, कोण बायकांनी, कोण चलून.

चलून वेतल्यांक सायकलाचे ओवर्टेक करताले. सायकलांक रिक्षा ओवर्टेक करतालीं. रिक्षांक बायकां ओवर्टेक करतलीं. बायकांक कारां ओवर्टेक करतालीं. ल्हान कारांक व्हड कारां ओवर्टेक करतालीं.

फुटपाथीचेर लोक चलतालो. कोण काच न्हेसून, कोण साद्या न्हेसपाचेर, आनी कोण सुटार, बुटार...

गुरुदास बाल्कनींतलो फाटीं कुडाक वचून परत तो रिपोर्ट वाची लागलो..

मतींत कितें गी चिंतप आयलें...

ताणें तो रिपोर्ट पिंजलो आनी परत एक रिपोर्ट बरोवंक बसलों. पूण ताचे मतीक समाधान जालें ना. देखून तोय रिपोर्ट पिंजलो आनी वचून सुस्त न्हिदलो.

थोड्या वेळा उपरांत उठून, न्हेसलो आनी आपलें बॅग घेवन सकला आयलो. थारयिल्ल्या वेळार गाडी आयली आसतना, तो कसोय मुंबय पावलो. पयणाची पुरासण आशिल्ल्यान रातीं वेगींच न्हिदूंक गेलो.

***

दाबरेक आपलो रिपोर्ट दिलो. भोव आतुरायेन रावून आशिल्ल्या दाबरेन गुरुदासाचो रिपोर्ट वाचलो. तातूंत दाबरेच्या आदेशा खाल गुरुदासान आठ जणांक कामांतलें काडूं येता म्हळ्ळी शिफारस केल्ली.

आनी तातूंत दोगांय सुपर्वायजरांक कामांतलो काडूंक सुचयिल्लें. कत्याक म्हळ्यार, सुपर्वायजरांक पाग चड आसलो आनी ह्या कामाक उणो पाग मेळच्यांक नेमल्यार, तांकांय एके रितीचें उत्तेजन मेळटलें मात न्हय, कंपनीचो मुनाफोय चडटलो.

रिपोर्ट पळोवन दाबरेक भारीं संतोस जाल्लो.

आतां गुरुदास दाबरेच्या कॅबिना भायर आयलो. ताका अजाप. थंयसर ताचे समोर सर्विस डेस्क सुपर्वायजर आपल्या हातांत आपल्या पिडेस्त भुरग्याक घेवन रडकुरे नदरेंत गुरुदासाक पळयतालें.

ताचे फाटल्यान इंजिन्यरांचो सुपर्वायजर, आपल्या कांपच्या पिडेस्त बापायचो हात धरून उबो आसलो. गुरुदासाक पळयतच दोगांनी आपले हात जोडले आनी दुखाळ दोळ्यांनी कितें गी सांगूंक आशेवंच्या तांच्या दोळ्यांनी दोळे मेळोवंक शकलो ना. देखून आपल्या दोळ्यांक धांपी लागलो. इल्ल्या वेळान ताणें दोळे सोडटना, ताचे समोर कोणूच नाशिल्लीं. कितेंच नाशिल्लें. बगर काळोख मात.

घडयेन गुरुदासाक भोगलें आपणान एक सपन पळयलें म्हण.

उपरांत कशें कशें प्रेतन केल्यारूय ताच्या दोळ्यांक न्हीद पडलीच ना.

मुखामुखीं भेटेंत उलोवंक नाशिल्लीं उतरां, सपनांत येवन उलोवन गेलीं तीं. आनी गुरुदासान सयत केदींच चिंतूंक नाशिल्ल्यो संगती ताणें सपनांत पळयल्यो, विचित्र...! ही मतूय विचित्र...!!

***

सकाळीं दफ्तराक पावलो. दाबरे अजून येवंक नाशिल्लो. देखून गुरुदास नवोच रिपोर्ट करूंक बसलो.

रिपोर्ट तयार करून, एका एन्वलपांत घालून बंद केलें आनी त्या ऍन्वलपाचेर 'आय. टी.क्लायंट सर्वीस कंपलायन्स रिपोर्ट' म्हण बरोवन दाबरेच्या मेजाचेर दवरून भायर गेलो.

थोड्या वेळान आयिल्लो दाबरे हरशींचे परीं आपल्या कॅबिनाक गेलो. आपलो कंप्युटर चालू करून मेजार आसचो रिपोर्ट भोव अन्रेगान वाचूंक बसलो. तातूंत अशें बरोवन आसलें.

"सर... हांवें प्रेतन केलें... खूब प्रेतन केलें...

वाग जावंक!

देखून म्हजे समोर आयिल्ल्या सर्वांक गायेचे नदरेंतूच पळयलें. म्हाका उंचायेक पावूंक जाय... खंयच्याय हालतेर.. कसलेंय मोल दिवन.

देखून हांवें जायतें चिंतलें.. फाटल्या तीन दिसांनी..भोवशा म्हज्या येदोळचे जिणयेच्या तीस वर्सांनी चिंतिनाशिल्लें सर्व!

हांव विसरलों.. वागाचें मुखडो तोंडार घाल्ले फाटलो तशेंच गायेच्या रुपा भितरलो एकाच वर्गाचो.. एकाच लेखाचो.

तरी हांव हीं सतां विसरलों... हांवें जैताचीं मेटां चडचे विशीं चिंतलें.

हेरांच्या पोटाक मारून म्हजें पोट कशें चड भरचे विशीं चिंतलें... ह्या चिंतनांनी हांव

जिखलों सयत... पूण जेन्ना म्हजे भितरलो म्हाका भेटून म्हजेर फिर्याद मांडटना, ताका दिवंक म्हजे लागीं जापी नासल्यो... म्हज्या कामाचें जैत जर हेरांचीं कामां काडच्यांत आसात तर. हांव अर्दे भाकरेंत संतोस सोदूंत प्रेतन करतां. कित्याक जांकां हांव कामांतलो काडूंक गेल्लों, तांचे लागीं ते अर्दे भाकरेची सयत गत ना. पिडेक वखद हाडूंक गत ना... सारकें न्हेसूंक गत ना... आपल्या भुरग्यांक सारकें खाण दिवची गत ना. म्हजे निमतीं कोणाच्याय पोटाक मार पडचो नाका. म्हज्या जाग्यार तुका जायते मेळटले.

देखून म्हज्या रिपोर्टांत म्हजी शिफारस हीच. फकत एकल्याक कामांतलो काडूंक जाय... आनी तो हांवूच.

कित्याक म्हळ्यार होच म्हजो राजिनामो.

तुमचे थंय खालतो,

गुरुदास

*`Emotional fool?..idiot'* वरदी वाचून रागान खुबळल्ल्या दाबरेन ऑफिस बॉयक आपोवन गुरुदासाक कॅबिनाक आपोवंक धाडलो.

पूण गुरुदास येदोळूच आपली वाट धरून गेल्लो.

◆◆◆

आयलेवार = आजकाल, सध्या, हालीं
तरबेती = तरबेज, आकारणी, प्रशिक्षण
हळ्ळी = गांव, ग्राम
प्रेतन = प्रयत्न, यत्न
अनभोग = अनुभव, अणभव
चडटाव = चड करून
लगती = संबंदीत, लागू
(तो) समस्सो = (ती) समस्या
दूर = कागाळ, तक्रार, फिर्याद
मेट = पावल
आसा कर = अस्तित्वांत हाड
विलेवारी = वेवस्था, मांडावळ, मांडणी
अवकास = संद, संधी
भोवशा = घडये, कदाचीत
धेंकणो = धेंगसो, तापसाणी
पायनेल = *framed portrait*
संगत = गजाल, मुद्दो, विशय
बंडवाळ = भांडवल, *invest*
मिसांव = कार्य, काम, मिशन
गमन = ध्यान, लक्ष
रुतां = शार्ती पावय
हळट = हळू, ल्हवू
नडटें = वागणूक
सिंतिमेंताळ = भावनात्मक, भावपूर्ण
दाक्षेण = लज
येदोळूच = आदींच, पयलेंच
चारो = भायलें रूप
घळाय = कळाव, उशीर
वरदी = अहवाल, खबर
उरोवणी = बचत, *savings*
कोण्णा = "कोण जाणा" हाचें मोटवें रूप

# संबंध

फांत्याचा साडे पांचांक येवंक आसचें विमान आज हर्शेंचाकी देड वोर तडव कर्न अपणाचा सयरणाची परिक्षा करून अखरेक तरयी चिकागोचा विमान स्थळार देंवलें. असलोच अन्नेग भोवशा अजीक चडुणें पांच वरसांधीं म्हाका आसल्लो, तवळ म्हजी नवी होकाल बायल पयलेपावटीं इंडियाथावन अमेरिकाक आयिल्ली.

अमेरिकांतच व्हड जावन, अमेरिकांतच शिकोन, अमेरिकांतच काम कर्न आसल्ल्या म्हाका म्हज्या सर्व इसटांनी काजर जांवचें चेडूं इंडियाचेंच आसोंक जाय म्हळ्ळी सल्हा दिल्ली. इंडियांत आसचा एका पयसिल्या मावशेचा मोर्नाधीं तिचा वळकेचा चेडवालागीं म्हजी सयरीक कसलीच घळाय नासताना निघंट जाल्लिच्च हांव चाळीस दिसांचा रजेर गांवाक गेल्लों. काजर जावन हनिमूनाक अख्खो इंडिया भंवोन पाटीं आयलों. म्हज्या मौशेक जाल्ल्या संतोसाक आनी अभिमानाक सांगोन फायदो ना. सगळ्या गांवार म्हजीच चरच्या, म्हज्या शिकपाची, म्हज्या सुरुपायेची, म्हज्या शेगुणांची, म्हज्य्या नेस्पाची, म्हज्या चालिची चरच्या. गांवांत मौशेक म्हजेथावन इतलो गौरव?

काजर जावन दोन मयन्यां भितर म्हज्या बायलेक अमेरिकाक वर्चीं भास दीवन हांव पाटीं परताल्लों. सगळे म्हजे ईश्ट म्हजेर संतोसले. 'सादें चेडूं, माणसुगेचें चेडूं तुका लाभल्लें तुजें नशीब' अशें उलवन म्हाका पुसलायताले. हांव्य फूलल्लों जशें वारयार फुग्गो फुल्ता तशें.

दोन मयने म्हळ्ळेकडे साडे तीन मयने जाले आनी कशेंय म्हाका म्हज्या बायलेक अमेरिकाक हाडवंक जालें. म्हज्या मौशेक गांवांत तकली उकलन जियेवंकयी.

***

आज 'म्हज्या बायलेची आवय येवंक' म्हळ्यार सार्कें जायत कोण्णा, कित्याक म्हळ्यार आतां तिका 'मांय' म्हण आपयिल्लो फकत्त सब्ध अपलें असतित्व होगडांवचार आसल्लो. एकाच मयन्याचें शर्त हावें पाळुंक आसल्लें, हेर कसलोच निरवोग नासतां हांवें ओपवाजय पडल्लें देखून सकाळिंचा हिंवेक सोसून हांव घंटेभर राकोन आसल्लों. एकक्वायरी कौंटरांत ह्याविशीं नख्खो विवर लाभोंक नातल्लो तरयी घळाय जरूर आसा म्हण सांगल्लें तरयी हांव मात्र वेगिंच पावल्लों.

देड वोरां तडव कर्न कशेंय पावल्लें विमानान म्हज्या मतीक पांच–स वरसां पाटीं धांवडावन जाल्लें.

नवें काजर जाल्ली नवी व्हकाल येंवचार आसा म्हण हावेंय नवें घर घेतल्लें, घर्चो अरधें खर्च हावें जोडल्लो तर अरधें म्हज्या कंपेनीन वाडिशिवाय रिणारुपार दिल्लो.

हळताचें घर दोन बेड्रुमाचें घर, सोभीत विशाल होल, सगळें म्हज्या बायलेक पसंद जाल्लें. तिका घरा स्वागत कर्ची मांडवळ्य म्हज्या इसटांनिंच केल्ली, ती इंडिया थावन थकोन आयिल्ली, तिची पेट काारच आसल्ली, हांव म्हज्या बावळ्यांनी तिका काराथावन उकलन घराभितर हाडताना एदोळच भितर राकोन आसल्ल्या इसटांनी फुलांचो शिंवोर आमचेर वोतुंक धरताना म्हजी बायल लजेन मुदो जाल्ली. म्हज्या भळिश्ट बावळ्यांत तें एका ल्हान भुर्ग्यापरीं म्हाका भोग्तालें.

म्हाका अजून उडास आसल्लो. पूण आतां तो फकत्त उडास मात्र...

उपरांतल्या दिसांनी म्हज्या बायलेचा हाताचें रांदाप खावन, जेवन बोटां चिंवोन म्हज्या इसटांनी कितली तारीफ केल्लिना?

नवें घर आसल्लें घराणें करुंक म्हज्या बायलेनयी सुर्वेर केल्ली मिनत कितली? कितली नितळाय? वेवसतीत रितीन वसतुंची मांडवळ? जेवणाचें मेज, कदेलां, कुजनांत आयदानां, सर्व वेवसतीत रितीन सजयिल्लीं. घर कामाक कोणायकी आपव्यां म्हण हावें म्हळ्ळें तरयी ती जवाब्धारी म्हज्या बायलेन्ंच घेतल्ली.

जिण्येरोदां अशिंच घुंवतालीं, दीस, हाफ्ते, मयने, वरसां – कोणाकच कितेंच फिकीर नासतां.

हांव म्हज्या कामांत एका पाटल्यान एका प्रोमोशनाचा पाटीक पडल्लों, त्या खातीर मिटिंगां, कोनफरेन्सां, प्रेसेंटेशन्स, बिजनेस मिटिंगां म्हणताना म्हजो दिसाचो चडताव वेळ कसो वेतालो म्हळ्ळेंच कळानातल्लें.

हाचेमधें हावें जिम्माक वेचें रावयलें, दिसाळीं वासचीं रावयलीं – सकाळीं उटोन नाण्येंत नाताना धुताना जितलें चिंतुंक जाता तितलें चिंतालों सोडल्यार चिंतुंकयी वेळ मेळानातल्लो.

थोडिंच वरसां पाशार जाताना परत म्हज्या तर्नाटपणाच्यो यादी एकेकच जिवाळ्ळ्यो, ते पाशार केल्ले यादगार उडास परत जिवाळ्ळे. त्यो पार्ट्यो, तीं पिक्निकां, तीं डेटिंग सगळें उडास. कितलीं सोभीत सोभीत चेडवां म्हाका वेवेगळ्यार रुपांनी मेळल्लीं? कितलें सूख हावें भोगल्लें? सर्व म्हज्या मतिचा पिंतुरांत अजून खंचल्लें.

पूण आतां अपणान तशें चिंतिनाये म्हण काळीज सांग्तालें पूण मत आयकानातल्ली. आनी असकत म्हजेथावन्य चूक घडल्ली. पूण ती चूक म्हण म्हजें प्रेमिका बिल्कूल वोपून घेवंक तयार नातल्लें. ताचीं उतरांय अजून म्हज्या उडासांत आसल्लीं; "तुजें अमाली दोळे तुज्या वेक्तित्वाचें व्हजान चडयतात, तुजे भळिश्ट बावळे खंचाय चडवाक अपली तकली दवरुंक नाडतात, तुजे जिण्येचें जयत खंचाय चेडवाक तुजेर भुलोंक काराण जातात"

असलेंच उतार म्हज्या बायलेन अजून पासोन सांगोंक नातल्लें.

पूण म्हजें प्रेमिका म्हज्या बायलेचेर बिल्कूल ताप्तालें "तुजी बायल खंच्या नदरेन तुका सोभता तें म्हाकाच समजाना, सावळो रंग? गुंगूर केस? मटवो जीव? उलंवची एक रीत ना, नेस्पाक एक मीत ना, कोणयी आयल्यार कशें मोडर्न रितीर वेव्हार कर्चें तें ताका कळीत ना – बिल्कूल हळ्ळेचें बोंबें". कित्याकगी म्हजी मत्य हें चिंतुंक ओपवाली आनी हांव्य हें सत मांदून जियेवंक लागलों.

तशें म्हण हांव ह्या 'कमिटमेंट' म्हळ्ळ्या सब्धाचेर बिल्कूल पात्येनातल्लों. बिजनेस म्यानेज्मेंटांत एम.बी.ये केल्या म्हज्या मतिचें चिंताप सादें – जित्तून पऱ्यांत तूं धांवोंक सक्ताय तित्तून पऱ्यांत धांवणेक राव. हांगा कोणाकच कोण्ंच ना. कोणायकयी हीं सिंतिमेंतां पडोन गेल्लीं नांत. आज हांव जिकचो घोडो कित्याक म्हज्या मतीक चिंतुंक जाता, म्हज्या मतीक जयत आनी सलवणेक कशें गळसुंक म्हळ्ळें कळीत आसा देखून हांव आज जयताचा घोड्याचेर बोसोंक सक्तां.

दीस गेल्लेपरीं ह्या संबंधाचा बंधनांतली म्हाका सुटका जाय आसल्ली. हो 'संबंध' म्हाका कित्याकगी पवित्र म्हण दिसचा बदलाक एका रितिचो कांठाळो हाडवंक लागलो. चिंतुंक नाकासल्लें तरयी 'डैवोर्स' विश्यांत चिंतुंक म्हज्या प्रेमिचा सांगातान मजबूर केल्लें.

पूण कशें सांगों? "अपली एकलीच धूव पुता म्हाका मुखार पाटीं कोण्ंच ना, देकून तुंच ताचो सर्वस्व" म्हण म्हज्या मौशेन उचारल्लीं उतरां एका वाटेर तर, म्हजी इतली बरी जतन घेतल्ल्या म्हजी बायल दूसऱ्या वाटेन म्हज्या तोंडांतल्या उतरांक काट घालुंक सकल्लीं.

पूण कितलो तेंप?

एका दिसा म्हज्या बायलेक डैवोर्स दिंवचाक डैवोर्स पेपर ड्राफ्ट करुंक बसलों. आनी तांतूं म्हजें नवें घर, तांतल्यो सर्व वसतू, म्हज्या बेंकांत आसचा दुडवांतलो चाळीस ठक्को (४०%) दुडू, सगळो ताच्या नांवार बरयलें, तशेंच एदोळच मोलाक घेतल्लें इतलें भांगार, तशेंच म्हज्या इसटांनी दिल्ल्यो मोलाधीक काणिक्यो सगळें ताका म्हण बरवन एका सकाळीं नासटो केल्ल्या मेजार दवरून हांव कामाक गेल्लों.

सांजेर पाटीं येताना म्हज्या बायलेची कसलीच प्रतिक्रिया नातल्ली पळेवन हांव अज्यापो? लं. हांव वचोन न्हांवन येताना तिणें हून हून काफी मेजार मांडून दवरली आनी हांव ती पियेवंक धरताना सकाळीं हांव सोडन गेल्लें ड्राफ्ट एन्वलप म्हाका दीवन म्हणालें "तूं सकाळीं हें विस्रोन गेल्लोय". म्हज्या तोंडांत उतरां सुटलीं नांत देखून निरवोग नासतां तें एन्वलप घेतलें.

काफी पियेवन येवन सोफाचेर बसोन टिवी पळेवन आसल्लों तरयी म्हजी मत खंयगी आसल्ली. मतभर हिंच चिंत्नां भरोन आसताना "तुजी भलायकी बरी आसामू?

कितें पुरासण भोग्तागी?" म्हणोन म्हजी बायल येवन म्हजी तकली पोशेवंक लाग्ताना हावें एकाच्च धम्मार सर्व धयर एकटांवन सांगोन सोडलें "म्हाका डैवोर्स जाय.. धर हें वाच..." म्हणोन हावें तें एन्वलोप ताच्या हातांत दिलें.

तें सोडवन वाचून थंय्च गळ्ळें...

म्हाका ताचेर शीदा दीश्ट घालुंक नाकासल्ली देखून म्हजें तोंड बगलेक घुंवडावन बसल्लों तरयी म्हजें गमान ताचेरच आसल्लें. इल्ल्या वेळान तें म्हज्या मुखार उभें जालें आनी म्हजें डैवोर्स पेपराचें ड्राफ्ट दोनयीं हातांनी पिंजून घालें.

हांव शिंपी गिळिलागलों, म्हजें सगळें लेक चूकल्लें. उपरांतली एकेक घडी एकेक वोर जालें. आमचेमधलें उलवणें सुकलें, तेंय जेवलेंना, हांव्य जेवलोंना. रातीं म्हज्या बगलेन तें येवन निदतेलें म्हण चिंतल्लें ना पूण तें आयलें आनी रातभर हुसकार्न हुसकार्न रडचें म्हज्या निदेंतयी आयकातालें.

सकाळ जाताना हांव हर्शेंचेपरीं उटोन न्हावन आज नासटो करिनासताना वेचें म्हण लेक घाल्ताना तें चायेचें कोप हाडन म्हणालें.

"तूं म्हाका डैवोर्स दीवंक आशेताय तर कांय अड्डिना, कित्याक तुजी आसत सर्व म्हज्या नांवार बरयल्या? म्हाका कितेंच नाका, म्हजें एक शर्त पाळ्ळयार जालें"

"कसलें?" हावें मातश्या अज्यापान सवाल केलें.

"तूं जाणांय म्हजी आवय काळजापिडेची. ती चड तेंप वांचाना. देखून एका मयन्याखातीर म्हज्या आवयक हांगा हाडय, आनी एक मयनो म्हजेलागीं मोगान राव, उपरांत आमीं दोगांय हांगाथावन वेतांव, तुज्या जिण्येथावन भोव पयस."

म्हाजा काळजाक आयकोंक जालेंना. हांव जिण्येंत सिंतिमेंताळ जाल्लों न्हय तरयी हीं उतरां म्हाका आयकोंक जालीं नांत. कसलें वीपऱ्यास? पाटल्या इतल्या वरसांनी एकामेकाचा सांगातांत जियेवन आसचीं आमीं आज एकामेका पर्कीं?

"कसलें पिशें शर्त?, ही तुज्या बायलेची नवी चाल..." म्हजें प्रेमी तक्षण अपलें फयसल दीलागलें.

"बट यू क्यान डू ईट डारलिंग, गीव हर अ मंत" – भोवशा एका मयन्याचो वेळ दिल्यार होगडावंक आसची आसत तरयी उर्तेली म्हळ्ळ्या भर्वश्यान आसतेलें, प्रेमिकान सांगल्लीं उतरां सत दिसलीं.

***

सकाळिंची धुंवरी चडल्ल्यान एरपोर्टाथावन घरच्या वाटेर येताना हर्शेंचांकी हळू कार चलवंक लागलों. म्हज्या बायलेची आवय तिशीन हिशीन पळेंवचार पडल्ली. पुरासणेनगी वा धुवेन एदोळच सांगोनगी ती चड उलयनासताना वोगेच्च बोसल्ली.

पंद्रा वीस मिनुटांनी घरा पावल्यांव. म्हज्या एका मयन्याचा जयलाचो आज पयलो दीस. हांव घराबगलेन कार पार्क कर्न देंवलों आनी म्हज्या बायलेचा आवयची पेट उकलन घरा हाडन आयलों, म्हजे बराबर ती घराभितर आयली.

हांव नेसोन कामाक गेलों पूण मतिंत हजार चिंत्नां घेवून. आज कामाक इल्लो तडव जाल्लो देखून थोड्या वोरांचो सांबाळ उणों मेळोंक पुरो म्हण मतिंत लेक घालें. दनपारां जेवंक मन आयलेंना देखून सांजेर काम जातेच्च पब्बाक वचोन एक बोतल बियेर पियेवन घर्ची वाट धर्न गेलों. घरा वचोंक मन नातल्लें, कित्याकगी आज म्हजें घर पर्की घरापरीं भोग्तालें. अपूण अपल्या घरा न्हय बगार पकऱ्यांगेर वचोन आसां म्हळ्ळें भोगाप येवंक लागलें. ताका सांगात दीवंक म्हजी तकलीय विपरीत रितीन फडताली देखून घरा गेल्लोंच शीदा वचोन निदलोंच.

म्हजी बायल अपल्या आवयलागीं उलवन आसल्ली तितल्यार म्हजेसर्शीं येवन म्हज्या कपलाचेर हात लावन पळेलागली. म्हजी तकली फडाफडेविशीं जाणां जातेच्च आवयक एक कोप चा करुंक सांगोन म्हजी तकली धांबुंक लागली. हावें वोगेच्च रावल्लेशिवाय निरवोग नातल्लो. हो पयलो दीस, काळजांत मोग नातल्यारी मोग आसचेपरीं करुंकच आसल्लें.

पूण कित्याकगी आज पुरासणेंत व चडीत चिंतून जायजय तकली इतली ज्योरान फडताली म्हळ्यार सांगोन फायदो नातल्लो. इल्ल्या वेळान म्हज्या बायलेची आवय चा कर्न हाडल्ली म्हज्या बायलेन म्हाका दिली. हांव ती पियेवन थोड्याच वेळान पोटांत चाळल्लेपरीं जावन वोंकलों. भोवशा पियेल्ली बियेरेचो परिणाम. हांव आतां खरोंच कांप्तालों आनीं रात जून जावन येवंक लाग्ताना म्हाका निदेन वेंग्ताना सयत म्हाका उडास आसचेपरीं म्हजी तकली अपल्या उसक्याचेर घेवन म्हजी बायल म्हजी तकली पोशेताली.

दुस्रे दिसा सकाळीं उटोंक प्रेतन करताना म्हजे दोळे सुटानातल्ले. तकली ज्योरान फडताली. हिंव्वी खातालें. हांव ऊटल्लेंच म्हज्या तकलेर आपलो त्हळात दवरून पळेल्ल्या म्हज्या बायलेन ताप आसचो नख्खी केलें. जिबेक रूच नातल्ली तरयी इल्ली हून कोफी पियेलों आनी तीन दीस पऱ्यांत खटल्यारच उरलों.

दीस म्हण ना, रात म्हण ना म्हजी बायल आनी तिची आवय म्हज्या चाक्रेक लागल्लीं. एकलें म्हजी तकली पोशेताना दुस्री म्हज्या पांयांक धांबताली. एकेक घडी ताणीं म्हजेसर्शीं रावोन म्हाका सांगात दिलो. एदोळच अफिसाक खबार धाडून दिल्ली.

तीन दिसांचा तापा उपरांत मात्सों नित्राणी जाल्लों, पूण ह्या नित्राणी स्तितेंतयी म्हज्या बायलेन दिल्लो स्पर्श विचित्र. पयलें हांव कांठाळ्ळों तरयी उपरांत कित्याकगी हो स्पर्श रुचोंक लागलो. ताच्या बावळ्यांची वेंग, ताच्या खाकियेचा घामाचो वास हऱ्येक

म्हाका नवो अनभोग दीवंक लाग्ताना हांव 'डैवोर्स' विशीं कांय मत बदलुंक पुरोगी म्हळ्ळो दुभाव्यी आयलो.

तीन दिसांचा तापाउपरांत पयले दिसा अफिसाक गेल्लोंच म्हज्या बायलेची तशेंच तिच्या आवयची इंडियाची टिकेट बूक कर्न आयलों.

शरताचा मयन्याचे दीस अशेच पाशार जाले.

म्हज्या जिण्येंत चेडवां सभार रितिंनी म्हज्या जिण्येंत आयल्यांत आनी गेल्यांत, कोण आवय जावन, कोण इश्टीण जावन.. पूण कोण्ंच शास्वत जावन रावोंक नातल्लीं, आवय म्हजो बापूय मोर्तच्च एका नैजीरियनालागीं दुस्रें काजर जावन गेल्ली. आतां बायल आनी ताची आवय. इसटिण्यो सयत शास्वत न्हय... हांव चिंतून आसल्लों..

आतां ह्या बंधनांतली मुक्ती म्हाका भोव गर्ज आसल्ली. म्हाका परत स्वतंत्र सुकणें जावन उभोंक आसल्लें, कसलीच बंदड नासताना, कसल्योच अडकळ्यो नासताना.

त्ये दीस अवचीत पावस येवंक लागलो आनी सांजेर वेगिंच काळोक जालो. हांव घरा वचोन हर्शेंचाकी वेगिंच निदोंक गेल्लों. भायर पावस वोतचो अनीकयी संपोंक नातल्लो, आज रातीं कित्याकगी म्हजी बायल म्हाका वेगळीच दिसोंक लागली. जेदनां हांव म्हज्या प्रेमिकालागीं सळावळेक आयलोंगी तवळ थावन आज पऱ्यांत म्हज्या बायलेलागीं कसलोच दैहीक संबंद दवरुंक नातल्लो. फुडलो वेळ निश्शब्द जावन अपल्या मुखल्या दोन कुडिंचा खेळाक साक्स दिताना म्हाका आज कित्याकगी ह्या संबंधाक मनशाकूड एक सांकेत मात्र म्हळ्ळेपरीं दिसोन आयलें. पूण म्हज्या बायलेनयी कसलोच प्रतिरोध धाखयलोना.

असल्योच घडियो काजारा आधल्यो परत उडासाक आयल्यो. तर अजून कसलीच बदलावण जावंक ना – सगळें तशेंच आसा, फकत वेळ काळ उतरला, चिंतपाची दिशा बदल्ल्या, भोवशा थोडे केस झडल्यात. पूण हेर कसलीच बदलावण ना??

***

एकेक दीस संपोन हाप्ते जाले आनी हाफ्ते संपोन आयिल्लेपरिंच म्हज्या मतिचो उद्वेग्यी चडोन येतालो. आनी उरल्यात थोडेच दीस अपल्या जयलाचे.

उपरांत ह्या पिंजऱ्यांतलें सुकणें उभोन वेतेलें. कसलीच बंदड नातलेल्या गांवाक, स्वतंत्र जिणी जियेवंक. त्ये सांजेर हावें एदोळच बुक्क केल्ली टिकेट हाडली आनी म्हज्या कोटाचा बोल्सांत दवरली. बायलेचा आवयक सगळें सांगोंक मन आयलें तरयी तशें करुंक म्हज्या बायलेन सोडलेंना.

"ती काळजाचा पिडेंत वळवळता, कशीय चड तेंप ती वांचिना, देखून तिणें मोरच्याधिंच तिचें आवयक संपंवचें नाका, त्या खातीर अपूण कसल्या साक्रिफिसाकयी

तयार, तिणें मोरच्याधीं एक पावटीं हांव हांगा सुखान जियेवन आसां म्हळ्ळी खात्री दिंवचाक तिका एका मयन्याक आपवन हाडलें मात्र शिवाय हेर कितेंच न्हय"

विचित्र चिंताप, हांवें एदोळ खंयसरयी आयकाल्लें ना, पळेल्लें ना.

ह्या इतल्या दिसांनी आमीं जायतें भंवल्यांव, जायतें उलयल्यांव, जायतें हासल्यांव.. हांव चड आयकातालों देखून चड समजोंक सकलों. लागीं येवन एकेका संबंधाक पळेवंक, भोगुंक सकलों. चेडूं म्हज्या नदरेन फकत एक नदरेन समजाताना आतां चेडवाचीं वेवेगळीं रुपां दिसोंक लागलीं.. आतां बाकी उरल्यात तीन दीस, तीन दिसां उपरांत म्हजी बायल आनी ताची आवय पाटीं इंडियाक वेतेलीं भोवशा सासणाक...

हांव अजून दीस मेजून आसल्लों. त्ये दीस म्हज्या प्रेमिकान म्हका एक फुलांचो व्हडलो बुक्को धाडन दिल्लो म्हज्या अफिसाक. सवें एक सोभीत कार्ड, तांतूं बरवन आसल्लीं उतरां 'मोजा अनंत मोगाचा राकोणेचा उडासाचीं हीं फुलां साक्स जांव'. सांजेर घरा गेल्ल्या हावें म्हज्या बायलेक शोपिंग करुंक सांगलें पूण तें वचोंक कबूल जालेंच ना. देखून 'तुका न्हय तरयी तुज्या आवयक या हेरांक तरयी कितें तरी घे' म्हणोन ताच्या हातांत हावें पांयशीं डोलर दिले. आनी अपूण घराच्च बसतलों म्हळें.

बायल आनी तिची आवय भायर गेल्लीं रातीं तडव कर्न आयलीं आनीं कितें हाडलें तें म्हाका सांगलेंच ना. हांव्य तितल्या अत्रेगान उरलोंना. कितेंय हाडुंदी, म्हाका कित्याक? म्हणोन म्हजेयितल्याकच रावलों.

दुस्रो दीस उदेलो, भोवशा असलो अन्येक दीस मात्र आसा – हावें मतिंत चिंतलें आनी अफिसाक गेलों. गांवाक वेची तयराय एदोळच जाल्ली. आफिसाक आज अन्येक बुक्को आयिल्लो. 'तीस दीस म्हज्या जिण्येंत तीस वरसांपरीं दिसतात, ह्या तीस दिसांची व्हाड तुजेथावन घेतेलीं' म्हळ्ळो संधेश आटापचें कार्ड आज म्हज्या प्रेमिकान धाडल्लें.

म्हाका अन्येका दिसाक राकोंक आसल्लें. सांजेर काम सांपवन घरा पावताना म्हाका अज्याप, सगळें घर नितळ कर्न दवरलेलें. वसतरां सगळीं घडी करून, बरीं कर्न मांडून दवरलेलीं. बरें रांदापयी रांदून दवरलां म्हण कुजनांत येंवचो पर्मळच सांग्तालो. जेवन जावन हांव बेड्रुमाक रिग्ताना म्हजी बायल कितेंगी बरवन आसल्ली. हांव तिका थंयच सोडन निदोंक गेलों.

पूण नीदल्लेकडे म्हज्या मतीन परत चिंतुंक धरल्लें. एकेका दिसाक.. म्हजे भूगऱ्यापणाले दीस, म्हज्या बापायचें मरण, आवयचें दुस्रें काजर, म्हजें शिकाप, काम, ईश्ट, काजर, मौशी, बायल, प्रेमिका, म्हज्या बायलेची आवय...

ताप.. फुलांचे बुक्के.. कार्डां....

अचानक म्हज्या दोळ्यांक नीद पडलिना देखून हांव उटोन उदक पियेवंक म्हण

भायर आयलो... भायर येताना कित्याकगी म्हाका जेवणाचा मेजाचेर आसचें बायलेन कितेंगी बरयिल्लें कागाद झळकालें. तांतूं सुडाळ बरयिल्लें;

'तुजेथावन कितलीं पयस आसल्यारयी हांव तुजेसवें सदां आसतेलीं, देखून तुका केदाळाय म्हजी गर्ज म्हण भोग्ताना आपय हांव संतोसान तुजेसर्शीं धांवोन येतेलीं.. कसलेंच लेक तुजेथावन हांव विचार्चिंना..'

फुडलीं उतरां म्हचा दोळ्यांक दिसचाधीं थोडे थेंबे दुःखां म्हज्या निर्दयी दोळ्यांनी उदेलीं. हांव उदक पियेवन पाटीं येवन खटल्यार आड पडलों. कशें कशें निदल्यारयी नीद पडलिना. कशीय रात फालें केली.

दुस्रे दिसा सकाळीं दोगांयकयी पाटीं वचोंक आसल्लें, तीं सकाळिंच नेसोन आयतीं जाल्लीं. बायलेचा आवयन पेट वर्न कारान दवरच्याधीं म्हजो उपकार मागोन तशेंच 'केदनां गांवाक येताय पुता' म्हण विचारताना म्हज्यान सोसुंक्‌च जालेंना...

हावें कोटाचा बोल्सांत आसल्ली टिकेट काडली आनी म्हज्या बायलेन डैवोर्स पेपराचें ड्राफ्ट पिंजल्लेपरीं पिंजून उडयली.. आनी "म्हाका एकल्याक हांगा रावोंक जांवचें ना...." म्हणोन बायलेक वेंग मार्न रडोंक लागलों. म्हज्या दुखांनी म्हज्या बायलेक पाटल्या दिसांनी दिल्ल्या दुखीक पुसुंक धरताना पयस रावोन पळेंवची 'म्हजी सासू मांय' मात्र मिटाखांबो जाल्ली.

◆◆◆

| | | | |
|---|---|---|---|
| सयरण | = *patience* | गुंगूर | = मुदियाळे, *curly* |
| निघंट | = नख्खें | जित्तून | = जेदना पासोन |
| निरवोग | = उपाय | नित्राणी | = सकत नातल्ली |
| माणसुगी | = बरी चाल चमकोणेची | प्रतिरोध | – विरोद |
| फुग्गो | = बलून | | |

# माप

"तुजें *performance appraisal* फायल म्हाका पावलां. *As usual, haven't achieved your score card Mr. Gurudas"*

सुमार वेळ फायलाचेर गंभीर दिश्ट घालून आशिल्ल्या प्रधान संपादक शरण मोटवाणीन आपल्या नाकाचेर आसच्या चश्म्यांतल्यान गुरुदासाक तिळ्ळें.

कदेलार हात दवरून बसून आयकतल्या गुरुदासाच्या तोंडाचो चारो बदलूंक नासलो. हें कांय ताका नवें न्हय. हीं उतरां ताका वळखीचीं. उतरांच कित्याक? हें कूड, कदेलां, हरेक वळखीचेंच. पूण मेजा फाटल्या कदेलाचेर मात बसचो व्यक्ती बदलतालो. ताचे मतींत अव्यक्त सवाल उदेवन येतालें.

'कांय हें माप वा मापदंड!?'.

आजीक  कांय अठरा वर्सां आदीं सुरवात केल्ल्या ह्या मॅगज़िनांत चडटाव  जावन हरेका वर्सा संपादक बदलतालो. पूण फाटल्या थोड्या म्हयन्यां आदीं संपादकान काम सोडिल्ले उपरांत, सध्याक प्रधान संपादकूच पत्र चलयतालो.

"तुवें म्हज्या सवालाक जाप दिवंक ना, तुज्या *score card* आंत तुका दिल्ल्या हरेका शेतांत तुजी मापणी निरासदायक जावन आसा. तुका कांय सांगूंक आसा? तुका फाटल्या एका वर्सांत, तुजे थंय जाल्ली कांय बदलावण  दिसता?"

"..................." गुरुदासान मौन पसंद केलें.

***

आजीक कांय सात वर्सां आदीं ऍरो मॅग्ज़िनाचो वरदेगार  जावन कामाक भरती जाल्ल्या दिसाक आनी आज, सात वर्सां उपरांतल्या दिसाक अंतर म्हळ्यार सोंपून गेल्लीं वर्सां मात शिवाय, हेर कसलोय बदल जावंक नाशिल्लो. तोच सुको साडे तीन हजारांचो सांबाळ, तेंच देड हजार रुपयाचें भाड्याचें ल्हान कूड. तीच लोकल ट्रॅन, बि.इ. एस.टी. बस्सां आनी तेंच यांत्रिकृत जिवीत.

तशें म्हण मॅग्ज़िनान प्रगती करूंक ना म्हण न्हय. पयलें सायन कोलीवाडांतल्या चारशीं स्क्वॅर फुटाच्या दफ्तरांत सात जणांनी सुरवात केल्ल्या ह्या पत्रान आज भारताच्या प्रमूख मॅट्रो शारांनी आपली अस्मिताय रुतां  केल्या. आज सायन कोलीवाडांत कांय तीन माळ्याचें बांदप जालां, कांय साठा परस चडीत काम करतात तर कांय शंबरांनी बातमीदार आसात. शंबरांनी विक्री एजंट आसात. रिसर्च एनॅलिश्ट आसात. मुंबय मात न्हय, देल्लींत, चेन्नयंत, कोलकाता सयत बऱ्यानींच आसात.

शरण मोटवाणी महत्वकांशी, जर्मनीच्या बर्लीनांत पत्रिकोद्यमाची उंचली सनद जोडून येतना ताची उमेद विशेश. ताणें सुरवात केल्ल्या पत्रान वेगींच मळबाक आफडचो भरवंसो उबजायिल्लो. 'ऍरो' ताचें सपन, हरेक संगती उठा उठीं बदलूंक जाय, खिणान जावंक जाय, फाश्ट, क्वीक, ऍक्युरेट – हे ताच्या दिसपट्ट्या उलोवण्यांत परत परत आयकूंक मेळचे शब्द.

बरप कोणाक हव्यास मात आसूंक पुरो, कोणाक पिसाय जावंक पुरो, आनी कोणाक खोरोज जावंक पुरो. पूण पत्रिकोद्यम तशें जायना. देखून बरयणार आनी साहित्यी वेगवेगळे प्रकार. बरयणारान चिंतची रीत विंगड, मापचें माप वेगळें, देखची रीत आथवी. बरयणारान बेजबाबदार जावं येता, पूण साहित्यीन न्हय. बरयणारान नैतीक मोलां वगडावन जियेवं येता, पूण साहित्यीन न्हय. बरयणारान पोळकूरवाद वेंगोवं येता पूण साहित्यीन न्हय. बरयणारान फायदो लुकसाण चिंतूं येता, पूण साहित्यीन न्हय.

गुरुदासान पत्रिकोद्यमाक पांय तेंकल्लो, हव्यासांतूय न्हय, जबाबदारेंतूय न्हय. गुरुदासाक जिणयेंत हव्यास म्हणचें कांय करूंक वेळूच खंय आसलो? फाटीं फुडें पळोवंक ताचीं कोणूच नासलीं. जशें जिवितान अवकास दिलो तसो तो चमकून गेल्लो.

***

बेळगांवच्या पिरनवाडींतल्या एका लाचार रैताचो पूत जावन जल्मल्ल्या गुरुदासान धावी परयांतलें शिकप जोडिल्लेंच भोव कश्टांनी, तेंय सरकारी इस्कोलांत. ताची आवय घरांत रांदपाची, नितळायेची जबाबदारी करचे सवें घोवा सवें गाद्यांत घोळूंक सयत वेताली. सदां इस्कोलांतलो येतच गुरुदास गुड्यार आसचें शेण विंचूंक वेतालो. गिरेस्तांक कांय कोवेंत इस्कोलां थोडींशीं आसलीं. पूण शिकपाचे फीस दिवंक गत नाशिल्ल्या गुरुदासाक धावी जातच फुडली वाट गयरी गयरी दिसताली.

शांत सभावाचो गुरुदास गरजे भायर कोणाय लागीं उलयनासलो. ताची अभिव्यक्ती जावन आसली 'बरप'. साहित्य रुपार तो चिंतालो, ताणें कोणा लागीं गी उलोवंक आसा, आपले विचार सांगूंक आसात, कोण गी ताका वाचतात आनी समजतात म्हळ्ळें ताचें चिंतप. इस्कोलांत तवळ तवळ प्रबंध बरोवन इनामां आपणायिल्ल्या हाचे बरपा प्रतिभेचेर थोड्या टिचरांनी हाका पत्रिकोद्यमा तेवशीन फुडार सोदूंक सुचयिल्लें. देखून धावी जातच तो इवनिंग कॉलेजींत पि.यु.सी करून, बी.ए. शिकून आसतना दिसाचें तो गाद्याचें काम करतालो. शिकपाचे मदेंच ताचो बापूय सरलो. आतां ताचें शिकप मुखारचें वा कुटुंबाचो हातभार खांदार घेंवचो समजना जालें ताका. भोव ल्हान पिरायेरूच जिणयेन जायतें लिसांव शिकयिल्लें ताका. हेच वेळार ताणें बरयणार जावन आपली प्रतिभा दाखयली. मराठी, हिंदी, कन्नड भासां सवें इंग्लीश भाशेचें साहित्य सयत वाचूंक लागलो. साबार साहित्यीक स्पर्ध्यांनी इनामां जिखलो म्हणटच आपोआपूच लोकांक वळखीचो जालो.

गांवटी लोकां सवें भरसून जियेतालो देखून तो साद्या लोकांचें जिवीत, चिंतप, काळजाची उडकी, हांसो, दूख समजूंक शकतालो. गाद्यांनी कोबू लावची, कोबू लुवणी, बरो कोबू बांदूंक साकर कारखान्याक विकचो, आनी मोडिल्लो कोबू गांवच्यांनी गोड करूंक, सोरो काडूंक आनी हेर गरजांक उपेग करचें तो समजल्लो. कोबा सवें हेर तरकारी लावणी, वळी खोंडचें, मेरो खोंडचें काम तो करून आसच्या संदर्भीं, लोकांक आसक्त नीलू फुलेच्या नाटकांनी, दादा कोंडकेच्या बंपर फिल्मांची, आनी कांय आसक्त आसा तर वर्सान वर्स जावचे जात्राचेर.

कश्टांनी बी.ए. शिकून कांय काम सोदूंक लागच्या दिसांनी, पिडेन ताची आवय सरली. आतां पिरनवाडींत एका ल्हान घरांत तो एकसुरो जियेवंक शकलो ना. गांवच्या

मुखियाच्या शिफारसीन मुंबय गेलो आनी घाटकोपरांतल्या एका पयशिल्या सोयर्‍यां सवें रावून काम सोदूंक लागलो.

बरयणार बेकारी! प्रतिश्टीक बेकारी!! शिकपी बेकारी!!!.

कोण म्हणटा 'शिकप जोडचें काम मेळूंक', पूण हकिगतेंत ही अव्वल फट. कामाक आनी शिकपाक संबंद आसुंकूच जाय म्हण ना. अशें पळोवंक गेल्यार, शिकप जोडचें, समाजांत एक बरो नागरीक जावन जियेवंक. बरें वायट मदलो फरक समजूंक, सवालां करूंक. पूण जेन्ना मतींत केल्लीं हीं सवालां अधुरींच जावन उरतात, तेन्ना उबजातालें एके रितीचें झूज.

मुंबयंत कांय फेस्तां परबो उणयो नात. दिवाळी जावं, नवरात्री जावं, गणपती जावं, क्रिस्मस, जावं, ईद जावं – हरेकलीं ह्या फेस्तांनी मेतेर  जातालीं. कोणाक म्हत्व कळूं दी आनी कोणाक कळनाये जावं दी. क्रिस्मसाच्या सांता क्लॉजाक नव्या वर्सा दिसा थोडे लासताले, राखी दिसा राखी बांदिल्ल्या चेडवा सवें बीचाक वेताले, गणपतीक उदकांत घालच्या तेंपार घरान घर पयशे वसूली करताले...आसूं.

वर्सान वर्स ह्या फेस्ता सवें हेर संस्कृतीक चटुवटिको  जाताल्यो. तातूंत मराठी कला मेळ संस्थो एक. तांचें 'आमचा माणूस' म्हळ्ळो पुरस्कार हे पावटीं गुरुदासाक दिवंक प्रायोजकांनी निर्णय केल्लो. अशें थारायिल्ल्या दिसा गुरुदासाक ते संस्कृतीक सभेंत वेदीचेर आपोवन मान केलो. मुखेल सोयरो पाठक इंडस्ट्रीसाचो मालक दीनानाथ पाठकान मराठी मनशांक क्रियात्मक वावर करूंक उलो दिलो. तशेंच गंधाचो हार गुरुदासाच्या गळ्यार सोबयलो आनी पोटलून धरून अभिनंदन पाठयलें. वेदीचें कार्यें  जाल्लेंच, ताणें गुरुदासाक आपलें विसिटींग कार्ड दिलें.

जिणयेंतलो पयलो अनभोग  गुरुदासाचो. वेदीचेर चडून इतल्या लोकां मदें मान भोवमान घेवचो. ताणें तें विसिटींग कार्ड जोगासाणेन  दवरलें. भोव म्हत्व दिवन.

मुंबय येवन कांय देड म्हयनो जाल्लो. ह्या देड म्हयन्यांनी तो चर्चगेट खंय आसा, वि.टी. खंय आसा? थाना खंय आसा? अंधेरी खंय आसा? बि.इ.एस.टी बस्सां कशीं धरचीं? खंयच्या नंबराचीं बस्सां घाटकोपर येतात म्हळ्ळें शिकिल्लो तरी जोकतें काम ताका मेळूंक नासलें. एके वाटेन काम ना, दुसरे वाटेन रावूंक भाडें दिवंक नात म्हळ्ळी खंत. उपाय करून एका दिसा, दीनानाथ पाठकाक खुद्द मेळूंक चिंतलें. कांय ताचे वळखींत पुणी आपणाक काम लाभलें तर बरेंच!

दीनानाथ पाठकाची दादरांत एक ल्हान फॅकट्री आसली, फॅबरिकेशनाची फॅकट्री. आपणाक अचानक मेळूंक आयिल्ल्या तरणाट्याची वळख भायर आसच्या गेटकिपराक सांगतच ताका भितर धाडूंक फोनार परवानगी दिली पाठकान. गुरुदासाक दफ्तराचे भितर आपोवन कृतक हांसो पाठोवन बसूंक सांगलें. पयलेंच ऑफिसांत पाठकाचे दोग सोयरे आसले. देखून तांचे मुखार कशें उलोवचें म्हण चिंतूंक लागलो गुरुदास. ते शिवाय भितर हींव खावचें परीं ए.सी.चो थंड हवो.

"सर, तुमीं म्हाका.. पो.. पयर.. सन्मान केल्लो... घाटकोपरांत.." गुरुदास गागेवन उलयलो.

"व्हय.. हांव कितें करूं आतां तुका? म्हजे थावन कांय..."

"सर.. हांव बेळगांवचे राणी पार्वती देवी कॉलेजींत बी. ए. शिकून आयलां, म्हाका खंय तरी काम मेळ्ळें तर उपकार जातो. देखून कांय तुमचे वळखीर.."

"तूं खंय रावताय? कोणा सवें रावताय?"

"सर, हांव घाटकोपरांतल्या म्हज्या एका पयशिल्या सोयऱ्या सवें, ताच्या कुडांत रावतां"

*"Look at today's youth,* तरणाट्या..तुजे पिरायेर हांव मुंबय येतना म्हज्या पांयांक व्हाणो सयत नासल्यो. म्हजो सोयरो कोणूच नासल्यो. वळखीच्या एका वॉचमॅनाचे शिफारसीन ताणें पारो करच्या पांच माळ्येच्या बिलडिंगाच्या टेरेसार न्हिदून दीस काडल्यात... *no influence, no sponsors.* पळय आज हांवें ही फॅकट्री उबी केल्या तर म्हजेच म्हेनतेन आनी परिश्रमान... तूं बी. ए. शिकलाय, तुका ह्या येद्या व्हडल्या शारांत एका कामाक सोदची शाती ना?"

"सर, तशें न्हय सर, हांव हांगा इनफ्लूयेन्साक येवंक ना.. मुखेल सोयरो जावन आयिल्ल्या तुमचीं उतरां आयकून प्रभावीत जावन आयलां. म्हाका म्हजे शातीर काम मेळचो भरवंसो आसा. पूण येवन म्हयने जाले देखून म्हजे लागीं वेळ ना. देखून कांय तुमचे वळखीच्यां थंय काम आसा तर तुमी म्हाका फकत सांगा, हांव खुद्द कामाक अर्जी घालतलों"

"तुवें सी. वी. हाडल्याय वे?"

"ना सर"

*"Look at it..."* पाठक इश्टांक पळोवन हांसलो.

"काम जाय खंय, सी.वी. ना. पयलें खंय काम केलांय?" पाठकान मुखार सवाल केलें.

"सर, म्हाका ऑफिसांत काम करून अनभोग ना".

"मागीर खंय काम केलांय?".

"घरांत गाद्यांत मात काम केलां".

"हा हा हा! गांवचे गादे सोडून मुंबय शाराक आयलाय, खंयच्या बेवकुफान तुका सांगलें हांगा गादे आसात म्हण?"

"सर.. हांव गाद्यांत काम करूंक येवंक नां.हांव एक बरयणार. देखून कांय म्हज्या तालेंताक सरी जाल्लें काम मेळ्ळें तर हांव करतां.."

"बरयणार?..." पाठकाच्या एका सोयऱ्यान सवाल केलें.

"व्हय.."

"बरें जालें... म्हजो एकलो वळखीचो आसा, तो एका बरयणाराक तलास करून आसा.. बरें जालें.. धर म्हजें विसिटींग कार्ड. फाल्यां म्हाका फोन कर, हांव तुका चडीत विवर दितां".

गुरुदासाक समाधान भोगलें. तो अदेवस मागून, उपकार बावडून थंयचो भायर सरलो.

***

तूं बरयताय म्हण म्हाका म्हज्या मितरान तुजें रेफरेन्स दिलां. धव्या पयजामार आसच्या कार्ड बोरडाच्या शोपाच्या धन्यान विचारलें.

"व्हय सर.." गुरुदासाची जाप.

"बरें. चीत दिवन आयक. हांगा कामूच काम, तूं जर काम करूंक आयलाय तर, तुका फुरसत आसची ना. तूं म्हेनतेन काम करूंक तयार आसाय?"

"व्हय सर, हांव जरूर म्हेनत करतलों. म्हाका काम जाय"

"भोव बरें. तुका म्हयन्याक एक हजार रुपय सांबाळ दितलों. उपरांत तुजे म्हेनतेक सरी जावन तुवें कमोवं येता. थोडे, म्हयन्याक धा हजार रुपय कमयतात, थोडे पंदरा हजार रुपय कमयतात, तें तुमचेर निंबून आसा?"

"जायत सर, हांवें कितें बरोवंक जाय?"

"तुका पसंद जाल्ल्याचेर तुवें बरोवं येता, हांगा कार्ड बोर्ड, कॅन्वस, बॅनरां हरेक आसात. तुका कार्ड बोर्डाचेर बरोवंक अभिरूच आसा तर बरोवं येता. बॅनरांत बरोवंक अभिरूच आसा तर बॅनर थंय आसा. मॅटर घे, आनी पेन्नां, पेंट कुशीच्या कुडांत त्रिपाठी तुका दितलो."

आयकून आंगार शेळें उदक ओतिल्लो अनभोग जालो गुरुदासाक.

एके वाटेन काम मेळिल्लो संतोस, घडयेन मेळिल्लें काम चिंतून आंगाची ल्हंव उबी जाली.

जिणयेंत केदींच पँटिंगार बरोवंक नाशिल्ल्या गुरुदासाची परिक्षा पोटाचे भुकेची परिक्षा!!. सध्याक मेळिल्लें कामूच सरी, पूण प्रेतन करचें बरें म्हण भोगलें गुरुदासाक.

चडीत वारजीक करिनासतना तो देगेच्या कुडाक गेलो आनी त्रिपाठी लागचें मॅटर आनी पेन्नां आनी पेंट घेवन ताचे सवें एक बॅनर घेवन आयलो.

बॅनर कशें बांदचें म्हळ्ळें ताका कळीत ना देखून तें ताणें धरणीचेर पातळायलें आनी मॅटर पळयलें '*Vote for Congress*' – इतलेंच बरोवंक आसलें. अक्षरां सवें पार्टीचो गूर्त, एक हात, आनी तीन रंगांचो बावटो.

ना रुलर, ना नक्षा, ना माप, ना लेख.

ताणें सरळ ब्रॅश पेंटाच्या डब्यांत घालो आनी बरोवंक धरतनाच "ये.... क्या कर रहा है?" म्हणून एकलो भय्या धांवून आयलो.

उलोवणें जातना गुरुदासाक सत सांगिल्ले शिवाय उपाय नां.

"ओ.. तर तूं तो बरोवपी.. कळ्ळें... तुका सांगिल्लें काम हें न्हय. आमकां कार्ड बोर्डांत कलात्मक रितीन बरयतलीं जाय शिवाय, मेंदू पोकरचें बरयतलीं न्हय"

गुरुदासाच्या तोंडाक बीग पडिल्लें.

“हो संवसार रंगाळ बाजार, हांगा रंग मात विकून वेतात” कोणाचीं गी स्पश्ट उतरां, अस्पश्ट रितीन ताच्या कानार पडलीं.

***

भायर आयिल्लो गुरुदास रेल्वे स्टेशनाक पावलो. ताणें रिटर्न टिकेट काडिल्ली देखून सरळ भितर रिगलो. पूण भितर रिगून बोल्साक हात घालतना, ताका पात्येवंक जालें ना. ताचें बोल्स कातरिल्लें आनी बोल्सांत आशिल्ली टिकेट, थोडे पयशे मायाक.

मुंबय सर्गांत पयलो अनभोग हो.

आतां कितें करचें!? रित्या हातांनी, रितें मन घेवन चलच्या गुरुदासाक ट्रेनाची टिकेट काडूंक बोल्सांत पयशे नात. पूण मुंबय शाराची सोबाय हीच – पोटाची भूक आनी परिगतेचो ओत्तड, हरेक विद्या आपशीच शिकयता.

गुरुदास दादर थावन घाटकोपर वेचे  ट्रेनीर चडलो; टिकेट नासतना!

‘शिकपी नागरीक टिकेट नासतना पयण करता!’ मतींत गुन्यांवकारी चिंतप जागें जालें. पूण हांगासर जिणयेन कसलीच विंचोवण दिवंक नासली. हेर उपायूय नासलो.’ खंयच्या धैरान आयिल्लोय?’आन्येका चिंतपान फाटीं सवाल केलें.दोनूय सवालांक जापी नाशिल्ल्यो.जापी सोदची मत खंय गी आसली.

***

थोडे दीस पाशार जाले. कश्टांनी दीस वेताले. सोयऱ्यान पन्नास रुपयांचो नोट दिवन म्हळ्ळें. भिये नाका, हे पावटीं तुका काम मेळटलें.

दिसाचें चडटाव तो रेल्वे स्टेशनार, बाजाराक, चलून वेतालो. विवीध कालेतीच्या लोकांक पळयतालो. तांची भास आयकतालो. लेखाचें जिवीत ताणें सारूंक आसलें. रेल्वे स्टेशनांत खंयच्या प्लॅटफॉर्मांत व्हडलो वडापांव मेळटा तें तो जाणा. एक वडापांवाक एक रुपय, एक केळ्याक पन्नास पयशे. हें ताचें जेवण.उपरांत पोटभर उदक पियेतालो. पयलें पयलें तो घाटकोपरांतल्या एका झुणका भाकर हॉटेलाक वेतालो. एका रुपयाक दोन भाकऱ्यो आनी चण्यापिटाचो दाट सार, एका तरण्या मिरसांगा सवें खातालो. पूण आजकाल तें बंद पडलां. देखून वडापांव आनी केळेंच ताचें जेवण.

एक पावटीं भोंवून तो पिसांतूर जाल्ले मतीक घेवन पोरणी रद्दी विकच्या शॉपांत आसचीं पोरणीं पत्रां वाचता वाचता ताका एका जाग्यार बरयणार जाय म्हळ्ळी जायरात दिसली.वी. टी.चो विळास आसची जायरात ताणें शॉपाच्या भय्या लागीं विचारून घेतलें.

उठाउठीं कुडाक येवन न्हेसून, हातीं फायल घेवन तो रेल्वे स्टेशनाक गेलो.दनपारांशें तो वी.टी. स्टेशनाक पावलो. स्टेशना भायल्या पानवाल्यांच्या दुकानांक विचारून विचारून कसोय तो विळास सोदूंक शकलो. एक झेरॉक्साचें शॉप, कुशीन सुमार धा बारा टायपिश्टां, आनी गुरुदास आतां कोणाक मेळचें म्हण सोदून आसतना, एकलो हळट पिरायेचो दादलो येवन सवाल करी लागलो. गजाल समजतच.

"ही जायरात पोरणी, आमकां येदोळूच  बरयणार मेळ्ळयात. पूण तूं टेंप्ररी काम करताय तर सांग"

"हांव तयार." तक्षण  गुरुदासान जाप दिली.

"बरें. तुका काम समजयतां, तुवें अर्ज्यो, विनंत्यो ऍप्लिकेशनां, वेगवेगळीं फॉर्मां भरच्याक शिकूंक जाय. हें पासपोर्ट फॉर्म, हें शॅर बाजाराचें फॉर्म, म्यूचुवल फंडाक वेगळीं फॉर्मां आसात. इनशूरेन्साचीं फॉर्मां वेगळीं..... तो सांगून वेतालो."

आन्येक गडगडो मारिल्लो अनभोग जालो गुरुदासाक.

'आपूण कितलो बेवकूफ?बरयणार म्हण तकलेर शिंगां घेवन येदोळ म्हणसर आपलोच संवसार रुतां करून मर्जेन जियेवन आशिल्लों. पूण आपल्या संवसारा भायर आज हांव कितलो लाचार आनी कितलो अस्कत' म्हळ्ळें चिंतप गुरुदासाचे मतींत उदेलें.

मुंबय सर्गांत कामांचो बरगल  ना म्हळ्ळें उतर ताणें ल्हानपणार आयकल्लें. पूण फाटल्या दोन अडेज म्हयन्यांनी आपणाक ह्या सर्गांत एक ल्हान काम सयत मेळूंक ना!

बी. ए. शिकिल्ल्या आपणाक बरयणार म्हळ्यार कोण म्हळ्ळें नक्की कळीत आसा. पूण संवसाराचो सर्व लोक बी. ए. शिकपी न्हय पळय! बरयणार म्हळ्यार कोणाक अर्जी बरयतले तर कोणाक रस्त्याचेर बॅनर बरयतले तर आनी कोणाक गाडयांची नंबर प्लेट बरयतले.

पूण गुरुदासान भरवंसो सांडूंक नजो आसलें. तो शून्य नदरेंत रस्त्या देगेंतल्या झोपड्यांनी जियेतल्या लोकांक चोयतालो. पॉश गाडयांनी गिरेस्त लोक आपल्या भुरग्यांक ती झोपडीं दाखोवंक पळयतालो. तीं नागडीं, बुरशीं भुरगीं, हांसतालीं, खेळटालीं, उडकाणां मारतालीं, नाका तोंडार किरमें  गळोवन थोडीं धरणीक पडिल्लें विंचून खातालीं. भोवशा  गिरेस्तां तांच्या भुरग्यांक धरणीर पडिल्लें, चिखोल लागिल्लें खाण खाय नाजो म्हण शिकयतात कोण्णा. तशें पळोवंक गेल्यार झोपड्यांनी जियेतल्यांक सयत जिणयेंत विकल्प नासलो. तांच्या जिवितांत सयत कसलीच विंचोवण दिल्ली ना. तांकांय धुळीचें खाण खाल्यार भलायकेक बाधक म्हळ्ळी प्रज्ञा आसूंक पुरो. पूण उपाय नासलो.

***

इस्कोलाच्या दिसांनी टिचरांनी 'तूं जिणयेंत कितें जावंक आशेताय?' विशयाचेर प्रबंध बरोवंक सांगिल्ल्या दिसांनी, कोण दोतोर जावन दुबळ्या  लोकांची सेवा करता म्हण सांगताले. कोण इंजिनियर जावन देशाच्या विकासाक पाठिंबो दिता म्हण सांगताले.कोण वकील जावन सर्व लोकांक न्याय दिता म्हण सांगताले. ती पिरायूच तसली. जिणयेचें माप समजूंक तांक नाशिल्ली. पूण खरी जिणी सुरू जावची शिकप सोंपतच. गुरुदास जिणयेंत एक बरयणार जावंक आशेल्लो. लीयो टॉलस्ट्रॉय, रबींद्रनाथ टागोरा परीं. पूण हकिकतेंत ताका जिवितान शेवटायिल्लो. उदक नाका वयर येवचे आदीं जागें जावचें बरें म्हळ्ळें चिंतप मतीक येतच, गुरुदासान मेळिल्लें काम करूंक निचेव  केलो.

एका पत्राक विक्री प्रतिनिधी जाय म्हळ्ळी जायरात वाचून संपर्क केल्ल्या गुरुदासाक गॅरंटी मनी' डिपॉसीट करूंक मागतना कितें जाप दिवची म्हळ्ळें समजसतना, अखेरेक

पत्रां घरान घरा वांटचें काम लाभलें. तेंय एजेन्सिचे कुर्पेन. तांणी हाका खंयच्या खंयच्या बिल्डिंगांनी, खंयच्या खंयच्या फ्लॅटांनी पत्रां वांटूंक जाय म्हळ्ळी लिस्ट दिल्ली. तशेंच एक सायकलूय दिल्लें.

मुंबय सर्गांत पयलें काम, सकाळीं साडे चारांक उठून तो स्टेशनाक वचून पत्रां घेवन हाडटालो. पत्रांचें वजें सायकलाचेर बांदून तो घरान घर पत्रां वांटूंक लागलो. सकाळीं पत्रां वांटून जातच ताका आराम. दिसाचें हेर काम नाशिल्लें. अशें पत्रां विकून विकून मदें मदें तो ताचे हातीं आसचीं पत्रां वाचतालो.

एक पावटीं पत्राचेर ऍरो मॅग्ज़िनाच्या रिपोर्टरांक एक ओपन इंटरव्युव आसा म्हळ्ळी जायरात वाचून गुरुदास मन नाशिल्ल्या मनान फायलां घेवन इंटरव्युवाक. वृत्तिपर वातावरणांत ताणें पयले पावटीं मेट दवरचें. आपलो नियमीत वेळ येतच तो इंटरव्यूव कुडाक गेलो. अर्जी दिली. सवलां जापी जाल्यो. फाटल्या थोड्या म्हयन्यांनी पत्रां विकचो अनभोग सोडल्यार गुरुदासाक हेर अनभोग नाशिल्लो. पूण फ्रीलॅन्स खबरेकार जावन ताका कामाक विंचलो.

सुरवातेर ताका थोड्या सीनियर रिपोटर्सां सवें वेगवेगळ्या प्रांताक वचूंक, खबरो तयार करूंक, विश्लेशणां करूंक, समिक्षा चलोवंक, संदर्शनां  घेवंक आसलीं. पयलें पयलें सर्व कामांत एके रितीचें थ्रील जातालें. शारांत मात न्हय, गांवांनी, हळ्ळेंनी, कुग्रामांनी भोंवून वेगवेगळ्या वर्गाच्या लोकां मदें भरसून, तांचे जिणयेक स्पंदन करून बरपां बरोवच्याक आनी येदोळ परयांत कल्पनीक रितीच्या पोट्ट काण्यांक बरोवचे मदें आसचो अगाध फरक आतां गुरुदासाचे मतीक समजूंक लागलें. थंय फकत काणी तर हांगा हरेक जिणी. हरेक वास्तव, हरेक जिवें हरेक गोचर, हरेक प्रॅक्टिकल.

ऍरो मॅग्ज़िनान भारताच्या प्रमूख मॅग्ज़िनाचे पट्टेर नांव दाखल केल्लें.हरेका वर्गाच्या लोकाक आकर्शीत करची शाती मॅग्ज़िनाक आशिल्ली. इंटेलेकच्युवल्सांनी खायस  करचें हरेक साहित्य मॅग्ज़िनार पर्गट करतालें. देशी विदेशी हॅडलायन जावचे तसले काणयांक छापची शाती पत्राची. मॅग्ज़िनानचो तीन उतरांचो ध्येय सुडाळ जावन ऍरो नांवा लागींच वयर वेचो एक ऍरो, तशेंच ऍरो नांवा सकयल दिल्लो? *fast, accurate and high* (तुरंत, बिनचूक आनी ऊंच). भोवशा पत्रिकोद्यमांत आसच्या कोणाकूय ऍरो मॅग्ज़िनाची वाडावळ कळीत नासतना वचूंक ना. आज हें *corporate* संवसारांत मात न्हय, मध्यम लोकां मदें सयत लोका मोगाळ मॅग्ज़ीन. पूण इतलें सर्व आसा तरी एक अपूट सत हेंय जावन आसा, ऍरो पत्राचो प्रमूख इरादो मुनाफो करचो,  दुडू कमोवंचो.

गुरुदास एक हव्यासी बरयणार मात जावन आसलो. देखून तवळ तवळ पत्रिकोद्यमाच्या वेगवेगळ्या सेमिनारांक वेतालो. वेगवेगळीं न्यूस एजेन्सी कश्यो खबरो वांट्टात, कश्यो खबरो करतात... रचतात, आनी दुडवान.... वेशिलायेन ह्या खबरांचेर कशें प्रभाव घालूंक साध्य आसा म्हळ्ळ्याचेर माहेत  घेतली. दिसपट्व्ये जिणयेंत कायदे कानून कशें उपकारतात तशेंच आडखळ हाडटात म्हळ्ळ्याचेर विश्लेशणूय ताणें समजून घेतलें.

वृत्तिपरतेच्या कामांत हळटार गुरुदासाक आपलें काम समजूंक वेळ लागलो ना. ताचें कामाचें पयलें वर्स काबार जालें. ताका रावूंक कूड दिल्लो ताचो सोयरो आतां

काजार जाल्लो. देखून गुरुदासाक साकी नाकांत एक हळटाचें कूड उण्या भाड्याक मेळ्ळें. सगळो दीस तो भायर आसतालो. देखून, हॉटेलांतूच खाण, हॉटेलांतूच पियेवण. फकत नितळाय आनी इल्लो विशेव घेवच्याक मात गुरुदास कुडाक येतालो.

अशें म्हण कांय नक्की दिसपट्टी गुरुदासाक ना.सकाळीं उठून कामाक गेल्यार सांजेर नक्की जावन फाटीं येता म्हण सांगूंक जायना. केन्ना रातीं म्हणसर पयस पयस गेल्लो.थोडे पावटीं थंयच रातपाळी करतालो. थोडे पावटीं पयशिल्या गांवाक गेल्यार रातीं ट्रेनींतूच न्हिदून रात पाशार केल्लीय आसा. पत्रिकोद्यमांत कोणाक शिस्तेची जिणी आसा? “न्हीद, भूक, तान ह्या सर्वाचो हुसको आसतल्यांक पत्रिकोद्यम वोंबवना“ – सहयोगी वाग मरून सांगिल्लीं उतरां खडाखड सत.

पयलें वर्स सोंपतच, गुरुदासाक ॲरो मॅग्जिनाचो पर्मनेंट रिपोटर म्हण घेतिल्लो. ताका आतां भातें चडयिल्लें. कंपनीचे कायदे पाळूंक आशिल्ले. हरेकाचो रेकॉर्ड दवरूंक आसलें. हरेक काम रेकॉर्डार आसतालें तशेंच तांचें मौल्य मापन जातालें.

आतां गुरुदास स्वतंत्र रितीन वेगवेगळ्या प्रांताक वचूंक शकतालो.हिंदी, मराठी, इंग्लीश, कन्नड सवें ताका थोडी गुजराती, थोडी सिंधी, थोडी भोजपुरी सयत येताली. वर्साचे अखेरेक ताच्या कामाचेर माप जातालें *'performance appraisal'* म्हळ्ळ्या निबान. हाचे सवें कामाक भरती जाल्ले येदोळूच सीनियर रिपोर्टर, सहाय्यक संपादक जाल्ले. पूण गुरुदास जसो आसलो तसोच आसा. तेच खाड, खांदार वस्तुरांचें बॅग, तातूंत एक बूक, एक लांब जुब्बो , जुब्ब्याच्या बोल्सांत एक पेन्न, दोळ्यांचेर ओक्ल, हातीं एक पोरणें वॉच, पांयांक कोल्हापुरी चप्पल.

ताचे सीनियर्स हरेका *performance appraisal* आंत ताका साबार सुचनां दितालीं. पूण गुरुदासाचें चिंतप पत्राच्या मुळाव्या चिंतपाक ताळ पडनासलें.

पूण गुरुदास कठीण म्हेनतेचो रिपोर्टर, केन्ना आवर आयलें, वा उजो पेटलो, गांवार गांव लासलो, तेन्ना तो पयलो हाजर आसतालो आनी ही वरदी तयार करतालो. अशें एकेक वर्सां पाशार जावन कशींय पांच स वर्सां काडलीं.

***

“तुजे आदले रेकॉर्ड पळयले हांवें. पूण विशेश रितीन तुजो वावर म्हाका पळोवंक मेळना.” शरण मोटवाणीन आदलीं फायलां वाचून जातच उलोवंक मुखारलें.

“..................”

“तुजे लागीं जिवितांत स्पश्ट रितीचो *motto* ना! म्हाका दिसना तुका ध्यान दिवन काम करूंक तांकता म्हण. तूं शिकपी वर्गाचो व्यक्ती, गाडवा परीं फकत काम करूंक आशेताय वा तुजे जिणयेंत उंचल्या हुद्द्याक पांवचो शेवट आसा?”

“सर, हांव प्रेतन करून आसां”

“हें गी तुजें प्रेतन?... फाटल्या पांच वर्सांचे रेकॉर्ड सांगचे परीं, तुका अजून पासून तुज्या पर्फोर्मेन्साचेर साठा परस चडीत आंक मेळूंक नात.तुका कळीत आसूंक पुरो, तुका

प्रमोशन दिवंक जाय तर उण्यार उणें तीन वर्सां म्हणसर तुका पावणश्यांच्या परस चडीत आंक मेळची गरज आसा.."

"व्हय सर, हांव जाणां"

"ते शिवाय तुका इंपरूव करूंक आमी हरेके रितीन प्रेतन केलां, अवकास दिला. सेमिनारांक तुका धाडला, ट्रेनिंगाक तुका धाडला. तुजे सवें कामाक भरती जाल्ले आज हेर पत्रांनी संपादक जावन आसात, आमचे कंपनींतूय बऱ्या हुद्द्यार आसात. पूण तूं अजून तोच रिपोर्टर जावन आसाय. तुजे जिणयेचो ध्येय कसलो म्हण हांवें विचारूं येता?"

"सर, बरी जिणी जियेवंचोच म्हजे जिणयेचो ध्येय"

"बरें आनी जैतीवंत हांचे मदें फरक तूं समजताय? – मिस्टर गुरुदास. हांव पळय, म्हजे जिणयेचीं हरेक कामां एका शर्ता परीं स्विकार करतां, जिणयेच्या हरेका शर्तांत रिस्क आसा. आमचे जिणयेंत सयत हरेका शर्तांनी दोन रितीचें रिस्क आसा. पयलें *threat* (भिरांत) आनी दुसरें *opportunity* (संद। अवकास). आमी *threat* आशिल्ले हेरांच्या माथ्यार *transfer* करूंक जाय, आनी *oppourtinity* आपणावंक जाय. हेंच जैताचें फॉर्मुला. आज म्हाका पळय. म्हजें चिंतप ऍरो मॅग्ज़िनांत आसा. म्हजो ऍरो सदां वयर वयर वचूंक आशेता. म्हाका हरेकल्यांनी सपनां पळोवंक जाय म्हळ्ळी आशा. हरेकल्यांनी वाडूंक जाय म्हळ्ळी आशा. म्हाका दुबाव जाता तूं म्हज्या मिसांवात चड तेंप बाळशें म्हण."

"सर, भोवशा तुमीं सारकें सांगलें, हांव तुमच्या मिसांवाक जोकतो व्यक्ती न्हय. हांवें कंपेनी थावन जायतें ट्रेनिंग घेतलें. तरी म्हजे मतींत आसच्या मुळाव्या सवालांक जबाब दिवच्याक एकूय ट्रेनिंग शकलीं नात"

"वॉट!? कसलीं तीं मुळावीं सवालां? तुज्या जाग्यार हेर कोणीं आसलीं तर आज खंय पावतीं म्हळ्ळ्याचें लेख केलाय तुवें?"

"सर, हांव लेखाची जिणी जियेवंक आशेना. हांव जाणां, जिणयेंत दोन रितीचे रिस्क आसतात, एकांत भिरांत आसता दुसऱ्यांत अवकास आसता. भिरांत आसचें हेरांच्या माथ्यार घालूंक कित्याक गी म्हजें अंतस्करण मानिना. तशेंच अवकासाक वेंगूंक सयत म्हजें काळीज आयकना. माफ करा, तुमचे वयर वेच्या ऍरो समोर, म्हजे तिंतेराचो ऍरो सकला वाटेन आसा. वयले दिशेन म्हज्यान बरोवंक शक्य ना. कित्याक तातूंत तींत गळना. तेच परीं म्हाका आवर आयिल्ल्या गांवांनी म्हज्या कामाच्याकूय चडीत जावन थंय व्हाळून वेच्या लोकांचे कुमकेक वेची चडीत गरज म्हण भोगता जंय दोंबी गलाटो जाता, थंय म्हाका मसाला रिपोर्टा परस, भाजिल्ल्यांक वखद दिवंक गरज म्हण भोगता. माफ करा सर, म्हजीं सपनां हेरांचीं सपनां पिड्ड्यार करचीं न्हय. म्हाका उंचलो हुद्दो न्हय, उंचलो व्यक्ती जावची मात आशा"

उपरांत कसलेंच उलोवणें तांचे मदें चल्लें ना.

***

सुमार वर्सां उतरल्यांत!

आतां गुरुदास बरयना, पत्रिकोद्यमांत ना, जुब्बोय न्हेसना.ताचें खाड लांब जालां, बोल्सांत तिंतेर ना. फकत झोपड्याच्या भुरग्यांक एकठांय करून शिकयता, तांकां न्हाणयता, तांचे सवें जेवता, तांचे सवें न्हिदता.

हां! सांगूंक विसरलों. ऍरो मॅग्झिनांत तो रिपोर्टर बिलकूल न्हय! ताणें सोडलां वा ताका काडलां तें तुका पुणी कळीत आसतलेंच.

◆◆◆

चारो = भायलें रूप
आजीक = आज म्हणसर/ मेरेन
चडटाव = चड करून, चडावत
बदलावण = बदलणी, बदल
वरदेगार = खबरेकार, बातमीदार
सांबाळ = पगार, पाग
रुता कर = शार्ती पावय
बातमीदार = खबरेकार
हव्यास = छंद
पोळकूरवाद = पोकळवाद, अर्थहीन
अवकास = संद, संधी, संदर्भ
चमक (चम.का) = चल, फुडें वच
रैत = शेतकार, शेतकामत
गादो = शेत
गुडो = दोंगुरली
गयरी = अस्पश्ट
तवळ = त्या वेळा, तेन्ना
कोबू = ऊस
आसक्त = आवड, पसंद
मेतेर = मिसळ
चटुवटिका = कार्यावळ, कार्य
कार्यें = कार्य, कार्यावळ
अनभोग = अनुभव, अणभव
जोगासाण = सांबाळून, जतनायेन
तालेंत = गूण
सांबाळ = पगार, पाग
घडयेन = तुरतान, रोखडेंच
प्रेतन = प्रयत्न, यत्न
वरजी = पावणी, चर्चा, वाद, *bargain*
गूर्त = खुणा, निशाणी
पोकर = खण, खोंड
मायाक = गायब, माया
ओत्तड = चेपण, दांब
कालेत = गूण, लक्षण
हळट (हळ.ट) =मर्यादा, *limit*
येदोळ = आदींच, पयलींच, *already*
तक्षण = रोखडो, वेगींच, तत् + क्षण (त्याच खिणा)
बरगल = दुकळ
किरमें = नाका थावन गळचें उदक, शेंबूड
भोवशा = बहुशा, घडये, कादाचीत
कोण्णा = कोण जाणा हाचें मोटवें रूप
विंचोवण = निवड, वेंच
दुबळो = गरीब
निचेव = निश्चय
मेट = पावल, पांवडो
संदर्शन = मुलाखत, भेट, *interview*
हळ्ळी = खेडेगांव
कुग्राम = गांव
पोट्ट = फटाश्यो, सत नाशिल्ल्यो
खायस = पसंद, आवड
सुडाळ = स्पश्ट, सोंपो
अपूट = निर्मळ, शुद्ध
माहेत = माहिती, म्हायती
वोंबव (वोंब.वा) =पसंद, आवड
जुब्बो = लांब हातांचें शर्ट
सूचन = सुचोवणी, *suggestion*
आवर = हुंवर
वरदी = अहवाल, खबर, वाको, *report*
प्रेतन = प्रयत्न
पावणशीं = पंच्यात्तर, ७५
मिसांव = मिशन, कार्य
बाळशें = बाळक, भुरगें
कुमक = आदार, मजत
दोंबी = दंगो, दंगल, अच्छेव
तिंतेर = पेन, लिखणी/ लेखणी
पुणी = तरी

२०१९ इस्वेंत *The Story Mirror* चेर इंगलीश भासेंत परगट जाल्ल्या *The Appraisal* काणयेची मूळ कोंकणी मटविकाणी भांगार भुंय, अनन्य आनी जाग पत्रांनी परगटल्या

# बांद

शणमुकानंद सभासाल, मुलुंड–

फाटल्या साबार वर्सां उपरांत 'क्लियो नायट' जावची आसली.देखून हजारांनी लोकांची खेट त्या हॉलांत भरिल्ली. माचयेर चडून गांवच्या क्लियोच्या ताळ्यांतली मधुरता आज त्या हॉलांत भरिल्ल्या लोकां सवें, कदेलां, बांक कित्याक वणत सयत भोगताली जावं येता. देखून जेन्ना क्लियो गायतालो, तेन्ना जमिल्लो हरेकलो लोक, चीत दिवन आयकतालो. कोण हांसतालो आनी कोण रडटालो.

अशें पळयल्यार क्लियो तसलो गावपी येदोळ उदेल्लोच ना.जिणयेंत तो कसोय आसूं. पूण माचयेर जेन्ना तो चडटा, लोकांक बांदून घालची सकत ताच्या ताळ्याक आसा म्हणचे साबार आसात.

अडेज वरांची म्यूजिकल नायट जातना वरां साडे इकरा जाल्लीं.

शणमुकानंद हॉल –

आख्ख्या मुंबयंतलें व्हडलें हॉल हे घडये निशब्द जाल्लें. लोकांनी ताळयो पेटोवन, बोबो घालून तांचे हात, ताळे थकिल्ले जावं येता. प्रायोजकांनी ह्या नायटांत खूब कमयलें. एके रितीचें हें रिस्क तरी प्रायोजकांचेर क्लियोचेर आशिल्ली पात्येणी क्लियोन निजाकूय रुजू केल्ली.

सगळे कलाकार उठून वाजंत्रां पॅक करून जेवणा सालाक रिगच्या वेळार वरां साडे बारा उतरल्लीं. क्लियो अजून ताका मेळूंक आयिल्ल्या एकेका अभिमानीक मोगाचो अदेवस मागतालो.

कोण भुरगीं, कोण व्हडां, कोण पिरायेस्तां. सर्वां क्लियोच्या पदांचीं अभिमानी.

वरां देडांक लागीं जावच्या वेळार, आयिल्लो सगळो लोक फाटीं परतल्लो. देखून क्लियो जेवणा सालाक रिगून जेवच्या वेळार ताच्या बँडांत ड्रम खेळटाल्या एकल्यान एक फुलांचो तुरो आनी एक पत्र हाडून क्लियोच्या हातांत दिलें.आयचो दीस क्लियोचो भागी दीस. फाटल्या साबार वर्सां उपरांत असलो दीस परत येवचो.सगळें कूडभर फुलांचो परमळ भरिल्लो. सगळें हॉलभर फुलां, तुरे, बुक्के....

क्लियोन तो बुक्कोय कुशीक दवरून तें कागद उगडलें. तातूंत सोबीत ल्हान अक्षरांनी इतलेंच बरयिल्लें.

मोगा,

हावस फूल कार्यें भोव यशस्वीन चलयिल्ल्याक... तुका काळजांतल्यान अभिनंदन!

तुका मुखामुखीं भेटचें धैर म्हाका नासल्यान पत्रा वरवीं मुखामुखीं जावंक चिंतलें.

तुजे थावन घेतिल्लो वेगळाचार म्हाका भोव म्हारग पडलो म्हण आज तुवें रुजू केलें. तुज्या ताळ्यांत आसची दूख म्हज्या काळजाक अजून धोंसून आसतना हीं उतरां बरोवंक म्हज्याच स्वाभिमानाचें तिंतेर ओतून बरयतां.

हांव तुजो अजून मोग करतां मोगा. तूं म्हाका स्विकारूंक तयार आसल्यार परत तुजे जिणयेंत येवंक रावून आसां. तूं खुशी व्हरताय तर ह्या सकयल्या नंबराक संपर्क कर. तुका परत दोळेभर पळोवंक, तुजे वेंगेंत विशेव घेवंक आशेवंचें.

फकत तुजें,

वियोला

वाचून क्लियोच्या काळजांत कसलींच भोगणां उदेलीं नात.

तो थकिल्लो. कुडींत तशें मतींत.ताका विशेव जाय आशिल्लो. कोणाय लागीं कसलोच प्रस्ताप काडलो ना. आपल्या टॅूपा सवें गाडयेंत बसून तो आपल्या कुडाक फाटीं पावलो.

थकिल्ले कुडीक दुखिल्ले मतीक, ताचें पाशार जाल्लें काल उसतून घालूंक धरलें. नाका नाका म्हळ्यारूय परत परत त्याच वेगळाचाराच्या दुखीचीं कंवचां त्या उगडासान किमचूंक धरलीं.

***

वियोलाची पयली भेट जावच्या वेळार क्लियो पुडपुडीत तरणाटो आनी जोकतो घमंडीय आसलो.

पळोवंक सोबीत दिसचो क्लियो खरोच गोरो जावन, भरती जिवान फुलून राविल्लो. ते भायर अपुरबायेचो ताचो ताळो खंयच्याय चेडवाक काळजांनी ल्हारां हाडोवंक शकतालो. ते भायर जायतीं तरणाटीं चेडवां सयत क्लियोक लव लेटरां दिवन. तींय रगताचीं लव लेटरां दिवन, क्लियोक खरेंच जावन घमंडी केल्लो.

सगळो दीस गिटार, म्यूजीक आनी सिग्रेटी ओडच्या क्लियोची आवय गल्फांत आशिल्ली. एकलोच पूत क्लियो देखून ताका दरबस्त पयशे मेळटालो तरी क्लियोची पिसाय गावची आनी आपलेंच म्हळ्ळो एक संगीत पंगड बांदचीय पिसाय ताका लागिल्ली, त्याच वेळार.

क्लियो गावपी मात न्हय.वाजंत्रां खेळची कला तो अपुरबायेन जाणा आसलो. गिटारा सवें वायोलीन, ड्रम्स, कीबोर्डार खेळुंकूय तो जाणा आसलो. तरी जेन्ना तो गायतालो, ताका हेर कलाकारांची गरज जरूर आसली.

अशें ताचो पंगड घडोवन येवच्या दिसांनी ताका भेटुनूय ताचेर कसलींच भोगणां दाखयतल्यांतल्या वियोलाचेर ताचें घमंडी मन राखून आशिल्लें. कशें पुणी करू ह्या चेडवाक आपलें करून घेवंक जाय म्हळ्ळीं चिंतनां ताचे मतींत उदेवन आयिल्लीं.

वियोला सयत पळोवंक सोबीत जावन संगिताची विशेश ओड आशिल्ली चली. ताका क्लियोचो ताळो भोव पसंद आसलो. देखून क्लियोच्या ट्रूपांत गावंक मन करून तें भरती जाल्लें.

सात तरणाटीं एका ट्रूपांत एका कुटुंबा परीं अभ्यास करतालीं.

आजीक पयली 'क्लियो नायट' सुमार तेवीस वर्सां आदीं जाल्ली. तीय घाटकोपारांतल्या एका ल्हान इस्कोलांत. पूण थंयसर हाजर आशिल्ल्या लोकांनी केल्ली तारीफ म्हळ्यार केदी वरती? घडयेन 'क्लियो' आख्ख्या मुंबयंत फामाद जालो. केन्ना बँड्रा तर केन्ना मजगांव, केन्ना धोबीतलाव आनी केन्ना तारदेव, केन्ना अंधेरी तर केन्ना बोरोवली, केन्ना सांताक्रूज तर केन्ना कुर्ला.

क्लियो घडयेन एक स्टार जालो – संगीत स्टार!!!

क्लियो आनी वियोलाच्या जोड्याक लोकांनी सयत पसंद केलें म्हणटच दिसान दीस वियोलाचें मन क्लियोचेर मालवून आयलें आनी एका दिसा, एका ल्हान चिटीचेर वियोलान क्लियोक इतलेंच बरोवन धाडलें ?

"तुका भेटिल्ले उपरांत म्हजें काळीज चोरी जालां... चोरी जावचे आदीं तातूंत आशिल्लें रुपणें तुजें. देखून तुजे लागीं पुणी तें पावलां गाय?"

वाचून क्लियो कालुबुलो जाल्लो.

उपरांत जायते पावटीं तीं भेटलीं.थोडे पावटीं उगतें तर थोडे पावटीं गुप्तीं...

क्लियोचो घमंड आनी वियोलाचें काळीज दोनूय जिखच्यार आसच्या वेळार. एक दीस वियोलान क्लियोक सुडाळ उतरांनी "हांव तुजो मोग करतां" म्हळेंच.

उपरांतले दीस भोव मधूर जावन वियोलाक भोगले. अशें पळयल्यार एकेका दिसा जशें क्लियो जैताचो मुकूट जोडूंक मुखार मुखार वेतालो, तशेंच वियोला सयत क्लियोक लागीं लागीं येतालें. क्लियो सयत हरेक पावटीं वियोलाक एकेक इनाम दितालो.

केन्ना मोलादीक मुस्तायकी तर केन्ना वॉच.केन्ना मोचे तर केन्ना सूट.तांचे जिणयेचीं रोदां अशींच बऱ्यान घुंवतालीं.

दिसाळ्या पत्रांनी क्लियोची तस्वीर छापून आयली. त्या दिसा वियोलाचे कॉलेजींत सर्वांनी क्लियोची तारीफ केली – वियोला भर्मान क्लियोच्या गळ्यांक वेडो घाली लागलें.

एका दिसा क्लियोन एक मोलादीक वज्राची मुदी इनाम जावन वियोलाक दिली. वियोलान क्लियोक अंरदून वेंग मारली आनी ताका एक उमो दिलो.

वियोला *Business Management* शिकून आसलें. पूण क्लियोक शिकप मतीक रिगनासलें. ते शिवाय हरेका म्हयन्यांत एकेक क्लियो नायट आसताली आनी क्लियोक दुडवान कितेंच उणें नाशिल्लें.

***

थोड्याच वर्सांनी क्लियोची आवय, गांवाक येवच्या एका विमान अपघातांत सरली. देखून क्लियोक आतां वियोलाचो आदार घेवंक पडलोच.

वियोलाचो बापूय शाराचो नांवाडदीक वकील आनी ह्या लग्नाक विरोध आसलो. आपले धुवेक बऱ्या घराण्याची सोयरीक आशिल्ली. चेडो बँकांत डॅप्युटी मॅनेजराच्या हुद्द्यार आसलो. तरी आपले धुवेचे खुशे मुखार ताणेंच खालती मान घाली. क्लियो आनी वियोला दोगांय लग्नांत एकवटलीं. भोव गडदायेचें काजार. दीसभर नाच, गायन आनी खाण पिवण.

हनिमूनाक ऊटी, शिमला, कश्मीर सगळ्यांनी भोंवलीं. आनी सुमार दिसां उपरांत परत क्लियो नायटांत गावंक लागलीं.

एका दिसा अवचीत!

ताका हळटाचो तापसो येवन क्लियोचो ताळो बसलो. तरी सांगात्यांनी धैर दिलें. कित्याक क्लियो शिवाय तांच्या ट्रूपांत बरो गावचो दादलो नाशिल्लो. क्लियोन कितलें प्रेतन केल्यारूय माचयेर ताच्यान बरें गावंक जालेंच ना. नायटाक हाजर आसच्या लोकांची बोब चडली. कोणें फातर मारूंक लागतना, कोणें टोमाटे मारूंक धरलें.सगळी नायट सत्त्यानास.

लोकांनी रागान कदेलां मोडलीं. कोणें बॅनरां पिंजलीं. कोणें मायकां मोडून घालीं आनी कोणें वाजंत्रां फुटोवन घालीं.

प्रायोजकांक कठीण लुकसाण जालें.

हॉलाक जाल्ल्या लुकसाणेक प्रायोजकांकूच भरचें पडलें. क्लियोक कितेंच मेळ्ळें ना. पूण घडयेन ताचें नांव पाड जालेंच!!

क्लियो थटाकलो! जिणयेंत येदोळ पऱ्यांत घडूंक नाशिल्लें आज घडिल्लें. येदोळ पऱ्यांत लोकांचे नदरेंत हिरो आशिल्लो तो घडयेन ज़िरो जाल्लो.

ताची मत पिसांतूर जाली. रातीं न्हिदल्यार ताका न्हीद पडली ना. फकत बोबो घालचो, गाळ्यो दिवच्यो, फातर मारचो लोक मतीच्या पड्द्यांत उबो जालो.

कांय न्हीद पडल्यारूय सपनांत मुखल्यान लोक, फाटल्यान प्रायोजक आपणाचेर शिंपी उडयतात म्हळ्ळे परीं दिसलें.

क्लियोन सोरो पियेवंक धरलो. सकाळींच! आनी सगळो दीस सोऱ्याच्या अमालांत तो आपणाक विसरूंक प्रेतन करी लागलो.

क्लियोचें नांव पाड जाल्ली गजाल पत्रांनी छापून आयली. हर्शिल्लो  होच लोक थुकूंक फाटीं सरलो ना.

***

अशेच साबार दीस पाशार जाले!

क्लियो दिसान दीस देदेस्पोर  जाल्लो.

सगळो दीस आपल्या कुडांत बसून तो सोरो पियेतालो. सारकें खाण ना सारकें न्हेसप नासतना तोंडार खाड वाडोवन आयलें, पळोवंक अस्कत आनी विद्रूप दिसून येतना ताणें भायल्या संवसाराचो संपर्क सोडलो.

पूण वियोला, क्लियोच्या ट्रूपाक सांबाळटालें. तवळ तवळ  अभ्यास करयतालें आनी रातीं थोडे पावटीं उशीर येतालें.

एक दीस क्लियोक सोर्‍याचेरूय कंटाळो आयलो. कुडांत तो सगळो दीस एकसुरो आशिल्लो. देखून सांजेर उठून आपल्या ट्रूपाक मेळून, एके सलवणेंत आमचें सत्त्यानास जावंक नजो म्हण धैर दिवंक मन करून भायर गेलो.

हरशीं प्रॅक्टीस करच्या जाग्याक पावून सर्वांक अजाप करयतां म्हण चिंतून गेल्लो, क्लियो कितें पळयता? सगळे वेदीचेर काळोख आशिल्लो. हळू मेटां काडून मुखार वेतना ताची नदर कोनश्यार आयकूंच्या पुसपुसाचेर चरली. कितें पळयता तो? ताच्या ट्रूपांत ड्रम खेळचो वियोला सवें एकामेका अर्दीं नागडीं जावन एकामेकाचे वेंगेंत आसात.

क्लियोन आयिल्ली गजाल कोणाकूच कळीत नाशिल्ली. पयलोच अर्दो फुटिल्लो क्लियो आतां पुरतो फुटलो.

तो फाटीं आयलो. उपरांत ताणें कोणाय लागीं उलोवचेंय रावयलें. वियोलाचेर ताका कंटाळो आयलो. आपणें इतलो मोग केल्ल्यान असोय घात करचो?

ताचे मतींत मोगाचेर एके रितीचो कंटाळो उदेवन आयलो.

एका दिसा धुवेच्या डायवोर्साचें पेपर घेवन वियोलाचो बापूय घरा आयिल्लो.

“तूं हरामी... तुका मेळिल्ल्या पयल्याच दिसा तुजो अस्तित्व हांव समजल्लों. तरी म्हजे धुवेच्या सळांत  हांव ओगो राविल्लों हराम्या. तुवें ताचें जिवीत सत्त्यानास केलेंय. म्हजे धुवेक अजुनूय बर्‍यो सोयरिको आसात. ताणें तुजे सवें हें यमकोंड भोगचें नाका. तुका कानुना प्रकार शिक्षा दिवंक म्हाका साध्य आसा. जर तर तूं ह्या डायवोर्साक सायन करिना जाशी तर.”

क्लियोन आपली दिश्ट वियोलाचेर घुंवडायतना वियोलान कंटाळ्यान आपलें तोंड घुंवडायलें... इतलेंच!

क्लियोन त्या डायवोर्स पेपरांत सायन घाली.दुसरे घडये वियोलान आपल्या वस्तरांक बांदिल्ली ब्रीफकेस भायर हाडली.क्लियो थंयच उबो रावलो.वेचे आदीं वियोला क्लियो समोर एक घडी रावलें. ब्रीफकेस सकला दवरली आनी क्लियोच्या कानसुलाक एक थापट दिलें. उपरांत ती ब्रीफकेस घेवन फाटीं पळयनासतना सरारां  चल्लेंच.

***

फुडले दीस क्लियोक कठिणायेचे जावंक पावले.

दीस पाशार जाले.हफ्ते जाले, म्हयने जाले आनी वर्सांय जावन आयलीं.ह्या सर्व वर्सांनी क्लियो एके रितीच्या वनवासांतूच उरलो.ताणें गावचें सोडलें. ताच्या गिटाराच्या सरयांचेर धूळ मांडून आयली.

***

फकत सोरो! सोर्‍याक म्हण घरचो एकेक सामान विकूंक धरलो.

मोलादीक वस्तू एकेकूच विकल्यो.

आतां घरांत उरलां... फकत वणटी, धरण, पाखें, थोड्यो जोडी मुस्तायकी, थोडे पोरणे बूक, पत्रां आनी गिटार. भूक, तान, एकसुरपणांत क्लियो इरलो आनी जिरलो. भागून कंगाल जालो.

एक दीस सोरो हाडूंक सयत तांक नासतना उरलो. मतींत येतच गिटाराचेर नदर घाली आनी गिटार पळोवन कंटाळ्ळो. वेळ पाशार करूंक मेळिल्लें पोरणें पत्र... बूक वाची लागलो.

असो थोड्या दिसांचा भुकेन, तानेन सोरो सोडचो पडलो.सोरो हाडूंक तांक नासतना...

मनीस म्हळ्यार कितें? म्हळ्ळो मिस्तेर वाचूंक पडलो.

येतना एकसुरो, वेतना एकसुरो, तर आसतना मेळचो सांगात सर्व मतलबी? आनी ह्या मतलबी सांगाताक एकेका बांदांत वोलावंचें आनी हाकाच संबंद म्हण कोलावंचें !

मनीस एक बावली ह्या संवसारांत. कशीय खेळूंक सकची बावली. हे बावलेक खेळोवंची मत! तर 'मत' जावन आसा सर्व शक्तीवंत एके मनशा बावलेक ताबेंत धरूंक.

ही मत कितली घट.तितलीच बरी ती बावली खेळूंक शकता. पडल्यारूय उठा. अशें पळयल्यार पडचें आनी उडचें जिणयेच्या नाण्याच्यो दोन कुशी.

आमची जिणी आमी मांडून हाडले परीं आसा.हातूंत सूख दूख, बरें वायट भायलें. पूण भितरले मतीचेर प्रभाव घालूंक आमचीं चिंतनां शकतात. बरें चिंतप बरी करणी करूंक प्रचोदीत करता.

क्लियोक वाचून गेल्ले परींच मतीक सुशेग मेळूंक लागलो.

जो सुशेग ताच्या गायनान लुटून व्हेल्लो! आज वाचपान फाटीं हाडून दिल्लो. अशें पळयल्यार हो सुशेग ताणें वगडायिल्लोच ना. ताचे लागींच, ताचे भितरूच आशिल्लो. पूण ताका वळखूंक क्लियो शकलो ना.

पूण आतां अव्यक्त रितीन ताचे भितर कसली तरी सकत ताचे मतीक आदार दिवंक लागली.

ताचो ट्रूप आतां पिड्ड्यार जाल्लो. कोण परगांवाक पाविल्ले.तर कोण आपापले ट्रूप चलयताले. वियोला शाराच्या एका ख्यात इंडसट्रियलिस्टा लागीं काजार जाल्लें म्हण ताणें आयकलें..

इतल्या वर्सांनी कितली बदलावण  जाल्या! क्लियोन सोरोय सोडलो!

लांबायेचीं वर्सां...

ह्या संगिता वरवीं जिणयेंत सगळें जोडिल्ल्या क्लियोन सगळें वगडायिल्लें. आतां क्लियो लागीं तरणाटपण वा चड वेळूय नासलो. तो पिरायेंत चाळिसांक लागीं पाविल्लो. ह्या दिसांनी ताणें अनामीक ट्रूपा लागीं वचून गावचें काम मागूंक धरलें. एका दोगांनी ताका गावंक अवकास  दिलो. चडटाव जावन आतां क्लियो हॉटेलांतल्या ऑर्केश्ट्रांनी गायतालो.

एक दीस प्रायोजकांतल्या एकल्यान क्लियोची वळख जिखून धरली आनी क्लियोन परत वेदीचेर हाडूंक सरबराय केली. पत्रांनी परत क्लियोची तस्वीर पर्गटून येवंक लागली. कंगाल जावन आशिल्ल्या क्लियोक परत हिरो करची सरबराय सगळी त्या प्रायोजकांनी केल्ली.जायतो प्रचार जालो.

लोक वेगींच विसरता!

आज हेडावंचो लोक कोण जाणां फाल्यां.... हात जोडुंकूय पुरो! देखून ही कलाकाराची जिणी फकत एक जुगार! आज वयर आसचो फाल्यां सकला पडटा. पूण हे स्थितीक आपल्या ताब्यांत घेवंक जी कोणाची मत शकता, तो केदींच सलवना!  सकला पडल्यारूय सलवना!! हें एक शर्त!!

पूण क्लियोच्या वांट्याक हें एक व्हडलें शर्त! ताचे जिणयेंत जोडिल्ल्या अनभोगाची परिक्षा!!.

आपणाचेर अभिमान दाखयिल्ल्या प्रायोजकाक वाचोवंची परिक्षा!!

प्रायोजकांनी एक ट्रूप घडलोच. सदांचे परीं गाडयेर तीं क्लियोक घेवन येतालीं आनी प्रॅक्टीस करोवन सांजेर पावयतालीं. अशें अभ्यास भरान चलतालें.

***

सुमार वर्सां उपरांत वियोलान आपलो संपर्क केल्लो तरी क्लियोक कितेंच जाल्लें ना. ह्या वर्सांनी तो जिणयेचीं लेखां शिकिल्लो.

थोड्या दिसांनी ताच्या कुडाक सोदून एकली बायल आयिल्ली. कुडा मुखल्यान आपलें कार रावोवन ती देंवून आयली. वळख धरूंक त्रास जाले नात.

वियोला !!

मुखामुखीं भेटूंक धैर नाशिल्लें आज मुखामुखीं!?

कांय येवें देवें बाकी उरलां गाय? वेचे आदीं पोल्याक थापट दिल्ल्याची माव अजून उरल्या गाय म्हण पारखूंक पुणी येवंक ना मू?

क्लियोचे मतींत एकेक सवालां उदेवन येतना दाराचें कॉल बेलान जांबय काडली. हांवें दार उगतें केलें आनी कोण म्हण पळयनासतना फाटीं घुंवून येवन बसलों. "म्हज्या घरांत कदेलां पोरणीं... बसूंक साध्य तर बसूं येत" क्लियोच्या ताळ्यांतलीं कोडू उतरां भायर आयलींच!

"तूं अजून म्हजेर रागार आसचें कळटा" वियोलान कदेलार हात पुसून, बसतना जाप दिली.

"तुका पियेवंक दिवंक कितेंच म्हजे लागीं ना..."

"म्हाका खावंक वा पियेवंक कितेंच नाका..."

सुमार वेळाचें मौन मोडून क्लियोन सवाल केलें.

"अवचीत म्हजो उगडास? म्हजे थावन कितेंय बाकी आसा?"

"कित्याक तितलेंय दुखयताय म्हाका... हांव म्हजे खुशेन तुका सोडून गेल्लीं न्हय... म्हज्या बापाय..."

"तो खंय आसा? केन्ना येतलो?..." ताचें सवाल मदें कातरून क्लियोन सवाल केलें.

"तो ह्या संवसारांत ना..."

परत सुमार वेळाचें मौन तांचेर राज करी लागलें!

"हांव तुजे पयर आसले नायटाक हाजर आशिल्लीं" वियोलान उचारलें.

"हजारां वयर लोक आसलो" क्लियोची कसलींच भोगणां नाशिल्ली जाप.

"हांव तुका खुद्द भेटूंक आयिल्लीं."

"शंबरांनी लोक भेटिल्लो."

"हांव भेटूंक शकलीं ना."

"हांवें कोणायकूय आडावंक ना."

परत सुमार वेळाचें मौन तांचे मदें पाशार जालें.

"तूं खूब बदल्लाय क्लियो."

"वेळा काळा प्रकार ह्या संवसाराची हर जिवी बदलता..."

"तुज्या काळजांत भोवशा मोगूच ना." वियोलान क्लियोच्या काळजाक दुखोवन ताचो मोग जागोवंक साधन केलें.

"भोवशा म्हजे लागीं काळिजूच ना" क्लियोची जाप.

"तशें कित्याक सांगताय?"

"हांवें सांगतच संवसार बदलना."

"म्हजी चीट मेळ्ळी गी?"

"व्हय!"

"हांव तुका जायतो तेंप रावलीं..."

"...................."

क्लियोचें मौन भोवशा हातेर करून वियोला उठून क्लियो लागीं येवन म्हणालें.

"सत सांगचें तर, म्हजे जिणयेंत हावें केल्ली व्हडली चूक तुजे थावन वेगळाचार घेतिल्ली... क्लियो... म्हाका माफ करशी?तुजे विणें हांव समजलीं तुजें मोल, मोगाचें खरें मोल. हांवें गुन्यांव केलो क्लियो, तुजो सांगात सोडून हांव सलवलीं... आज म्हजे लागीं संवसारी आस्त बदीक सगळें आसुनूय हांव रितींच आसां... म्हाका तुजी बाकीची जिणी दी... ती पुणी हांव म्हजी करून तुजे सवें बऱ्यान जियेवंक प्रेतन करतां." वियोलाच्या दोळ्यांनी उदेल्लीं दुकां, ताच्या पोल्याचेर गळूंक लागलीं.

"आयक वियोला...

मोगाचो खरो अर्थ खंयच्याय लेखांत मेजूंक जावचो ना. ना येदोळ कोणूय शकला, ना फुडें कोणूय शकतलो.

हांव म्हजे जिणयेच्या जैताच्या एकेका पांवड्यार चडटना तुवें सांगात दिलोय, उमे दिलेय, वेंग मारलीय, हावें तुका काणिको दिल्यो, तूं फुल्लेंय, वेळाचे अदींच हांव फुडें पावलों. तूं म्हजे सवें आयलेंय आनी हाका आमी मोग म्हळ्ळो...

जेन्ना एक जड वारें आयलें, म्हाका पुरतें हालोवंक लागलें आनी म्हजेर आसच्या मिजास्केच्या पाख्याक पुरतें कोसळायतना जर म्हजो मोग खरो आशिल्लो तर, आमचो वेगळाचार जातो ना...

मोग केदींच उलय ना, मोग बडाय उलय ना... मोग फकत दिता, आपणाकूच दिता. दीत वेता.आपणाकूच लासता. इतल्या वर्सांनी हांव पुरतो रितो जालों. जिणयेचो एकेक पांवडो लागशिल्यान हांवें जियेवन पळयलें. हावें जियेल्ली जिणी हांवें समजल्ले जिणयेच्याकूय कितलीशी उंचली.

ह्या इतल्या दिसांनी खंयच्याय दिसा तुजेर हांवें गुन्यांव मांडिल्लो ना. तुका त्या दिसा तुका हांवें परक्याचे वेंगेंत पळयलें तरी तुजेर एक सवाल हांवें केलें ना. बगर इतलेंच

चिंतलें... म्हज्या मोगांत कांय उणेपण आसत.

आज..हांव आदली जिणी विसरून नवी जिणी जियेवंक लागलां... परत जैताचीं पावलां चडचे आदीं म्हजे सवें तुका परत मोग उदेलो?

हुत्त! असल्या मोगाक!!"

क्लियो उलोवन वेतालो...

वियोलाचीं उतरां पुरतीं सुकल्लीं.

सुमार वेळाचें मौन परत तांचेर राज करी लागलें...

तितल्यार वियोला उठलें आनी जडायेचीं पावलां घेवन हळटार कुडा थावन भायर वचूंक लागलें.

क्लियोचें काळीज आतां रडूंक लागिल्लें!

◆◆◆

सकत = शक्त, शक्ती
निजाकूय = खर्‍यानीच
कार्यें = कार्य, कार्यावळ
तिंतेर = लेखणी, लिखणी
प्रस्ताप = प्रस्ताव
पुणी = तरी
आजीक = आज मेरेन, आज पर्‍यान
मालव (माल.वा) = लंवड, बागव (बाग.वा)
भर्म = मान, भार
अंरदून = घट धरून
गडद (ग.डद) = दबाजीक
अमाल = बेबदीकाय, नशा
हर्श = वाखाणणी, अभिनंदन, उल्लास
देदेस्पोर = उचांबळ, वळवळ
तवळ = तेन्ना, त्या + वेळा
सळ = राग, हट
सरारां = बेगोबेग
वोलाय = नांव दी
कोलाय = अपमान कर, वायट उलय
बदलावण = बदल
हेडय = चिडय
सलव (सल.वा) = हार
अनभोग = अनुभव, अणभव
येवें देवें = घेवचें दिवचें
भोवशा = घडये, कदाचीत
हातेर = हत्यार, साधन
प्रेतन = प्रयत्न, यत्न
काणीक = भेट वस्तू, इनाम

# जिणये सूत्र

सकाळचीं वरां साडे सात जाल्लींच अलार्माचें घडयाळ जोरान सुस्कारलें तरी सदाशीव आपटेन उठचें मन दाखयलें ना.

थोड्याच वेळान ताच्या हटा मुखार घडयाळान खालती मान घालो आनी आपल्या जांबयेक रावयलें. आपटे बऱ्यान जाणा उठूंक एकेक घडी वेळ केल्ल्याचो परिणाम.

ताच्या दिसाचीं एकेक मिनटां सयत वेवस्थीत!

सकाळीं उठिल्लोच न्हाणयेक रिगून न्हालो ना तर आठ वरांक मुन्सिपाल्टीचें उदक बंद जाता. वेगीं वेगीं न्हावन, खाली आसच्यो बालद्यो, ड्रम्मां, टँकांनी उदक भरून दवरलें तर उण्यार उणें दोन दिसांची उदकाची तकली फोडाफोड ना. मुन्सिपाल्टी उदकाची सयत गॅरंटी ना. आयल्यार आयलें, ना जाल्यार ना.

सकाळींची नितळाय जाल्लीच पेंकटाक तुवालो बांदून कुडाच्या दारार हुमकळची दुदाची पॅकेट हाडून सकाळींची च्या पियेवन कुडा भायर आसच्या इस्त्रीच्या भय्याक बोब घाली जाल्यार इस्त्री केल्लीं वस्तरां हाडून तो तयार जाता. वेगीं वेगीं न्हेसून, णवांची गाडी धरिनासल्यार धा वरांक ऑफिसाक पावचे परीं ना.

थाना थावन दादर पावूंक फास्ट लोकलाचेर पयण करचें तर लगभग अर्दें वर पुरो. पूण कुर्ला फाटकाचेर सदांय पांच धा मिनटां रावता. देखून पावणें वरांत पावता. दुसरें ती ट्रेन थाना थावन सुट्टा देखून गर्दीय इल्ली उणी आसता. डोंबिवली थावन, कल्याण थावन, अंबरनाथ थावन वा कसारा, कर्जत थावन येवच्या ट्रेनींनी चडिल्ले परींच ना.

आपटेचें सगळें काम वेवस्थीत. थाना स्टेशनाक ट्रेन पावता आठ जावन चाळीस मिनटांक. आपटेचे सगळे इश्ट एकाच डब्यांत आसतात. त्या डब्यांत सर्वांची बसका अमानत, थाना वॅस्टाचो बद्रीनाथ आनी विठ्ठल यादव तर कलवाचो गोवर्धन पुजापाठ करची जबाबदारी घेतालो. देखून ताका जनेला देगेची बसका अमानत. ते सिटार कोणेंय बसल्यार जबरदस्तीन तांकां उठयतात हे बोडकीचे पूत. फाटले सिटीर आपटे आनी ताचे हेर सांगाती मुनिया, पकिया, शणमुकानंद, रावडे, गुर्जन, पांडे आनी विकास.बगलेक हनुमानाचे भक्त मेळून पुजापाठ. गाणीं गायतात वा आराबायो दितना हांगा आपटे पंगडाचो मिंडीकोट चालू जातालो.

सगट वेवस्थीत रितीन!

त्या सदांच्या चंडळे ताळाच्या आवाजांत आराबायो दिवच्या लोकां मदें सयत हांची मिंडीकोट रावना. पूण ट्रेन एकेकूच स्टेशनां उतरून, भरती पावणें धांक दादर स्टेशनाक पावताली.

दादर स्टेशना थावन लगभग पांच धा मिनटांच्या रस्त्यार आसा 'आमची मुंबई' साताळें.

सदाशीव आपटे तातूंतलो एकलो सहसंपादक.

आज ताका सकाळीं उठूंक वेळ जावंक कारणूय आसा.आज ऑफिसाक वचनासतना रावूंक ताणें निर्धार केला. कांय अर्दें वर चड न्हीद काडची, उपरांत कशेंय लॉन्ड्रीच्या भय्या लागीं ऑफिसाक फोन करून आपणाक बरें ना म्हण कळोवची येवजण आपटेन घाल्ली सयत. दुसरें कारण, कालचे रातीं बियर बारांत चड वेळ बशिल्ल्याचो परिणाम जावन सकाळींची न्हीद सुटूंक तयार नासली.

तशें म्हण आपटे सदांय पियेवणेकार बेबदो बिलकूल न्हय. अपरूप पियेता, खंय गणपती, खंय युगादी, खंय दिवाळी, खंय क्रिस्मस वा न्यू यराच्या संदर्भांनी मात पियेता.

पूण आतां हो खंयचोय काळ न्हय आसतना पियेवंकूय कारण आसा...

आपटेचो बापूय देसायवाडींत भोव फामाद, 'कंजूसगिरींत'. हाचे विशीं वाडीचो लोक सांगतालो. पिडेंत आसचे आपले बायलेक वखद हाडुंकूय हाणें कंजूसपण केल्ल्याचो परिणाम जावन ताची बायल सरली म्हण. ताचो एकलोच पूत सदाशीव आपटे. आपल्या आज्याच्या काळाचें व्हडलें घर ताणें एकेक कुडां जावन बदलून भाड्याक दिल्लीं. धाकड्या आदीं.

आज बापूय सरला आनी पूत एकसुरोच जियेता ह्या घरांत.

मराठी माध्यमाची कॉलेज सोंपोवन कसोय तो 'आमची मुंबई' पत्रांत कामाक भरती जाल्लो. दिसान दीस मुंबयक येवचो लोक चडिल्ले परींच मुंबयच्या एकेका फूट जाग्याचीं मोलां चडूंक लागलीं. पूण धाकड्या आदल्या भाडोत्रींच्या कानुना प्रकार भाड्याक राविल्ल्या तीन कुटुंबांक धांवडावंकूय साध्य ना. तांचें म्हयन्याचें देडशें रुपयाचें भाडें चडोवंकूय जायनासतना आपटे सलवल्लो.

एकूच वाट उरिल्ली आनी ती जावन आसा... अण्णाक भेटची.

अण्णाचें खरें नांव कोणाकूय कळीत ना. तरी तो तमिळांचो आनी देसायवाडींत रावच्या अण्णाक मानचे साबार. कोणाक तो एलिसांवा वेळार जाय आनी कोणाक पयशे वसुलीक तो जाय आनी कोणाक भाडेकारांक धांवडावंक तो जाय.

ताच्या एकेका कामाक एकेक ऐवज थारायला. कोणाचोय हात कातरूंक वीस हजार. पांय मोडूंक पन्नास हजार. धमकी दिवंक धा हजार तर गोमटी कातरूंक एक लाख. सगट थारायलां अण्णान.

वाडीचो लोक हें जाणां तरी जियेल्ले शिवाय हेर उपाय तांकां ना. ते शिवाय हेरांक बेरटें अन्याय करच्या वर्गाचो अण्णा न्हय, तें सर्वांक कळीत. ते शिवाय ते वाडीच्या लोकांक भायल्या कोणेंय लुटूंक येवचे परीं ना! सर्व अण्णाच्या भियान.

कालचे रातीं अण्णाक बियर बाराक व्हरून भरोवन आपले मतिंतलें सुटावें कुम्सार जाल्लोच आपटेच्या माथ्या वयलें व्हडलें एक वजें सकला दवरिल्ले परीं जाल्लें.

आपटेन एका म्हयन्याची अवधी आनी तेगांय भाडोत्रींक धांवडावंच्याक एकेकले

थावन पंचवीस हजारांच्या लेखार दुडू मागिल्लो आनी आपटे ते दिवंकूय तयार आसलो. तो जाणा, जर आपलें घर विकल्यार, खंयचोय बिल्डर ताका उण्यांत उणें चाळीस पन्नास लाख रुपय तरी दितलो म्हळ्ळें.

***

'आमची मुंबई'चो संपादक वाघळे खरोच एक विद्वान.लंडनांत पत्रिकोद्यमाची सनद घेवन आयिल्ल्या वाघळेन खरेंच जावन ह्या साताळ्यांत नवेपण हाडूंक चिंतिल्लें. मुंबय लोकांक लगती जाल्ली भास, संस्कृती, साहित्य, विचार, समस्से, परिहार, कानून, खबरो, मनोरंजन, भलायकी.. अशें हरेका प्रकारांत नवेपण दिवचें प्रेतन केल्लें.

एकेका विभागाक एकेकलो सहाय्यक, आनी तांचो सहाय्यक सहसंपादक.आपटे तातूंतलो एकलो.

आपटेची जबाबदारी खबरांक जोकती सुदारणी करची आनी पर्गटणेक योग्य जावचे परीं संपादन करचें.

वाघळे फुडल्या म्हयन्याच्या अंकाची तयारी करून आसलो. फुडल्या म्हयन्यांत जागतीक मनशापणाचो दीस *(World Humanity Day)* अंक्याचे तयारी आसच्या संदर्भार वाघळेन आपटेक विचारलें.

"मनशापणाचेर एक प्रमाणीक लेखन तयार करूंक तुज्यान साध्य आसा?"

आपटे अजापलो. ताणें ह्या पत्रा सवें साडे तीन वर्सां थावन काम केलां. तरी विचारात्मक लिखितांक येदोळ बरोवंक शकल्लोच ना.

ताका असले विचार केन्नाय करकरे हाडयताले.

हें मोग, मयपास, हो गरीब, शोषण, ऊंच नीच, समानता म्हळ्ळे शब्द ताका कित्याक वोंबव नाशिल्ले. आतां वाघळेन सांगतना तोंडारूच नाका म्हण कसो म्हणटलो?

"प्रेतन करतां सर" तितलेंच म्हळ्ळें ताणें पूण 'प्रमाणीक लेखन' म्हण वाघळेन आपणाक कित्याक ओत्तू दिल्लो म्हळ्ळें ताच्या गिन्यानाक गेलेंच ना.

पूण थोडे दीस गेल्ले परींच, तो ताच्या संवसारी राटावळींत, तेच ट्रेनींतली मिंडीकोट, आनी वाडीचे गल्लींत क्रिकेट म्हण हें विसरून येतना वाघळेन अचानक ताका मुखामुखीं जातना ताच्या तोंडार उतरां सुकिल्लीं.

"सर.. थोड्या दिसांनी तें तयार जावच्यार आसा" म्हळ्ळी फट मारली.

अशें अचानक आपटेन लायब्रीक वचून बूक विंचून हाडले आनी तकली खर्पून वाची लागलो.

दीस पाशार जाले तरी कितेंच ताच्या खट्ट्याक रिगलें ना.खबरो तर तो जाणा, कशी खबर उपजोवंची, कशें ते खबरेक फोण्ण घालचें हें सर्व तो बऱ्यान जाणा.पूण हें 'मनशापणाचें प्रमाणीक लेखन'... हुत्त ताचीं कर्मां. आपटे मतिंतूच वाघळेक येटी लागलो.

कॉलेजीच्या दिसांनी सयत हाणें शिवाजी, महात्मा गांधी, स्वामी विवेकानंद, दयानंद सरस्वती.... अशें जायत्यांची जिणये कथा वाचल्या. तरी कसलोच परिणाम ताचेर जाल्लो ना. तर आतां गौतम बुद्ध, महावीरांचे जिणयेंत तो कितें शिकतलो?

तरी हटान तो वाचुनूच गेलो. वाचून गेल्ले परींच ताचे मतींत कित्याक अशें? कसो? म्हळ्ळीं एकेक सवालां आपापीं मतीक रिगूंक लागलीं.

"मनीस जितलें संकीर्ण चिंतप चिंत्ता तितले समस्से  ताचे मुखार व्हड व्हड जावन येतात. हें मनशान पळोंवच्या दिश्टीकोणाचो परिणाम. तोच दिश्टीकोण जर मनीस आपणावन संवसाराक पळोवचे नदरेंत विशालता हाडली तर तेच समस्से संकीर्ण जायत वेतात."

कॉलेजींत चलिल्ल्या एका प्रबंध स्पर्ध्यांत भाग घेतना आपटेन बरयिल्लीं उतरां हीं. तरी ह्या उतरांचें खरें मतलब आपले जिणयेक आपटेन जोडुंकूच ना. जितलें बरें करून तो बरयतालो तितलीच उलटी ताची जिणी. बरप आनी जिवीत दोनूय एक म्हळ्ळें केदींच आपटेन चिंतूंक नाशिल्लें.

वाचप्यांक धादोस करूंक कितें जाय तें मात आपटेन बरयलां वा बरयता शिवाय. तें बरप आपले जिणये सवें कितलें प्रमाणीक आसा म्हळ्ळें सवाल केदींच केल्लें ना.

***

परत एक हफ्तो पाशार जाल्लो. हे अवधेंत अण्णान आपटेच्या भाडोत्र्यांक कितें सांगलें कोणाक कळीत? एकलो भाडोत्री येवन आपटे लागीं आपूण घर सोडूंक कबूल आसा म्हणालो.

आपटेचे मतीक इल्लो सुशेग मेळ्ळो.

अशें म्हण आपटे येदोळ म्हणसर जायते बूक वाचतालो तरी ताणें बुकां थावन आशेल्लें वेगळेंच. ताका अक्का महादेवीचे जिणयेचो अर्थ जांव, बसवण्णाच्या विचारांक जांव, विवेकानंदाच्या तत्वां विशीं समजूंक नाका आसलें. तें प्रेतनूय आपटेन केल्लें ना. ताका शिवाजीच्या झुजाच्या काणयांनी, जेंगीस खानाक शिवाजीन धांवडायिल्ले काणयांनी चड आसक्त आनी उरबा. देखून ताणें वाच्चे चडटाव बूक सस्पॅन्स वा थ्रिल्लर काणयांचे बूक.

आतां एकाचफरा ताणें आपल्या चिंतपाची दिशा बदलूंक आशिल्ली..... तात्कालीक तरी.

मनशापणा विशीं कितें बरोवं? मनीस ह्या संवसारांतली वरती रचणा. मनीस बुदवंत, चालाक आनी चिंतूंक शकता, उलोवंक शकता आनी निर्णय घेवंक शकता. देखून मनीस मोनजाती परस ऊंच म्हण आपटेन बरोवंक सुरवात करून जायते दीस पाशार जाल्यात तरी मुखारूंक ताच्यान जाल्लेंच ना.

एके सांजेर कामा थावन येवचे वाटेर खंय गी लावारीस भोंवून आशिल्ली ताची

मत ताच्या घरच्या चालींत थोड्या सुण्या पिलांक दूद दिवच्या एका कोलग्याचेर गेली.ताणें तें पळोवचें पयलें न्हय. पूण आज कित्याक गी भोंवतणीं गेल्ले पारपळ भुरगे हरशेंचे परीं फातर मारून आसतना पुसूर पुसूर करून उलयताले. आदल्या हफ्त्यांतूच तेगां पिलां काडिल्ल्या ह्या कोलग्याचें दूद पियेवचीं चार पिलां पैकीं आतां, तीन कुकुरां तर एक माजराचें पील सयत आसलें. कोलग्यान माजरा पिलाक दूद दिवचें?व्हय! आपटेन आपले दोळे घश्टून सारकें पळयलें. व्हय! माजराचें पील कोलग्याचे बोंब चिंवतना हें कोलगें न्हिदिल्ले कडेच आपली गोमटी फाटीं घुंवडावन चारूय पिलांक एक सारकें लेंवतालें. हें माजराचें पील कोणाचें म्हण कोणें गी विचारतना कोणें गी जाप दिली ... पयर रातीं पियेवन टायट जाल्ल्या मुखल्या घरच्या मांबरेन, चोरी करून दूद पियेवच्या माजराक थंयच मारून लगाड काडलें. पाप ताचें पील उपरांत ह्या कोलग्या सवें जियेतालें.

आपटेची मत चुरूक जाली. ताची मत इल्ली घुसपडली. घरा पावतच न्हावन येवन मेजार बसून तें लेखन बरोवंक लागलो तरी ताचे मतींत साबार रितीचीं चिंतनां उदेवन आयलीं. देवाच्या सगळे रचणे पैकीं मनीस आपणाक आपूण उंचली रचणा म्हण मानता. कित्याक, मनीस चिंतूंक शकता. बरें वायट चिंतूंक शकता... आपलें तशेंच हेरांचें. पूण मोनजाती हें एकूय नेणात.

मनशानूच मनशांक एकामेकाच्या सुवार्था खातीर वेगवेगळे रितीचे वर्ग केल्यात. कोणाक वयले तर कोणाक सकयले. कोण ऊंच तर कोण नीच. हेच परीं मोनजातींक सयत मनशान वेगवेगळे वर्ग केल्यात.कोण सुणीं आनी कोण माजरां... माजरांक घरा भितर रीग तर सुण्यांक घरा भायर.तर तीं जनवारां एकूय नेणात.

आपटेक आज कशें तरी तें लेखन पुरतें बरोवन काडूंक आसलें. देखून ताणें एकेका बुकांत चाळून, तिळून, कशेंय दिसा आदीं बरोवंक धरिल्लें. थोड्या दिसा आदलें आपलें लेखन सुमार वेळान तरी पुरतें केलें. उपरांत तें वाचलें, परत परत तें लेखन वाचलें, व्हय! भोव बरें आसलें तें. ताची मत हांसूंक लागली. संतोसाच्यो हांसो. लेखन बरोवंक शकले तृप्तेच्यो हांसो.

हे उपरांत परत एक दीस पाशार जालो.आज आपटेक मनशपणा विशीं समजूंक एक विचित्र जिणये सूत्र लाभलें. आपणाक प्रेरीत करचे वा केल्ले भोंवतणींचे संगतींनी आपणाक दवरून तुकचें. म्हळ्यार, सकाळींचें दूद हाडच्या भय्याच्या जाग्यार आपणाक एक घडी दवरून चिंतचें. विचित्र जिणये सूत्र तें. वस्तरांक इस्त्री करच्या भय्याच्या जाग्यार आपणाक दवरून चिंतचें. आपटे आतां हांसूंक लागलो. सदांय रातीचें पियेवन बोबो घालच्या मांबरेच्या जाग्यार आपणाक दवरून तुकचें. आपटेक हें सूत्र विचित्र दिसूंक लागलें. हें कसलें पिशें सूत्र गाय? कसलेंच मतलब ह्या सुत्रांत ताका दिसचे परीं नासलें तरी ताची मत चिंतुनूच आसली. अशें चिंतना ताका पयर पळयल्ल्या कोलग्याचो नियाळ येतच, त्या कोलग्याच्या जाग्यार आपणाक दवरून चिंती लागलो... हुत्त! हांव एक मनीस आनी तें कोलगें!

छे!.. पूण ताचे मतींत हें ओपवून  घेतलें ना. तें कोलगें तरी आपलें दूद आपल्या पिलां सवें माजराच्या पिलाक सयत दितना एक समान पळयतना हांव! एक मनीस जावन मनशांक पळोवंची आपली रीत कसली म्हळ्ळें चिंतूंक पडलो.

आपटेची मत आतां कितें गी चिंतच्यार पडली. जर त्या कोलग्यान माजरा पिलाक दूद दिनासतना धांवडायलें तर?

रातचें न्हिदिल्ले कडे ताच्या दोळ्यांक न्हीद बिलकूल लागली ना.ताची मत विचित्र रितीन चिंतूंक लागली. आतां हरेकांत आपणाक दवरून पळोवंक लागलो.आपणाक त्या कोलग्याच्या जाग्यार दवरून, आपल्या भाडोत्रींक आपलें दूद पियेवंच्या एकेका पिलांच्या जाग्यार दवरचें चिंतप खंय थावन गी ताचे मतीक रिगून आयलें. सत सांगचें तर आपटेक आपलें चिंतप त्या जनावरांच्या चिंतपाच्याकूय कीळ  जावन दिसलें. तें एक तोंड येनासचें जनावर तरी आपलेंच दूद दिवंक सुरात  करिना. पूण हांव एक मनीस जावन आपल्या घरांत जियेवच्यांक दगदितां.

वेळाचें रोद एकेक घडी मुखार गेल्ले परींच हें जिणये सूत्र आपटेच्या काळजा मतीक विशेश रितीन खोंकूंक धरतना ताच्यान न्हिदूंक जालेंच ना.

मध्यान रातीं आपटेन उठून दिवो जळयलो. त्या दिव्यांत ताणें एक वात जळयली आनी आपणान साबार दिसांचे म्हेनतेन बरयिल्लें तें अपुरबायेचें लेखन ते वातीच्या उज्याक धरी लागलो.

◆◆◆

| | |
|---|---|
| अमानत = राखीव, अरक्षण | ओत्तू दी = टिका कर, थोमणो मार, उतरांनी धोंगशी |
| आराबाय = बोब, हुवेल | येट = तापय, तापसाणी दी |
| चंडळे ताळा = दोन तरेचीं वाजंत्रां | समस्से = समस्या, प्रस्न, अडचण |
| धाकडो = दशक, दसक | कुकरां = पिलां, पोरां |
| सलव (सल.वा) = हार | चुरूक = सावध, सादूर |
| एलिसांव = वेंचणूक, निवडणूक, चुनाव | संगत = गजाल, विशय, मुद्दो |
| लगती = लागू, लागून आसचें | ओपव (ओप.वा) = कबूल कर, राजी जा |
| प्रेतन = प्रयत्न, यत्न | कीळ = नीच, खाल |
| वोंबव (वोंब.वा) = आवड, पसंद | सुरात = चामटेपण, कंजूसपण |

# मार

हफ्त्या आदीं कोणूय न्हय आशिल्ल्या इकरा वर्सांच्या कुकुराक आतां आख्खो देस वळखाता. सर्व टी.वी. चेर हाचे विशीं तर्क आनी संवाद.

तो कांय मंत्री न्हय, फुडारीय न्हय. देवांक विकचो न्हय वा खंयचोय स्वामी न्हय.

इकरा वर्सांचो भुरगो! गिरेस्तां मदलो बिलकूल न्हय.गरीब भुरगो. आवय बापूय नासतना व्हड जावन येदोळ कसोय जियेल्लो. गांवच्या रस्त्यार कोणाचें गी कार राविल्लें, पळोवंक धांवून आयिल्ल्या भुरग्यां पैकीं तोय एकलो. तातूंतलो सावकार कारा थावन देंवून इल्लें सकला देंवून मुतूंक बशिल्लो. तेन्नाच हे पोकरी भुरगे एकामेका मारून पडटना सावकार मुतून पेंटाचें जीप घालून सरारां फाटीं घुंवतना हेर भुरग्यांनी कुकुराक मारून रडोवन धांविल्ले. सावकाराचे मतीक भुरग्याची बिरमत दिसली. देखून कुकुराक फाटीं मुखार कोणूच नाशिल्ल्यान आपल्या कारार घालून घरा व्हरून गेलो.

हें आजीक कांय तीन चार वर्सां आदीं जाल्लें. पेंटेंत घर आसच्या सावकाराकूय आपल्या घरा चाकर तिगनासले. देखून आतां कांय हो लावारीस चेरको तिगलो तर म्हळ्ळें चिंतप सावकाराचे मतींत.

सावकाराक पेंटे सालांत व्हडलें जोवळेचें दुकान आसलें. ताच्या घरांत ताचीं तीन भुरगीं. दोग पेटे, चार माजरां आनी ताची बायल सोडल्यार कोणूच नाशिल्लीं.एके सकाळीं पांचांक उठून बांयचें उदक ओडून आंगण नितळ करचें, घर जाडून पुसचें, रांदपा कूड नितळ करचें. हांडयो घासचें, पुसचें काम करून जातना वरां णव उतरतालीं. उपरांत कुकुराक कालचें उरिल्लें शीत आनी निस्तें तोंडलावन जेवंक पडटालें.ताणें जेवंक शिता उंडी तोंडाक घालतनाच "वेगीं वेगीं जेव रे?" म्हण धनीण बोबाट मारताली. पयलें पयलें कुकुराक शीत ताळ्याक शिरकतालें. पूण उपरांत संवय जाल्ली.

जेवन जातच वस्तरां उंबळूंक आसतालीं. तीं सुकत घालूंक आसतालीं. वस्तरां सुकत घालून जातना दनपाराचें जेवण तयार जातालें. देखून पयलें तो सावकाराक जेवण व्हरून दितालो. उपरांत इस्कोलाक गेल्ल्या भुरग्यांक जेवण दिवन फाटीं येतना कांय सवाय दोन जातीत. दनपरां कांय इल्ली दाळ आनी शीत मिरसांगे सवें खावन दोन घडी आड पडलो तर दोळ्यांक कांय न्हीद येतनाच "खंय मेलोय रे? फकत खावचें हागचें आनी न्हिदचें इतलेंच काम येवचें तुका" म्हण धनीण मुरयो दिताली. वेगीं वेगीं उठून सुकिल्लीं वस्तरां भितर हाडून, तीं घडी करून कबाटांत दवरून, परतून बांयतलें उदक ओडून आंगणांतल्या फुलां झाडांक ओतून जातना सांजेचीं स जातात. उपरांत सांजेची च्या आनी नाश्तो घेवन पेंटेक गेल्लो, रातीं सावकार आंगड बंद करता पर्यांत थंयच रावून आसतालो. आंगड बंद करचे आदीं झाडून, नितळ करून सावकारा सवें फाटीं घरा

येवन पावतना वरां साडे इकरा. उपरांत पयलें, दोन सुक्यो भाकऱ्यो खावन उपरांत भायर न्हाणयेंत वचून न्हातालो आनी भायल्या सोप्यार न्हिदतालो.

हीच दिसावळ कुकुराची. ताचे सवें दोन पेटे सयत सांगात दिताले. एकलो टॉमी, दुसरो दासू. थोडे पावटीं भुरगीं 'कुरू कुरू कुकुरा' म्हणटना कुकुरा घुसपडल्लोय आसा.

"कितलीं सोबीत नांवां?आपणाचें नांवूय टॉमी आसलें तर?" भुरग्यांनी सदांय कुरू कुरू कुकुरा म्हण चिडायतना कुकुरान मतींत चिंतचें आसलें. पूण आतां कितें करूंक जाता? ताची आवय कशीय मेल्या, बापूय आपणाक धांवडावन दुसरें कोणाक गी घेवन जियेतना आपल्या चार वर्सांचे पिरायेर कुकुरान रस्तो धरिल्लो. रस्त्या थावन शीदा सावकाराच्या घरा पाविल्लो, आजीक तीन चार वर्सां आदीं.

कुकुराक दीस, हफ्ते, म्हयने, वर्स सगट एकूच? लेख ना कोण ताका विचारतलो. ना कोण आयकूंचो. आपली दिसावळ कांय चडुणें जाल्यार पेट्याक बांदच्या चामड्याच्या पाव्यांत  सरसरीत मार खावंक पडटालें. दोगांय, सावकार तशेंच धनीण.

एक पावटीं उदक व्हंवोवन हाडटना जडायेची निसण सकला घाल्ल्याक ताका नागडो करून सरसरीत मारतना ताचे मतींत रिगिल्लें भंय अजून ताचे मतींत आसलें. देखून त्या पाव्याक पळयतना आतांय तो कांपतलो.

पूण हो कुकुरा आतां देसभर फामाद जावंक हीं कारणां बिलकूल न्हय!

थोड्या दिसां पयलें, ह्या घरांत देड वर्सां काम केल्लो मादू आयिल्लो. ताचो पागार बाकी आसा म्हण धनिणे कडे वरजी  करतालो. कुकुरा वस्तरां उंबळटना हें आयकतालो. मादू उलोवन उलोवन आपलो ताळो रडकुरो करून "गरिबांचें दूख तुमचेर भेजनये वचना.. तुमकां हांव बूद शिकयतां.. हांव मंडळीक दूर  दितां.." म्हण गेल्लो. वेचे आदीं ताची बिरमतेची नदर कुकुराचेर वचनासतना गेली ना.

पूण खंयची ती 'मंडळी' म्हळ्ळें कुकुराचे मतीक गेल्लेंच ना.

एक दीस कठीण शेळींत आनी तकली फोडाफोड जावन कुकुराक सकाळीं उठुंकूच जालें ना. धनीण सकाळीं उठून पळयतना रांदपा कूड म्हेळें आसा. घर म्हेळें आसा आनी भायर कुकुरा सुशेगाद न्हिदला. तिणें रागान पेट्याचो पाटो हाडलो आनी न्हिदिल्ल्या कुकुराक सरसरीत मारूंक धरलें. "तुका दिसान दीस चरब चडून येता, तुका जेवण कोण तुजो बापूय दिता? आमकां कामाचीं मेळनात म्हण ह्या नालायकाक ओडून हाडून आयला म्हजो पती. तुका एकूच काम करूंक जाता तर कर. ना तर आत्तांचे आत्तांच घर सोडून निकळ."

सकाळीं फुडेंच मार खावन उठिल्ल्या कुकुराक आयकूंचीं कोणूच नाशिल्लीं त्या घरांत. ताच्या दोळ्यांनी दूक उमाळून आयलें. तरी उठाउठीं वचून नितळाय करूंक लागलो.

पाव्याचें बॅल्ट लागून घडये, ताच्या तरण्या पांयाची कात फुटून रगत येतालें आनी हुलपतालें. फाटीचेरूय कठीण हुलपतालें. बांयतलें उदक ओडून कश्टांनी निसण माथ्यार चडयली. निसणींतलें उदक गळून कुकुराच्या माथ्यार, तोंडार गळून ताच्या दुकां सवें विलीन जावन धरणी वयले धुळीच्या कणांत मेळून घडयेन मायाक  जालीं.

वेगीं वेगीं नितळाय करून दनपारां भुती व्हरतना रडुनूच वेच्या ताका वाटेर मादू मुखामुखीं मेळ्ळो. एकामेका दोगांनी वळख धरून मादून ताका रावयलो आनी कित्याक रडटा म्हळ्ळें समजून घेतलें आनी धैर दी लागलो.

"तूं भियेनाका, तांकां हांव बूद शिकयतां. हांवें मंडळीक दूर दिलां. मंडळीच्यांनी म्हाका आज परत वचून ये म्हण धाडलां. आज म्हाका म्हजो बाकीचो पगार मेळना जाल्यार तांकां शिकयतां बूद" म्हण तो गेलो.

कुकुरा आपल्या कामार पडलो.

उपरांत कितें जालें कळीत ना. तो सांजेर आड पडिल्ल्या एकाचफरां टॉमी आनी दासूच्या जोरान भोंकच्या आवाजान जागो जालो. सुमार धा वीस जण आंगणांत एकठांय जाल्ले. थोडीं बायलां आनी थोडे दादले. दोग तेग कॅमरा घेवन आसले.

तांचे मदें आसच्या मादून एकल्या दादल्याक कुकुराशीं बोट दाखयलें. तो दादलो लागीं येतना कुकुराची नदर तांच्या हातांत कांय पाटो आसा गाय म्हण भियेलो.

पूण ना! तो येवन कुकुराक मोगान पोशेवन उठोवन "भियेनाका! तुका आमी आसांव, सांग तुका कोणें मारलें?" म्हण विचारी लागलो.

"मदामीन" कुकुराच्या तोंडांतलें उतर सुटलें.

दोग कॅमराचे लागीं आयले.

"तूं कितल्या तेंपा थावन काम करून आसाय?"

"...................." कुकुराची जाप नासली.

"तुका कितलो पगार मेळटा?"

"..............." परत कुकुरान मौन पांगुरलें. पूण ताची मत कठीण भियेल्ली. कांय आपणाक घर सोडून वचूंक पडलें तर आपणान खंय वेचें? कितें खावचें? हें चिंतून ताका अवचीत भंय दिसलो.

कॅमराचे मनीस कुकुराच्या आंगार दाटून आयिल्लें रगत आपल्या कॅमरांनी कैद करताले. घरा भितर थावन धनिणेन भायलो लोक पळयतच जनेलां धांपलीं आनी दार बंद करून भितरूच बसली. एका दोगांनी कॅमरा घेवन दार बडयलें तरी तिणें दार उगतें केलेंच ना. पत्रकारांनी तांचींच म्हळ्ळी काणी विणली आनी एकेका पत्रकारान एकेका अर्थान, ती कॅमरांत प्रस्तूत केली.

एकल्यान कुकुराचें शर्ट काडून ताचे फाटीर आसच्या मारांची निशाणी दाखयली. आन्येकल्यान ताची चड्डी निसरायली आनी ताच्या कुल्यांचेर जाल्ल्या मारांची निशाणी कैद केली. तितल्यार हाणें कुकुराक धैर दिवन "भियेनाका, आमी आसांव. आमी तुका बचाव करतांव..चल आमचे संगीं" म्हण व्हेलें.

थोड्याच वेळान तीं पुलीस स्टेशनाक पावलीं.

थोडो वेळ रावतच इन्सपॅक्टराक मेळूंक अवकास मेळ्ळो देखून हीं भितर गेलीं. येदोळचे मंडळीच्यांनी ताका सांगिल्लें. देखून भितर रिगतच इन्सपॅक्टरान सवाल केलें.

"होच गी तो?कितें रे... नांव कितें रे तुजें?"

"कुकुरा"

"तुजे आवय बापायचें नांव?"

"..............." कुकुरा तिशीन हिशीन पळय लागलो.

"कितलो तेंप थावन काम करताय?"

"खूब तेंपा थावन."

"कितलो पगार मेळटा तुका?"

"............."

" कोणें मारलें तुका?"

"मदामीन"

"कित्याक?कांय चोरलें? पोकरीपणां ?"

"ना.... हांव सकाळीं उठूंक नाशिल्लों देखून" कुकुरान सतूच सांगलें.

"कित्याक उठूंक नाय?"

"सकाळ जाल्ली कळूंक ना म्हाका."

"खूब मारलें गी तुका?"

परत कुकुराक ताचे सवें आसच्या दादल्यांनी ताचें शर्ट आनी चड्डी काडून दाखयतना कुकुराक भंय तशीच लजूय दिसली. पूण कितें करतलो तो?

पुलिसांनी ताका थंयच बसयलो आनी मंडळीच्या एका सांद्यान कंपलेंट बरोवन घेतली. उपरांत पुलिसांनी जीप स्टार्ट करून, ते गेले.

पुलीस स्टेशनांतले भायर येतना टि.वी. कारांक कोणें गी खबर दिल्ली देखून ताणीं हांचो रेवड घालो.

"आमच्या देसान आज इतली प्रगती केल्या तरी अजून आमच्या देसांत भुरगीं काम करतात आनी तांचेर अजून जुलूम जायत आसा."

इतलें सांगून कॅमराचे दिवे पालोवन तीं लागीं आयलीं.

कुकुराक आतां मारांच्याकूय चड भिरांत परत आपणाचें वस्तूर काडटात म्हळ्ळी.

टि.वी.वाले मंडळीच्या सांद्यां लागीं उलोवन आसचे परींच परत दिवे जळ्ळे आनी टि.वी.चे कॅमरा कुकुराचेर घाले. ताच्या आंगा वयले घाय परत दाखोवंक परत कुकुराचें शर्ट आनी चड्डी काडलीच.

सकाळीं थावन एक घोंट उदक पियेनासतना, आतां हे टि.वी.च्या उजवाडांत कसलो गी काळोख आपल्या दोळ्यांनी भरून येवन कुकुरा थंयच गळ्ळो.

तक्षण थोड्यांनी ताच्या तोंडार उदक शिंपडायलें. कुकुरा आतां उठून आतां आपणान फाटीं कशें वेचें? गेल्यार मदामीचे मार कशे खावचे म्हण चिंतून ताच्या आंगाची ल्हंव हळटार उबी जावन येताली.

◆◆◆

| | |
|---|---|
| पोकरी = मस्ते | वरजी = पावणी, भासाभास, चर्चा |
| सरारां = बेगीन, वेगीं, ताकतिकेन | दूर = कागाळ, फिर्याद, आरोप |
| आजीक = आज मेरेन, आज पर्यांत | मायाक = गायब, नाच्च |
| पेंट = पेठ, शार, बाजार | अवकास = संद, संधी |
| चेरको = भुरगो, पोर | तिशीन हिशीन= तेवशीन हेवशीन, तेवटेन हेवटेन, थंय हांगा |
| जोवळेचें दुकान = कपड्यांचें दुकान | पोकरीपणां = मस्तेपणां |
| मुसरी = पिरंगप, वोंय वोंय कर | तक्षण = तत् + क्षण, तेच खिणा, रोखडेंच |
| आंगड = दुकान, पसरो | हळटार = हळू, ल्हवू |
| पाटो = पट्टो | |

२००६ इसवेंत तुळु साहित्य अकाडेमीन आसा केल्ल्या साहितीक स्परध्यांत इनाम लाभल्ली मटवीकाणी

# अज्जीकुंज

म्हजे जिणयेक आनी आज्जीकुंजाक लागशिलो संबंद आसा. निगूढ संबंद आनी हो संबंद आनी चड म्हजे जिणयेचो वांटो आनी प्रस्तूत काळ हांचे मदें जरूर जायतो फरक आसा.

ते भुरगेपणाले दीस अजून म्हजे मतींत जिवे जिवे उगडासाक येतात. तें आमचें घर, घरा फाटलो गोरवांचो गोठो, देड एक्री सुवातेची आपल्या पिज्जाच्या काळाची आसत. घरा मुखल्यान चडुणें आठ आळांच्या गुंडायेची बांय. तातूंत बगलेक आसच्या पणसा रुखाचे सावळेक दिसचें काळें उदक. बांयक लागून बेटाचे गादे, गाद्या बगलेक उदक व्हाळचें तोड? आनी त्या तोडांत कितलेशे पावटीं फुलांची दालीं घेवन मासळी धरूंक वचून मार खावंक नात? तितलेंच गी? पयल्या पावसाचेर तोडा थावन गुड्याक चडून येवचो मासळ्यो उबीर धरूंक कितलेशे रातीं गेल्ल्यांव? त्या पावसाचे दीस पिंजकर सातेंघेवन वारें, गडगडो हाका सर्वाक भियेवन जाल्यारूय आमचो खेळ जावंक पुरो, लगोरी वा कुट्टीदोण्णे वा गोळी... सोंपिल्लोच ना.

पिज्जा मेल्ले उपरांत आपल्या घरचें गुरकारपण आज्जा सांबाळटालो. आमचो बाबा येदोळूच आमकां सोडून घाटाक धांविल्लो. आवय थंय हांगा म्हण कत्ते चाकरी करून आमकां जोवळ्यांक कश्टांनी शिकप दिताली. हांव आनी शिनू, दोगांय जोवळीं. सैंबान पोकरी हांव, पूण शिनू समाधानी, शिकपांत, खेळांत चुरूक. ताका पुरतें देवान बरी सोबाय दिल्ली. पूण हांव? शिंबऱ्या ओंटाचो, शिकपांत दाड्डो, पूण हेर संगतींनी मुखार. आमच्या घरांत मनशांच मनशां. आज्जी, आमची अम्मा, तिच्यो भयणी, हांकां सर्वांक आज्जा सांबाळटालो. आनी माम मुंबय थावन म्हयन्या म्हयन्याक टपालार पयसो धाडटालो. दोगांयनी सातवी म्हणसर शिकल्यार पुरो.कशेंय हे पावटीं सातवीक आसात सातवी पास जाल्यार दोगांकूय मुंबय मामा सवें धाडटां म्हण आज्जान उलयिल्लें आयकल्लें म्हाका उगडास आसलो.

पूण मामाक तशें नाका आसलें. दोगूय धावी पऱ्यांत शिकोवं दीत.पूण सातवे क्लाशींत कोण चड आंक हाडटा ताका आपूण मुंबय शाराक भोंवडेक आपोवन व्हरतलों म्हण बरयिल्ले वरवीं आमच्या दोगां मदें एके तरेचो स्पर्धो आरंभ जाल्लो. हें सर्व आटी सोणो म्हयन्यांत घडलें.

आमचो गांव कारकळ थावन मुडला वाटेर लगभग पंदरा मैलांनी मेळटा. आजेकार ताचें नांव.सोबीत गांव. आजेकाराक पडला थावन, मुडला थावन, तेनका थावन, बडगा थावन बस्सां येतालीं. जावंक पुरो दिसाक एक वा दोन म्हळ्ळे परीं. पेंटे सालांत उबें आसचें बस स्टॉप. बस स्टॉपा कुशीचो जयताकाराचो गोळी रूख आनी त्या रूखार, बस्सां नासल्या वेळीं रस्त्याक देंवचे माकड... हें सर्व म्हज्या भुरगेपणाच्या दिसाच्या उगडासाचो एक वांटो.

आजेकार थावन लगभग दोन फरलांगार आमी सदां खेळचें आद्रोट्ट बाक्यार, आनी तेच ग्रांवडार जयताकाराचीं इलेक्ट्रीक वायरां आनी त्या आद्रोट्ट बाक्यार ग्रांवडांत आमचो खेळ.

आज्जा आमचो सदां सांगतालो "हांव पयल्यांच्या काळार बस्सां नासतना बजगोळी कांबळाक चलुनूच वेतालों. चलुनूच येतालों." आतां तरी साठ वर्सां उतरल्लो आज्जा मुजूर कोंब्या काटाक चलुनूच वेतालो, चलुनूच येतालो. आमच्या घरचो कडला कोंबोय आमच्या शेजारा खूब नांवाडीक येदोळूच पंदरा कोंब्यांक ताणें मारिल्लें आनी त्या पंदरा कोंब्यांचेंय मास खेल्लो दाखलो आमचो.

सांजेच्या खेळा उपरांत लागशिल्या काजूच्या पाडींत थावन आमच्या घराक वाट आनी ते वाटेर सदां तो ब्राहमण आनी तें माड्डें... सदांचें जावन गेल्लें. घरा पावलेंच सदांचे पुरपुरे आज्जीचे. आज्जीन उलोवचेंच तशें. सदां पुरपुरचें. तशें म्हण तिकाय आमचेर मोग कांय उणो ना. आमकां सांगाता घेवन सागवळी सोंपिल्ल्या गाद्यांत लायिल्ल्या तेंडलेच्या माटवा लागीं आशिल्लें भाण आनी त्या भाणाक उजो घालून उदक तापयताली. सदां आमची दिश्ट मळबार आसच्या नखेत्रांक मेजच्यार वेताली. हांव शंबर नखेत्रां मेजतना शिनू दोनशीं नखेत्रां मेजतालो.तरी नवीं नवीं नखेत्रां दिसून येतालीं.

आजेकार थावन आंडारचे वाटेर, आंडार थावन लगभग देड फरलांगाचेर उबो आसचो व्हड जैत गुडो अज्जीकुंज. सदां त्या गुड्यार उजो दिसतालो. आज्जी लागीं "तें कितें आज्जी" म्हण विचारिल्ल्या वेळार तिणें सांगिल्लें उगडास आसा. "थंय राक्कोस रावतात आनी आतां तांणीय न्हाणयेक उजो घाला" म्हण जाप दिल्ली आमकां भियेवंक कारण जाल्ली.

राकसां विशीं, पिश्यां विशीं जायतें आमी आज्जी थावन आयकल्लें.तरी अज्जीकुंज आमचे जिणयेंत एक मिस्तेरूच जावन उरिल्लो. शेजारचीं उलयतालीं. त्या गुड्यार वाग आसात, काटी आसात आनी घेंडे आसात, चितळां आसात... आदी. आमकांय एके तरेचें भें दिसतालें तरी एक पावटीं तो गुडो चडूंक जाय म्हळ्ळी उरबाय येताली.

तशें म्हण आज्जी थोडे पावटीं बेश्टें उलयिल्लीय आसा. आमी सदां रजेंनी खोल न्हंयंत उपयेवंक वेतना तिणें सांगिल्लीं उतरां अजुनूय उगडासांत आसात. "थंय न्हंयंत सिसर आसा. वचा, तुमकांय धरून गिळटली. पयर त्या वस्तरां धुंवच्या कुडपाच्या सुण्याक गिळ्ळें खंय." आमकांय ती सिसर पळोवचे उरबेंत खबरे विणें हांव आनी शिनू गेल्ल्यांव. उपयेवन उपयेवन सलवल्यांव. पूण खंयसरूय आमकां सिसरीची झळक मेळल्ली ना. उपरांत त्या खरकव्या वोतांत फाटीं आयल्यांव. वाटेर मेळल्ले पालपणस खाले, वाटेर आशिल्लीं कांरडां खालीं. तरी भूक न्हिंवल्ली ना. घरा येवन पेज जेवतच भूक धांविल्ली आसा.

मुंबय शार आमच्या भुरगेपणाच्या दिसाचें एक व्हड सपन. आपले साबार सांगाती तांच्या सोयऱ्यांनी मुंबय थावन हाडिल्ल्यो वस्तू आमकां दाखयतना आमीय मतींत लेख घालतल्यांव. हे पावटीं आमीय मामा लागीं विचारून मुंबय वचूंक जाय. पूण मामाचें कागद

आयिल्लें वाचून दोगां मदें एके तरेचो स्पर्धो आरंभ जाल्लो. म्हजे मतींत एके तरेचें भें उबजल्लें. कित्याक म्हळ्यार आमच्या दोगां पैकीं खंडीत जावन शिनू ऊंच आसलो. तशें आसतना शिनूक मामान हे पावटीं मुंबय आपोवन व्हरचें म्हजे प्रकार खात्री. सदां इस्कोल सोंपतच पोतें खांदार घालून येतना, कोणूय म्हातारीं दांडो तेंकून चलचें दिसतना आमी भियेतल्यांव. आज्जी केन्नाय बेश्टायताली. "इस्कोला थावन वेगीं येनासल्यार माताऱ्यो येवन भुरग्यांक धरून व्हरतात" एके रितीचें भें मतीक रिगून गेल्लें.

सकाळीं कानांक, माथ्याक आज्जीन घाल्लें नारलाचें तेल सांज जातना पांयांच्या घांटी लागीं पावतालें. आमच्या भुरगेपणाच्या दिसांच्या उगडासाचो प्रमूख वांटो आमचे आज्जीन येदोळूच घेतिल्लो. तेंच सदांचें पोतें आनी तें सातें वोताक म्हण आज्जीन दिवचें. त्या पावसाकूय तेंच सातें, त्या वोताकूय तेंच सातें. आनी ती भुती.ते भुतयेंत सदां एकेक भागाचीं खाणां. आज चुरणाचें निस्तें, फाल्यां केन्याचीं मुटलीं, एक पावटीं तायकुळ्याची चेटणी तर दुसरे पावटीं केंळब्याची चेटणी, एक पावटीं मुटलीं तर आन्येक पावटीं कायदोळी. एक दीस सातोण्या रुखाच्या खोल्यांची पातोळी तर एक दीस हळदी खोल्याच्यो पातोळ्यो.एक दीस मांडस तर दुसरे दीस पेजे सवें मिटांत घाल्लो आंबो. एक दीस भोबळ्याची खीर तर एक दीस मुडो. ल्हानपणार आमी खाल्ली पोळी लेख नाशिल्ली. विशेशपणीं आमचो माम मुंबय थावन आयिल्ल्या वेळार दिसाक एकेका भागाची पोळी. उगडासाक हाडटना तोंडा थावन उदक येतालें.

पूण आज ह्या सर्व पोळ्यांचीं नांवां फकत नांवां जावन मात उरिल्लीं.

आमची सातवे क्लाशीची परिक्षा सोंपून आयिल्ले परींच, माम मुंबय थावन आयिल्लो. म्हजे मतींत कितें गी एके तरेची कावजेणी उबजल्ली. कित्याक म्हळ्यार मामान शिनूक मुंबय व्हरचें आपणाक नाका आसलें.एकूच आमकां दोगांकूय सांगाता व्हर, ना तर दोगांकूय आपोवन व्हरूंक नजो म्हळ्ळीं चिंतनां म्हजीं जावन आसली.पयलो एक हफ्तो मामा सांगाता मजेन खर्चीलो.

मामान सांगिल्लो मुंबयच्यो काणयो म्हज्या काळजांत उदवेग चडयताल्यो. ते मदें हांवें आनी शिनून आमच्या सांगात्यां सवें आज्जीकुंजाक वेचें योजन मांडून हाडलें. त्या योजनाकूय एक कारण आशिल्लें. कुक्केहळ्ळी थावन माधू आयिल्लो. बागेव्या कुडीचो माधू भारीं कारबारी मनीस. पंदरा वीस आळांच्या माडांक घडयेन सर्र करून चडून नारल काडटालो. तितलें मात न्हय. कितलेश्या गूंड बांयांक जाल्यारूय देंवून जायतो वेळ उदकांत बुडून कोणाचो कोळसो, कोणाची बालदी वयर हाडटालो. उदकांत बुडून रावचें मासळे परीं ताका सलीस जावन आसलें.

कोणूय तीर्थट्टी न्हंयक जाळ घालूंक वेतना वा थोटो घालूंक वेतना माधूक आपयताले. कित्याक म्हळ्यार कितलेश्या गुंडयेक देंवून जाल्यारूय मासळ्यो धरच्यांत माधुच्याकूय श्रेश्ट कोणूय नात.ताचें नांव शिकारी करच्यांतूय प्रख्यात. हातीं बंदूक घेवन गेलो तर बारकां, सोंसे, वा कितें तरी मारून हाडिल्ले शिवाय तो रावनासलो. जावंक तो कुक्केहळ्ळी

थावन आयिल्लो जाल्यारूय आज्जीकुंजा गुडो चडची वाट बरी जाणा आसलो. एक बोत्ल काजूचो सोरो दिल्यार कोणा सवेंय तो वेतालो.जांव शिकारी वा मासळी वा आज्जीकुंजा.

आजकाल तो गुडो चडूंक अर्द्या गुड्या मेरेन वाट आसा आनी जायतीं वाहनां आसात.पूण तेन्ना त्या गुड्याच्या मुळाक वेचेंय भें. जायते पावटीं त्या गुड्या थावन देंवून आयिल्लो वाग जायत्या गांयांक धरून खाल्ली खबर येदोळूच सगळो लोक जाणा. त्या गुड्यार चडूंक तर लगभग तीन चार वरांनी मात पावूं येत. उपरांत फाटीं आयिल्ले परीं ना. फाटीं येवंक दुसरोच दीस रावूंक जाय.रान उतरून गुडो चडूंक आसलें.आमकांय त्या गुड्यार चडूंक जाय, राकसांक पळोवंक जाय आनी रानवट मोनजातींक पळोवंक म्हळ्ळो हुरूप चडून आयलो.

हांव, शिनू, माधू, आनी हेर थोडे सांगाती आज्जाक सांगनासतना, मामाक सांगून आज्जीकुंजा भायर सरल्यांव. सकाळीं भायर सरल्यांव, सगळी तयारी केल्ली. माधून हातीं बंदूक आनी ताच्या पोत्यांत काडयां पेट, हातांत एक बोत्ल चिंमणेचें तेल, थोड्यो चिमण्यो आनी थोड्यो चूड घेवन भायर सरल्यांव. एकल्यान सर्वांक पुरो जावचे तितलें खाण घेतिल्लें.वाटेर खंडीत शिकारी जातली म्हळ्ळें चिंतप माधूचें जावन आसलें.

चडुणें अर्द्या वरा भितर आमी सगळीं गुड्याच्या मुळाक पावल्यांव. रानाची वाट धरली. वाट मुखार गेल्ले परींच एकेकल्यांची तोंडा भियान बुडलीं. सुर्याचीं किरणां तेज जाल्यारूय त्या रानांत कळ्ळें ना. आमकां तें रान सोंपोवन गुडो चडूंक आसलो.आनी माधू आमकां समजायतालो. आजेकाराक एक व्हड गुडो मात दिसतालो. त्या गुड्या बगलेचो ल्हान गुडो दिसनासलो. आमी ते दोनूय गुडे चडूंक आसले.रानां मदें सुकण्यांचो विचित्र आवाज अयकतालो. मोनजातींच्यो आवाज नासलो, कित्याक म्हळ्यार आमचो आवाज चड जाल्लो.

लगभग दनपार जातना माधून मदल्या गुड्या लागीं आमकां रावयलें. सर्व भुकेल्लीं आनी तानेल्लीं. सर्वांक त्या गुड्या मदें आशिल्लें एक ल्हान तळें पळोवन अजाप जालें. रानाचे सावळेंत तें उदक थंड जाल्लें.थंड बरफा परीं. सगळीं आमी पयलें तातूंतले उदक पियेल्यांव आनी सगळीं त्या उदकांत नांवन परत गुडो चडूंक आयतीं जाल्यांव.

मुखलें मेट खूब भिरांकूळ जावन आसलें. सांबाळून ते गुडे चडूंक आशिल्ले. पांयांचो पोटर्यो येदोळूच दुखताल्यो. तरी गुडो चडले शिवाय दुसरी वाट नासली. सगळीं एके फाटल्यान एक मेळून कशेंय सांजेच्या पांच वराशें गुडो चडल्यांव. गुडो चडून कितें पळयतांव? सगळो गांव एके मुये परीं दिसतालो. खंय आसा आमचो गांव म्हळ्ळें समजनासलें.माधू आमका दाखयतालो. तितल्यार सर्वांक पांयांची दूख चडील्लीच दिश्ट घाली.सगळ्या पांयांनी एक कीड चाबून आसली उंबूर कितलें प्रयत्न केल्यारूय चाबून आसली कीड पांय सोडिनाशिल्ली. माधून आपल्या पोत्यांतली सुरी काडून एकेक उंबरूक काडचें पडलें.

सगळ्या गांवां मदें उबें आशिल्लें अज्जीकुंजा आनी त्या आज्जीकुंजार रावून थकिल्लीं आमी एकेक सपनां पळयतल्यांव. माधू आमकां समजयतालो कशें मोनजाती

धांवतना फातराक आदळटात आनी तातूंत किटाळां येतात आनी तीं किटाळां ह्या रानांत उजो पेटयतात.

सगळीं मेळून माधू भोंवारीं बसून ताची शिकवण आयकताल्यांव. माधू आमकां ताचो आदलो अनभोग समजायतालो. आमका सर्वांक भूक लागली.सर्व मेळून तें सकाळींचें खाण खावन न्हिदल्यांव. माधू येदोळूच उज्याचें आगटें तयार करून तातूंत चिमणे तेल ओतून उजो पेटयतालो. आनी ते थंडायेक आमी सर्वांनी उज्या भोंवारीं न्हिदूंक आसलें.ते रातीं खंयचीय मोनजात ते गुडे चडिल्ले परीं ना. तरी माधू बंदूक आपले तकले लागीं दवरून आड पडिल्लो.

हांवूय आड पडलो शिनूय आड पडलो.थोडे घडयेन न्हिदेंत घोरे लागले. पूण म्हजे मतींत तेंच मुंबय शार आनी तें शार सोबीत आसा म्हळ्ळें हांव नियाळी लागलों.

सुमार वेळा उपरांत हांवें शिनूक जागयलें. आनी म्हाका हागूंक जाता देखून सांगाता ये म्हण उठयलो. शिनू उठलो. हांव आनी शिनू गुडो देंवूंक लागल्यांव.चंद्राच्या उजवाडाक तो गुडो स्पश्ट दिसतालो जाल्यारूय गुडो देंवचो अपायाचें म्हळ्ळें आमच्या नेणव्या मतींक येदोळूच समजल्लें.

शिनू एका फातरार म्हाका फाट करून बसलो आनी हांव चड्डी काडून बसलों. तितल्यार गुड्या मुळांत काटींचो होर वेचें स्पश्ट दिसतालें.कितें तें म्हळ्ळें समजूंचे आदीं हांवें बोब घाली. आनी त्या बोबेक माधू आनी सगळीं उठलीं.माधू भियान हातांत बंदूक घेवन देंवून आयलो आनी विचारी लागलो “कितें जालें?” हांव कांपतालों. आनी विळाप करतालों. “शिनू पडलो.... आनी सकला पडलो...”

माधून एक घडी म्हाका घट धरून सर्वांक धैर दिलें. आतां आमी कितेंच करचे परीं ना.फांतें जाल्ले परींच आमी शिनूक सोदुंया.माधून म्हाका शिनूक आपोवन हाडिल्ल्याक आनी म्हाका जागय नासल्याक जोर करून सर्वांक परत फाटीं आपोवन व्हरून गेलो. रातीं कोणूय न्हिदलीं नात.सगळीं भियान कांपून रातपाळी केली.

फांतें जाल्ले परींच सुर्यो सदांचो उजवाड घेवन आयलो.माधू सवें आमच्या सर्वांची दिश्ट सकला गेली. शिनूची मुस्तायकी चुरान चूर जावन पडिल्ली. पूण शिनूचे कुडीची झळक नासली. एके भिरांकूळ रातीं शिनूचो आनी म्हजो वेगळाचार जाल्लो.

आमी सगळीं फाटीं आयल्यांव. शिनूक रानवट मोनजातींनी धरून व्हेल्ली खबर एकेका कोनश्याक एकेके रितीन पावली. कोण म्हणटालीं शिनूक वागान खालो. कोण म्हणटालो शिनूक घेंडान व्हेलो. कोण म्हणटालो काटीन शिनूक जिवेशीं मारलो आनी हेरांनी रानवटींनी शिनूक गिळ्ळो.... इत्यादी.

ह्या सर्वां मदें सत खंयचें तें कोणाकूय समजलें ना.हांवूय घरा फाटीं आयलों. म्हजे मुखार आज्जान माधूक जोर केलें. अम्माची बोब आनी आज्जीची बोब आकासाक पाविल्ली. माधू गेल्लोच आज्जाच्या मारांचो शिकारी हांव जालों. मारांक माम नाशिल्लो तर हांवूय मरतो कोण्णा. रजेर आयिल्लो माम म्हाका घेवन मुंबय शाराक व्हरून गेलो.

आनी हांव फाटीं गांवाक आयलों ना. थंयच कामांक भरती जालों. गांवच्या एकल्यान खबर दिल्ली, हांव सातवींत फॅल जाल्लों म्हण. पूण चडीत शिकची उरबा म्हाकाय नासली.

***

पूण आज? आज्जा मरून येदोळूच मातयेक सारें जावन गेलां. आज्जीय आज्जाक फाट करून गेल्या.अम्मा येदोळूच म्हातारी जाल्या.हांव तेच जाग्यार, तेच घरांत आसां.त्याच आज्जीकुंजाक दिश्ट लावन आसां.

सगळीं चिंतनां एके फाटल्यान एक सांखळी परीं म्हज्या उगडासाच्या पड्द्यार येवन वेतालीं. हांवें फांत्याची जोप धांवडावंक आज्जीकुंजा फाटल्यान तिळच्या सुर्याक पळोवन आपली कूस परतीली. आनी मतीक लागिल्लीं सर्व उगडासाचीं खवळां झडून पडलीं. तें अज्जीकुंज, माधू, घेंडा, शिनू, पिंजकर वस्तरां.... पूण ताच्याकूय आदीं हांव हागूंक बशिल्लों आनी म्हाका फाट करून बशिल्लो शिनू... आनी लोटून घालचो हांव.

◆◆◆

पिज्जा = पणजो
आळ = फुट
गुंडाय = खोलाय
बेंट = सुकी भूंय
गादो = शेत
तोड = व्हाळ
ऊब = रेब, गाळ, चिखोल
गुरकारपण = फुडारपण, मुखेलपण
आज्जा = आजो
बाबा = पप्पा, बापूय ह्या अर्थान
कत्ते चाकरी = गाढवा परीं चाकरी
पोकरी = मस्ते
चुरूक = हुशार, चतूर
शिंबर्‍या ओंटांचो = नाक आनी ओंटा मदें कातर आशिल्लो
दाड्डो = बुद्दू
संगत = गजाल
आटी सोणो = राब्बी काळ, कांपणी आदीं
मुडला = उदेंत
पडला = अस्तम, अस्तंत
तेनका = दखीण, दक्षीण
बडगा = उत्तर
पेंट = पेठ, तिंठो
जयताकार = व्हड, विशाल
गोळी रूख = वडाचो रूख

फरलांग = आदीं वाट मापची एक तर. आठ फरलांक एक मैल
नांवाडीक = फामाद, लोका मोगाळ
पाडींत = मळो
सागवळी = शेतकाम, कृषी
गुडो = दोंगुरली, घाट
राक्कोस = राकेस
काटी = रान राडे
सिसर = मानगें
सलव (सल.वा)= शेणचें, हारचें
कावजीण = खंत, हुसको
उदवेग = खंत, हुसको
योजन = येवजण
बागे=ा कुडीचो = बारीक कुडीचो
सलीस = सोंपें
थोटो = सुरींग, *dynamite*
बारकां = रान सोंसे
भें = भंय, भिरांत
येदोळूच = आदींच, पयलेंच
पोटरी = पोंवठ, *calves of feet*
उंबूर = जळू, कानेट
अनभोग = अनुभव, अणभव
अपाय = भिरांकूळ
कोण्णा = "कोण जाणा" हाचें मोटवें रूप
जोप = खंत, चिंता

# शनी

"ट्र्र्र...."

म्हजे बायलेन आपल्या मधूर ताळ्यान लांबायेचो बांग सुरू केल्लोच म्हाका वेंगिल्ली निद्रेदेवी एकाच फरा म्हाका सोडून धांवली. हरशींच्याकूय चड क्रूर आनी लांब जावन आसली ती बोब.

फाटल्या चडुणे चाळीस दिसांनी हो बांदपास नाशिल्लो. चाळीस दिसांची रजा काबार करून आपल्या कुडाक कालूच रातीं पाविल्लों. परत तेंच कूड, तीच खाट, तीच गजडी आनी तीच बायल. म्हजें अलार्माचें घडयाळ.

दोळे घश्टून एक पावटीं, गाद्यांतलो  हफ्त्या आदलो सरमूण  पालोवन तातूंलो धुंवर येवचे परीं म्हजी बायल म्हजेर आपली गिदाळ नदर घालताली.

आयच्यान आपणाक हें सदांचें, उठचें, तोंड धुवचें, खाड मिशयो काडच्यो, दांत घांसचें, भायर वचून डॅयरी थावन दूद हाडचें, च्या करची, कुडाच्या दारार हुमकळच्या फुलांचो काट हाडून आल्तारीक घालचो, आनी पेपराचेर एकोडी दिश्ट घालून सदांची तयारी. हें सर्व करूंक एके मतीची गरज नासली. फाटल्या साबार वर्सां थावन हें यांत्रीक रितीन घडून आसा म्हजे जिणयेंत.

हांव व्हकले सवें रोसाक बसूंक सुडसुडच्या धेडयां परीं सुडसुडायेन न्हाणयेक रिगलों.लांबायेची एक जांबय काडून. न्हाणये भितर बागोवन पोट फाटीक लागिल्ल्या हाडकुटें जाल्ल्या कोलग्याचो पानो ताच्या पिलांनी चिंवचे परीं, भागिल्ल्या आपल्या टूथपॅस्टक पिळूंक लागलों. ब्रश तोंडार घालून, हळटार  आपलें सदांचें एफ. एम म्यूजीक चालू करून कशीय न्हाण सोंपयली.

सुर्याचीं किरणां येदोळूच व्हकल जाल्ल्या आपल्या कुडा भितर सोयर्यां परीं आयतीं जावन आपणाक रावतालीं. आपली दिश्ट कुडा भितर हांवें घुंवडायली. दांडयेचेर यदोळूच चिड्डून मुड्डून पडिल्लीं आपलीं म्हेळीं वस्तरां करेज्मांत कुम्सार जावंक तयार राविल्ल्या पातक्यां परीं रावतालीं, नितळ जावंक. आन्येके कुशीन सुक्या ताव्या परीं सुकून रावचीं वस्तरां, बिछाण्यार नवे व्हकलेन पयली रात पाशार करून उठ्ठना दिसच्या केंसां परीं आपलें बिछाणें, आपणाक नितळ दवरूंक उलो दितालीं.

खंयचेंय सारकें दवरूंक वेचे पयलें भायर वचूंक डॅरींत दूद हाडचें आनी च्या पियेवचें अवश्य म्हण भोगलें. वेगीं वेगीं न्हेसून, येदोळूच अर्दें उगतें आशिल्लें जनेल सगळें उगतें करून, हांव कुडाचें दार उगतें करी लागलों, तितलेंच!

भायर दाराच्या हुंबरार न्हिदून आसलें एक माजर 'म्यांव' करून उठलें. छे! सकाळीं फुडें माजर? तेंय काळें माजर? देवा म्हज्या! असल्या माजराक आपणान येदोळ पळयल्लें ना. एकदम काळें आनी लांब ल्हंवांचें माजर, दाटें मोटें माजर. गुड्यार  आशिल्ल्या पणसा रुखार आशिल्ल्या एकसुर्या दाव्या मोव्या पणसा परीं ताचें पोट. तांबडे दोळे आपणाकूच घडीभर पळय लागलें. कसलो ताळो हाबा हो? माजर आपणाक पळोवन धांवची तयारी

करतना हांवें कांपचे म्हजे पांय धरणीक मारून आवाज केलो. माजर धांवलें. म्हजो भंय इल्लो न्हिंवलो सध्याक.

दूद हाडून फाटीं येतना 'काळें माजर' परत उगडासाक आयलें. सकाळीं फुडें आपणें माजराक पळयलें. तर आयचो दीस खंडीत आपणाक शनी हांवें मतिंतूच लेख घालें.

दूद घेवन फाटीं दारा लागीं पावतना, चाळीस दिसा आदली फुलांची पॅकेट सुकोवन म्हाका रावताली. पेपर आज येवंक नासलें. हांवें कोडा भितर येवन दार धांपलें.

कुजनाक रिगतना कुजनांतूय तीच अवस्था. एके कुशीन धुळींत बुडिल्ल्यो बशयो, आन्येके कुशीन ग्लास.

च्या करूंक हांवें उदक काडून तातूंत च्याये पिटो घालून गॅस पेटोवंक लागलों. पूण गॅस पेटलो ना. छे! रजेर वेचे आदीं सोंपोवन आयिल्ल्या ग्यासाक थंयच सोडून आपणान गेल्लो उगडास आयलो. 'हें सर्व त्या माजरा वरवीं' हांव आपलेस्तकीं पुरपुरलों.आतां दूद हून करिना जाल्यार तें सांजेर पाड जाता. उडोवंक पोटाक उजो येता. देखून तें शेळेंच दूद पियेवन हरशींच्याकूय धा मिनटां वेगींच आयतो जालों.आनिकूय शनी नाका आशिल्लो म्हाका. वरां चडुणें पावणें णव. भरती णवांक बस्स येता आनी बसस्टॉप आपल्या कुडा मुखल्यानूच आसा तरी आपूण वेगींच स्टॉपार पावलों.

एक दोन वळखीचीं तोंडां म्हाका पळोवन हांसलीं. कित्याक गी तांच्यो हांसोय म्हाका पुनवेचे रातच्या चंद्राचो उगडास हाडी लागलो. रावलों.. रावलों.. हरशींच्याकूय बस्स धा मिनटां वेळ करून आयलें. हांव ओगो रावलों.

म्हजे लागीं दुसरी वाटूय नासली.

हांव बशींत चडलों.देवा म्हज्या, राख तूं म्हाका आज कितें सर्व घडूंक आसा तें हांव नेणां.

काळजांत हजार मुसळांनी मारिल्लो अनभोग जातालो. हाकाय कारण आसलें. हांवें तीस दिसांची रजा घेतिल्ली आनी पयले पावटीं चाळीस दीस करून फाटीं येवचें आनी आजूच हें घडूंक जाय गी?

सकाळीं फुडें तें पनवती माजर? दळदीर माजर? छे... हांव चिंतुनूच गेलों.

तीस दिसांची रजा, चाळीस दीस सोंपोवन आयचो पयलो कामाचो दीस. परतून धा पंदरां मिनटां वेळ जालो. पूण खासगी कंपनींत काम करतल्या म्हाका कोण समजतलीं? म्हज्या बॉसाक कशें समजोवं हांव? घरा हांवें माजर पळयलें आनी... सगळें विवरून सांगल्यार तो म्हज्या कानसुलार वाजोवंक आसा.. हांव चिंतुनूच पडलों.

कशेंय बस्स ऑफिसा लागीं पावलें. वॉच पळयलें. भरती सतरा मिनटां उशीर. वेगीं वेगीं हांव आमसरान ऑफिसाक रिगलों. पळयतना बॉस येवंक ना म्हळ्ळें आमच्या क्लार्कान भायर रावून धुंवर सोडचें पळयतना कळ्ळें. कुडींत इल्लें धैर भरलें आनी आपली कूड नीट करून ऑफिसाक रिगलों.

बॉसाच्या कॅबिना भायर ताची सेक्रेटरी सोफी बसता. सोफीचे मुखल्या मेजार म्हजी बसका. हांव बसलोंच कोल्या परीं सोफीचेर दिश्ट घाली. तें येदोळूच फोनार पुसपुसतालें.

आनी आपली दिश्ट म्हजेर घालून पळयतालें.

हांव भितरले भितरूच कांपलों.

भोवशा तें म्हजे विशीं बॉसा लागीं उलयता आसूं येत, आनी बॉस भोवशा म्हजे विशीं ताचे लागीं विचारता जायत. हांव आयलां गी? कितल्या वेळार आयलां?.. आनी सोफी भोवशा सांगता जायत ''आत्तां आयलो..लेट आयलो..''.. छे! येदोळ म्हणसर आपणान केन्नाय हरशींच्याकूय चडीत रजा काडिल्ली ना. पूण हेच पावटीं कडची? हांव चिंतून पडलों.

म्हज्या मेजाचेर एकूच वस्त हांवें दवरिल्ल्या जाग्यार नाशिल्ली. कोणें उसतून घाल्लीं. ड्रॉवरांत सगळ्यो वस्तू बाजारांतल्या मासळ्यां परीं रास पडिल्ल्यो. तितल्यार सोफी मुखार उबें जालेंच! तोंडा भितरलीं मोतयां दाखयत उलय लागलें वॅल्कम बॅक, कितें लांब रजा काडलीय? कांय गूड न्यूस..??"

हांवें म्हजो ताळो सडील केलो "थँकयू..बॉस ना गी?"

ऍन्व

"ओ... सांगिल्ले परीं उगडास आयलो.. बॉस दिल्ली गेला, भोवशा आज येतलो. तूं येदोळ येत म्हण चिंतून जावं येत, तुका बॉसान कितें गी एका ऍन्वलपांत घालून दिलां.. धर हें ऍन्वलप.." तें उलोवन, आपल्या ड्रॉवरांतलें एक ऍन्वलप ताणें हाडून दिलें.

म्हाका आतां सकाळीं पळयिल्लें माजर उगडासाक आयलें आनी तें ऍन्वलप घेतना म्हजे हात आतां कांपूंक लागले. 'हें कितें?' म्हण विचारचें धैर म्हजे लागीं नासलें. हरशींचे परीं जाल्लें तर हें ऍन्वलप उगडून वाचतों कोण्णा .पूण आयच्या दिसा म्हजे समोर येवंक आसच्या शनी थावन राखून व्हर देवा मतींत देवाचो नियाळ केलो.

सकाळीं च्या सयत पियेनासतना आयिल्ले वरवीं पोटांत किडे उचांबळ जावन आवाज करताले. उठून भायर वचून कँटीनांत च्या पियेवंक मन जालें तरी कांय त्याच वेळार बॉस येत तर?परतून आन्येक शनी नाका म्हण ओगो बसलों.

ते कंपनीचो प्रमूख गुमास्त  हांव जाल्ले वरवीं तितले सलिसायेन  कामांतलो काडचो ना ... म्हजो बॉस म्हळ्ळी पात्येणी आशिल्ली तरी आयच्या दिसा कितेंय घडूंक साध्य आसा म्हण गमलें.

घडयाळाचो कांटो कितेंच फिकीर नासतना मुखार वेतालो. एक घडी तें कागद फोडून वाचुंया म्हळ्ळी ताळणीं आयली पूण दुसरे घडये मतींत 'आज नाका' म्हण आन्येक ताळो जागवण दितालो.

एकेकलेच सांगाती उठून भायर वचून धुंवर सोडटाले.हो दफ्तर म्हजे जिणयेचो एक वांटोच जाला. हेंच कूड, हेंच मेज, कदेल, होच पंखो फाटल्या साबार वर्सां थावन 'आपलें' म्हळ्ळें चिंतप दिता. सांगाती थोडे नवे थोडे पोरणें, एकेके जातीचे, एकेके कातीचे, एकेका चिंतनांचे, एकेका मताचे.

सदांचे परीं जुस्त साडे धा वरांक पियून बालू च्या हाडून आयलो. हांव ताकाच रावतालों म्हळ्ळे जिनसी वेगीं वेगीं हून च्या पियेवन घडयेन ग्लास खाली केलो.

मुखल्या मेजार बशिल्लो महानंता घडयेन बालूचेर शिणलो "तुका कितले पावटीं सांगलां वेगीं च्या हाड म्हण. पूण सदां तुवें च्या हाडटना वेळ." बालू आपणाक उद्देशून सांगिल्लें न्हय म्हळ्ळ्या जिनसार शीदा गेलो, आपले कान सयत हालय नासतना.

महानंता बॉसाचो खास मनीस. साबार पावटीं बॉस आपणा सवें महानंताक आपल्या मिटिंगांक, कॉनफरेन्सांक आपोवन व्हरतालो. तितलेंच न्हय. ऑफिसांत बॉस नाशिल्ल्या वेळार कितें घडटा ताचो विवर सगळो महानंता बॉसाक दिता.आनी तो बॉसाचो चमचो म्हळ्ळें हांवेंय आयकलां.

"आजकाल कोणाकूय काम सांगल्ले परीं ना हाबा" महानंता म्हजे लागीं पुसपुसलो, हांवेंय कृतक हांसो दिवन ताच्या उतरांचेर वजन घालें. ऑफिसांतूय कोण एकलो फोनार हुमकळटालो. कोण एकलो इंटरनेटार लोळटालो, आनी कोण एकलो पेपरांत तिळटाळो. मुखल्या पानांनी खबर व्हडल्या अक्षरांनी छापून आयिल्ली. शेजारच्या गांवांत आयिल्ल्या आवराची खबर! साबार घरां कोसळल्लीं आनी जायते रूख परताल्ले. हांवेंय पयस थावन एकोडी नदर दिसाळ्याचेर चरयली. सर्व व्हाळून वेच्यो तस्विरो आशिल्ल्यो. मतींत एक सवाल उदेलें "सर्व व्हड रूख त्या आवराक परताल्यात, पूण ल्हा ल्हान अस्कत झाडां कित्याक परतूंक नात?"

महानंता म्हजे लागीं येवन कितें गी पुसपुसलो. आतां ताची खबर कितें गी विंगड आशिल्ली. म्हजे कानूय आतुरायेन नीट जाले. "तुका कळीत आसा गी सोफीक नवो बॉयफ्रँड मेळ्ळा?"

महानंता आनी सोफी जायते पावटीं पिक्चराक गेल्ली गजाल हांव जाणा आसलों. महानंता दुसरे दीस येवन केन्नाय ऑफिसांत बडाय उलयतालो. आमी हें पिक्चर पळयलें.. तें पिक्चर पळयलें. आमी हांगा भोंवल्यांव.. थंय गेल्यांव...

भोवशा फाटल्या थोड्या हफ्त्यां थावन ह्या फट्टींगाच्या कर्तुबांनी सोफी कंटाळ्ळां जावं येत म्हण हांवें म्हचे मतिंतूच लेख घालें.

आज कितें गी काम करूंक उरबा आयली ना.

अशेंच खबरांनी बुडटना, बॉसाच्या कुडा थावन सोफी फायलां घेवन भायर आयलें. महानंता उठून सोफी कडे शेले करी लागलो. एके घडये म्हाका तो अमीबा परीं दिसलो. कशें अमीबा घडयेन आपलो आकार बदलता तशेंच होय! भोवशा जैताचें सूत्र हेंच गाय? मनीस खंयचे घडये, कसो, केन्ना, खंय, कित्याक बदलता?.. एके फाटल्यान हजार सवालां उदेलीं घडयेन. वेळाचीं रोदां फुडें वेगान सरतालीं. वरां भरती बारा जातना दुसरे पावटीं च्या घेवन हे पावटीं बालूच्या बदलाक चाचा आयलो. सगळ्यांच्या मोगाचो म्हालगडो चाचा. चाचान महानंताक च्या दितना ताच्या तोंडाचो चारो बदल्लो आनी हात मातशे कांपले. महानंता चाचाकूय बोबाटलो.

"चाचा आयच्यान तूंच च्या हाड... त्या बेकूफ बालूक धाडी नाका"

चाचा बेश्टेंच "जायत" म्हळ्ळ्या जिनसार तकली हालोवन वेतना म्हजे मतींत आन्येक सवाल उदेलें "खालतेपण आनी भंय विविंगड. पूण कित्याक मनीस ह्या दोनां मदलो तफावत समजूंक चुकता?"

तेन्नाच थोड्या घडयां आदल्या आपले मतीच्या सवालाक जाप झळकली. 'झाडां आवरांत व्हाळून वचनात, कित्याक म्हळ्यार तांकां बागोवंक कळीत आसा. पूण रुखांक बागोवंक कळीत ना.'

कशें बालू आनी चाचा मदें फरक आसले परीं, महानंतान तशें व्हड ताळ्यान बोबाटिल्लें ताचे सभ्यताचेर सवाल करतालें. 'मनशाची सभ्यताय भायल्या लोकांक खंय म्हणसर फटयता हांचेर आदारून आसता.'

हांव चिंतुनूच गेलों.आपलो आयचो दीस एक बऱ्यान पाशार जाल्यार पुरो देवा म्हण मतींत देवाक उलो मारी लागलों. तरी मतींत त्या कागदा विशीं एके तरेचो कांप आशिल्लो.

असोच दनपार उतरलो आनी सांज जावन आयली.सगळीं वेचे तयारेन बुडलीं. सगळ्यां सवें हांवूय...

तितल्यार!!

शनी शनी म्हळ्ळे परीं बॉस आयलोच. हाकाय दळदिऱ्याक आतांच वेळ मेळ्ळो गी? हांवूय मती भितरूच चिंतून पडलों.

घडयेन म्हजे मतिंतल्या पड्ड्याचेर तेंच सकाळींचे माजर पाशार जालें आनी म्हजी कूड बारीक कांपली. आपल्या बोल्सांत दोडून दवरिल्लें कागद सयत कांपताशें भोगलें. काळजाचे धडधडे आनिकूय चडले. हांवें घडयाळ चोयलें. आनिकूय वीस मिनटां आसात. तितल्यार सोफीक इंटरकॉमांत बॉसान कितें गी सांगलें. सोफी म्हाका सांगा लागलें "तुका बॉस आपयता".

हांव कांपची म्हजी कूड घेवन बॉसाच्या कुडाक रिगलों "सॉरी सर..हे पावटीं हांवें ऍप्लाय केल्ल्याच्याकूय चड रजा काडली, आनी धा दीस वेळ करून आजूच ऑफिसाक आयलों" हांवेंच उलोवण्याची सुरवात केली.

"मिस्टर सुवारीस, तर तुवें तो मॅमो वाचूंक नाय?" ताणें म्हज्या बोल्सांत आसच्या ऍन्वलपाचेर दिश्ट घालून विचारलें.

"ना.." हांवें शिंपी गिळून जाप दिली.

"बरें.. तर आज हांवूय इल्लो व्यस्थ आसां. तो मॅमो वाच आनी पुरती तयारी करून फाल्यां ये.. फाल्यां उलोवंया".

कित्याक गी बॉसाचो ताळो म्हाका पसंद जालो ना. पूण दुसरें कितेंच उलोवंक अवकास दिवचे पयलें ताणें एका हातांत परत फोन उखल्लो आनी हांव दारा तेवशीं मेटां काडी लागलों.

भायर येतना कपलार उदेल्लो घाम वेगीं वेगीं हांव पुशी लागलों. सायबा, देवा ह्या संवसाराक तुवें रचतना कसले रचणेक तुवें रचलांय देवा? ह्या दळदीर माजराक कित्याक रचलेंय?आनी माजराक पळोवन म्हजो सगळो दीस, भोवशा सगळी जिणी सत्त्यानास जाली. येदोळ म्हाका लाभूंक नाशिल्लो मॅमो आज म्हाका मेळ्ळो.

कशेंय ऑफीस सोंपोवन हांव म्हज्या कुडा तेवशीन वचूंक बशींत चडलों. काळजाचे धडधडे कशेय मातशे रावले. कितेंय जावं, आज वा फाल्यां वाच्चें हांवेंच. देखून हांवें काळीज घट करून, आतांच तें कागद वाच्चें मन केलें. बशींत बशिल्ले कडेच तें ऍन्वलप उकतें केलें.

म्हाका खरेंच अजाप रावून आसलें.

म्हाका बॉसान कंपनीचो एसिस्टंत जनरल मॅनेजर जावन प्रोमोशन दिल्लें. ताचे सवें म्हजो पगारूय चडयिल्लो आनी कंपनीच्या लेखाचें घरूय दिल्लें. हांव म्हजे दोळे परत घश्टून वाचूंक लागलों... दोन तीन पावटीं वाचतना म्हाका हळटाची पातयेणी आयली.

म्हळ्यार! हांवें हे कंपनीक फाटल्या देड धाकड्याची सेवा दिल्ली आज फळाभरीत जाली म्हळ्ळो संतोस जालो.

अशें चिंतनांनी बुडिल्लों आसतना, केन्ना म्हजें कूड आयलें तें कळ्ळेंच ना.म्हज्या स्टॉपाक लागीं जातना हांव देंवूंक उबो जालों. तेच वेळार ड्रायवरान एकाच फरां ब्रेक मारतना हांव मुखार परतलों. कसोय सांबाळून देंवलों. देंवून कितें पळयतां हांव?बस्साक आपटून धरणीक शेवटिल्ल्या त्या काळ्या माजराचे कुडी थावन तांबडें रगत व्हाळटालें. ताचे तांबडे दोळे उगतेच आसले तरी तें माजर थंयच मेल्लें.

म्हाका एके घडये आपणाचेर आनी आपल्या चिंतनांचेर एके रितीचो राग आनी कंटाळो आयलो. पयले पावटीं आपलेंच कोण गी मेलां म्हळ्ळें चिंतप त्या मेल्ल्या माजराक देखतना काळजांत भरून आयलें. हांव आपल्या कुडा तेवशीं मेटां काडी लागलों.

कुडाक रिगतच म्हजे मतीन म्हाकाच सवाल करूंक धरलें ‘कोण शनी?’

◆◆◆

| | |
|---|---|
| सरमूण = लाशिल्ले मातयेचें सारें | कोण्णा = कोण जाणा, हाचें मोटवें रूप |
| हळट (ह.ळट) =हळू, ल्हव | गुमास्त = कारकूण |
| करेज्म = क्रिस्तांवांचो चाळीस दिसांचो प्रचीत काळ | सलीस = सोंपें, सुलभ |
| गुडो = दोंगुरली | आवर = हुंवर |
| खंडीत = नक्की, जरूर, जेरूल | शेले = नकरेबाजी |
| अनभोग = अनुभव, अणभव | चारो = भायलें रूप |
| आमसर = ताकतीक, घाई | अवकास = संद, संधी |
| भोवशा = घडये, कदाचीत | धाकडो = दशक, दसक |

[२०१८ इसवेच्या एपरील मयन्यांत *Woman's Era* चेर इंगलीश भासेंत परगनट जाल्ल्या *The Ominous Sign* काणयेची मूळ कोंकणी मटविकाणी]

# रिणकारी

‘कॉलनींतल्या सर्वांक आपोवन आपल्या भुरग्याचो बर्थडे दबाज्यान करूंक तिका जाता. पूण घेतिल्लें रीण फाटीं दिवंक न्हय.’

सकाळीं आपल्या जर्मन शॅपर्ड पेट्याक भोंवडावंक गेल्लो फाटीं येतना गुरुदासान मतींत चिंतलें. ह्या मुंबय शारांत सर्व यांत्रिकृत रितीन वेळा काळार जावंकूच जाय. पंदरा वर्सां परगांवांत घोळून येवन मुंबयंतल्या घाटकोपरच्या असल्फा गांवांत वसती करतालों. जोडिल्लें चडटाव फ्लॅट घेवच्यांत सोंपलें तर, बाकीचें थोडें बॅंकांत एफ. डी, म्यूचुवल फंड, शॅर मार्केट म्हण चालती खात्यांत आशिल्लें थोडें, आपलें फ्लॅट पळोवंक आयिल्ले बगलेचे कॉलनीची मलबारी बायलेन, आपल्या पाख्याची दुरुसती करूंक रिणा रुपार विचारून व्हेल्लें. रीण विचारचे आदीं कितलें खालतेपणाचो वेस तिणें पांगरिल्लो ना? ‘‘सौदींत आसच्या तिच्या पतीक फाटल्या तीन म्हयन्यांनी पगार मेळूंक ना. वेगींच मेळच्यार आसा म्हण शेकान सांगलां. तो आयिल्लोच तुजें रीण फारीक करतां.’’ चड म्हळ्यार पंदरा वीस दीस म्हण म्हजे लागीं रीण विचारिल्लें.

‘‘पंदरा दीस रावूं येत न्हय तुका?’’ गुरुदासानूय वरजी करूंक धरिल्लें.

‘‘म्हाका रावूं येत. पूण पावस रावचो ना. कॉलनीच्या भुरग्यांनी क्रिकेट म्हण, कॉलेजीच्या पाख्याचीं सिमेंट पाखीं थंय थंय बुराक पडून, पावसाक पोंवतात. तितलेंच न्हय, त्या बुराकांतल्यान थोडे पावटीं हुंदीर, कोळहुंदीर सयत घरा रिगतात. आमचे बगलेच्या वाघमारेच्या घरा दिवड सयत रिगिल्लो खंय. देखून अय्या, एक उपकार कर..’’ त्या मलबारी बायलेन राग ओडून कितलेश्या दीनपणान रीण विचारिल्लें.

पंदरा दीस सोड. म्हयने दोन उतरलें. तरी घेतिल्लें रीण फाटीं दिवंक तिका पुटवलें ना.

***

‘‘साहेब, म्हाका पंदरा दिसाच्या रजेर म्हज्या गांवाक वचूंक आसा. देखून म्हज्या बदलाक म्हजे नणदेक कामाक लायतां.’’ सकाळीं सातांक काम करूंक येवचे कामवालीन आज रिगतच सांगून सोडलें.

सात थावन आठ पर्यांत गुरुदासागेर तर, आठ थावन णव पर्यांत बगलेच्या बंगाळीच्या घरांत काम, णव थावन धा पर्यांत लागशिल्याच दो. आनंद वाघ हाच्या क्लिनिकांत नितळ करचें काम. अशें सकाळीं थावन सांज म्हणसर तिका कामूच काम.

सात थावन आठ पर्यांत घर नितळ करून, बाल्कनींतल्या झाडांक उदक ओतून, उपरांत रोटी सबजी रांदून जाता. सक्कड एका वरा भितर जावंकूच जाय. ह्या एका वरांत तिणें काम करून आसले परींच, गांवच्यो खबरो सांगून सोडटाली. तिणें आयिल्लेंच घरांत टी. वी. बंद, तिचीच टी. वी. तिका शिकप ना तरी, तिचे थावन आयकूंक मेळचें गिन्यान कांय उणें ना. आय.पी.एलांत विराट कोहलीन, बांवसराक खंयचे दिशेन कशें मारूंक जाय आसलें म्हळ्ळें जांव, कॉर्पोरेटर चुनावांत एम.एन.एस आनी शिवसेने एकवटीत जाल्लीं तर बी.जे.पी. सलवतली म्हळ्ळें जांव, आसाराम बापून बंदखणींत बसून सयत चलोवच्या कारबारा विशीं जांव, ट्रंपान एच. वन. बी विजाचेर जारी केल्ल्या कानुना विशीं जांव, तिका

माहेत  आसा. आनी ते माहेतिकूच जाणवाये रुपार ती सांगून वेता.

तितलेंच न्हय, तिणें रावचे चालींतल्या कुडांत तिचे सवें रावच्या हेर कामवाली बायलांक सयत जावच्या तर्का विशीं वा चंगाये  विशीं जांव ती सुटावें सांगून सोडटाली. तवळ तवळ ती सावंतवाडींतल्या आपल्या गांवा विशीं, तिका सदांय पियेवन मारतल्या घोवा विशीं सांगताली. तरी, स म्हयन्याक एक पावटीं ती आपल्या गांवाक वेताली.

"आगो बाय, तुजो घोव तुका तितलो मारता, आनी कश्टिता, तरी तूं कित्याक घोळून ताकाच व्हरून दिताय?" एक दोन पावटीं गुरुदासान सयत तिच्या तोंडाक बडी घाल्ली आसा.

"कितें करचें साहेब, ताकाय रीण आसा. आमचें घर पोरणें. देखून ताणेंय रीण घेतलां. कितें करचें, घरांत पिरायेस्त आवय बापूय आसात. गांवांत कांय उत्पत ना. देखून हांव इल्लें घोळून तांकां व्हरिना तर तांकां हेर कसली गत आसा?" तिणें भोव समजणेची जाप दिल्ली.

थोडे पावटीं गुरुदास घुसपतालो. एक पावटीं आपल्या घोवाक येट्टाली, एक पावटीं तोच घोव देव म्हण मानताली.

***

फाटल्या तीन दिसा थावन बी.एम.सी.चे येवन, असल्फाचे खणीक नितळ करूंक म्हण तो नालो उगतो करून गेल्ले देखून विपरीत घाण येताली. भुरगे सदांचे परींच खेळटाले, कोणाचो क्रिकेट बॉल वचून त्या नाल्यांत पडलो. तितली घाण येताली म्हळ्यार घरचीं दारां जनेलां सयत बंद करचीं पडलीं.

पूण दिसाक दोन पावटीं येवचें बी.एस.टी बस्स थंयच रावतालें. बगलेन वडापाव विकचो आपटे सयत सकाळीं आनी सांजेर वडा भाजचो परमळ सयत ते घाणींत मेळिल्लो. बगलेन केलशीचें  दुकान.

ह्या लोकाक परमळ घाण म्हळ्ळें कांय पडून गेल्लेंच ना न्हय? गुरुदास सयत चिंतून आसलो.

थोडे वेळान दाराचेर कोणें गी जोरान कांपीण मारली. देखून उठून वचून दार उगतें केलें.

भायर ती मलबारी बायल उबी आसली.

"अय्या, माफ कर. दारां, जनेलां बंद आसलीं देखून तूं नांय कोण्णा म्हळ्ळ्या दुबावांत इल्लें जोरान बेल्ल मारलें." तिणें पयलेंच पश्चताप व्यक्त केलो.

"हांव ना कोण्णा म्हळ्ळ्या धैरान पुणी येवंक नाय मू?" गुरुदासान तिका उतरांनी खोंकूंक चिंतलें.

परत कसलेंय नीब आयकूंक तो तयार नासलो. पयलें पाखें, उपरांत भुरग्यांक इस्कोल म्हण, हांकां मागून दीस वेतात. आपणान तिका दिल्ले पयशे कांय बँकांत दवरिल्ले तर कांय थोडी वाड पुणी लाभती कोण्णा म्हळ्ळें चिंतप सयत गुरुदासाचे मतींत आसलें.

"ना अय्या... हांव जाणां, तुमकां म्हजेर शीण आसतलो म्हण. तुमचे लागीं हांवें दोन हजार रुपय रीण व्हेल्लें. वेळार फारीक करूंक जावंक ना. म्हज्या पतीक आजीक  आठ

म्हयने जाले. अजून ताका पगार मेळूंक ना खंय. पगार विचारूंक गेल्ल्या हेरांक शेकान कामांतलो काडला खंय. देखून ''आपणाक पगार मेळटा म्हणसर काम करतलो'' म्हण म्हाका बरयलां.'' तिच्या उतरांनी हे पावटीं कसलोय राग नासलो.

''अळे बाये, तुका म्हजे तांकीची कुमक येदोळूच हांवें केल्या. हें मुंबय, हांगासर भावाक भाव ना, कोणाक कोण ना. तरी तुजी बिरमत पावून तुजें पाखें कोसळून पडनये म्हण पंदरा दिसां खातीर तुका कसलीच गॅरंटी नासतना रीण दिलें. देखून परत तुका दिवच्याक म्हजे लागीं कितेंच ना....'' गुरुदासान जाप दिली.

''अय्या.. ना, तुजे लागीं परत रीण विचारूंक आयिल्लीं न्हय. बगर तुजे थावन हांवें घेतिल्लें रीण उसरां करून फाटीं दिवंक आयिल्लीं. देखून बेजार करिनाकात म्हण सांगूंक आयिल्लीं.'' अशें म्हणून आपल्या कापडाच्या पालवाच्या पोंताक बांदिल्ली घांट सुटोवन तातूंतलें शंबरांचे वीस नोट काडून तिणें भोव खालतेपणीं गुरुदासाच्या हातीं दिले.

थोडो वेळ मौन तांचे मदें राज करूंक लागलो. ती उठून वेतच, गुरुदासान ते दोन हजार रुपय व्हरून आपल्या पर्सांत दवरले. तशेंच जनेलांचें दार उगतें करून बाल्कनीक पावलो. सकला कॉलनींत कसलो गी आवाज.

एक आवय आपल्या रडटल्या ल्हान भुरग्याक मारताली.

''कोण गाय इतली क्रूर आवय? भुरगें रडटना मारून थंड करूंक पळयताली?'' गुरुदासान कुशिंतल्या बाल्कनींत उबो आसच्या बंगालीक विचारलें.

''ते बायलेन पयर तिच्या भुरग्याच्या बर्थडेक कोणें गी इनाम दिल्लें सायकल व्हरून विकलें खंय. देखून भुरगें आपलें सायकल विकलें म्हण रडटा. देखून मारता आसतली.''

आयकून गुरुदासाच्या काळजांत कसलें गी दूख उदेल्ले परीं भोगलें.

थोड्याच वेळान भुरग्यान रडणें बंद केल्लें. पूण आतां गुरुदासाच्या काळजांत रडणें सुरू जाल्लें.

◆◆◆

| | |
|---|---|
| चडटाव = चडांत चड, चड करून | केलशी = म्हालो, केंस कातरपी |
| वरजी = पावणी, वाद, चर्चा, भासाभास | कोण्णा = 'कोण जाणा' हाचें मोटचें रूप |
| सालव (साल.वा) = हार, पिड्ड्यार जा | आजीक = आज मेरेन/ पर्यान, आयच्यान |
| माहेत = म्हायती, माहिती | कुमक = आदार, मजत, पालव |
| चंगाय = लागसारपण, लागींपण सळावळ, सळगी | येदोळूच = आदींच, पयलेंच |
| येट = उतरांनी तापय, तापशाणी दी | बिरमत = दया, काकुळट, करुणा = ह्या अर्थांनी |

[२०१७ इस्वेच्या नवेंबर मयन्यांत *Woman's Era* चेर इंगलीश भासेंत परगाट जाल्ल्या *Borrower* काणयेची मूळ कोंकणी मटविकाणी], जाग पतराचेर पर्गट्ल्या

# एका पिंजल्ल्या पानाची कथा

“आज म्हज्या अंतस्करणांत उल्लेख करून जाल्लें.हांव भितरले भितरूच लजेलों. म्हाकाय सारको उगडास आसले प्रकार हांवें केल्लें एकूच तें नीच काम. जें आज म्हणसर कोणूय नेणात.”

चडुणें फाटले एके घडये थावन तदेक  नदरेन पळयतच आशिल्लों. आनी पारखूंक प्रेतन  करतालों. एकानेका गांची मदलो संबंद. पयले गांचीक एकदम विरोधी दुसरी गांच आनी दुसऱ्याक आनी तिसऱ्याकूय तसोच तद्विरुद्ध संबंद. भोवशा  दोनूय गांची एकूच प्रकार आशिल्ल्यो तर संबंद घडटो ना.

साकर नासतना पियेल्ले च्याये वरवीं तोंडभर कोडसाण भरिल्ली. दोडिल्लें दिसाळें परत उकतें करून तेच तस्विरेक चोयतां. व्हय तेंच मुखामळ. आनी नाका नाका म्हळ्यारूय दिश्ट परत तेंच वाचता. म्हजें नांव तर तो विसरूंक ना? कोण विसरना तरी तो नक्की विसरतलो म्हण हांव चिंतालों.पूण ना? इतल्या वर्सां उपरांत? कशें विसरचें? जेजूचे काणयेंत बाराब्बासाकूय स्थान ना तर? पूण! बाराब्बासाक, हांणी जेजूचो शीस म्हण कित्याक सांगलां? भोवशा आपलें अंतस्करण जागोवंक?

हेंच सवाल म्हाका परत परत धोंसूंक लागलें. भोवशा तो फारीकपण आशेता. हांवें केल्ल्या एकाच नीच कर्तुबाक ताणें हे रितीर धिक्कार केला? वा नीज जावनूय ताणें तशें चिंतलां? हांव नेणां. चडीत हे विशीं विचार करूंक चिंतना सत कितें तें जाणां जावची उरबा कठीण जाली. ताका भेटुंया म्हळ्ळी ताळणी जबर जाली.

देड हफ्त्या आदीं भायर गेल्लों तेंच. ताचे उपरांत घरा भायर पांय तेंकूंक ना. पांयांची गांट सुजल्ली. अशें भोगतालें की ही सूज आनी उणी जावचीच ना. पिराय चडिल्ले परींच म्हजे भितरली अस्कतकाय सयत चडून आयिल्ली आनी म्हाका पोकळ करता गाय म्हळ्ळो दुबाव हाडयताली. पूण आज हरशींचे परस चडूच अस्कतकाय आनी आकांत भरिल्लो.

शिक्षण शेतांत हांवें दिल्ल्या आठ्ठीस वर्सांचे सेवे खातीर म्हाका मान दिल्लो.ह्या आठ्ठीस वर्सांनी हांवें दिल्ले निसुवार्थी सेवेक ‘आदर्श शिक्षक’ म्हण म्हाका सन्मान केल्लो.ह्या वर्सांनी हांवें केल्ल्या चडावत हरेके बरें करणेचो उल्लेख केल्लो.तारिफो केल्ल्यो. पूण हांवें केल्ले एके करणेक कोणूय उल्लेख करूंक शकचिनात, शिवाय म्हजें अंतस्करण. आनी आज म्हज्या अंतस्करणान उल्लेख करून जाल्लें. हांव भितरले भितरूच कावजेलों. म्हाकाय सारको उगडास आशिल्ले प्रकार हांवें केल्लें एकूच नीच काम. जें आज म्हणसर कोणूय नेणात. भोवशा तोय (म्हजो विद्यार्थी) सयत. कित्याक तेन्ना म्हज्या हातीं अधिकार आशिल्लो. हांवें म्हजें आपलेपण व्यक्त केल्लें. आज ताका पदवी आसा. ताणें ताचें आपलेपण दाखयलें. पूण कितलो तद्विरुद्ध? बिलकूल सांखळीचे गांची परीं.

हांव चिंतुनूच गेल्लों.

***

म्हजे जिणयेंतलें पयलें काम करूंक हांव ह्या इस्कोलाक पाविल्लों. जिवितांत कितें तरी सार्थक करूंक जाय.हेरांक देख दिवंक जाय. एक निसुवार्थी शिक्षक जावन म्हळ्ळो ध्येय धरून. म्हयन्याक म्हाका चडुणें तिनशीं रुपय पगार मेळटालो. पयशिल्या ह्या गावांत वीस रुपयांक भाड्याक मेळिल्ल्या एका घरांत वसती. खाणा जेवणाक विलेवारी लागींच केल्ली. ताका देडशें रुपय. कशें पुणी करून म्हयन्याक देडशें रुपय घरा धाडूंक आशिल्ले. पूण उरल्या पन्नास रुपया खातीर कितें करूं?

इस्कोलाच्या भुरग्यांक व्यूशन दिवंक सुरू केलें. अशी चलताली म्हजी दिसागाडी. दोन तीन वर्सां पाशार जालीं. दिसान दीस वाडून येवचे म्हारगायेंत आनी तेच प्रकार वाडून आयिल्लीं आपल्या कुटुंबाचीं अनवारां  आपल्या एकेकाच आस अन्नेगाक जिवघात करींवक कारण जालीं. दीसभर वोतांत काम करच्या बाबान पिडे निमतीं खाट धरिल्ले वरवीं आशिल्ल्या तेगांय भयण्यांचो आनी घरचो खर्च म्हजेरूच पडलो. दीस गेल्ले बरीच घरा म्हजी, म्हाका पयशांची गरज चडलीच. थंय हांगा धा वीस रुपय रिणूय हरेका म्हयन्याक करचें पडलें. कशेंय दोगां भयण्यांनी काजार जावन आपापलो संवसार सुरू केल्लो.

पूण अखेरेचें वादळ आयिल्लें. म्हजे भयणी वरवीं. भोवशा घरची स्थिती, आपणाची स्थिती आनी हे मदें हुमकळचें आपलें जिवीत घेवन ताणें पळापळ घेतिल्ली खबर. ताकाच फाट करून बाबान संवसार सांडलो. हें म्हाका चड कांतावंक लागलें.इतल्यारूच म्हजी पिराय पसतीस उतरली.जशें जिवीत वेता. तशें वेतलें म्हण रावलों.

त्याच वर्सा त्या भुरग्याची वळख जाल्ली. कितें गी असहनीय भोगप म्हाका भोगतालें. क्लाशींत गलाटो चडटना हेर भुरग्यांच्याकूय चड म्हाका ताचेरूच राग येतालो. कोण... कित्याक? खुद्द आपूण सयत हाचें कारण नेणां. हांव कित्याक ताका कंटाळटां? ताच्या रुपाक? रंगाक? नडव्याक? एकूय नेणां! हेंय नेणां की हांव जें चिंतून आसां तें बरें वा वायट.

तो भुरगो, पयलें म्हजे लागीं व्यूशनाक येतालो. आतां येना. आयकलां हांवें, तो दुसऱ्यां लागीं व्यूशन घेता. तर म्हज्याकूय बरें ताका दुसरो शिकयता म्हळ्ळें चिंतप येवचें पयलें म्हाका तो समजूंचे परस चड दुसऱ्यांक समजता म्हळ्ळें भोगप म्हाका आयिल्लेंच, मत म्हजी रागान पेटली. फरिकपणाक हांव तानेलों.पूण एकाकूय सारको अवकास  लाभलो ना.

एक दीस हांव क्लाशीक वेतना वेळ जाल्लो.भुरग्यांचो गलाटो चडलो. हॅड मेस्त्रीणीन म्हाका आपोवन दोळे व्हड करून विनंती करतना हांव जागो जाल्लों. रागान क्लाशीक रिगलों. आनी तो भुरगो हेरां परीं हांसतालो उडटालो.ताका धरून हांवें एक थापट ताच्या कानसुलाक दितना सगळी क्लास स्मशान मौन जाल्ली. थोड्या घडयांनीं जाल्ल्या गलाट्याक आनी म्हजे क्लाशीक बिलकूल संबंद ना म्हळ्ळे परीं भोगलें. "सर हांव मात न्हय सगळीं उलयतालीं" म्हणटनाय म्हाका त्या भुरग्याचेर बिरमत उदेली ना.

उगडासाचीं ल्हारां अशींच येतालीं.

***

कशेंय पिंरगून म्हळ्ळे परीं सुजल्लो पांय घेवनूच त्या दिसाळ्याच्या दफ्तराक रिगलों. आनी त्या विद्यार्थीचो विळास विचारलो. संपादक येवंक आनिकूय धा पंदरा मिनटां आसले वरवीं म्हाका थंय रावूंक पडलें.

"आज तुमी पर्गट केल्ल्या इन्स्पेकटराच्या संदर्शानांत ताणें उल्लेख केल्लो मेस्त्री हांवूच" संपादक येतच हांवें म्हजी शिफारस उचारली. संपादकान एक घडी म्हाका पळोवन उपरांत थोडीं फायलां उगतीं करून अखेरेक ताचो विळास दिलो.

बस्सार चडुणें सतरा आठरा मिनटां बशिल्लों. पूण हींच चिंतनां धोंसतालीं! कित्याक ताणें आपणाक अशें उल्लेख केलां?आपल्या ह्या यशस्वेक कारण म्हजो मेस्त्री.ताणें जर म्हाका ल्हान थावन शिस्त शिकोवंक नासली तर हांव आज ह्या पुलीस खात्यांत रिगतो ना. म्हाका म्हज्या सेवेक भांगराळें पदक लाभतें ना.

पूण! तो आतां आपणाची वळख धरीत? वा वळखूंक इनकार करीत? म्हळ्ळीं सवलां धोंसतालीं. ना..... हाका अवकास बिलकूल हांव दिवचो ना. हांव सत सांगतलों. पुता तुवें देव म्हण मानचो हांव तुजो मेस्त्री देव न्हय. तुजेर हांवे घात केल्लो. तुका हांवें फेल करोवंच्याक तुवें लिखिल्ले परिक्षेच्या पानांतलें एक पान हांवें पिंजिल्लें. आनी त्या पिंजिल्ल्या पाना वरवीं तुका पास जावंक मार्क्स मेळूंक नासले. अशें ताचे पांय धरून माफी मागतलों.तेन्नाच म्हच्या आदर्श शिक्षक म्हळ्ळ्या नांवाक भर्म आसतलो. अर्थ आसतलो.

चिंतनांभर मतींत धरून ताच्या घरच्या दारार उबो आशिल्लों. धडंग जिवाच्या एका पुलिसान दार उगतें केलें आनी पिकिल्ल्या तोंडा फाटल्या मेस्त्रीक वळखूंक प्रेतन करी लागलो. व्हय, तोच! तीच तस्वीर. म्हजी दिश्ट एक घडये दोडिल्ल्या दिसाळ्याचेर गेली. व्हय, तोच!!

"सर! तुमी? वाह! तुमकां मेळूंक हांव आत्रेगतालों. सर हें संदर्शन तुमी वाचलें गी सर येया... येया.."

"सर! तुमी म्हजें जिवीत बदलीलें. जाणात सर हांव ल्हान आसतना केल्ल्या हरेका चुकीक तुमी शिक्षा दिवन म्हाका सारकें करतल्यात. आनी तितलें मात न्हय, एका वर्सा हांवें नक्कल काडून बरयिल्लें पेपर तुमी पिंजलें. तरी एक शब्द तुमी म्हाका विचारूंक ना. हाच्याकूय वरती शिक्षा खंयची सर? त्याच दिसा थावन चिंतलें शिस्तेचो शिपाय जातलों आनी आज हो भागी दीस आयला. सर म्हाका आशिर्वाद दिया सर!"

आपणाक उलोवंक ताणें अवकासूच दिलो ना.ताचीं उतरां आयकून म्हज्या दोळ्यांनी दुकां भरलीं. हातीं आसचें दिसाळें हळटार ताच्या पांयां लागीं गळयलें आनी विंचूंक हळटार बागवलों ताच्या पांया लागीं.

◆◆◆

| | |
|---|---|
| तदेक नदर = बारीकसाणेन पळय | नडटें = वागणूक |
| प्रेतन = प्रयत्न, यत्न | अवकास = संद, संधी |
| भोवशा = घडये, कदाचीत | संदर्शन = मुलाखत |
| कावजे = भिये, हुसको कर | भर्म = मान, गौरव |
| विलेवारी = मांडावळ, मांडणी, वेवस्था | संदर्शन = मुलाखत |
| अनवार = अरिश्ट, संकश्ट | हळटार = हळू, ल्हव |

२००० जाग पतराचेर पर्गट्ल्या

# बोंबोयच्या मामाची पेट

'मामाचे दोळे मामियेच्या मोम्म्यांचेर कंय' म्हळ्ळ्ये सांगणेपरीं तुजें कितेंया सकाळिंच सुरू जालें गिरा?"

कुजनांत ताक चाळून आसच्या रितान, भायल्या वोल्तेरार बसून दिसाळें वाचून आसलेपरिंच गुणगुणच्या पतीक दिल्ली जवाब कानांत पडल्लीच निकून दिसाळ्याचेर खंचल्लें तोंड उभें करून सांगलें;

"हांवें पेट न्हयगा मेट म्हळें, तुज्या कुंकडांनी येवन मेटार बेंजार म्हेळें कर्न जालें"

"व्हय, कुंडल्यांत रांदून दिल्यार तें सकडांचें जाता, नावे तीं म्हजीं कुंकडां, म्हजीं गायरां, म्हज्यो बोकड्यो, न्हय?" रिताच्या ताळ्यांत मात्सी शीण आसली.

"सक्कड म्हजेंच गा, तुंच म्हजें म्हणताना आतां तुजें सगळें म्हजेंच न्हयवे?"

"पुरो तुजे मसका, भुर्ग्यांच्या कानार पडत तर.."

"आयच्या काळाचीं भुरगीं आमच्याकी बुध्वंत आसातगा.. आयकल्यार कितें? बापायन आवयलागीं नासताना आनी कितें सेजार्निलागीं अशें उलंवचेंवे?... सांगल्लेपरीं तुजो बोंबोयचो भाव सकाळीं उटून कंय गेला?"

"कोण्णा.. म्हाका कितेंय सांगुंक ना, गेलासतलो इश्टांक मेळुंक" रीतान अपलो ताळो मोव केलो.

"सदांय म्हजेसांगाता बसून नीस–पेज जेंवचो आज निराळ्या पोटार गेला, मिसतेर कितेंगा?"

"तो येतच तुंच ताचेलागीं विचारगा, तूं सकाळिंच म्हजो मंडो खायनाका"

निकू परत दिसाळें वाचून आसलो, ताची दीश्ट दिसाळ्याचेर पर्गटून आयिल्ल्या जाहीराताचेर आसली, तो वोल्तेरांतलो उटून दिसाळें घेवन कुजनाक येवन म्हणालो;

"आयकलेंयवे, मंगळुरांतल्या नव्याच शोरूमांत एक्सचेंच ओफर कंय, पर्नी टिवी दीवन एक व्हड टिवी हाडल्यार पन्नास ठक्को डिसकांवट कंय. अळेगा आमची टिवी सयत ल्हान, तांतूं म्याच पळेवंक मजा येना म्हणून भुरगीं सांग्तात, आमी कित्याक..."

"देकूनच सांगलें हांवें... दरयांत आसा मासो आनी आळेव वाटता पिसो म्हण. हांगा फेसता परबेवेळार म्हाका न्हेसुंक एक मरयादेचें कापड हाडुंक तुजेलागीं दुमडी ना, आनी आतां व्हड टिवी कंय.." रीता ताक चाळून आसलेपरिंच तापलें.

"अळेगा. शांतपणीं समजून घे, तुजो बोंबोयचो भाव मन करीत तर जाता. तुका तो मांदतागा, तूं कशें पुणी ताका पुसलावन एक पावटीं ताची पेट उग्ती कर, तांतूं लिपवन

दवरल्लें खजान आमकां आतां कामाक येना तर किते फायदो?" निकून अपली सुप्त आशा उचारलीच.

थोडो वेळ वोगेच रावून रितान जवाब दिली; "कोण जाणा, भुरगीं सयत आयलेवार उलवन आसलीं, 'माम पयलेंचेपरीं ना, हासाना, आमकां पोकेट मनी दीना, कंजूस जाला' म्हण. तुंच कित्याक ताचेलागीं शीदा सांगिनांय? हेंय काम म्हज्याच गळ्यार कित्याक भांदताय"

"मोगाचो भाव कोणाचोगा? तुजोने?" निकून सयत चालाकेन रिताचेर आपली आशा थापली.

***

गांवच्या पटेलाथावन मोलाक घेतल्लो 'देड एक्रो जागो तेगांय भुग्र्यांक पुरो' हें चिंतप मिनती बाल्ताजर आनी सेल्लिचीं जाल्ल्यान तेगांय भुग्र्यांक एक सारकें व्हाडवन आतां तीं उतर प्रायेक पावल्लीं. बायल सेल्लिच्या नांवार आसच्या ह्या जाग्यांत थोडो नारल आनी पोपळां सोडल्यार दुस्री उत्पत्त नातली जाल्ल्यान हर मयन्याचो खर्च म्हणून पर्गांवांत घोळून आसचे भुर्गे धाडताले. म्हालघडो चारली गलफांत आसलो, दुस्रो उल्ली आनी तिस्रें रिता. चारली गलफाक गेल्लोच एका गोंयकार चेडवालागीं काजर जावन गलफांतच आसलो. वुल्ली थंय हांगा भंवून अखेरीक बोंबोय काम करून आसलो. रीता घराच आसून आवय-बापायक पळेवन आसलेपरिंच पणबूरच्या निकुची सयरीक आयिल्लीच काजर जावन कुळाराच उरलें. तांकां एक चेर्को जाल्लोच बाल्ताजर सरलो.

मोरनावेळार गांवाक आयिल्लीं भुरगीं मोरनाक मातियेक पाववन पाटीं घरा येतच आवय सेल्लीक मधें बसवन उलवन आसलीं. भितरले भितर सगळ्यांकी एकामेकाचेर दुभाव आनी आशा. चारली सांग्तालो घर्चो सगळो खर्च आपणाचोच देकून ताची गोंयकार बायलेच्या मतिंत सयत हेंच भरलां. 'आमी कित्याक तांचो खर्च पळेंवचो? आतां सगळीं व्हड जाल्यांत, तांतांचो खर्च तिंतीं पळेंवदी'.

निकू पणबूरच्या नायत्यांसवें व्यार करून आसलो देकून तो चालाक मनीस. दोग पूत पर्गांवांत आसात म्हणतच आतां आवयची चाक्री कर्ची जवाभदारी तांच्यान घेवंक साध्यना. देकून होच आवकास गळसून तो देड एक्रो जागो भितर घाल्चें चिंतप मतिंत आटवन तो आसलो. "अळेगा, म्हजें घर-जागो सर्व आसूनयी, हांवें म्हज्या बायलेक तिच्या आवय-बापायच्या चाक्रेक म्हणून हांगा सोडलां, तुमी प्रायेसत आवयची जतन कर्श्यात तर हांव म्हज्या बायलेक घेवन पणबूर वेतां" तापल्ल्या तेलाचेर सासंव फूटल्लेपरीं तो फुटलो.

अखेरीक दोगयी पुतांनी घर्चो खर्च पळेंवचो निर्धार केलो तरयी मेजून तीन मयन्यांनी निकून आनी चारलीन जाग्याविशीं एकामेका तक्रार सुरू केलेच. गलफांत आसच्या चारलिच्या बायलेन वुल्लीक फोनार ही गजल कळयली. वुल्ली रीतालागीं उलयताना रीताच्या दुकांचो काट तुटलोच; "दाट्टू, तुमी दोगयी सेटल जाल्यात, हांव म्हज्या दोगां भुग्र्यांक घेवन कंय वेचें? देकून आमचो वांत्याचो जागो आतां आमच्या नांवार केल्यार

कांय ब्यांकार लोन घेवन घर भांदुंक जाता न्हय?, आनी प्रायेसत आवय कितलो तेंप त्या पर्न्या घरांत जियेतेली?"

वुल्लीक हें वार्जीक सारकें म्हण दिसलें देकून चारलिलागीं उलवन ताणीं एकामेका समजून वयलो अर्धो एक्रो चारलीक, सकयलो अर्दो एक्रो वुल्लीक आनी मधलो अर्दो एक्रो रिताक म्हणून उलवणें जालें. वुल्लीक भुरगीं नांत देकून एका सांजेर निकून वुल्लिचेर खंत उचारलीच; 'बावोजे तुका भुरगीं नांत बाळां नांत, तुजोय जागो कित्याक आमच्याच जाग्याक मेळवंक न्हजो? आमी बरें कंपांवड भांदून राव्यां, थोडे दुकोर पोस्यां"

"म्हाका जाग्याची आशा ना भावोजे, मांय जीव आसतासर जोणेंय वांव्याविशीं उलयनाये म्हणून आसलों. पूण आसूं, जांवचें जावन गेलां, मांय जीव आसतासर तो म्हजो अर्धो एक्रो जागो तसोच आसूं, उपरांत तांतलो अर्दो वांटो दाट्टूक दितां, अर्दो वांटो रीताक दितां. आसूं तीं पुणीं मोगान आसुंदीत." वुल्लिच्या तोंडांतलें आयकल्लें तितलेंच.

***

कांय थोडो तेंप उतरला. अवचीत बोंबोय आसच्या वुल्लीक रिताचें फोन आयलें, आनी उलवन जातच रीता म्हणालें; "दट्टू, तुज्या उतराफरमाणे जाग्याचो अर्दो वांटो आमी आमच्या नांवार केला, दसतावेजां मेळ्ळीं देकून तुकां एक खबर सांग्यां म्हणून फोन केलो"

आयकून वुल्लीक एकाथराचो दको बसलो. "रिता, दाट्टूक ही खबर दिल्याय?"

"ना दट्टू, तुमिंच उलवन निर्धार केल्लो देकून ताची गर्ज म्हणून म्हाका दिसुंक ना" रीता निरापरादी चिंत्पान उलयलें.

"रीता, हांवें फकत अर्दो एक्रो तुज्या नांवार करुंक सांगल्लें पूण तुवें अर्दो वांटोच तुज्या नांवार केलोय. आसूं, म्हाका तुजेतितली चालाकी ना, हांव पुणी आतां दाट्टूक खबर दितां" वुल्लीन फोन बंध करून गलफाच्या दाट्टूक मेसेज धाडली "रीतान अर्दो वांटो ताच्या नांवार केला कंय, म्हाका आतांच खबर मेळ्ळी देकून तुका ती दितां".

थोड्या दिसांनी दाट्टूची एक फूट लांबायेची मेसेज आयली; "तुमकां हांवें कितें केलां म्हणून तुमी घुटान अशें केलें?..." वाचून गेल्लेपरिंच वुल्लिच्या दोळ्यांतून थेंबे दुकां गळ्ळीं.

उपरांत सभार तेंप वुल्लिसवें कोणेंच संपर्क केलोना.

गपळास मात्र सोडचे शिवाय निकूक पणबूर जागो सोड, गांवभर लोकाक तोपी दवरून आतां बायलेच्या गांवांत जियेतालो. आनी गांवांत सयत भायल्यांक वेगीं मान मेळता न्हय?.

थोड्या मयन्यांनी गलफाथावन आयिल्ल्या चारलीन बाकिचो अर्दो वांटो आपल्या नांवार केलो. रीतान व्हड घर भांदलें. पूण घर–वोकलाक जांव कसल्याय संधर्भार जांव वुल्लीक आपवणेंच नातलें. हां! प्रायेसत आवयची भलायकी बरी ना, तिच्या व्हक्ताक खर्च

म्हळ्ळे संधेश जरूर धाडुंक विसरनातलीं.

***

“बोंबोयचो माम आयला कंय, ह्यो पावटीं व्हड पेट घेवन आयला कंय”

इसकोलाथावन आयिल्ल्या भुर्ग्यांनी वाटेर आयकल्ली खबर घरा कळयतच निकूक वुल्लिचेर मोवाळाय चडली जायजय. आमकां न्हय तरयी, वाड्याच्या लोकाक पुणीं दाकयजय न्हय? पूण हकीगतेंत निकुच्या मतिंत वेगळेंच आसलें. पर्न्या घरांत जायतो सामान आसा तो वुल्लीन हाडल्लो वा वुल्लिच्या नांवार आसचो; फोन सयत वुल्लिच्याच नांवार आसलें देकून कशें पुणीं हें आपल्या नांवार करिजय म्हणून आसलो.

“येदोळ परयांत प्लेनार येतालो कंय, होटेलांनी रावतालो कंय, बरो दुडू आसा ताचेलागीं, देकून कोणाकोणाक दितां कंय”

तवळ तवळ निकून वोल्तेराचेर बसून निकून बायलेक सांगचें आसलें.

“ती अल्यूमियमाची व्हड पेट कांय प्लेनार येना म्हणून आतां बस्सार आयलासतलो” रीतान सांगलें.

“पूण आतां कंय रावला तो?”

थोड्या दिसांनी घरा आयिल्ल्या वुल्लीक सर्भरायेन स्वागत चल्लो.

“भावोजे, म्हाका एक खबर सांगल्ली तर हांव एरपोर्टाक येतों तुकां घेवंक, केदाळा आयलोय?” निकुचे सयलाप सुरू जालेच.

भावाक पळेतेच भयणिच्या दुकाचें काटें तुटलेंच; “दाट्टो, भयणीन घर भांदयलें देकून पर्की जालीं न्हय? तूं इतलेपावटीं गांवाक येताय आनी होटेलांनी रावताय म्हणून आयकून काळजाक तोपल्लेपरीं जालें, तुका सारकें खाण मेळतागी नांगी म्हळ्ळी खंत म्हाका आसा दाट्टू, हें घरयी तुजेंच ने, देकून दयकर्न तूं तुजी पेट घेवन हांगा ये. वयल्या म्हाळयेर तुका रांवुंक कूड सयत आमी भांदलां”

रीताचीं उतरां आयकून वुल्लिचें काळीज मोवाळ्ळें. “रडानाका रीता, हांव तुमकां वा कोणायकयी तरास दीवंक आशेना, देकून होटेलांनी रावतालों, जायत फाल्यां हांव म्हजी पेट घेवन येतां”

दुस्रे दिसा पेट घेवन आयिल्लो वुल्ली पयल्या माळायेच्या कुडांत दवर्न सकला आयिल्लोच भुरगीं ‘माम अयला’ म्हणून धांवून आयलीं. भुरगीं ल्हान आसताना बोबोय थावन खावंक, खेळुंक वसतू हाडन येतालो पूण इतल्या तेंपा उपरांत आयल्यारी ह्यो पावटीं कितेंच ना तें पळेवन भुरगीं निरासलीं.

सांजेर रीता आनी वुल्ली एकामेका सूक–दूक वांटून घेंवचेवेळार वुल्लीन आपणाच्या रिटायर्ड जाल्लेविशीं आन बोंबोय सोडन आयिल्लेविशीं रिताक कळयलें.

***

"माम येवन हफ्तो उतरला पूण मामाची पेट अजून उग्ती जावंक ना. तांतूं खंडीत कितेंगी मामान लिपयलां. दुडू आसत, भांगर आसत..." निकू तवळ तवळ भुर्ग्यांक तुकलायतालो.

एका सांजेर भुर्ग्यांचें लिसांव कर्चेवेळार वुल्ली सोप्यार बसून वाचतालो आनी रितान दोगांय भुर्ग्यांक विचारलें; "वुल्ली माम कोणाचो पुता? सांगा.. तांकां वुल्ली माम बोंबोय थावन गिफ्ट हाडता कंय, नातल्यार ताच्या पेटिंत आसचें दितां कंय"

वुल्लीक पेटिविशीं उलंवचें आयकतच ताचे कान नीट जाले. तो कितेंच उलयलो ना.

सांजेची आमोरी संपवन जेवन सगळीं निदलीं.

एका फांत्यार उटून वुल्ली सोप्यार बसून आसलो. रीता आनी निकू सकाळिंचें चलुंक म्हणून दोणप्याभायर गेल्लीं. नेणतें भुर्गें दोळे गश्टून भायर सोप्यालागीं आयलें आनी विचारिलागलें;

"मामा, तूं रातीं कंय नीदल्लोय?"

"वयल्या कुडांत नीदल्लों पुता, कितें जालें?" वुल्लीन सवाल केलें

"वयलें कूड तुजें न्हय, तें आमच्या कामाच्या चेडवाचें ने?"

"ओह, व्हयगी पुता, तर हांवें कंय निदाजय आसलें?" वुल्लीन पाटीं सवाल केलें.

"ओ थंय... टोमिलागीं" म्हणून पेव्याच्या गुडातेवशीन बोट दाकयलें मात्र.

***

सकाळ दनपार जालो, दनपार रात जाली पूण बोंबोयच्या मामाची खबरच नातली. कंय गेला, केदाळा येता म्हळ्ळो ताची कोणायकयी फिकीरच नातली. पूण आयलो तर टिविविशीं शीदा विचारिजय म्हणून सगळीं राकून आसलीं.

पूण बोंबोयचो माम आयलोच ना.

पूण घरच्या पयल्या माळयेर एक निर्जीव पर्नी बंध पेट मात्र अजून राकून आसली.

◆◆◆

| | |
|---|---|
| पेट = पेटी | दुमडी = चिल्लर दुडू |
| गिरा = पिशिबूद | कुळार = कूळागार |
| गुणगुणचें = व्हळू उलंवचें | पणबूर = पणंबूर (गांवाचें नांव) |
| कुंडलें = मातियेचें आयदान | उचारली = सांगली |
| निराळ्या = रित्या | गपळास = पोकळे, बंडलां |
| मंडो = तकली | |

# एक अपरगटीत काणी

"सक्कड म्हजीं करमां, संसारांत बाकिचो लोक सोडदोड करून जियेनावे?, हाकाच एकल्याक 'आद्र्श' चिंत्पाचो भूत लागला, फकत अपल्या स्टडिटेबलाचेर बसून वाचता शिवाय सकाळीं थावन सांजेर परयांत एक सब्ध सयत उलयना, ताच्या मतिंत कितें आसा म्हण हांवें कशें पार्कुंचें? वा ताका कशें सांगचें वा समजांवचें? म्हजे पुण्यी चड दीस गेल्यात, आनी किअतलो तेंप जीव आसतलीं म्हण हांव नेणां, बरें जालें म्हजो पती ड्यूटेर आसताना मेल्लो म्हणून म्हाका एक काम मेळल्लें आनी आतां रिटयर्ड जातेच मयन्या मयन्याक इल्लें पेनशन मेळता जाल्ल्यान कश्टार तऱ्यी दीस वेतात..."

सांजेच्या काळोकांत हळतार गेट उग्ती करून भितर सर्तासताना गुरुदासाच्या कानांक हीं उतरां आयकलीं. आव्यचे सदांचें रजार तें देकून तो कितेंच आवाज करिनासताना अपले कुडाक रिगलो.

".. व्हय, पूत आयलो. आमी अन्येक पावटीं उलव्यां... व्हय... जायत.. हांव समजायतां ताका" तिणें ल्हान ताळ्यांत सांगून फोनाचो रिसीवर दवरलो तऱ्यी तीं उतरां गुरुदासाच्या कानांत पडानासताना गेलिंनांत.

"व्हयरे, कितलो तेंप असोच्च देदेस्परोर जावन जियेतलोय?, आव्यचें उतर आयकून तऱ्यी मांदून घे, तुका काम दीवंक 'साळियो' पतराचो संपादक शिलाम वोपला. देकून तूं वचून ताका मेळ आनी उलवन ये"

जेव्हण हून कर्ताना कुजनाथावन तिणें उलवन आसतानांच गुरुदासाचें मोबायल रिंग जालें. मोबायल घेवून गुरुदास घराभायर गेलो.

"हलो, सांग अनिंदू... ना... जावंक ना.. हांव गेल्लों, काम कर्ची श्याथी म्हाका आसा पूण हांव गलफाक कित्याक गेल्लों? कित्याक पाटीं आयलों? म्हळ्ळीं सवालां विचारताना म्हज्यान फटीं मारुंक जावंक ना..." गुरुदास म्हणालो.

"ओह.. तर ह्यो पावटिंयी तुवें काम मेळचो आवकास होगडायलोय?... कांय व्हड ना गुरुदास, मुकार कितें चिंतून आसाय?, हांव तुजेतितलो प्रतिभावंत बरवपी जाल्लों तर, साहिताक लग्ती जाल्लें एक काम सोधतों, पूण कितें करूं?" अनिंदून मुखारिलें.

"साहीत आनी भोजो.. जिणी म्हळ्यार खांवचें, हागचें आनी निदचें म्हण चिंतचा लोकाक साहीत कितें पडून गेलां अनिंदू.. सोड, म्हाका एक मअयादेचें काम मेळ्ळ्यार पुरो, हांव रांडांचे गल्लेक वचून काणिसमारी काडचें काम करुंकय़ी तयार आसां. गलफांतलो पाटीं येवन अडेज मयने जाले. आव्यचे पुर्पुरे आयकून पुरो जालें, तिणें सांगचें सारकें पूण म्हजीं तत्वां तिका समजनांत..." गुरुदास म्हणालो

“तत्वां... सूतरां.. सरव माध्यमीक चिंत्पां गुरुदास, प्राथमीक चिंताप हें; दीस काडुंक पोटाचो ग्रास जाय आनी तो ग्रास जोडुंक काम.” अनिंदून सांगलें.

“मांय आत्तां म्हणताली, ‘साळियो’ पतराचो संपादक शिलाम म्हाका काम दिता म्हणा कंय...”

“बेसट... तुका तिच्च लायन जोक्ती, साहितांत तुका वाट मेळता तर तूं पाटीं पळेनाका गुरुदास...” अनिंदून गुरुदासाचीं उतरां मधेंच राव्वन उलयलो.

“तुका भग्तागी ‘साळियो’ पतरांत साहीत आसा म्हण?, स्वताः शिलाम एका तेंपार संपादकाक चाय करून दितालो आनी अट्रा वरसां टीबोय जावन काम केलां म्हळ्ळ्याक पत्रिकोध्यमाचो अनभव म्हणता अनी तोंडाक आयिल्लें बय्यिल्लें मतीक आयिल्लेपरीं छाप्ता म्हणून ताचें पत्र साहितीक पत्र म्हणचेंगी?”

“गुरुदास... शांत... समधान, तुजें राजांव हांव वोप्तां, पूण लोक वाचताने? ताका वर्गणेदार आसाले? कोण पाटल्यान कितेंय उलंवदी पूण मुकल्यान ताका धुंपयताले? अखेरीक हें पत्रिकोध्यम जाल्यार्‍यी एका थराचें बिजनेस म्हणताना, तूं पत्र आनी मट्ट कित्याक पळेताय?..”

गुरुदास व्हगोच रावलो.

“तुका दुडवाची तुर्तान गरज आसा म्हणतालोयने? हांवें सांगचें आयक, तुवें पोयर बय्यिल्ली काणी तूं ‘साळियो’ पतराक इमेयलार धाड, ती बरी काणी... साळियो पतरार साहितीक स्पर्धो आसा, कांय इनाम लाभत, पयलें इनाम तर तुका पांच हजार मेळ्ळे म्हण जालें, दुस्रें तर तीन, आनी तिस्रें तर एक हजार तर्‍यी मेळतले... आनी कितलो तेंप म्हणासर आव्यच्या पेनशनांत दीस काडतलोय”

“साहितीक स्पर्धो?... हह! अन्येक तमासो, कोणगी इनामाचो दुडू दिता देकून तोंड/ काम पळेवन स्पर्ध्याचे वोर्‍यणार नेमतात, साहित्याचें ताळ/मूळ कळीत नासताना तांकां जाय जाल्ल्यांक विंचतात. वोरयणार कितलें वाचतात व समजतात? पूण स्पर्धो म्हळ्ळो डोंग चल्ता. उपरांत खंच्यागी मत नातल्ल्याक विंचतात, आनी वोरयणार खुद्द जावन केदिंच पाळिनातल्ले हिशारे स्पर्धिकांक दितात. आनी संपादक ‘वाग मारलो’ म्हळ्ळे चिंत्पान ते छाप्तात आनी आंगवण फारीक केल्लेपरीं कर्तात शिवाय, चडतीक चिंतुंक तांकां नाका”

“गुरुदास.. तितलोय कठोर जायनाका तूं..” अनिंदून मोवाळायेन सांगलें.

“कठोर न्हय अनिंदू.. हांव प्रामाणीक जावन उल्यतां.. तूं म्हणताय इनामाचे हजार मेळतात. पूण हजार दिंवचे बदलाक विखून वचानासचे बूक इनामा जोडपयाच्या हर्ध्याक मारल्यार कितें कर्‍येता?”

“हूं... तुजें उतर वाजबीच... आसूं... ‘साळियो’ पतराचें काम होगडायनाका, प्लीज ती काणी शिलामाक धाड.. ती वाचून तो तुका काणियांचो विभाग चलवंक दिल्यार्‍यी दीत..”

"हह.. शिलामाक काण्यो म्हळ्यार कितें म्हण समजता म्हण तुका भग्ता?"

"प्लीस गुरुदास... आमी फाल्यां उलव्यां.. तुका विशेव गरज आसा...." अनिंदून फोन डिसकनेकट केलें.

फोनार जाल्लें उलवणें सगळें मांयन आयकलें म्हणून जेवणा मेजाचेर राकच्या तिच्या तोंडाचो छारो सांग्तालो.

"कसट मिनतेन तुज्या बापायन गादे केल्ले. माड लायिल्ले. आतां गादे पणगील पडल्यात, घोळतलो ना जाला, माडांची गत्यी पाड जाल्या, माडाच्या मुळाक घाल्तलो ना जाला. मार्गायेच्या आळांक हाडून मुळाक घाल्यलें तऱ्यी, माडांनी जांवचें बोंडे सोड, बोंडुलां सयत हो मांकडांचो हिंड पिड्ड्यार कर्चो पळेताना पोट लासता पुता.. कांय न्हय तर, हे माड आनी गादे तऱ्यी पळेवन घे..." तिणें परत तेंच पर्नें रजार सुरू केलें.

गुरुदास कितेंच उलयलोना, जेवणाची बोशी उकलताना इतलेंच म्हळें; "साळियो दफ्तराक फाल्यां वेतां"

आयकून आव्यच्या तोंडार संतोसाच्यो हासो उदेल्यो.

रातीं निदुंक वेच्याधीं गुरुदासान बरवन दवरल्ली काणी शिलामाक इमेयलार धाडली.

***

"खंडीत घाल्तां... तूं खंत करिनाका... तुज्या काण्यांक केदाळाय हांव विशेस विन्यासाचें आर्ट घाल्तां.. तूं फिकीर करिनाका, तुजी ही काणी सयत सुपर हीट जायशें कर्तां"

शिलाम फोनाचेर व्हडल्या ताळ्यांत उलंवचें 'साळियो' पतराचें दफ्तर रिग्तानांच गुरुदासाक आयकलें.

कांय दोगां बायलां कंप्यूटराचेर कितेंगी करून आसल्लीं. "शिलामान म्हका आपयला, म्हजें नांव गुरुदास.." म्हणतच एकल्ये बायलेन गुरुदासाक बोसुंक सांगलें आनी इंटर्कोमांत शिलामाक खबर दिली.

भितर परत मोबायल रिंग जालें.

"हलो.... व्हय, आमचें इंडियाचें नेटवरक पाड आसा.. माफ कर.. व्हय.. तुमी गलफाचो विशेस अंको काडा.. म्हजो पुरतो सहकार आसा.. तो पेपरां विक्ता पळे, ताकाय सांगा बरवंक... आनी आधलेपावटीं म्हाका पार्सेल हाडून आयिल्लो ड्रायवर आसा पळे, ताकाय सांग बरवंक.. सगळीं बरंवदी... अनी सगळ्यांनी भाशेची सेवा करिजे... आमी मातारीं जाल्यांव. आतां तरनाट्यांनी सेवा करिजे... बायलांनी सेवा करिजे.. तुज्या बायलेक्यी सांग कांय तरी बरवंक... हांव पर्गटतां..."

शिलामाचें उलवणें भायर आयकताना गुरुदासाच्या मतीक समजलें 'हें गलफाचें फोनकाल'. तो भायर शांत बसोन आसलो.

थोडो वेळ उत्रले उपरांत गुरुदासाक शिलामाच्या केबिनाभितर आपवणें आयलें.

"नम्सकार शिलामा...." गुरुदासान हात जोडून वंदन कर्ताना शिलाम मेजाचेर पासळायिल्लीं पेपरां जमवन देगेन दवरन "गुरुदास माम... ये.. बस" म्हणालो.

"शिलामा.. हांव तुमचेमुकार एक भुर्गो... म्हाका माम म्हणानाकात"

"एकल्याक मअयाद दिल्यार आमी ल्हान जायनांव गुरुदास माम.. हांवें सगळ्यांकी माम म्हणचें... पत्रिकोध्यमांत म्हाका इतलीं वरसां जालीं तऱ्यी हांव सगळ्यांक मान दितां."

"तुमचें व्हड मन.. पूण हांव ल्हान शिलामा.. म्हाका तुमी आपयला म्हण मांयन सांगलें.."

"व्हय... ओह सांगलेपरीं तुवें इमेयलार धाडल्ली काणी ही... म्हाका कंप्यूटराचेर वाचुंक जायना देकून प्रिंट काडून वासची"

"तुमी काणी वाचलिगी शिलामा?..."

"वयलेभार पळेली.. पर्गट कर्तां भिंयेनाका..."

"तुमी पयली वाचा.."

"वाचतां सायबा... पूण तुज्यो काण्यो वाचपी समजानांत या... काण्यो अश्यो बरंवच्योगी म्हणतात.. आत्तां पळे फोन आयलें, तो इंटर्न्याशनल साहिती, पाटापाट ताच्यो येदोळ पांच कादंबरी 'साळियो' पतराचेर परगटल्यो आनी लोक आंगार पडोन म्हळ्ळेपरीं वाचता"

"कोणाच्या आंगार शिलामा?..."

"तुवें वाचल्याय त्यो कादंबरी? 'भिरांकूळ प्रतीकार', 'माट नाड आनी सोरोप', 'कोळिंद्राच्या बिळांतलो उंदीर', 'धुंवर नातल्ली सिगार', 'आमाल आनी कामिनी' म्हळ्ळ्यो पांच कादंबरी साळियो पतराचेर छापल्यात आतां बुकारुपार सयत पर्गटून येजाय म्हणता तो. पांच बुकांक सयत स्पोन्सर मेळ्ळ्यात कंय"

"ना शिलामा हांवें वाचुंक नांत, हांव तसल्यो काण्योच वाचिना... म्हाका खायस जायनांत. पूण त्यो बरयतेल्याक विचारा ते कितें अनी कितलें वाचतात म्हणून?"

"तुजें आयकताना म्हाका तेंपाधीं 'कुराड' पतराच्या दफ्तराक येंवच्या कोसतामाचो उडास आयलो. तोयी तुजेपरिंच उलयतालो." शिलामान जवाब दिली.

"कोसतामाचीं बरी व्हळोक आसलिवे तुमकां शिलामा?" गुरुदासान सवाल केलें

"आनी कितें? कोसताम, सोजाम, पिरेराम, अलवारिसाम सगळ्यांक हांव बरें करन व्हळकतां, म्हाकाय ताणीं केदाळाय सांगचें आसल्लें 'शिलाची चाय कांय ताज महलांत्यी मेळचिना' म्हणून.

"तशी वळोक न्हय शिलामा, तांचीं बर्पां वाचल्यांत्वे तुमी?"

"तूं कोक्के उलयनाका.. आत्तां म्हाका फोन केल्लो सयत तुजेविशीं तेंच सांग्तालो, तूं उल्टो तकलेचो म्हणून. तो नामणेचो बिजनेस्मेन साहिती, युरोप, अमेरिका भंवता आनी जायतें वाचता... तूं अजून तेंच; 'भूक, तान, बेकार्पण, गरीबिचेर, धर्म, भल्त्काराचेर' बरयताय... तुवें तुज्यो काणय़ो बदलिजाय.."

"कसली बदलावण शिलामा?"

तितल्यार शिलामान अपल्या मेजाच्या ड्रावरांत आसचें एक पिंतूर गुरुदासाक धाखयलें, एक अर्धीं स्थना धाखंवचें पुडपुडीत चेडूं, तिचे पाटल्यान एकलो फ्रेंच खाड आसून चुरूट वोडता अनी तिच्या अन्येका कुशीन एकलो कदेलाचेर पांयांचेर पांय दवरन हातांत एक ल्हान पिसतूल घेवन बसला.

"पळे.. ह्या पिंतुराक जोक्ती काणी बरय... लोक असलें खायस कर्ता... तांकां मसाला जाय... तुजेपरीं एकदम गंभीर वाचून लोक डिपरेश्शनाक वचुंक आसा सायबा"

"माफ करा शिलामा.. म्हाका असल्या पिंतुरांचेर काण्यो बरंवची श्याथी ना... काण्येविशीं म्हजी समजणी वेगळीच आसा.." गुरुदासाचो ताळो बावलो.

"म्हळ्यार तुका आमच्याकी चड कळीत आसा म्हण तूं चिंताय?" शिलामाच्या ताळ्यांत राग आसलो.

"ना शिलामा.. हांव इतलो ल्हान म्हळ्यार हांवें जायतें शिकुंक आसा म्हण म्हाका भग्ता... " गुरुदासाच्या ताळ्यांत विनती आसली.

तितल्यार शिल्माचो फोन रिंग जालो.

"हलो... ओह... व्हय व्हय.. कळ्ळें.. अरे... 'गुडदी पुर्सकार' आमच्या भाशेचो गडद पुर्सकार आनी कोण नेणा? खंडीत हांव छाप्तां, मुखल्या पानाचेर छाप्तां.... जायत... देव बरें करूं.." शिलामान रिसीवर सकला दवरलो.

"गुडदी पुर्सकाराक तुजी अर्जी दी.. थंय म्हजे मनीस आसात.. तुका पुणी मेळाशें कर्तां...." शिलामाचीं उतरां आयकून गुरुदासाक तडवलें ना.

"शिलामा तूं म्हाका तुकलायतायगी वा परिक्षा कर्ताय नेणां. गुडदी पुर्सकाराचें नांव आयकलां, पूण त्या पुर्सकाराक अर्जी कित्याक दिंवची? शिपारस कित्याक? जर तो पुर्सकार कामाक लाभता व्हय तर, कामां पळेवंक तांकां दोळे नांत? मत ना? कित्याक अर्जी धाडून, उपरांत एकल्या दोगा शिफारसाची गरज? आदीं एकल्यान कुड्ड्याक उकलून धाखयलें कंय, तशें हे कोणाचें साहीत वाचतात?"

“तूं विपईत कोक्के सायबा... ताणीं येदोळ सभारांक गुडदी पुर्सकार दिला, तुकाय ती प्रतिभा आसा म्हणून हांवें सांगलें, तांकां पुर्सकार घेतेल्यांची खातड ना. लायन्च आसा कंय” शिलाम म्हणालो.

“माफ कर शिलामा, हांव खंच्याय लायनीर ना, म्हज्या प्रतिभेक कोणायचीय शिफारस म्हाका नाका.. हांव हांगा काम सोधून आयलां..” गुरुदासान शीदा उलवण्याची बुन्याद घाली.

“व्हय, काल तुज्या अव्यन फोनाचेर सांगलें म्हाका तुकाय एक काम दीवंक, हांव्वी चिंतून आसलों, पूण तुका कसलें काम जाय तूं म्हाका सांगशिगी?” शिलामान सवालांतच जवाब दिली.

“शिलामा.. म्हज्या वाचपा कुडांत कांय देडशें बूक आसात, हांव जायतें वाचतां.. आमकां पयले वाचपी जावनासचे बरवपी जाय, काल्पनीक पोट्टू काण्यो वाचून वाचून मतीक कुसवन सोडलां. आनी ते तुमी ‘आंगार पडतात’ म्हणतात ने? तो काळ बदल्ला, तुमी अजून तीस वरसां पाटीं आसात. संसार मुकार पावला. साहीत म्हळ्यार समाजेक स्पंदन करचें जावनासाजय. समाजेच्या सम्स्यांचेर उज्वाड फांकंवचें जावनासाजय. हे चुरूट, हें फारिकपण, ते उग्ते मोम्मे आनी पिसतूल, नाड म्हळ्ळीं फितिस्पण सांडून समाजेच्या चिंत्पाच्या बदलावणेतेवशीन तुमी चिंतात तर हांव साहितीक कोन्सो सांभाळुंक तयार आसां”

“म्हाका पत्र चलवंक जाय... बंध करुंक न्हय... तुजें चिंतप क्रांतिकारी, एदोळ जायते तुजेतसले क्रांतिकारी आयले अनी नांव नासतानांच गेले. पूण आमकां लोकामोगाळ साहीत जाय..”

“कोण तो तुमचो लोक? तुमी लेकचो लोक आतां ना शिलामा... आतांचो लोक आतांचे युवजण तुमच्याकी मुकार पावला.. तांचेलागीं शिकप आसा समजणी आसा. सत सांगचें तर तुमच्या पतराचेर बऱ्यतेल्या जायत्यांचेर तांकां भिर्मत आनी तांच्या चिंत्पाच्या लाचार्पणाचेर दया आसा. पूण हेंच तुमी मुकारून व्हश्‍र्यात तर तुमिंच तुमचो फोंड खोंडतेल्यात म्हणून नख्खें सांग्तां”

“पत्रिकोध्यमांत म्हाका तुज्या प्रायेच्याकी चडीत वरसां जालीं” शिलाम रागान कडलो.

“तीच सम्स्स्या.. तुमकां वरसां मात्र जाल्यांत. अनभव न्हय....”

“बरें जालें तुवें तोंडार्च सांगलेंय... आतां तुका सांगचें आयक; तुज्या आव्यचें उतर आयकून हांवें तुका काम दिंवचें मन केल्लें, पूण तूं अपणाक ‘अमेरिकाचो प्रेसिडेंट’ म्हण लेक्ताय तर तूं हांगाचो निकळ, तुका व तुजेत्सल्याक हांगा काम ना”

गुरुदास एदोळच उटोन जाल्लो, हळतार 'साळियाå' पतराच्या दफ्तरांतलो भायर येताना शिलामाचें मोबायल रिंग जांवचें ताणें आयकलें.

***

गेट उग्ती जाल्लो आवाज आयकोन आव्यन जनेल्यांतल्या भायर तिळ्ळें, गुरुदासासवें अन्येकलो एक पोतें आनी जोक कर्ची तकडी घेवन येंवचें दिसलें.

"तो कोण पुता?" तिणें गुरुदासाक मोवाळायेन सवाल केलें.

"तो रद्देगार मांय, म्हजे बूक आनी बय्यिल्लीं पेपरां थोडीं आसात... वरुंक आयला"

"कितें? तुजे बूक अनी तुवें बय्यिल्लीं पेपरां विख्ताय?" तिच्या तोंडार संतोसाच्यो हासो उदेल्यो.

"व्हय.. बाकिचीं पेपरां हुल्पायल्यार इल्लो गोबोर मेळतलो.. माडांक मुळाक घालुंक सुर्वात करुयेता न्हय?"

गुरुदासाचीं उतरां आयकून 'अपूण कांय स्वपणेतांगाय म्हण' म्हणून ती अपलेच दोळे गश्टिलागली.

रद्देवालो बुकांक जोकुंक आयतो जाल्लो.

◆◆◆

| | |
|---|---|
| सोडदोड = Adjustment | आळ = कामाचो |
| रजार = सदांचीं उतरां | हिंड = जमो |
| देधेस्पोर = Frustrated | कोक्के = उल्टें |
| पुर्पुरे = Scolding | गडद = Grand |
| ग्रास = खाण | पोटटू = पोकोळ, सार नातल्लें |
| राजांव = तर्क, लोजीक | पोतें = चील |

भांगार भुंय पतराचेर पर्गट्ल्या

# मेट्रो बुल्लेटीन

इंटरव्यूचो अखेरिचो रौंड तो जाल्ल्यान म्हालक वेदप्रकाश त्रिपाठी आतुरायेन मुकार पळेतालो.

"म्हाका पतराचें धोरण, मिसांव, दिश्टावोविशीं म्हाका समजुंक आसल्लें." सुरवेरच गुरुदासान सवाल उभें केलें.

"मेट्रो बुल्लेटिनान येदोळच कार्पोरेट संसारांत नांव आपणायलां. फेशन, राजकीय, समाजीक, धार्मीक अशें हळ्ळेथावन डेल्ली परअयांत पाटल्या तीन वरसांनी फकत उंचायेक चडलां. तूं पत्रिकोध्यम शेतांत कांय नवो न्हय. कित्याक हें सवाल?" मालक वेदप्रकाश त्रिपाठीन जवाभेरुपार अनयेक सवाल उभें केलें.

"सूरअवात जाल्लेथावन हांव समजल्लेपरकार तेग प्रधान संपादक बदल्ले. आनी जितली समजणी म्हजी, त्ये प्रकार ते तेगयी देशाच्या श्रेश्ट संपादकांच्या मेळिंतले, दोगांक 'वरसाचो संपादक' पुरसकार सयत लाभला... देकून हांव तुमचेथावन आयकुंक आशेतालों"

"तीन गरजेच्यो संगत्यो, पयलीः तूं सयत आज हांगासर पावलाय तर तुज्या प्रतिभेनिमतीं, दुसरें: तांकां पुरसकार लाभल्लो न्हय, दिवयिल्लो. तिसरें: तूं हांगासर आयलाय तनकी करुंक न्हय, बगर हें पत्र तूं कशें अनीकयी उंचायेक पाववंक सक्ताय म्हळ्ळें समजुंक" त्रिपाठिच्या ताळ्यांत मातसो राग आसल्लो.

"एक पत्र म्हळ्यार 'जादिची बोडी' म्हण हांव लेखिना, देकून खिणान ह्या पतराक हांव मोळबाच्या उंचायेक चडयतलो म्हळ्ळीं पोकोळ आश्वासनां सयत दीवंक सकाना, पूण म्हजें मुळावें चिंतप साहितीक चिंतप जाल्ल्यान, पत्रिकोध्यमाक एक हातेर करून समाजेच्या अनिश्ट करनेंक खिळावंक केदनांच हांव पाटीं सरासोना. एक स्वतंत्र रिपोर्टर जावन हांवें पारकिल्ले जायते ऊण पतरांत आसचे म्हाका सुधारुंक जाय. हें पत्र देशांत कितल्याय उंचायेक पावलां म्हण तुमी सांग्येता पूण ह्या मुंबय श्हेराक आज पासोन दिसाक हजारांनी फुडार सोधून येंवचो लोक बंगल्यांनी वा फ्लेटांनी न्हय, बगार चालिंनी, कोलोनिंनी जियेता. दिसाक एक जेवण नातल्लो लोक सयत फाल्यांचें स्वपण पळेता. म्हाका हें पत्र असल्या लोकांचो ताळो जायशें करुंक आसा. हांव लोकामोगाळायेक हांगासर येवंक ना व आसत–बदीक पुंजांवचो म्हजो इरादो न्हय."

"पत्रिकोध्यमाविशीं तूं कितें समजताय म्हळ्ळें सुटावें सांगशी?" हातीं आसचें सिविचें फायल दोडून, आपल्या सफारी सुटाच्या बोल्सांतलो चस्मा दोळ्यांचेर न्हेसून त्रिपाठीन केल्लें सवाल आयकून एक लांब उस्वास घेवन गुरुदास उलयलो;

"पत्रिकोध्यम एक जवाभदारी, जेमेंवचा समाजेक जागंवचें हातेर, समाजेच्या

दोळ्यांनी वैचारीक दीश्ट भरची सकत... आमचो देश आज इतल्या अराजकतेंत मिरयता तर बेजवभदारी पतरांनी तशेंच पत्रिकोध्यमाक दंदो केल्ल्या बजारी चिंतपाच्या पत्रिकोध्यमिंनी..''

''रा... राव.. म्हाका भाशण आयकुंचें मूड भिल्कूल ना. हांव हांगासर चारिटी ट्रसट चलयना. मुंबय तसल्या शेरांत आज तीन माळयेच्या दफ्तराक मयन्याक भाडें, एक्षें धा स्टाफांक सांभाळ, वेवेगळ्या शेरांनी काम करतेल्या साडेतिनशीं रिपोर्टरांचो सांभाळ आयच्या स्पर्धात्मक संसारांत दीजय आनी सर्वांनी वाडाजय तर आमकां दिश्टावो आसचो प्राकटिकल चिंतपाचो संपादक जाय म्हण तुका हांगा आपयला. कंपेनिचे हिशेदार तुजें प्रवचन न्हय, मुनाफो आशेता देकून तुका ही जवाभदारी सांभाळची योग्यतेविशीं सांग'' त्रिपाठिच्या ताळ्यांत राग तशेंच अपणाक कितें जाय म्हळ्ळें स्पश्ट आसल्लें.

''एक पत्र चलंवची योग्यता म्हाका आसा. पत्रिकोध्यम म्हळ्यार कितें म्हळ्ळी जाण्वाय तशीच जवाभदारी म्हाका आसा. पूण जिण्येंत केदनांय हांवें मुनाफो कमांवचेखातीरच काम केल्लें ना. एका पत्रिकोध्यमिची मुळावी जवाभदारी जागो आसचें, वोरावन पळेंवचें तशेंच हठ सांडिनासताना सताक उकलून धरचें'' गुरुदासान सयत अपले विचार मांडले.

सुमार वेळाचो मौन तांचेमधें राज करिलागलो.

''बरें'' कृतक हासो तोंडार धाखवन त्रिपाठी म्हणालो; ''आतां तूं वच, वेगिंच तुका कळयतां''

***

मुंबय शेरांत ह्या आदीं सयत रिते हात घेवन आयिल्ल्यांनी तांचें नशीब सोधल्लें देकून गुरुदास सयत हांगा येवन साडेस वरसां जाल्लीं. एक सृजनात्मक साहिती जावनासल्या गुरुदासान पत्रिकोध्यमाची सनद जोडल्ली मुंबयांत. सृजनात्मक साहीत पोट भरुंक सकाना म्हळ्ळें सत समजुंक ताका चड वेळ लागल्लोना. ताचेसवें पत्रिकोध्यम शीकल्ले आज चडताव तांतांचिंच म्हळ्ळीं पतरां चलयताले पूण गुरुदास अजून अंकणकार, रिपोर्टर, सीनियर रिपोर्टर आनी सहायक संपादक जावन वावर करून आयिल्लो.

साहीत आनी जयत वा लोकामोगाळाय दोन वेवेगळें. मुंबय तसल्या श्हेरांत मात न्हय संसाराच्या चडताव श्हेरांनी सयत हीच गत. आजकाल आवाजाक संगीत, सब्धांक साहीत, आंग-पांग हालवणेक नाच म्हण चिंतचे, पातयेंवचे चड. मनशाजिण्येचो ताळो जांवचें साहीत फकत बुकांच्या पानांनी आसा आनी पर्गटचे बूक जांव मेळचे पुरसकार जांव तोंडां, बोलसां, जात, धरम, लोबी पळेवन लाभता शिवाय खरी प्रतिभा वळकोंच्या दोळ्यांक केदनांगी क्याटरयाकट जालां वा गूण जायनातलें दोळ्यांचें केन्सर आसुयेत.

रातीक सयत निदानातल्ल्या शेराच्या उज्वाडांत लीपल्ल्या काळ्या संसाराच्या एकेका कर्तुवांचेर गुरुदासान बरयिल्लें. गुरुदासापरिंच काळ्या संसाराचे पर्दे उघडल्ले हेर रिपोर्टर/

पत्रिकोध्यमी आज बी.एम.डबल्यू कारांनी भंवताले आनी स्वताच्या फ्लेटांनी जियेताले. पूण लिखणेनांवान बरंवचो गुरुदास अजून तेच्च एका कुडाच्या भाड्याच्या कोट्रेंत वसती करतालो. ताचें स्वपणच वेगळें. ताचें जयताविशीं व्याख्यानच वेगळें.

जायते घोटाळे 'मेट्रो बुल्लेटीन' पतरान लोकासमोर हाडल्ले. जितले उटाउटीं एक घोटाळो उग्तो जालोकी, तो विस्रोंच्यादीं अन्येक घोटाळो. पूण हाचेपाटली राजकीय शड्यंत्र आनी लोबीच परद्यापाटल्यान काम कर्न आसल्ली. एका पाटल्यान एक संपादक अपल्या जिणयेंत गळसिल्ल्या नांवाक आडोव घालून पतराचे गुलाम म्हळ्ळेपरीं आपल्या हातांनी खोडे बसवन काम करताले. कांय पन्नासावयर केजी कोर्टांत आसात पूण पतराचो विखरो भरान आसलो म्हळ्ळें पतरात चडोन येंवचीं जाहिरातां पळेताना कळतालें.

'मेट्रो बुल्लेटीन' नव्याच पतराक 'उंचायेक उभची आशा आसचो संपादक जाय' – जाहिरातांत सुडाळ रितीन कळयिल्लें. सत सांगचें तर शिफारस नासताना चपरासिचें काम सयत मेळची ग्यारंटी नासच्या दिसांनी 'संपादक' काम मेळतलेंच म्हळ्ळी खात्री गुरुदासाक नातली. पूण ज्यें स्वपण मुंबय येताना अपणासवें घेवन आयिल्लें अजून अधुरेंच ऊरल्लें.

बेळगांव लागसिल्या लोंडाच्या एका बिजनेस कुटमाच्या तेगां चेड्यां पयकिंत बरंवची पिसाय आसचो हो कुटमाक नालायक पूत म्हण पात्येल्लो ताचो बापूय. बाकिचे दोग पूत जयतेवंत जाल्ले. एकलो लोंडांत सिमेंट सपलाय करचें बिजनेस सांभाळताळो तर दुसरो भांदपां भांदचो. बंगले, गाडी आनी दुडवाक कसलेंच उणें नातल्लें. पूण गुरुदास आज सयत ह्या संसारांत 'नयतिकता, स्वाभिमान, जवाभदारी, सत' म्हळ्ळे सब्ध आसात म्हण पात्येवन आयिल्लो आनी आज पासोन परिश्रम करून आयिल्लो अजून एका भाड्याच्या कोट्रेंत रावतालो.

***

स्वतंत्र रिपोर्टर जावनासचो गुरुदास, मयन्याक एक तरयी कामाची इंटरव्यू दीवन आयिल्लो पूण ज्या कामाक तो इंटरव्यू दितालो तें काम ताका फावो जाल्लें न्हय वा त्या कामाक हो फावो जाल्लो न्हय म्हळ्ळें अजून गुरुदास नेणासल्लो पूण अपली मिनत ताणें चालूच दवरल्ली.

गुरुदासान जियेंवचो भंवार गरीब देकून केदनां उकडललो सोरो विकाळ जावन मोडीं जाल्ल्यांक ताणें पळेलां, अपलीं स्वपणां जिवाळ दवरुंक अपली कूड विकून दीस काडतेल्यांक ताणें पळेलां अनी असल्यांक विखचे दल्लाळ सयत गुरुदासान पळेलां. तो एक स्वतंत्र रिपोर्टर देकून हरेक हफ्त्याक तो बसती, कोलोनी, चालिंनी वचोन त्या गरीबिंत, म्हेळ्यांत जियेतेल्या लोकांच्या हक्काक लुटून खावन मजा मारतेल्यां विरोद बरयतालो. हाणीं पियेंवच्या उदकांत कोणाच्यो गाडियो नितळ जातल्यो. हाणीं चलोन वचाजय जाल्ल्या रसत्यांनी अनैतीक भांदपां उभीं जातालीं. दिसाची दोन जेवणाची भाक्री जोडुंक सयत

दीस–रात चाक्री करची परिगतेंत लोक दीस काडतालो. आनी ह्या लोकाची भूक, तान, जिविताचे हरेक आटेविटे गुरुदासाच्या तिंतेराचें तींत जाल्ले.

रंगाक पिस्वल्ल्या लोकांक बजारांत हे उमाळे, हेरांच्या जिविताचे खत्कते कंय पडोन गेलां. जायतेपावटीं गुरुदासाक भगल्लें आसा; संसाराचो लोक खंच्या दिशेन चमकजायकी ताच्या उल्टादिशेन चमकतच आसा. आनी अपणाचीं ततवां आनी चिंतनां लोकांचें जिवीत उल्टादिशेन आसात आसतां, जिण्येंत केदनांय तीं एकामेका मेळचो सुयोग उदेतगाय?. पूण गोल आसचा संसारांत एकामेका मुखामुखी जांवचाक उल्टादिशेनच व्हचाजय, नांतर या लोक पाटीं पडतलो या म्हजीं ततवां पाटीं पडतलीं. गुरुदास मतिंत आटोव करून आसलो.

'मेट्रो बुलेटीन' एक साहितीक पत्र मात्र न्हय बगार हें पत्र बस्सांनी, कारांनी, रयलांनी, बंगल्यांनी, दफ्तरांनी, फ्लेटांनी पावतालें. आतां हें पत्र जर अयशीं ठक्को लोकांनी जियेंवचा चालिंनी, कोलोनिंनी, पावलें तर अपलें मिसांव सुफळ म्हणून गुरुदासाक चडीत उर्भा आनी आसक्त आसली.

इंटरव्यू दीवन कांय हफ्ते उतरले पूण अजून ताका कोणाचेंच आपवणें आयलें ना देकून हळतार तो तें विस्रोन येताना एका सांजेर अवचीत म्हळ्ळेपरीं फोन आयलें;

"तुका फाल्यां सकाळीं दफ्तराक आपयलां, तुजें सेलेक्षन जालां."

आयकून ताका एक पावटीं अज्यापशें जालें. त्रिपाठीन इंटरव्यू घेताना उलयिल्ली रीत नियाळताना 'अपणाक काम मेळतलें' म्हळ्ळें भरवश्यासुकणें ताच्या मतिंतलें उभोन गेल्लें. मुंबय शेरच विचित्र; फकीर अमीर जांवक, आनी अमीर फकीर जांवक चड वेळ लागानातलें श्हेर निजायकी विचित्र.

***

"सक्कड तयाराय जाल्या, पतराचें धोरण सयत मातशें बदलिलां, तुवें फकत्त टेक आफ केल्यार जालें." गुरुदासान त्रिपाठिच्या केबिनांत अपलो कुलो तेंक्ताना त्रिपाठीन उचारलें. गुरुदास चिंतचार पडलो.

"हें पळे, हरयेका हफ्त्यांत एक पुणी 'चटपटी अंकण' जाय. श्हेरांतलीं घडितां मसाला ल्हावन जोक्तीं पिंतुरांसवें छापलीं तर सी. आनी डी. श्हेरांनी विखरो चडता. ह्या खातीर दोन पानां अमानत कर. उपरांत दोन पानां खेळाच्या विभागाक; क्रिकेटिविशीं अंकणां. ऐ.पी.एल. खातीर विशेस कवरेज करुंक उण्यार उणें इक्रा रिपोर्टर रात–दीस काम कर्तेले" त्रिपाठी उलवन आसलो.

".... रात दीस?" गुरुदासाच्या तोंडांतून उतरां ताचे पर्वणगेविणेंच भायर आयलीं.

"व्हय... म्याच जातच है प्रोफायल पार्टी, मीडिया, फिल्म, ग्लामर संसार... थंयच आसची रियल मजा देकून च्यार पानां हांकां रिजर्व. मागीर क्लासिफिडसाक उण्यार उणें

च्यार पानां भरुंक जाय. श्हेराच्या चडताव बिलडर लोबीक, एजुकेशन लाभीक तुवें संपर्क कर्चो आनी गर्ज पडल्यार चड कमिशन भासांवचें पूण हीं पानां भर्ती कर्चीं.''

''सर.. एक सवाल..'' गुरुदासान विचारुंक चिंतानां ताका राववन त्रिपाठीन सांगलें;

''एक मिनूट... हांव विसरच्याधीं पयलें तूं म्हाका आयक.. मधलीं च्यार पानां श्हेराच्या नामणेच्या बरयणारांक; तांकां कितेंगी बरवंक आसा कंय, देकून तांकां रिजर्व करुंक सांगल्यांत. पयले पानांत वयले ब्लोक ट्युटोरियल आनी एका बियेर बारान रिसर्व केल्यात, सकयलो सगळो ब्लोक एका केसिनो कंपेनीन अमानत केला देकून तुजें संपादकीय दुसरे पानार ह्या कोनशांत आसुंदी. पूण मटवें बरय, आजकाल लोकालागीं वाचुंक वेळ ना. देकून लोक फकत पळेता, तुज्या संपादकीयाच्या बगलेचो ब्लोक बोडी मसाज पारलरान बूक केला.''

''.....'' गुरुदासाचीं उतरां ताच्या ताळ्याभितर जिरलीं.

''साहिताक सयत आवकास आसा, तर्जणेक हांवें दोगांक नम्यारला, ताणीं एदोळच काम सुरू केलां. हें एक तर्जण केल्लें कविता, आतां अन्येक लोकामोगाळ 'ये लडकी डिंग डोंग.. कर्ती है..', 'दर्वाजा खुला है तू शीदा अंदर आजा..राजा' असल्यांक तर्जण करुंक तांकां सांगलां''

''सर... तीं कविता न्हय, पदां'' गुरुदास कपलार मिरियो घालून उलयलो.

त्रिपाठीन शिंपी गिळून जवाब दिली; ''बजारांत लोक फुलाचो रंग मात पळेता शिवाय तें फूल कंय थावन आयिल्लें म्हण न्हय. कविता जांव व पद, कोणाक फरक पडता? आमच्या युवजणांक असलिंच पदां जाय, आनी आमकां युवजण जाय. तुका गर्ज पडली तर हेच विश्याचेर भासा–भास चलय. पतराचेर भासाभास चल्ली तर वाचप्यांक आतुराय चडता. तुजी जवाभदारी पतराचो विखरो चडंवचीं बरपां पर्गटचीं. उडास आसूं, आमी मयन्याक एक घोटाळो एकपोज करुंक आसा, ताची वेवसता म्हजेर सोड. जितलेवेगीं तूं पतराक टेक–आफ कर्ताय तितलेवेगीं तूं लोकामोगाळ जाताय आनी आमचें पत्रयी लोकामोगाळ. उपरांत आडळतें कर्चीं पाडत मात न्हय, विरोद पाडतेचीं सयत आमकां सोधून येतली, जाहिरातां दितली.'' त्रिपाठी सांगोनच आसलो.

''सद्द्याक हांव सगळीं कार्डां उग्ते करिना. बिलडर लोबी, एजुकेशन लोबी, पोलिटिक्स लोबी आनी ताच्याकी व्हड धरमाची लोभी सर्व म्हजे मुटिभितर आसा. तूं हाची कितेंच चिंता करिनाका, तूं सेट जाता म्हणासर हांव आसां, तुका जयताची वाट सोधुंक हांव मजत करतलों, पूण तुवेंच चलोंक आसा. तुका खंच्या रितिच्यो कोंट्रोवर्सी जाय त्यो रच, कोर्ट–केज सर्व सांभाळुंक येदोळच दोग–तेग वकिलांक नम्यारला देकून तूं ताची फिकीर करिनाका. आमकां जटपट वाचपी जाय. आनी जटपट वाचप्यांचें सूत्र 'चटपटी वाचप', आतां तुका कितेंच विचारुंक आसा?'' त्रिपाठीन पयलेपावटीं उस्वास सेवंक अपलें तोंड बंध केलें.

आयकून गुरुदास अपलेसतकीं चिंतुंक पडलो;

"सर. मेट्रो बुल्लेटिनांत समाजेच्या वेवेगळ्या शेतांनी उजवाड फांकंवचीं बरपां परगटचें चिंतप म्हज्ये मतिंत आसल्लें. लोकाक जागृत करचो म्हजो शेवोट. आजकाल चटपटी पतरांचो, माध्यमांचो बोर्गोळ ना, बोर्गोळ आसा तर नयतिकतेच्या पतरांचो, माध्यमांचो. खबरो रचतेलीं, खबर विख्तलीं भरोन गेल्ल्या संसारांत बदलोन गेल्ल्या खबरांचें व्याख्यान सारकें करचें चिंतप म्हजें, आनी दयकरून त्या बियेर बारांचें वा केसिनोचें जाहीरात आमी छापचेंच नाका. आमी साहिताक पयलें पळेवन निर्णय कर्चो शिवाय साहितिंक न्हय. आमी बरे रितीन मुनाफो जोडच्यो वाटो सोध्यां...." गुरुदास उलवन गेल्लेपरिंच त्रिपाठिच्या तोंडाचो छारो बदलोन येतालो.

"म्हाका कित्याकगी पयलेंच तुका भेटल्लेवेळार भगल्लें, तूं ह्या कदेलाक जोक्तो न्हय म्हणून.." त्रिपाठीन तितलें मात्र सांगलें.

"म्हाकाय तेंच निघंट करुंक जाय आसलें..." गुरुदासान सोडन दिलेंना.

एकाच खिणान सगळें बदल्लेपरिंच त्रिपाठिचें मोबायल रिंग जालें;

"हलो... व्हय, उलयतां, ओह.. व्हय.. वळोक जायनासताना कितें?... ओह... श्यूर.... म्हाकाय ताचेतसलोच है फ्लायिंग एडिटर जाय, टेक आफ करुंक... व्हय.. सर्व तयाराय जाल्या.."

मेट्रो बुल्लेटिनाक नवो संपादक मेळचो भरवसो गुरुदासाक आसल्लो. देकून तो थंयचो उटलो आनी केबिनाभायर गेलो. ताका रावंवचें प्रेतन त्रिपाठीन केलें ना.

◆◆◆

| | |
|---|---|
| खिळांवचें = Nail | सुयोग = संधर्भ |
| सुटावें = शीदा | मुनाफो = लाभ |
| व्याख्यान = Definition | निघंट = नखखें |
| चपरासी = खचरो झाडतलो | |

बिंब पतराचेर पर्गट्ल्या

# लक्ष्य

२०१७, आगोस्त २२

जागो – असल्फा गांव, घाटकोपर

सकाळींचीं इकरा वरां जाल्ले परींच भायल्यान कोणें गी 'श्यामली बेटा..' म्हणून आवाज दिल्लो आयकतच माधवी पेंकटाक खोवयिल्लो आपल्या कापडाचो पालव काडून, आपलो पालव सारको करीत कोठरे भायर आयली.

घरांत दादलो म्हळ्ळो कोणूय नाशिल्ल्यान देवकीन, आपले धुवेचे सोयरिकेचें उलोवणें करच्याक, धोबीतलावांतले आपले धाकटे भयणीक एका दिसा आदीं च आपयिल्लें. ल्हान पिरायेरूच मुंबय आयिल्ले माधवीक हांगाच्या लोकां विशीं, संस्कृते विशीं खूब जाणवाय आसली.

तिणें आपले दोनूय हात जोडून "प्रणाम..येया.. भितर येया...", म्हणून सोयर्यांचें स्वागत करून, पयलेंच मांडून दवरिल्ल्या कदेलांचेर तांकां बसयतच, देवकीन भितर कुजना थावन दोन ग्लास उदक हाडून सोयर्यांक दितच, माधवीन तिचो उल्लेख करून 'श्यामलीची आवय ही, आनी हांव श्यामलीची मौसी' म्हणून वळख करून दिली.

"हो म्हजो खास मित्र आनी म्हजो बिजनेस पार्टनर शरण मोटवाणी, आनी हांव गुरुदास आपटे.माफ करा, शरणाचीं पिरायेस्त व्हडिलां राजस्थाना थावन मुंबय येवंक सकलिनात देखून तांचे तर्फेन हांव शरणाचे सोयरिके विशीं उलोवंक आयलां. देखून तुमकां कितेंय विचारूंक आसा तर म्हजे लागीं विचारूं येता" एकाच दम्मान गुरुदासान सांगून सोडलें.

माधवी तांचे समोर आसच्या कदेलाचेर बसून आसले परींच, कुजनांतली देवकी सयत 'श्यामली न्हाणयेक गेलां, आत्तां येतलें' म्हणत, येवन माधवी बाराबर बसली.

"तर, चेड्याच्या कुटुंबा विशीं, तशेंच तुमचें बिजनेस कसलें म्हण सांगशात गी?" माधवीन उलोवण्याक बुन्याद घाली.

"शरण एकलोच पूत, तेगां भयणी येदोळूच काजार जावन गेल्यात. काजार जायना म्हण आसलो.पूण चाळीस वर्सां उतरतच चेडूं सोडचें कांय सलीस न्हय. देखून हांवेंच ताका काजराक सुचयलें, आनी म्हजी सुचोवणी तो केदींच नेगार करिना.ताचे सोयरिकेची जबाबदारी सयत म्हाकाच मेळ्ळी. श्यामली सयत आंकवार म्हण कळून आयलें देखून, श्यामली शिवाय बरें चेडूं आनी कोण मेळत? हेंच चिंतून आमी आयल्यांव." गुरुदासान हरशीचे परींच एकाच दम्मान सांगून सोडलें.

"श्यामली सयत आमचें एकलेंच चेडूं, काजार जा पुता, आवयक पिराय जाली. तिची जतन कोण करीत म्हळ्ळी खंत तूं करिनाका म्हण कितले पावटीं सांगलें तरी चेडूं

आयकूंक तयारूच नासलें.जेन्ना चेड्यान 'तुजी आवय आपले आवय परीं' देखून काजर जातच तिची जबाबदारी सयत आमी घेतांव' म्हळ्ळें धैर दिल्लेंच काजराक तयार जालां" देवकीन आपले धुवेची शिफारस केली.

"शरण एक छत्रट, म्हणजे स्वयं सेवा संस्थो चलोवन आसा. कांय वीस पंचवीस लोक हातूंत काम करता.समाजांत लाचार जावन आसच्यांक, कश्टांत आसच्यांक कुमक करचो संस्थो तो..." गुरुदासान शरणाची मोटवी वळख करून दिली.

"म्हजी धूव सयत समाज सेवा करच्या एका संस्थ्यांत काम करून आसलें. कोण दुबळीं कॅन्सर पिडेंत वळवळटात, कोण भुरगीं इस्कोलाचें शिकप नासतना रस्त्याचेर भीक मागतात, तसल्यांक कुमक करचो संस्थो खंय तो..." माधवीन श्यामली विशीं सांगलें.

"तितलें बरें काम तर तिणें कित्याक सोडलें?" – गुरुदासान सवाल केलें.

"आमचें चेडूं इल्लें इमोशनल, हाचे आदीं सयत लोकाक काम लाभोवन दिवच्या कंपनींत काम करून आसलें.तशें आमचें श्यामली म्हेनती चेडूं. एके सकाळीं उठून घरचें काम करून, रेल्वे स्टेशनाक चलून वचून, सांज पर्यांत काम करून, सांजेर सयत रेल्वे स्टेशना थावन चलुनूच येता, उपरांत घरचें काम करता."

"काम लाभोवन दिवचे कंपनींतलें काम कित्याक सोडलें?" शरण मोटवाणीन विचारलें.

"कोण जाणां, दोन वर्सां काम केलें न्हय, आतां काम बदलूंची आशा जाल्या, म्हणालें.कितेंय आसूं, आमचें चेडूं सत्ती आनी म्हेनती, पतीच्या बिजनेसांत सयत नक्की मजत करतलें म्हण दुबाव ना" माधवीन सांगतच शरण मोटवाणी आनी गुरुदास एकामेकाचीं तोंडां पळोवंच्यार पडलीं.

तितल्यार भितर न्हाणयेची खीळ काडिल्लो आवाज जालो.देवकी उठून च्या करूंक कुजनाक रिगली.

***

२०१६, जून २९

जागो: कांदिवली

*``DREAM WITH US, NGO Office''*

"तुजें दिसाचें लक्ष्य कितलें?"

शरण मोटवाणीन पयले पावटीं दोळे वाटारून  सवाल करतना, थंड ए.सी.च्या कुडांत सयत श्यामली घामेल्लें.

"सर, दिसाक दोनशीं फोनां"

"लक्ष्य म्हळें हांवें. कामा विशीं विचारूंक ना" शरणाच्या ताळ्यांत कसलीच सोडदोड नासली.

"सर, दिसाक पांच हजार, हफ्त्याक पंचवीस हजार" श्यामलीन नमृतायेन जबाब दिल्लो.

"श्यामली, कितें जालां तुका?, तूं इंटर्व्यूंवांत इतलें संतोस दिसतालेंय, तुका ह्या कामाचेर भर्म आसूंक जाय. तुवें करचें काम कितलें वरतें तूं जाणांय?, तुजे म्हेनते वरवीं एका अनाथ भुरग्याक शिकचो अवकास मेळटा, एके पिडेंत आसच्या भुरग्याक वखद मेळटा... तूं समजताय?" शरणाचो ताळो समजावंचे परीं आसलो.

"सर, व्हय सर, हांव समजतां, हो पयलो हफ्तो ने, म्हाका इल्लो वेळ दिया सर, हांव म्हजें लक्ष्य सोंपयतलीं. हांव म्हेनत करून आसां. म्हाका पत्येयात सर, म्हाका सांजेर सातांची ट्रेन धरूंक आसा. उपरांत लेडीस स्पेशल ट्रेन ना. ट्रेनींत विपरीत खेट आसता, उबीं रावूंक सयत साद्य आसना. आज म्हाका वचूंक परवानगी दिया सर.फाल्यां हांव वेगीं येवंक प्रेतन करतां" श्यामलीच्या ताळ्यांत विनंती आसली.

दुसऱ्या दिसा ताचे सवें काम करून आसचें एकलें चेडूं म्हणटालें :

"सर भारीं स्ट्रिक्ट आसा. टार्गेट अचीव करिना तर कोणाकूय सांजेर घरा वचूंक सोडिना.परत फोन करा, फेस्बुकाचेर, वॉट्सापाचेर संदेश धाडा. फकत एक हजार, ना तर पांयशीं रुपय पुणी दिवंक विनंती कर. धा जणां पैकीं एकल्यान धाडलें तरी, शंबरांत धा जणांनी पांयशीं दिल्यार पांच हजार जातात. देखून तुमची म्हेनत करून रावा."अशें पुरा म्हणटा, हें हेरांनी सांगचें श्यामलीन सयत आयकल्लें.

थोडेच हफ्त्यांनी कळून आयलें. जितले जण काम सोदून येताले, तितलेच जण काम सोडून वेताले.

नव्यान कामाक भरती जाल्ल्यांक तरबेती दिवंक थोड्यांक नेमिल्लें. आनी तीं जोकती तरबेती दितालीं. कसो नंबर सोदून काडचो, कशें संदेश पाठोवचें, आनी कोणाक खंयचे संगतीचेर आसक्त आसा म्हण सोदून काडचें.

पूण कोणाकूय कोणा सवेंय संपर्क करच्याक कसलीच बंदड ना. फोन करूं येता, फेस्बुकाचेर संपर्क करूं येता, वॉट्सापाचेर संपर्क करूं येता.सर्वांक स्वतंत्र आशिल्लें. पूण दिसाचें हफ्त्याचें लक्ष्य सर्वांनी भरती करूंक आसलें.

काम दितां म्हण बेकार आसच्यांक वेगवेगळो भरवंसो दिवन सलवोन काम सोडून आयिल्ल्या श्यामलीक हें काम मातशें बरें म्हण भोगलें. गरीब लोकांक मजत दिवचें काम मतीक समाधान दिवचें काम म्हण भोगलें तरी, परत परत विचारिल्ल्या मनशां लागींच विचारूंक एके तरेची दाक्षेण येवंक लागली. तातूंय थोड्यांनी बुरशे रितीन उलोवचें सयत सोंसूंक पडटालें. कोणाक ही मजा जावंक पुरो.पूण श्यामलीक मात एके तरेची सजा म्हण भोगतालें.

श्यामलीन एकाच वर्सान काम सोडलें.

***

२०१६, एप्रील १६

जागो: साकीनाका

*'JOB FOREVER PORTAL'*

"दोन वर्सां थावन काम करून आसाय श्यामली, कितले पावटीं तुका समजयलां. तुजो हफ्त्याचो कोटा कितलो श्यामली?"

हरशींचे परीं एके सांजेर गुरुदासान श्यामलीक आपल्या कॅबिनांत आपोवन समजावचें प्रेतन केल्लें.

"सर, हांव प्रेतन करून आसां. पूण साबारांनी म्हजें फोन रिसीव करचें रावयलां. थोडीं म्हाका उलटीं सवालां करतात" श्यामीलाच्या ताळ्यांत निरासपण झळकतालें.

"कामाची गरज आसची तांकां, तुका न्हय.तूं तांकां काम सोदून दिताय. देखून तांणी तुजेर उलटीं सवालां कित्याक करचीं?" गुरुदासानूय उलटें सवाल केल्लें.

"..............." श्यामलीन जबाब दिलो ना.

"तुवें तुजो मोबायल नंबर कित्याक बदलिलांय?"

"सर, म्हज्या नंबराचेर कोण कोण फोन करतात. भेश्टायतात आनी सतयतात. देखून नंबर बदलूंक जाय पडलें" श्यामलीन सत सांगलें.

"तुजो खासगी नंबर तूं तांकां कित्याक दिताय?" गुरुदासान उलटें सवाल केलें.

"सर, थोडीं म्हजो मोबायल नंबर दिल्ले शिवाय मेंबर्शिपाचे पयशे दिना म्हणटात. देखून दिल्लें." श्यामलीच्या उतरांनी दूख आसलें.

"पूण हेर चेडवां स्मार्ट आसात, श्यामली. तूं केन्ना स्मार्ट जाताय? तुज्यो गरजो हांवें पुरा करूंक नात गी? तुजे आवयक गांवा थावन मुंबय हाडूंक आसा. देखून भाड्याची एक कोठरी करूंक तुका डिपॉसिटाक धा हजार दितना हांवें फाटीं मुखार पळोवंक ना, तुज्या म्हयन्याच्या पगारांतलो इल्लो इल्लो म्हण दोन वर्सां जाल्यारूय, आनिकूय थोडो बाकी आसा. तूं म्हेनत करतलेंय म्हण हांव भरवंसलों.."

".. सॉरी सर, हे पावटीं म्हजो पगार दिनाकात. तुमचे थावन घेतिल्लें रीण फारीक जातासर हांव काम करतलीं" श्यामली तितलेंच सांगून गेल्लें.

गुरुदास चडावत जावन *"emotional exploitation"*आंत सलवनासलो. पूण श्यामली थावन आज पयली सलवण ताका लाभली.

***

'लृटऑ ऊटढ अएए' कंपनीन पांच वर्सां भरती केल्लीं.देखून एक पार्टी दवरिल्ली.

सर्व स्टाफांक दनपारांच्या जेवणाक व्हरची विलेवारी गुरुदासान केल्ली. रिसेपशनाचीं, सेल्स, मार्केटिंग, एकांवट्स अशें सर्वांक आपोवणें दिल्लें.

हेच संदर्भार श्यामलीक पयले पावटीं शरण मोटवाणी मेळिल्लो आनी आपल्या 'छऋटअंत काम करूंक उलो दिल्लो.

"सर्वांक दिनवास, मोगाच्यांनो... आमी एक कुटुंब जावन ही कंपनी उबी केल्या. सुरवातेर फकत देडशीं अभ्यार्थी आसलीं. आतां तांचो संखो  साडे सात हजारांक मिकवला तर, तुमची म्हेनत कारण जावन आसा. व्हय आमकां आडखळी आसात. मेंबर्शीप फीस दिल्ले आमकां सतयतात. कामां सोदून दियात, ना तर आमचो दुडू फाटीं दियात म्हणून धमकी दितात. तें सर्व ह्या कामांत आमी फूड करूंक आसचेंच. देखून कोणेंय धैर सांडचें न्हय.तसल्यांक परत शिकूंक उरबा दिवची आनी आमी आसा केल्ल्या 'स्कील डेवलपमँट इस्कोलाक' भरती करचें. तशें पुणी आमचे कस्टमर आमकां परत बिजनेसाक अवकास दितात. उगडास दवरा. मुनाफोच आमचो ध्येय.." गुरुदास उलोवन आसलो.

"सर, पूण मेंबर्शीप दिल्ल्यांक आमी येदोळूच तांची सि. वी. बदलूंक, सि. वी. हायलायटर करूंक परत तांचे थावन ऐवज घेतला. आतां तसल्यांक 'स्कील डेवलपमँट इस्कोलाक' परत विचारल्यार ओपतीत म्हूण दिसना." सेल्साच्या एकल्यान सवाल केलें.

"दया करून बेवकूफ सवालां विचारिनाकात.. ह्या संवसारांत दोन संगतींनी उणेपण ना? सपनां देखतलीं आनी सपनां विकतलीं. तीं कशीं विकचीं आनी केन्ना, कोणाक म्हळ्ळें समजूंक तुमकां नेमलां. देखून त्यो वाटो तुमीच सोदूंक आसा.हांव अवकास मात रचून दितां.पूण ते वाटेर तुमींच चलूंक आसा.. उगडास दवरात..जो धांवता, तो जिखता.. जो रावता.. तो सलवता."

श्यामलीन *JOB FOREVER* आचें काम सोडिल्लें.

***

२०१६, माय १५

जागो: लोणावळा

स म्हयन्याक एक पावटीं पुणी शरण मोटवाणी आनी गुरुदास आपटे वेळ काडून, आपापलीं कारां घेवन खंय तरी रिसॉर्टाक वेताले. तांच्या रावपाची, भुकेची, तानेची (सर्व तरेची) विलेवारी पयलेंच जाताली.

सांजेच्या वेळार हातीं ग्लास घेवन दोगूय एकामेकाच्या मुनाफे विशीं उलयताले. एकामेका सल्लो दिताले.दोगूय दोनूय कंपनीचे पार्ट्नर.

एकलो *'NGO'* आन्येकलो *'JOB PORTAL.'* समाज सुदारपी म्हण समाजान वळखिल्ले मानेस्त.

"श्यामलीच्याक टार्गेट एचीव करूंक जायना... *she is emotional fool...*" गुरुदासान उलोवंक सुरू केलें.

"दुसरें ऑपशन? रिप्लेस्मेंट?" शरणाचें सवाल.

"छे... *Don't be a fool...* आमी हेर वाटो सोदूंक आसात. जर तें म्हज्या हातांतलें चुकलें तर, तुज्यांत पडलें म्हळ्ळो मतलब" गुरुदास हांसलो.

"म्हळ्यार..?" शरणाक समजलें ना.

".. सिंपल... काम सोदून दितां म्हणून डेटाबेसांत आसच्या सर्वांक ताणें येदोळूच फोन करून जाला... आनी तें काम करीत जाल्यारूय, ताच्यान टार्गेट एचीव करूंक जायना. देखून फुंक्याक पगार कित्याक दिवचो? एका फातरांत दोन निशाणी. श्यामलीचेर प्रॅशर घालून काम सोडूंक मजबूर करून, तिणें काम सोडटच, नव्या स्टाफाक त्याच डेटाबेसाचीं नंबरां दिवन, येदोळच्यो सर्व चुकी श्यामलीचेर थापून सोडच्यो..." गुरुदासाची मत चुरूक  जाल्ली.

"..समजलों... जेदोळ म्हणसर हें नवें चेडूं आपलो टार्गेट एचीव करता, तेदोळ पर्यांत दवरचें. उपरांत... आन्येक रिपलेस्मेंट" शरणान जबाब दिलो.

"शाबास... तूं स्मार्ट जालाय तर.. आतां आयक..तूं श्यामलीक *job offer* कर, ताका *job filed* आचेंच करूंक सुचोवणी दी. परवांचे पार्टींत तुका श्यामली सवें मेळयतां" गुरुदासाची सुचोवणी आयकून शरण चिंतूंक पडलो.

रात जून जावन येताली...

शरण अनी गुरुदास आपापल्या कुडांनी घामेताले.

***

न्हाणयेंतले भायर आयिल्लें श्यामली न्हेसून आयतें जालें, आनी देवकीन येदोळूच च्या केल्ली. थोड्या बिस्किटां सवें एके टिपॉयाचेर दवरून ती टिपॉय घेवन श्यामली भायर येवन सोयर्‍यांक च्या दिवन, आपले मावशे सवें बसलें.

गुरुदासान येदोळूच येवजिल्ले परीं "शरण म्हज्या मित्राक तुमच्या घरा भायलें गार्डन पसंद जालां. देखून श्यामली तूं दया करून, तें दाखोवंक व्हरशी?"

माधवीन सयत कबलात दिली. देखून श्यामली आनी शरण कोठरे थावन भायर आयलीं.

"श्यामली, तुवें म्हजे दोळे उगडले ... निजायकी हांव तुका समजूंक शकलो नां. तेगां कॅन्सर पिडेंत वळवळच्या भुरग्यांक हांवें तीन दिसां भितर साडे तीन लाख एकठांय करूंक म्हाका आसलें. देखून हांव तुजेर रागार जाल्लों. तूं काम सोडून गेल्ले उपरांत म्हाका निजायकी तुजें उणेपण भोगता. पूण तुका हांव कसलोच फॉर्स करिना. तूं काजार

जातच काम कर वा सोड. पूण तूं संतोसान आसल्यार पुरो. ऑफिसाचीं सर्व चेडवां तुका मानतात तुका काम करूंक आसा तरी म्हजी कसलीच अट ना.तुजी आवय म्हजीच आवय म्हण चिंत्तां" शरण उलोवन वेतालो.

"तुजो उपकार हांव जीणभर विसरची ना.. म्हजे आवयक तूं म्हजे सवें पळयताय तर, हांवें काम करूंक पडटा, आनी हांव करतलीं. आमी दोगांय मेळून सर्व गरिबांची सेवा करुंया.समाजांत कोण दुबळीं भुरगीं कश्टांत आसात, तसल्यांक आमी पावुंया."

शरणान अपेक्षा केल्ले परींच श्यामली उलयतालें.

दोगांयनी गार्डनांत थोडो वेळ खर्चीलो. फाटीं येतच शरणान गुरुदासाक पळोवन एक दोळो मोडलो आनी हळटार म्हणालो *'done.'*

माधवी आनी देवकी लग्नादीस थारावचे विशीं चिंतून आसलीं.

"ह्या वाटारांत जायत्यो सोयरिको सोदून आसात म्हण दिसता न्हय?" गुरुदासान शरणाक पळोवन आपलो दोळो मोडलो.ताचे मतींच नवोच संस्थो घडचे विशीं चिंतप येतालें *'Matrimony Portal'.*

तांचें लक्ष्य साफ आसलें.

◆◆◆

| | |
|---|---|
| येदोळूच = आदींच, पयलींच | दाक्षेण = लज |
| सलीस = सोंपें, सुलभ | सलवण = हार |
| कुमक = आदार, मजत | विलेवारी = मांडणी, वेवस्था |
| वाटारून = पातळावन | संखो = आंकडो |
| सोडदोड = तडजोड | मिकव (मिक.वा) = परस चड, वाड |
| भर्म = मान, गौरव | अवकास = संद, संधी |
| तरबेती = तरबेज, तालीम | ओपव (ओप.वा)= राजी जा, कबूल जा |
| संगत = गजाल, विशय, मुद्दो | चुरूक = सादूर, सावध |
| आसक्त = आवड, पसंद, रुची | हळटार = व्हळू, ल्हवू |
| सलव (सल.वा) = हार | |

# एक्ये मरयादेची काणी

"दाकटी ती जीणभर दाकटीच, आमची मरयाद काडुंक जल्मल्लें कोण्णा, राव तिका ह्ये पावटीं सार्की बूद शिकयतां"

फोनाचो रिसीवर सकला दवरच्याधीं म्हज्या तोंडांतून ज्योरान आयिल्लीं उतरां आयकून वोल्तेराचेर बसून दिसाळें वाचून आसच्या म्हज्ये बायलेन आपले तोंडांत कितेंच सांगलेंना तरयी तिच्या दोळ्यांनी तात्सार आसलो हांवें पार्किलो.

हेच्च विश्याचेर आधले हफ्त्यांत आमचेमधें सुरू जाल्लें उलवणें झगडें जावन बदलल्लें. ह्ये पावटिंयी आमची तीन हफ्त्यांची रजा विभाड करुंक म्हाका नाकासल्लें.

"पोट भरचें काम सुणें म्हाजरयी कर्ता, अशें म्हणून कुटमाची मरयाद वाटेर घाल्चिवे, तीयी आमच्या सयरयांसमोर ती वाटेर घाल्चिवे?"

तिच्या सवालांत वाजबी राजांव आसलें, पूण हांवयी कितलें म्हण सोसतलों?

एकलीच भयण म्हणून, तिच्या खुशे अनुसार तिका गांवांतच काजार करून दिल्लें.

म्हाका पयलेंच कळीत आसलें; चेडो काम कर्न खांवचो न्हय, हर्दें फुलवन, मूडदार्गी दाखवन, तांचें हांचें लुटून खांवची ताची सवय गांवभर लोक पाटल्यान उलयतालो.

दोत ना पूण देण्या रुपार दिल्लें कांय उणें नातलें, तीस पांवडां भांगार, नगदेन पांच लाक, इतलेंच न्हय, काजाराचो सगळो खर्च सयत हांवेंच पळेल्लो.

काजार म्हळ्यार कितें खेळवे?

एकाच वर्सान ती एका भुर्ग्याक, अशें तीन वरसांनी पाटापाट तेगां भुर्ग्यांक बाळांत जाताना देण्यारुपार दिल्लें सगळें भांगार घोवान आडोव घालां म्हण गांवार कोणेंगी केल्ली खबर म्हज्याय कानांनी पडल्ली.

"तुका विचारुंक जीब नावे?, तूं शीदा विचार.. तें भांगार दिल्लें ताका हात–पांय भाड्याक दीवन काम करिनासताना जियेवंक न्हय"

बायलेचें कडक्क उतर जिरवंक म्हाका तरास जाताले. पूण एकाथराचो इगो म्हज्या मतिंत आसलो, म्हजी बायल पळे, अपल्या कुटमाचे घूट केदिंच सांगिना, तिचो भाव लोट्रिचो दंदो म्हणून जुगार खेळ खेळयता आनी आड वाटेन कमायता तें म्हाका कळीत आसलें तरयी, ताचेविश्यांत एक सब्ध आयकुंक ती तयार ना, पूण म्हज्या भयणिची तनकी करुंक मुकार.

अशें म्हणून म्हाकाय म्हज्या भयणिचेर राग ना म्हणून न्हय. आसुंदी, म्हज्या रगता–संबंदाचें म्हणून काजार जाल्ले उपरांत सयत तवळ तवळ तिका दुडवांत कुमोक केल्ली. ती म्हजीच जवाभदारी म्हणून हांव लेक्तालों.

“व्हय, तुजी जवाभदारी, तुजो भाव पळे, अपणाक कितेंच पडोन गेल्लें ना म्हणून बोंबोय आसा, जीव आसागी मेलागी म्हळ्ळी खबर सयत ना, ताका कित्याक कुटमाची फिकीर ना? घर्चो सगळो खर्च कित्याक तुवें एकल्यानच पळेंवचो?, फाल्यां जाग्याचो वांटो घेवंक सगळीं आयतीं आसतेलीं”

बायलेन परत तेच्च निबान खोंकचें म्हाका करंदायेचें जाल्लें.

म्हजेलागीं घेंवचें सोड, रीण म्हणून मागून सयत वेल्ले पाटीं दिलेनांत. तांकां दाट्टू म्हळ्यार फकत दुडवाचो मुदो, दुडू जांव दानारुपार वा रिणारुपार घेवंक तीं कसलींय निबां आनी रुपां घेवंक तयार. नांतर दाट्टूच दुस्मान म्हळ्ळें चिंतप वेगळें. म्हजेलागीं कितें दुडवाचो रूक आसावे?

पूण म्हाका विशेस करंदाय भगल्ली म्हज्या मांवाड्यांत, तांकां सयत म्हजी भयण आमच्या सयरयां–दयरयांगेर वचून रीण माग्ताना तीं तिका तुकलावन हासतात आनी तें “म्हजो दाट्टू म्हाका कितेंच कुमोक करिना” म्हळ्ळयो फटीं मार्ता म्हळ्ळें आयकून कठीण चीडल्लों तितलोच दूखल्लों.

आधल्या वर्सायी अशेंच घडल्लें; सगळें वरस त्या गलफाच्या रेंवेच्या गांवांत घोळून, वरसांत मेळच्या तीन हफ्त्यांच्या रजेर आयिल्लेवेळा हेच्च कर्करे, रीण, पिडा, दुबळिकाय म्हणून जेवल्लें शीत पोटाक लागाना जाल्ली स्थिती चिंताना ‘आनी मुकार गांवाक येंवचेंच न्हय’ म्हण गुप्तीं निचेव केल्लो हांवें. पूण कितें करचें? पर्गांवांत आसताना गांव जाय म्हण भग्ता, आनी गांवांत पर्गांवच बरो दिसता.

ह्यो पावटीं एदोळच तेगांनी म्हाका खुद्द फोन कर्न सांगल्लें; “अळेरे, तुज्या भयणीक इल्ली बूद सांग, तें सुण्या माज्रालागीं रीण विचारून तुमची मरयाद वाटेर घालून आसा”

आयकून म्हजो इगो चडल्लो, आधले वर्सा अशेंच तिच्या घोवाक आपवन हांवें विचारल्लेवेळार ताणें दिल्ली जवाब; “म्हजी विजा जांवचार आसा, येजंटान पंचवीस हजार विचारल्ले, हांवें ते एकल्या व्हळकिच्यालागीं मागून दिल्यात, पूण आतां तो व्हळकिच्याक तुर्तान पाटीं दीवंक मागून आसा”. उलयताना कांय ताच्या तोंडांतून मोतियांच गळतालीं. कितेंय आसुंदी, भयणिचोच घोव पळे, कांय फाल्यां बरो जातलो आनी म्हज्या भयणीक बरें कर्न पळेतलो म्हळ्ळे चिंत्पान हांवें सयत बेंकांतली एक एफ.डी. मोडून ताका दिल्ले.

दीवन हफ्ते मयने उतरले तरयी, विजाय ना घेतल्ले पोयशेय नांत; जशें एक सांगणी आसा ‘कुरलीय ना कुरली धरुंक घाल्लो हातयी ना’ म्हळ्ळेपरीं.

“व्हय, तुका कशियी तकली ना, फाल्यां तुकाय भुरगीं जातलीं, तांचो बरो फुडार म्हळ्ळी खंत तुका कशियी ना, देकून तुंच तुज्या भावाक, भयणीक आनी आतां तिच्या आळशी घोवाक पोस. थोडे दिसां खातीर म्हज्या भावाक पंद्रा हजार रुपय मागल्ले, तेयी तो वाडिरुपार पाटीं दितो, पूण ना.. ताका दीवंक तुजेलागीं नांत”

"म्हाका कोणाकोणाच्या रगताचे पोयशे नाकात, म्हजे पोयशे मिनतेचे देकून बरे कामाक दिल्यात." हांवें पयले पावटीं पोयशे दिल्लेविशीं तिचेलागीं वोपून घेतलें.

"व्हय, म्हजो भाव कोणाकोणाचे रगत चिंवता, तुज्या भयणिच्या घोवापरीं अपल्यांचेंच रगत चिंविना ने?"

इतलेंच उलवणें जाल्लें, उपरांत तिच्या दोळ्यांतून उदेल्ली दुखांचीं झर... हें सगळें म्हाका सदांची सवय जाल्ली.

पूण ह्या पावटीं अपूण कोणायकयी एक पोयसो सयत दिंवचो ना – हांवें मतिंत निर्णय केल्लो.

पूण ह्यो खबरो म्हाका पिसांतूर कर्ताल्यो.

"फोयर तांगेर वाड्याची जमात आसली, ताणें जम्लेल्या सर्वांक केटरिंगाचें खाण आनी पिवन हाडवन दिलां, कोणा कोणाचें मागून हाडून वाड्याच्या जमातेंत कित्याक खर्च करिजाय?" फिर्गजगारान म्हज्या तोंडांत उतरां घालीं.

"हसतीक धाखवंक आसचे दांत वेगळे, चाबुंक आसचे दांत वेगळे न्हय?, आमी पोटाक नासताना आसल्यारयी व्हड ना, पूण वाड्या जमातेंनी सारकें खावंक/पियेवंक दीनातल्यार गांवभर खबरो जातात ने?" हांवयी बोल्तेंच उलयलों तरयी म्हज्या मतिंतयी तेंच चिंताप आसलें.

"तूं कडक्क सांगया, आमकां येदोळ पीळल्लें पुरो, आयच्यान खंच्याय सयरयांगेर पोयशे मागुंक वेशी तर तुजें पेंकाड मोडून घाल्तां" म्हणून धमकी दी".

सत सांगचें तर, पाटल्या थोड्या दिसांनी हेंच आयकून आयकून म्हज्या मतिंत सयत तितलोच राग आनी कर्करे भरून गेल्ले. घड्येचो सुशेग मतीक नातलो. देकून फाल्यां सकाळीं उटोन भयणिगेर वचोन तिका कठीण उतरांनी भेश्टावणी दीवन येतलों, म्हजें उतर आयकना तर, आयच्यान ती म्हजी भयणच न्हय, ती मेल्या म्हण लेख्तलों – अशें रातभर कूस पर्तिताना चिंतून आसलों.

सकाळिंचो नासटो जातच भायर सरच्या म्हाका पळेवन समजल्ल्या बायलेन सांगलें; "अळे, सोसच्याकी एक गड आसा, दिल्ली सळगी मोसत जाली, आतां तरयी तुज्या भयणीक जाग्वण दी, नावे शीत वचून पेज जावंक आसा."

म्हज्या मतिंत येदोळच्च निर्णय आसलो. आनी दाकणे भयणिच्या घरच्या वाटेर सयत चिंतून रागान पेटतालों. म्हज्या बोल्सांत कांय पांयशीं रुपय आसले.

म्हज्या मतिंत आतां सांगुंक उतरां तयार आसलीं;

"म्हाका अज्याप भग्ता तूं म्हज्याच रगताची भयण म्हणुंक. तुका कोणाकोणालागीं पोयशे मागुंक लज दिसानावेगो?, कंय गेल्या तुजी मरयाद? तुज्या घोवाक काम करुंक सांग, तुका आनी भुर्ग्यांक पोसची जवाभदारी तुज्या घोवाची शिवाय संसाराची न्हय. तुज्या

घोवान म्हजेलागीं रिणारुपार वेल्ले कांय साठ सत्तरांक मिकवतीत..."

हांव तिचें घर रिग्तानां भायल्या सोप्याचेर दोगां भुरगीं खेळून वेसत आसात, भितर एका भुर्ग्याचें रडणें आयकतालें. भयण वा तिचो घोव कोणयी दिसलिंनांत देकून उग्त्या दारांतल्यात हांव घराभितर रिगलों.

सालांत बसोंक दोन पर्नी कदेलां मात्र आसात, आधलेपावटीं हांवेंच दिल्लो सोफा, मेज आनी दोन नोवीं कदेलां दिसानातलीं. कांय तीं सयत विकून खेल्यांत आसतेलीं. हांवें मतिंचच लेक घालें.

'ह्ये पावटीं सोडिचोना, कंय लिपोन बसल्यारी, सोधून दोगांयकी बूद शिकयतां, आयच्यान ताणीं आमच्या खंच्याय सयरयांलागीं हात उदारे करिनाये'

हांव मतिंत तोच आटोव करून भितरल्या कुडाक रिगलों. भितरल्या कुडांत मात्सो काळोक आसलो पूण कोणेंगी पिंरगोंवचें आयकतालें, पळेताना धर्णिचेर सोडयिल्ल्या मांद्रेचेर एकली बायल निदोन पिंरगता, हांवें 'कोण तें' म्हणून आवाज दिल्लोच्च तिणे दोळे 'दाट्टू' म्हणून उग्ते करून थंयच मांद्रेर उटोन बसलें. म्हज्यान पात्येवंक जालें ना म्हजी दाकटी भयण पिडेंत निदलां.

"दाट्टू... दयकरून राग करिनाका दाट्टू, म्हाका कळीत आसा तूं म्हजेर मोसत रागार आसाय म्हणून, हांव सलवलीं दाट्टू, म्हजो घोव काम करिना, आनी विजा विजा म्हणून भुर्ग्यांच्या गळ्यार आसचें भांगार सयत आडोव घालां, एका वाटेन म्हजी तकली फडाफडेची पिडा, दुस्रे वाटेन भुर्ग्यांक सयत पेज–नीस हाडची गत नासताना हांवें सयरयांगेर वचून तरयी मागून हाडचें. म्हाका व्हकत हाडुंक पोयसो नां तर व्हड ना, तें हांव सोसतां, पूण म्हज्या भुर्ग्यांनी उपाशीं आसचें म्हाका पळेवंक सोसाना दाट्टू"

तिचीं उतरां आयकताना म्हाका तकली घुंवोळ आयिल्लेपरीं भगलें, म्हज्या तोंडांतली जीब उलंवच्याधीं म्हज्या हातांनी म्हज्या बोल्साक रिगोन पांयशीं रुपयांचो नोट काडून जाल्लो.

◆◆◆

| | |
|---|---|
| तात्सर = कांठाळो, hatred | कर्करे = Disturbance |
| मूडदार्गी = भळ दाकंवचें | कुरली = कुल्ली, Crab |
| मुदो = रास | सळगी = Freedom |
| करंदाय = Irritation | घुंवोळ = घुंवचें |

भांगार भुंय पतराचेर पर्गट्ल्या

# एक बुलडोजर, बांय आनी नागू

नागुचें पुर्तें नांव नागेश भट, पळेवंक नितळ गोरया कातिचो तसोच शिकपांत सयत चुरूक तकलेचो.

भुर्ग्यापणारच ताका वासची पिसाय आनी गिरांत. कन्नड माध्यमाच्या इसकोलांत शिक्तालो आनी कन्नड साहीत वाचतालो देकून बरंवची आसक्त ल्हानपणार थावनच अपणावंक सकलो. हैसकूलाचे दीस ते जाल्लेनिमतीं शिकपाचेरयी ताका चडीत ध्यान दीवंक आसलें.

घरांत पूजापाठाचो भंवार आसलो. एकलोच पूत देकून ल्हानपणारच संसकृत भाशेंतलीं मंतरां अपल्या पुजारी बापाय थावन शिकून आयिल्लो तो. कार्कोळ थावन कांय धा–पंद्रा मयलां पयसिल्या 'माळा' गांवांत जियेतालीं. माळांत प्रैमरी इसकोलांत प्राथमीक शिकप संपवन माळांत हैसकूल नातल्लें देकून, च्यार–पांच मयलां पयसिल्या बजगोळिंतल्या हैसकूलांत शिक्तालो.

माळ थावन बजगोळीक बस्सां नातलो काळ तो, देकून हेर सांगात्यासवें सदांय मयलांगटले चलून इसकोलाक येतालीं. हातीं भुती, पोतें आनी पोत्यांत बूक आनी मतिंत शिकची वोड.

बजगोळी थावन माळचो मातियेचो रसतो आसलो डामर रसतो करुंक पंचायतान मुखेलपण घेतलां म्हण कोणेंगी उलंवचें आयकल्लेथावन भुरगीं सुडसुडीत जाल्लीं. डामर रसतो म्हणतच 'बुलडोजर' येता म्हळ्ळी खुशी, पयले पावटीं तांच्या गांवाक एक बुलडोजर येंवच्याधीं सयत हळ्ळेंतले नारल मोलावंक आयिल्ले कार्कळचे कोंगणे बुलडोजराविशीं एकेक काणयो सांग्ताले आनी बडाय कोच्चिताले. अशें नागू आनी सांगोड्यांक बुलडोजर पळेंवची आतुराय चडली.

एका दिसा पंचायत सांद्यांनी नारल फडलोच, भटान पुजापाठ केलीच आनी आयिन्न वेळार बुलडोजर आयलेंच. पूण त्या वेळार नागू आनी सांगाती इसकोलाक गेल्ले, सांजेर हर्शेंपरीं इसकोलाथावन येतेच्च इसकोलाचें पोतें गळवन, पेज जेवन, एलिमेंट्री इसकोलाच्या मैदानार क्रिकेट खेळुंक जम्ले. एलिमेंट्री इसकोलाच्या समोर एक च्यार–पांच आळ गुंडायेची बांय. बांयचें उभार काटें आनी बगलेंत पंपाचें शेड.

इसकोलाच्या बगलेन बिडी भांदच्या राधाचें घर. माळ तशेंच सुत्तूरच्या चडताव गांवांनी राधा भोव फामाद; जांव कार्कळचे बिडी चेक्कर मापळी वा बजगोळिचे मापळे तवळ तवळ अपलीं नवीं सायकलां घेवन त्या वाटेन पाशार जाताना राधाच्या घरासमोर सायकलाची कांपीण मारुंक विस्रनातले. तें आसूं.

त्ये सांजेर नागू आनी सांगोडी क्रिकेट खेळुंक म्हण आयिल्ले पूण तांकां आज बुलडोजराक पळेवंक आसलें. व्हड जयत बुलडोजर आनी ताचीं व्हड रोदां. वयर एक ल्हान पाकें आनी त्या पाक्यांत एक कदेल. नागू आनी सांगोड्यांनी पयलें पयस थावन

पळेवन उपरांत धयर एकटावन बुलडोजराक आपडून पळेलें. मात्र न्हय त्या बुलडोजराक चडोन सयत पळेताना, तें बुलडोजर चलंवचो राधाच्या घराथावन येंवचो दिसलो. भुर्गे सगळे भिंयेले आनी थंय थावन एकेकलेच्च थंयचे निकळ्ळे.

थोडे दीस गेल्लेपरिंच माळच्या रसत्यांनी जल्लेचे फातोर एकटांय जाले आनी रसत्याचें काम चालूच आसलें. नागू आनी सांगोड्यांक बजगोळी इसकोलाक वेताना सयत त्या बुलडोजराचेरच गुमान. एक पावटीं पुणी त्या बुलडोजराचेर पयण करिजाय आनी अनभव जोडुंक जाय म्हळ्ळीं चिंत्नां बळ जातालीं. पूण सांजेर जेदनांय त्या बुलडोजरालागीं येताना राधाचे दोळे तांबशेताले आनी नागू आनी सांगोड्यांचेर दडियो घाल्तालें. एक पावटीं राधा मोवाळायेन नागू आनी सांगोड्यांक आपवन म्हणालें; 'तुमकां गोत्तासाये नत्तुंग म्हळ्ळें सुकणें आसा, तें मनशातोंडाचें, आनी सदांय सांजेर हेच्च वेळार येवन बांयच्या शेड्डांत लिपोन बसता आनी तें नत्तुंग, भुर्ग्यांक धर्ता कंय, देकून तुमी सांजेर त्या शेड्डालागीं भिल्कूल वेचें न्हय' म्हणून चतराय दीवन गेलें.

थोडे दीस त्या नत्तुंगाविश्यांत चर्चा चल्ली. एकेकल्याक आपापल्या घराथावन एकेक काणी आयकल्ली आनी एकामेका सांगून सोडली. पूण नागुची मत त्या नत्तुंगाकयी पळेवंक जाय म्हणून आशेताली.

एका सांजेर नागू आनी सांगोडी धयर एकटांवन, धर्तिचेर हळताचो काळोक मांडल्लो देकून लोव मैदानाक आयले आनी आवाजाविणें बांयच्या देगेन आसच्या शेड्डालागीं पावले. आतां नत्तुंग आमचेर उडत तर आमी धयर घेंवचें आनी एकामेकाचे हात घट्ट धरून रांवचें म्हणून एदोळच ताणीं येवजिल्लें. आतां एकेक मेट मुकार आयिल्लेपरिंच तांकां शेड्डाचें बागील अर्दें उग्तें आसलें आनी भितर कोणेंगी खर्शेवचो आवाज स्पश्ट आयकतालो. तांकां आतां भितर नत्तुंग आसा म्हण नख्खें जालें, पूण त्या नत्तुंगाक पळेवंक जाय म्हळ्ळी आशा जब्बोर जाली. फकत मनश्याचें तोंड आसा म्हळां राधान पूण आवाज सयत तसलोच्च म्हणताना नागुच्या सांगोड्यान भळान एक शिंक काडली. तितल्यार भितर आवाज बंध, आनी थोडेच खिणान 'कोण? कोण थंय?' सवाल विचारित्त एकलो शेड्डांतलो भायर आयलो; बुलडोजर चलंवचो दादलो. आनी नागू आनी सांगोडी थंयच काळोकांत लिपून बसले, थोड्या वेळान एक चेडूं अपलें वसतूर सारकें करीत भायर येंवचें ताणीं पळेलें. पूण तें कोण म्हण समजुंचे तरास घेतलेनांत.

***

सुमार तेंप जाला, माळचो रसतो जाला. बुलडोजरयी पाटीं गेलां.

नागू आतां धावेंत आसा आनी शिकुंक जायतें आसा, तेच्च संधर्भार तांच्या इसकोलांत कन्नड शिकंवच्या पंडितान सर्व भुर्ग्यांक आपवन, ह्या वर्साच्या सोविनियरांत पर्गट जावंक जाय आसच्या बर्पांक बरवंक सर्वांक उलो दिलो. विंचणार बर्पां पर्गट कर्चो भासयी ताणें दिल्ली.

नागुच्या आशे अन्नेगाक एक वाट लाभली, ताणें थोडेच दिसांनी एक काणी बरवन हाडली; 'बुलडोजर, बांय आनी राधा'

तिच्च काणी जी नागून अपल्या भुग्र्यापणार पळेल्ली. आनी ती काणी हाडून कन्नड पंडिताक दिली.

कन्नड पंडीत कासरगोड प्रांत्याचो तरयी कार्कळांत भाड्याचें कूड करून सदांय बस्सार बजगोळी येतालो.

एका दिसा नागूक आपवन ताणें सवाल केलें;

'सत सांग, ही काणी कोणाची? तुवें ह्या प्रायेर असली काणी बरंवचेपरिंच ना. सांग म्हाका कोण तें राधा'

'सर, हांव सत सांग्तां सर, ही काणी हांवेंच बरयिल्ली, हांवेंच भुग्र्यापणार पळेल्ल्या घडिताच्या आधारान बरयल्या सर'

नागून कितलें परत्तिलें तरयी कन्नड पंडितान ताका पात्येवंक इनकार केलें मात्र न्हय सोविनियरांत ती काणीं पर्गटलीच ना.

***

धावेची परिक्षा जाल्ली, नागू उत्तीर्ण जाल्लो आनी कार्कळांत कोलेजीक वचोंक लागल्लो मात्र.

'युगादी विशेस अंको' ह्या पावटीं साहितीक स्पर्ध्याक आपवणें दीवन पर्गटून येंवच्यार आसलो देकून ह्या स्पर्ध्यांत भाग घेवंक आसक्त आसच्यांक उलो दिल्लें जाहीरात नागून त्या पतराचेर वाचून चिंतून आसलो. पूण शिकपाचो भोर आनी घरांतलें काम म्हणताना, तेंय कन्नड पंडितान ताका दिल्ल्या अनभवांत परत ताका काणी बरंवचें मन/ आसक्त आयलीच ना.

थोडेच्च हफ्ते उतरले.

नम्यारलेल्या दिसा 'युगादी विशेस अंको' पर्गटून आयलोच्च. आनी उटाउटीं त्या अंक्यांत साहितीक स्पर्ध्यांत कोणाक इनाम लाभलां म्हणून व्हडा आसक्तेंत ताणें तो अंको उघडलो.

वाचून शिरीं चुकलो, कन्नड पंडिताक त्या साहितीक स्पर्ध्यांत दुस्रें इनाम लाभल्लें आनी त्या काणियेचें नांव आसलें 'एक बुलडोजर, बांय आनी नागू'

***

कठीण उद्वेग, निराशेंत तशेंच देदेस्पोर मतिंत घरा आयिल्लो नागू कोणायकडे उलयलोच्च ना.

दोन दिसांनी सर्व दिसाळ्यांनी खबर छापल्ली; 'एक तरनाटो बांयत उडोन मेल्लो' आनी तो नागू जावनासलो.

◆◆◆

| | |
|---|---|
| बडाय कोच्ची = Boasting | दडियो = Scolding |
| मापळी = मुसलीम दादले | उत्तीर्ण = पास |

# देड हजार रुपय आनी दुबळिकाय

“गिमाळ दीस संपोन आतां पावसाळ सुरू जांवच्यार आसा पुता, तुमी कांय एका मयन्यादीं आयिल्ल्यात तर, ते रोसाळ, कापो पोणस मात्र न्हय, लच्चिलाच्या देगेल्या दोणप्याचेर वा त्या धोम्सागुड्यार आसच्या पाल्पोणोस सयत खावंक मेळते.”

घराभायल्या आंगणांत केल्ल्या मातियेच्या सोप्याचेर बोसोन पान–पोड धाडायतासतां दाविदाम उलवन गेल्लेपरिंच घरा भितरल्या वोल्तेराचेर बसून मोबायलांत आयिल्ल्या वाटसाप मेसेजिंक वासच्या ब्रेंडान अपलें तोंड हिवाळ्ळें देकून पासकल थंयचो उटोन घराभायर येवन आंगणांक येवन आपले दोनयी बावळे विसतारावन आंग वोळ काडन अर्ध्या मनान घरामुकल्या जाग्याक पळेतेच रावलो.

“आना, आमगेर आतां आंबे, बिंडाँ जायनांत? आधलेपावटीं मांयन केल्लें लोणचें हांवें व्हेल्लें तें खावन म्हजे कोलीग म्हणताले, अख्ख्या लंडनांत असलें लोणचें मेळचेंना”

“आंब्यारुकाचेर आयिल्ली बेंदर रुकाक चडून कोणे खातर्ची पुता, म्हाका आतां हात–पांय कांप्तात. कांय आसचें इल्लें धयर आनी तराण एकटांय करून रुकाक चडचें मन केलें तर, तुजी आवय म्हाका धेंकणो..”

“व्हय, तूं ह्या प्रायेर रुकाक चड, आनी कांय लकोन पडशी तर तुजी चाक्री कर्ची व्हड न्हय पूण कांय आगंतूक घडलें तर कोण आसा?” दाविदामाचीं उतरां संपच्यादीं कुजनाथावन सेल्लिबायेन जाप दिली.

ब्रेंडा अजून घरांत चल्च्या उलवण्याक आनी आपणाक कसलोच संबंध ना म्हळ्ळे जीन्सार मोबायलांत रीगल्लें.

इजनेर शिकप जोडून लंडनांत काम कर्न आसच्या पासकलान अपल्या पतीण ब्रेंडासवें अपणान जल्मून व्हड जाल्ल्या गांवाक येंवचें हें दुस्रे पावटीं. ब्रेंडाक गांवाक आपवन हाडुंक सयत पासकलान वर्ती मिनत केल्ली. अजीक सतरा वर्साधीं पयले पावटीं आयिल्लेवेळार ब्रेंडा नवी होकल. मूळ गांवचें तरयी बोंबोंयत जल्मून व्हड जावन शिकून कामाक लागल्लेंच तिका हो मांयगांव, गांवटी मनश्यांचेर आनी तांच्या भास/आचार–विचारांचेर एका रितिचो तात्सार आसलो.

“आमी पळेयजाय संसाराचीं अधभुतां, ग्रेट वाल आफ चायना, एजिप्ताचीं पिरमिडां, जोर्डनाचीं पेट्रा, ब्राजिलाची क्रैसट द रिडीमर इमाज आनी तूं म्हाका तुज्या काट गांवाक आपयताय? कितें आसा थंय? जळारिचे मार, गोव्यांतल्या गायरांच्या शेणाचो वास? घरच्या सुण्या माज्रांच्या लोंवेची घाण? अनी पावसांत जांवचो केद? करेंट ना, आनी तुजीं तीं गांवटीं मनशां येवन कितें पुरा खाववंक दितात...”

"ओह ब्रेंडा प्लीज, तुका केदना हांवें गांवांत सासणाक रावुंक या म्हळें? म्हाकाय गांवाक वचून येव्यां म्हण मन जालां. आधले पावटीं मदर्स डे दिसा गांवाक गेल्ल्या म्हज्या इसटाच्या मोबायलाचेर हांव मांयलागीं उलयताना ती म्हणताली 'म्हजो एकलोच पूत, म्हका पळेवंक आशा जाल्या पुता, अमकां कितेंच नाका, एक पावटीं येया, तोंडभर पळेजय म्हळ्ळी आशा जब्बोर जाल्या..'" देकून एक पावटीं वचून येव्यां.

"हूं.. तूं अनी तुजी मांय, सगळो ड्रामाभाज, पुताथावन लुटुंक हे सर्व तांचे नक्रे. पूत मिनत करून आतां इत्तून पावला देकून तांकां वारयार उभची आशा.." ब्रेंडान उग्त्यान अपलो चीड उचारलो.

"ब्रेंडा प्लीज, तुवें सांगचेपरीं ना, म्हज्या आवय–बापायन म्हाका कितेंच लुटुंक ना, हांवे अपरूपायेन धाडच्या थोड्या दुडवांत तीं जियेतात शिवाय केदिंच ताणीं दुडू धाड वा वसतू हाड म्हणून म्हजेर मागणीं करुंक नांत" पासकलान ब्रेंडाक भोळावंक प्रेतन केलें.

"एका शर्थाखाल हांव येवंक कबूल आसां, म्हाका दोन हफ्तोभर थायलेंड, मलेशिया, सिंगापोर भंवुंक व्हर्शी तर उपरांत हांव तुजेसवें तुज्या गांवाक येवंक तयार"

"म्हजो गांव? तुजो न्हय?"

ब्रेंडान कितेंच जवाब दिल्लिना. पूण अखेरीक तरयी येवंक वोपलें म्हळ्ळ्या संतोसान पासकलान थायलेंड, सिंगापूर, मलेशिया भंवडेक वरून पाटीं येताना अपल्या मायगांवाक येवन पावल्लो.

***

पासकालाचो दुस्रो सकाळ कोंब्याच्या सादांत सुरू जाताना तो सुडसुडीत जावन ऊटल्लोच घराभायर येवन फांत्याच्या नितळ धोवाचो अनभव करिलागलो.

तितल्यार दाविदाम हातीं तीन सुके नारल विंचून येंवचो आनी ते हाडून आंगणाच्या देगेन दवर्ताना पासकल म्हणालो;

"आना, माडांनी नारल सुकल्यात, कित्याक तूं कोणाय आळांक हाडून ते काडन विखिनांय?"

"गांवांत आतां नारल काडुंक सयत एक आळ मेळाना, देकून नारल सुकोन पडतासर राकुंक पडता, नारलांकयी आतां मोल ना पुता"

देड एक्रो सुवातेचो तो जागो. थोडे माड, माडियो, केंळबे, थोडी दांद्वय आनी थोडे रूक; चिंचेचे, बिंर्डाचे, बिंबळांचे.

"आना, आमकां आतां पोणोस मेळानांत?"

"तुज्या इजनेराच्या शिकपाक म्हणून मुकलो अर्धो एक्रो जागो वीकल्लो पुता, पोणसाचे दोनयी रूक तांतूं आसात, ते रूक आतां गांवचे मापळी एलमार घेतात. कोण्णा आतां पोणसांक, गरयांक तशेंच पोंपियां–बिकणांक सयत शेरांनी विपरीत खायस कंय"

"आना, तर हांव तुका इल्लो दुडू दितां, तूं म्हाका कशें तरयी, पोणसाचे गरे, नारल, तल्व्याची सूर, चींच आनी इंदाचें पीट हाडून दी. म्हाका म्हज्या कोलीगांनी हें सर्व हाडन येवंक सांगलां"

तितल्यार दोळे गश्टीत ब्रेंडा घराभायर आयलें "दुडू? कित्याक? कोणाक?..."

"ओह.. दुडू?... आनाक हांवें पोणोस, नारल, सूर, चींच आनी हेर वसतू विचारल्यो देकून"

"घरच्या नारलांक, चिंचेक आनी पोणसाक सयत आनाक दुडू दीजय?" ब्रेंडाचें तिक्षें सवाल आयकून पासकल अपरादी जिन्सार दाविदामाक पळेलागलो.

दाविदाम अपणाक कितेंच आयकुंक नातलेपरीं एक खुंटो घेवन जाल जाडिलागलो.

"नसटो तयार आसा, तुमचें उलवणें जालें तर सगळीं येया" कुजनांत सेल्लिबायेन येदोळच कयलोळ्यो करून आतां वानांत कितेंगी वाटून आसतानां आवाज दिलो.

***

ब्रेंडा सूटकेज तयार कर्तालें, सांजेर तांकां एरपोर्टाक, आनी मध्यानेच्या रातिचें फ्लायट धरून लंडनाक पाटीं वचुंक असलें.

"ब्रेंडा तूं भेश्टेंच भिगडताय, हांव जाणां, थायलेंड, सिंगापोर अनी मलेशिया म्हणून जायतो दुडू आमी विभाडला, हांवें अनाक म्हणून कांय चडीत दुडू दीवना, फकत देड हजार रुपय म्हळ्यार भारा पांवड दिल्यात मात्र. तूं भेश्टेंच चिडानाका" पासकल समजायतालो.

"तूं जाणांय, तुज्यो पोटल्यो तुज्याच सूटकेजिंत घाल, म्हज्या सूटकेजिंत जागो ना." अशें म्हणत अपलें एक काजरा वेळार कोणेंगी आयार जावन दिल्लें कापड काडन पासकलाक दिवून ब्रेंडा म्हणालें;

"धर हें कापड तुज्या आवयक दी, पाटल्या तीन दिसांथावन तिचो सयलाप पळेलो, कितें पोळी, कितें खाणां, आमी कितें भुकीं जियेतांव म्हणून अशें रांदलांगाय?"

"तुजें कापड, तुंच दी.." पासकलान जाप दिली.

"पूण तुजी आवय.. तुंच दी.. म्हाका ते सयलाप समजनांत"

पासकल उपाव नासताना तें कापड घेवन कुजनांत नितळ करून आसच्या आवयक दिताना तें कापड पळेतच सेल्लिबायेन जाप दिवून म्हळें;

"म्हाका कित्याक नवें कापड पुता, म्हजेलागीं मिसाक वचुंक कापडां आसात, तुवें तुज्या बायलेक कापड दीजय, माफ कर पुता आमी ह्यो पावटीं सयत तुज्या बायलेक कापड या कितेंय दीवंक सकलिनांव"

तितल्यार दाविदामान एका पोत्यांत थोड्यो पोटल्यो हाडून येंवचें दिसलें. थोडे सोण्णां काडल्ले नारल, चींच, बिंडीं साल, लोणचें, इंदा पीट सक्कड तांतूं आसलें.

आम्सोरान पासकलान ती पोटली आपल्या ह्यांड बेगांत दवरली.

सांजेचो वेळ लागीं येतालो देकून आम्सोरान सर्व तयाराय करून, वेळार आयिल्ल्या व्याक्सेचो आवाज आयकतच दाविदाम आनी सेल्लिबायेचें बेसांव घेताना दाविदाम आनी सेल्लिबायेच्या दोळ्यांनी देंवचे दुकांथेंबे पासकल आनी ब्रेंडाच्या सुक्या दोळ्यांची सोभाय पळेतालीं.

***

“आमी लंडनांत एका हिंवाळ रातीं पार्टिथावन पाटीं येताना एका भिकारयाक धा पौंडस दिल्ले ताणें ते घेवंक नांत.. उडास आसा तुका?” कार मुकार गेल्लेपरिंच ब्रेंडान विचित्र सवाल केलें.

पासकल मोनोच उरलो.

“ही दुबळिकाय दुडवाची न्हय, मतिची, वयचारीक दुबळिकाय, हांकां कितलेंय दी, पूण तांकां पावाना... नोनसेन्स” ब्रेंडा अपलेयितल्याक शिणतालें.

“ब्रेंडा.. कित्याक तूं काराण नासताना अशेंय उचांबळ जालांय? म्हाका पात्ये.. हांवें फकत देड हजार रुपय मात्र दिल्ले आनाक, चडतीक एक पयसो सयत दीवंक ना”

“घर्चे नारल, आनी वसतुंक सयत तुज्या आनान तुका विखचें सारकें गी?”

“तूं समजनांय ब्रेंडा, ह्या पोटलेंत पळे, इंदापीट असा...आनी कितें सर्व आसा, तुका समजायतां..” म्हणून ह्यांडबेग उघडून पासकलान एकेक पोटली काडून ब्रेंडाक दाकवन म्हळें, आनान ह्यो वसतू सर्व भायर थावन मोलाक घेतल्यात.

ब्रेंडा मन नातल्ल्या मनान एकेक पोटल्यो पळेवन आसलें; ‘इंदाचें पीट, आंब्याचें लोणचें, कंर्डाचें लोणचें, बिंबळांचें लोणचें, पोणसाचे गरे, सुकी मासळी, नारल.... अनी कितें आनी कितें...’ तिचें गमन एका ल्हान एन्वलपाचेर गेलें, तिणें तें एन्वलप उग्तें केलें; तांतूं शेंभोरांचे पंद्रा नोट आसले, ते पासकलान दाविदामाक दिल्ले.

दोगांय आतां मोनीं जाल्लीं, पूण तांचेमधलें मवन आतां उलवन आसलें.

◆◆◆

दुबळिकाय = Poverty
धेंकणो = ज्योरान उलंवचें
तात्सार = बेपर्वो, तिरसकार

# बोंबोयचो माम

'बोंबोयचो माम सरलो कंय', सकाळीं उटून कुजनांत रिगोन चा कर्चे वेळार मोबायलांत आयिल्ली वाटसआप मेसेज वाचल्ल्या रीटाच्या मतिंत कसलिंच भगणां उदेल्लीं नांत. तो इतलो तेंप खंय आसलो? कोणागेर आसलो? कितें कर्न आसलो म्हळ्ळें कोणाकच नख्खें कळीत नातलें तरयी आयलेवार गांवच्या कोलेजिंत शिकचा आकयच्या नात्वान 'फ्यामिली' म्हळ्ळो एक वाटसआप पंगड केल्लो आनी अपणाकयी तांतूं भर्ती केल्लो देकून त्या पंगडांत बोंबोयच्या मामाविशीं कोणेंगी, कितेंगी बरयिल्लें वाचल्लो उडास, पूण उडास दवरुंक रीटा सकल्लें ना.

रिटान अपल्या एक्सुरी जिण्येचीं पन्नास वरसां एदोळच्च संपल्लीं. 'कुटाम' म्हणचेपरीं कोणयी नातल्लीं, तर्नें प्रायेर नर्सिंग शिकून पयलें बोंबोयच्या आस्पत्रेंत काम करून, थोडेच वरसांनी लंडन गेल्लें रीटा, पाटल्या इक्रा वरसांनी स्वीडनांत काम करून आसलें. वाचप आनी संगीत सोडल्यार हेर कसल्याकयी हुमेद जांव आवकास जांव रीटाक नातलो.

'कुटाम' वाटसआप पंगडांत सयत आजकाल कर्करे चडून गेल्ले; कोण देव, सांत, इगर्जेच्यो तस्वीरो धाडन अपली भक्तेची उचार्णी कर्ता तर कोण खाणाच्यो तस्वीरो धाडता. कोण नव्या घराची तस्वीर धाडता आनी कोण तांकांच समजनातल्ली माहेत वा जोक्स धाडता. सभार पावटीं रीटान चिंतल्लें आसा, अपणान मांयगांव सोडन कांय तेत्तीस–चोवतीस वरसां जालीं. तरयी गांवांत एलिसांवाविशीं प्रचार, धरमाच्या नांवान जांवच्या मारामारेविशीं वा ल्हा–ल्हान भुग्र्यांचेर चल्च्या भलत्कार तशेंच खुनियेविशीं खबरो वाचून पुरो जाल्ल्याक आतां वाटसआपाचेर सयत तसलेच फोटो/विडियो येंवच्यो पळेवंक रीटाक नाकासलें. एक दोन पावटीं अपणान वाटसआपार आसचें कित्याक हेरांक कळयलें म्हळ्ळे चुर्चुरे सयत रीटाक भग्ताले आनी अपूण ह्या पंगडाथावन भायर वेचेंच बरें म्हण भग्तालें. पूण 'कुटाम' म्हळ्ळें अर्थ नातल्लें चिंत्पान तें सोडदोड कर्तालें. ह्या फार्वर्ड मेसेजीं मधें अपरूपायेन सयरयांच्यो खबरो मेळताल्यो त्यो तें सांजेर काम संपवन पाटीं येताना मेट्रोचेर बसून वाचतालें.

ल्हानपणार बोंबोयचो माम म्हळ्यार पयलो ताका मोग आसलो. ताणें बोंबोय थावन हाडच्यो खारी बिसकुटो, कडक पाव, आनी गांवांत ताणें येवन आमकां खावंक दिंवचो मसका पाव म्हळ्यार आमी कितेंय करुंक तयार आसल्यांव आनी तिच्च आमची असकत्काय जावनासली. एकलोच भाव देकून मांयक तो मोगाचो. देकून सकाळीं थावन सांज परयांत 'बाये तें रांद, बाये हें रांद' म्हणतालो. मांयक सयत ताचेर विशेस मोग, ल्हान भुर्गो आसतानांच तांची आवय सरली देकून तिच्च मामाची भयण तरयी आवयपरीं. आटवी क्लास फेयल जाल्लोच्च सेजारी बोंटाच्या माधू शेट्टिसवें बोंबोय गेल्लो माम, त्याच बोंटांच्या होटेलांत काम करुंक लागल्लो म्हणून ल्हानपणार आयकल्लो उडास.

रीटान ताका पयलें पळेताना तो कांय भावीस–तेवीस वरसांचो तरनाटो, रीटा पांचवे

क्लाशिंत शिकचें भुर्गें. चडावत जावन माधू शेट्टी आनी बोंबोयचो माम सांगाता येताले वेताले आनी तांची खास इसटागत. माधू शेट्टी सयत मामापरिंच ताच्या भयणिगेर रावतालो. आनी ताच्या भयणीक जोवळीं चेडवां सात्वे क्लाशिंत शिक्तालीं. दोन हफ्त्याच्या रजेर आयिल्ल्या माधू शेट्टीन बोंबोय थावन फियेट कार हाडचें आसलें. कुक्केहळ्ळीक कार आयलें म्हळ्यार आतां सगळ्यांक कळीत आसलें, तें माधू शेट्टिचें फियेट कार म्हणून.

माधू शेट्टिच्या भयणिच्या दोगांय धुवांच्या मतिंत तांचो माम माधू शेट्टीच तांचो मुखलो घोव म्हणून आसलें तरयी दोगांय ताच्यो बायलो कशें जांवच्यो म्हळ्ळें सवाल रीटाच्या मतिंत धोसतालें. रीटा सयत एकलेंच चेडूं, बोंबोयचा मिल्लांत काम कर्न आसचो रीटाचो आन रीटा देड वरसांचें भुर्गें आसचेवेळार आवघडांत अंतरल्लो देकून त्या मिल्लान दिल्लो थोडो पोयसो बेंकांत दवरून गांवांत माधू शेट्टिच्या गेणिच्या अर्ध्या एकरया जाग्यार कांय इल्ली कृषी/रांद्वय लावन, ल्हान एका कुडाचें घर कर्न दीस काडन आसच्या रीटा आनी तिच्या आवयक बोंबोयचा मामाचोच आधार.

रीटा शिकपांत चुरूक आनी बुध्वंत, इगर्जेच्या मिसाक वेतालें. रजेर आयिल्लो माम सयत रीटाक मिसाक आपवन व्हर्तालो तरयी रीटाक कितेंगी अपल्या मामाचेर एका रितिचें असवकसायेचें भगाप. जावंक माम मोगाळ, केदिंच रीटाचेर दड्यो घालून वा ज्योर करून उलवंक ना. जाय जाल्लें घेवन दितालो; जशें ऐसकेंडी, कूल ड्रिंक्स, चोकलेटां. फिल्माक आपवन व्हर्तालो, नवें वसतूर घेवन दितालो, बूक, पेन्नां घेवन दितालो तरयी अपणाक बोंबोयचो माम कित्याक खायस जायना म्हळ्ळें ताका समजनातल्लें.

***

रीटा सकाळिंचो उटाउटीं मेट्रो धरून कामाच्या वाटेर आसलें.

मांयगांवाक वचानासताना कांय सतरा वरसां उत्रल्लीं. सतरा वर्साधीं आवयच्या मोरनाक गेल्लें रीटा, त्ये उपरांत गेल्लें ना. मोरनाक गेल्लेवेळार पयशिले मौशेन रीटाचो फोन नंबर घेतल्लो आनी तवळतवळ अपल्या भुर्ग्यांक शिकपाक पोयशे धाडुंक फोन कर्ताली आनी रीटा सयत तांकां पोयशे धाडतालें तरयी संबंध म्हणून रीटाक कोणयी नातल्लीं. फकत अपली आस्पत्र, घर आनी हें मेट्रो सोडल्यार रीटा खंयचरयी वचानातलें. मिसाक वेचेंय भोव अपरूप जाल्लें देकून टिवी आनी खबरो तें वाचतालें.

नाका नाका म्हळ्यारी ताच्या मतिंत बोंबोयच्या मामाचिंच चिंन्नां मतिंत येतालीं. तो कसो मेलो? ताचें मोर्न करुंक कोण आसा? आतां कितें जातेलें? एकेच्च सवाल रीटाच्या मतीक धोसतालें.

'माधू शेट्टी नशीबवंत, ताका दोगी बायलो, पूण अपणाचें नशीब खोटें' एक दोन पावटीं माम रजेर आयिल्लेवेळार सांगतालो. पूण रीटाच्या नेणत्या मतीक कितेंच समजानातल्लें. आवयन रीटाक समजायिल्लें; "अळे पुता, बोंटांचीं थोडीं बायलां, अपल्याच ल्हान भावाक अपल्या धुवेक दीवन काजार करयतात"

रीटाक काजार म्हळ्ळें आयकून लज दिसताली.

दीस गेल्लेपरिंच बोंबोयचो माम देदेस्परोर जाल्लो दिसतालो. एका कुडाच्या घरांत एका कुशीन घाल्ल्या मांद्रेंत रीटा आनी तिची आवय निदतालीं तर अन्येका कोनशांत मांद्रेर बोंबोयचो माम निदतालो. ताका नीद लागली म्हळ्ळें ताणें घोरेवंक सुरू कर्तानांच कळतालें. पूण पाटले थोडे दीस थावन ताणें घोरेंवचो आवाज आयकनातलो.

एक पावटीं तुका हांव सैकल सोडुंक शिकयतां म्हणून एक भाड्याचें सैकल घेवन आयिल्ल्या मामान सैकल सोडुंक शिकल्यार अपूण एक नोवें सैकल घेवन दितां म्हळ्ळें आयकून रिटाच्या हुमेदीक पाकां लागल्लीं. अशें सैकल सोडुंक शिकवंक गेल्ल्या मामान रिटाक अपल्या बावळ्यांनी आरावन धर्न सैकल शिकयताना रिटाक सैकल शिकचांत भिल्कूल ध्यान गेल्लेंच ना.

थोडे दिसांनी मामान रीटाक फिल्माक आपवन व्हर्तां म्हणताना, रीटा अपणाक फिल्माक वचुंक नाका म्हळ्ळें मात्र. रीटाच्या आवयन रीटाच्या कान्सुलाचेर दोन थापडां घालून सांगलें; 'तुजो मामगो तो, तुका खांवचोना, व्हच'

आनी रीटा उपाय नासताना मामासवें फिल्माक गेल्लें. त्ये दिसा थावन रिटाक अपल्या आवयचेर आनी मामाचेर मोन मोडल्लें.

थोडे दिसा उपरांत माम बोंबोय पाटीं गेल्लो आनी रीटान अपल्या आवयलागीं सांगुंक धरलें; "म्हाका माम कित्याकगी खायस जायना मां, तो म्हाका कंय कंय अपडता आनी कीस दिता... माधू शेट्टी अपल्या भाचियांक तशें कर्ता, अशें कर्ता म्हणता मां, म्हाका समजना.."

पूण रिटाच्या आवयन कितेंच प्रतिरोध धाखयिल्लो ना. "तुका लागलां पिशें, नाका जाल्लें चिंतून भेश्टेंच तुजी तकली पाड कर्ताय, ताणें कीस दिल्यार कितें जालें, तो तुजो माम ने?"

पूण रीटाच्या नेणतुल्या मतीक कितेंच समजनातल्लें, खंयगी, कितेंगी सारकें जायना म्हळ्ळें चिंतप ताच्या मतिंत उदेवन येतालें.

अशिंच वरसां पाशार जाल्लेपरीं रीटाची धावी क्लास जावन नर्सिंग शिकुंक गेलें. आनाच्या कंपेनिथावन मेळल्लो इल्लो पोयसो बेंकांत आसलो, तो चेडवाच्या शिकपाक आसुंदी म्हणून रिटाची आवय थंय हांगा काम करून दीस काडताली. अशें थोडेच वरसांनी नर्सिंग जावन काम सोधून आसचेवेळार मामान बोंबोय व्हरून कामाक लागंवची इच्छा वेक्त केली मात्र न्हय, रीटाक आपवन वरुंक गांवाक आयिल्लो. रीटालागीं सयत दुस्री वाट नासताना अपल्या मामासवें बस्सार बोंबोय गेल्लें.

***

सकाळिंचो वेळ जाल्ल्यान मेट्रोचेर गडदी नातल्ली. रीटा तेंपाधलीं चिंतां घेवन आस्पत्रेक रिगोन काम कर्तासताना सयत रीटाची मत बोंबोयच्या मामाविशिंच चिंताली. अपणान ताच्या मोरनाक वेचें? खंय म्हण वेचें? कित्याक म्हण व्हेचें?

रीटाच्या मतिंत हळताचें वादाळच ऊटल्लें.

आस्पत्रेंत सयत वेवेगळ्या जाती–कातिच्या पिडेसतांक मेळून तांच्यो एकेक काणयो आयकून सवय जाल्ल्या रीटाक आतां मामाच्या मोरनाक लागून गांवाक वेचें कसलेंच चिंताप नातल्लें. अवचीत म्हळ्ळेपरीं त्ये दिसा एक ल्हान भुग्र्याक एमर्जेन्सी वार्डांत भर्ती केल्लो आनी रीटाक सयत त्ये दिसा एमर्जेन्सी वार्डांत ड्यूटी आसली.

ल्हान भुर्गें, कांय इक्रा–भारा वर्साचें भुर्गें. मासीक स्रावांत विपरीत रगत व्हाळल्लें देकून तिका भर्ती केला म्हण कोणेंगी सांगचें आयकलें. पूण उपरांत कळोन आयलें, तिच्याच एका सयरयान तिचेर भलत्कार केला म्हणून.

रिटाची तकली पिसांतूर जाली, चेडूं मतीर नातल्लें. ओपरेशनाची तयाराय करुंक आसली देकून हेर नरसां सवें रीटा सयत तयाराय करुंक लागलें.

“स्वीडन तसल्या प्रगतिशील शहेरांत सयत असलीं आण्वीं कामां घडतात?” रीटासवें काम कर्न आसचें इथियोपियाचे नर्सान हळू ताळ्यांत पुस्पुसचें रीटान आयकलें.

“खंयचेंय शहेर कोणायचेरयी भलत्कार करिना, पूण ती विकृत मनोगत कर्ता” रीटान जाप दिल्ली.

“भिर्मत त्या भुग्र्याची, पूण तिका राकुंक तिच्या घरांत दादलो कोणयी नातलो?” परत तिचें सवाल.

“घरच्या दादल्यानच केल्यार कोण आसचो राकवली?” रीटान समजांवचें प्रेतन केलें.

तितल्यार डाकटर ओपरेशन थियेटराक रिगलो.

ओपरेशन जातच्च रीटा आनी हेर नरसां चेडवाचेर नदर खंचवन बसल्लीं.

चेडवाक पळेल्लेपरिंच रीटाचीं चिंत्नां जागीं जाताना भगणां सयत उचांबळ जावन येतालीं. अपणक कामाक लागयतां म्हणून बोंबोय आपवन हाडल्ल्या मामान अपणाक ताच्या एका इश्टागेर आपवन वेल्लें, पयणाच्या पुरासणेंत आयिल्ल्या म्हाका जेवंक जावंक नाकासलें देकून पियेवंक दिल्लें कितें म्हळ्ळें रीटा भिल्कूल न्हेणासलें. फकत दुस्रे दिसा उटताना मात्र कठीण आंग दूक आसचें रीटान वगेच्च सोसचेशिवाय निर्वोग नातलो देकून आज पासोन रिटाक सगळे दादले अपल्या बोंबोयच्या मामापरिंच दिसताले देकून एक्सुरेंच ऊरल्लें.

“कितलें मासून भुर्गें, असल्या नेणत्या भुग्र्याचेर सयत भलत्कार करुंक खंच्या दादल्याक मन आयलेंगाय?” इथियोपियाचें नर्स परत पुर्पुरोन आसलें.

◆◆◆

| | |
|---|---|
| कर्करे = Disturbance | प्रतिरोद = विरोद |
| उटाउटीं = वेगीं वेगीं | पिसांतूर = पिशिकशी |
| धोसतालो = तरास दितालो | |

अनन्य पतराचेर पर्गट्ल्या

# एक मोरनाचीट

व्हय हांवच तो, तुवें केदनां तरयी, कंय तरयी, कितें तरयी पळेल्लो. हांव जाणां तूं कितेंच वाचतेल्या वर्गाचो न्हय. हां तूं आयकोंचे आनी आयकल्लें सगळें मतिचीं दारां धांपून पात्येंवचो. आनी तुवें म्हजेविशीं आयकल्ल्या तशेंच पात्येल्ल्या सभार संग्तेक हांव ह्या संसाराक अधेवस मागच्याधीं उगडापें करून व्हचाजय म्हळ्ळे इराद्यान हें अखेरिचें बरवप बरवंक बसलां.

हांव जाणां, जिण्येंत कितेंच वाचिनातलो तूं हें वाचुंक उत्सुकतेंत आसाय म्हळ्ळें, तुज्या जिण्येंत एदोळ नातल्ली उत्सुकता म्हज्या मरणाच्या कारणांक सोधच्यांत आसा म्हळ्ळेंय हांव जाणा. आनी हें कारण समजून कांय म्हजेपरीं आसच्या अन्येकल्याक जिवंत दवरुंच्या इराद्यान भिल्कूल न्हय, बगार ताका मीट मिरसांग ल्हावन सांजेच्या वेळार कोपांत चाकणें आनी ग्लासांत अमृत सेंवचेवेळार तुकां कोणेंगी मोबायलांतल्या वाटसआप पंगडाक भर्ती केल्ल्या करमाक लागून तुका 'फारवर्ड करुंक' संविदानाचें हक्क लाभलां म्हळ्ळेपरीं म्हज्या मोरनाच्या कारणांचीं पाळां मुळां तूं सुटयतलोयच, म्हज्या जीव नातलेल्या कुडिसवें काडल्ल्यो सेलफी शेर कर्तलोय आनी तुज्या मतीक आयिल्लें बरवन वांटतलोय. तुजेपरिंच हेरयी थोडे कर्तेले आनी समेसत पात्येतेल्यात.

हेरांविशीं बरें उलवणें आयकल्यार मतिंत सभार सवालां उभीं जातात पूण वायट आयकल्यार तक्षण तुजी मत वोपून घेता न्हय? तुज्या मेंद्वाच्या एकेका संदांत कितें कुसता म्हळ्ळें हांव जाणा. हांवयी तुजेपरिंच ह्या संसाराक आयिल्लों जियेवंक पूण तुजेपरीं, अत्मो सांडून जियेवंक आशेल्लों न्हय. पात्कां–प्राचीत–अत्मो–सालवार म्हणून खावंक, निदुंक, हागुंक आयिल्लों न्हय. तुजेपरीं 'अपणाक कितें पडून गेलां' म्हळ्ळे बेजवाभदारेचें चिंतप चिंतुंक न्हय. आदीं एकल्यान कुड्ड्याक उकलून धाखयिल्लें कंय तशें तुजेपरीं हेरांक धाखंवची जिणी जियेवंक हांव लब्दल्लोय न्हय.

अत्मो होगडायिल्ली म्हजी कूड जर ह्या मोरनाचिटी बगार आसती तर, म्हज्ये ग्रेसत मावळे म्हजें मरण स्वाभावीक मरण म्हण सलीसायेन रुजू कर्ते. ते हेरांचेर हासतेले शिवाय अपणाचेर सोसतेले न्हय, ताणीं नकलां केल्ले हेर आतां तांचीं नकलां करुंक पावानाये म्हणून सलीसायेन म्हज्या मोरनाच्या कारणांकयी मोलायतेले. व्हय हांव समजलां, आयच्या काळार कायदे कानून मात्र न्हय, जिविता–मोरनाचिटी सयत उण्यामोलांत मेळतात. म्हज्या मोरनाचें कारण सोधच्या निबान म्हज्या कुडिंतले खंयचे विस्वे काडून कोणाक विकून दंदो कर्तात म्हण म्हाका पुरच्या वा लासच्यांक कशें कळीत जायत? देकून हो सोल्लो म्हजे मावळेच आस्पत्रेच्या व्हडिलांसवें गुप्तीं कर्ते. आतां मोरनाचीट आसा देकून ते आतां तशें करिशेनांत म्हळ्ळें नख्खें सांगुंक सकाना.

हांव जीव नातल्ल्या म्हज्या कुडीक कितेंय करुंदीत 'म्हाका कितें पडून गेलां?'.

हां! व्हय, आतां हांव तुज्याच लेवेलाक देंवतां आनी तुवें जीणभर विचारल्ल्या सवालाक हांव पयलेपावटीं 'म्हाका कितें पडून गेलां?' विचार्तां पूण एक समधानेन, आज

हांवें ही कूड सांडल्या, हो संसार सांडला, तुका सांडला, तुजेपरिंच हेरांक धाखंवचें जिवीत जियेतेल्याक सांडला, आनी हो तुजोच संसार देकून तुका कितें जाय तें चींत आनी तुका कितें जाय तें उलय.

तुजेपरीं जिण्येंत गळसिल्ल्या तत्वांसवें राजी जावंक म्हाका नाका, जिण्येंत तत्वांच म्हळ्ळी नासताना, दुडू–नांव आनी फायदो मेळतातर तुज्या स्वाभिमानाक सयत आडोव दवर्न 'सोडदोड' म्हळ्ळो बिल्लो तुज्या मात्यार दवर्न म्हाका तूं मेजिनाका. तूं मोलाक घेवंक सक्षी तुज्या दुडवांत, वशीलायेन, रुबावान, दवलतेन. एका पांच स्टार होटेलाक आपवन तुका सोरो भरवन जेवण दिलें तर तूं तुज्या कानदानाकच विकुंक तयार जाल्लो मनीस म्हाका कितें मेजतलोय? तुजेपरीं हांव पोटारी न्हय, धरमाचें भोखावंक वा पियेवंक हांव कांय तुजेपरीं अत्मो सांडून जियेंवचो न्हय. अशें तुका चिंतुंक करचें तर आज तुका आनी म्हाका चड तफावत कांय ना. तूं अत्मो होगडावन जियेवन आसाय आनी हांव अत्मो होगडावन मोरोन आसां. फरक इतलोच; तूं भुमीक भार आनी शिताक खार. आनी हांव थोडेच घडियांनी तुज्या व तुजेतसल्या हेरांच्या खांदार कांय फोंडांत पडतलों आनी किड्यांक खाण जातलों आनी तुजेतसले किडे समाजेंत जियेतेले.

हांव जाणां आतां तूं म्हजेविशीं चिंतून विचारून आसाय हांव सर्गाक वेतां वा येमकोंडाक? स्वाभिमान, विचार म्हळ्ळे नातलेल्या तुजेतसल्यांमधें जिवें मोडें जावन येदोळ म्हणासर हांवें भगल्लें कांय येमकोंडाच्याकी उणें आसा? हांगा तुजेच दोरे आनी तुजेच चुरे. तुका खबरो रचुंक कळीत आसा, त्या खबरांक रंग कसो सारंवचो तें कळीत आसा, कोणाक, केदाळा, कशें, कितलें धुंपंवचें तशेंच खेंडचें, बेंडचें कळीत आसा. तुज्या समाजेंत हांव जोक्तो न्हय आनी म्हज्या चिंत्पांत तूं जोक्तो न्हय.

म्हज्या भावाडताचेर तूं सवाल करच्याधीं एक सत समजून घे, तुका देव म्हळ्यार कितें, धर्म म्हळ्यार कितें, भावाडत म्हळ्यार कितें म्हळ्ळेंच कळीत ना. हो धरमाचो बजार तूं आनी तुजेतसले चलया; जांवदी धरमाच्या नांवान वोलावणी, तेलावणी. करचें सर्व कर्न, करीत रावून हफ्त्याचो, मयन्याचो वर्साचो धर्मीक डोंग करुंक म्हाका नाका. तुजो धर्म तुजेसवेंच दवर आनी म्हजें कर्म म्हाका व्हरुंक दी.

व्हय हांव समजतां, म्हज्या मोरनाचीं कारणां समजुंक आसच्या तुज्या उत्सुकतेक हांव समजतां, येदोळच ह्या चिटिच्या अखेरिच्यो वोळी वाचून, थंयचर तुज्या खत्कत्या सवालांची जवाब मेळानासताना परत वाचुंक लागलाय म्हळ्ळें हांव जाणा. हांव हेंयी जाणा, हें हांवें बरयिल्लें तुका न्हय, अनी कोणाकगी म्हणून तूं तुजें खांद पुसतलोय. जिणिभर तुवें केल्लें तितलेंच, हाच्याकी चडतीक कर्ची श्याथी तुज्या जल्माक ना म्हण आतां तरयी समजून घे. वोदोळ हांवें सांगलें तुजे आनी म्हजेमधें चड तफावत ना, अत्मो मेल्लें जिवें मोडें तूं म्हज्या ह्या चिटीक कसो समजतलोय? तूं अजून सोधून आसाय, म्हज्या मोरनाच्या कारणांत तुका कसलो फायदो लाभचो? फायदो जोडुंक तूं आयलाय, कपटीं संवेदनां हेरांक धाखयताय, मतिंत तुका भारीच संतोस जातलो 'गेलो एकलो'. व्हय,

तुजेपरीं जिवें मोडें जावन जियेंवच्याकी हावें मेल्लें मोडें जांवचें चड बरें म्हण म्हाका भगलें. हांव जियेल्लों तुज्या खुशेक न्हय, हांव मोर्तां सयत तुज्या खुशेक न्हय तरयी म्हज्या मोरनांत तूं संतोस सोधतलोय म्हळ्ळें हांव जाणां.

तुका अन्येक उपकार कर्तां; हांव मेल्ली कूड किड्यांनी खांवच्याधिंच म्हज्या जिविताचे उमाळे आनी फटकीरयो काणियो वेगीं वेगीं रच. लोकाच्यो यादी मटव्यो, कोण जियेता म्हळ्ळी फिकीर नासताना जियेतेल्यांक कोण मोर्ता म्हळ्ळी फिकीर कशी आसची? म्हज्या सताक हांव जियेताना मोल नातलें, पूण म्हज्या मोरना उपरांत म्हजेविशिल्या फटिंक बरीच खायस आसतली हांव जाणां, देकून म्हज्या जिविताच्या शेवोटाविशीं, हांवें केदिंच करुंक नातल्ल्या बरयाकामांविशीं घडपां करय, बूक छाप आनी म्हज्या मोरनाच्या कारणांच्यो लदीन घडून लोकाक वांट, लोकांक ती आसक्त आसा. फटिंक, रंगाक लोक व्हळकता देकून तें काम वेवसतीत रितीन कर पूण तुर्तान कर.

म्हज्या जायत्या पर्गट जाल्ल्या बुकांक कांय व्हाळयेच्या दयेन नास जायनासतां उरल्यात तर ते आतां दोड्डा मोलाक विखून वेतीत पूण वेगिंच तुवें हें मेट काडुंक आसा. आनी तुज्या जिण्येंत तुज्या मतलभाभायलें कितेंच तुवें करुंक नांय तें हांव जाणां. पूण एक उपकार आशेतां, ज्ये ऊरल्ले बूक विखून लाभचो दुडू दयकरून ते बूक छापलेल्या प्रेस्साक पावीत कर. हांव जीव आसताना तांचें बिल्ल फारीक करुंक सकचोना म्हळ्ळी नख्खी पात्येणी म्हाका असली पूण हांव मेल्लोच ती आशा सुफळ जातली म्हळ्ळो विश्वास म्हजो.

प्रेस्स मालकान वकीलाचें नोटीस धाडलां पूण त्या नोटिसाक जवाब दिंवची श्याथी सयत म्हजेलागीं ना. गुन्यांवी चिंतप मतिंत घेवन वेतां, पूण म्हजो अत्मो संतोस जांवचीं कारणां सोधून वेतां, थोडेच दिसांनी तरयी प्रेस्साचें बाकी आसचें देवें फारीक जातलें म्हळ्ळ्या विश्वासान. देवें फारीक जाल्लेंच तो तुका ह्या कोट्रेचीं दसतावेजां दितलो, आनी ही कोट्रीय तुजीच कर्न घे, जशें येदोळच आमच्या कुटमाची चडताव आसत तुजी कर्न घेतल्लेपरीं.

तुका आनी तुजेतसल्या समेसतांक अधेवस मागतां, फुडलो जल्म आसा वा ना तें नेणां पूण फुडलो जल्म आसा म्हण तर ‘तुजेतसल्या जिव्यामोड्यांमधें म्हाका एक बरवपी जावन रचिनाका देवा’ म्हळ्ळेंच म्हजें अखेरिचें मागणें. व्हय हांव देवाक मांदतां, पूण तुज्या देवाक न्हय.

अखेर कर्तां, व्हय हांवच्च तो

हांव

◆◆◆

| | |
|---|---|
| उत्सुकता = विशेस आसक्त | भावाडत = belief, faith |
| नकलां = नकल | गुन्यांव = चूक, अपराद |
| दुभाव = ego | |

भांगार भुंय पतराचेर पर्गट्ल्या

# व्हडलिमांयची गुडाआंगड आनी इसकोलाचे पार्वे

इगर्जेच्या रसत्यार थोडिंच फरलांगां मुकार गेल्यार म्हजें घर. त्या रसत्यार पयलें; दाव्याकुशीन आसची एक ल्हान व्हडलिमांयची गुडाआंगड आनी रसत्याच्या उज्व्याकुशीक सर्कारी इसकोल. ताच्याकी एक फरलांग मुकार गेल्यार अद्रोट्ट बाक्यार म्हळ्ळें मयदान. इसकोल जातच घरा वचून पोतें उडवन ब्याट आनी बोल घेवन क्रिकेट खेळुंक तोच आमचो खेळा अड्डो. खेळून पुरासण जाल्लीच कळानातल्यारी तान लाग्ताना त्या लागशिल्या गुडाआंगडेक व्हचोन तानेक पियेंवची सवय जाल्ली. एका सांजेर सुरू जाल्लो खेळ अखेर जाताना गांव काळबाणेची वोल पांगुरच्या वेळार सगळीं आपापल्या घरा पावतालीं. म्हज्या घर्ची वाट थंय थावन अन्येक फरलांग पयस, आनी थंयचर एक गोळिरूक आसलो, तांतूं भुताचो फातोर आसलो देकून काळोक पडतच त्या वाटेन वचुंक भिरांत दिसताली देकून काळो पडतासर राकचेंच राविल्लें देकून हेर म्हाका तुकलायताले "पळेरे पुक्केला, आज वेगिंच काळोक जाता कंय, देकून तूं वेगीं तुज्या घरा धांव"

व्हडलिमांयची गुडाआंगड म्हळ्यार मातियेच्या च्यार वणदेचेर एक हळताचें पाकें, आनी त्या आंगडेभितर कांय जनेल ना देकून सगळो दीस पेटून आसची ल्हान चिमणी. दिसाचें त्या आंगडेक येतेलीं इसकोलाचीं भुरगीं तर, सांजेर कामाक गेल्लीं बिडियेचीं चेडवां, काजुबियेच्या फ्याकटरीक कामाक गेल्लीं आनी कूली काम कर्तेलीं; भुंय चणे, चिक्की, लाडू, तांदळाच्यो चाकल्यो घेवन वेतालीं. चडतीक कितेंच त्या आंगडिंत नातलें. उतरप्रायेन बाग्वल्ली व्हडलिमांय आनी चडुणें तिच्याच प्रायेसारकें दिसचो तिचो पूत सोंतुमाम ह्या आंगडेथावन दीस्पडतो ग्रास जोडून जियेतालीं.

आंगडेभायर दोनयी कुशिंनी भांदल्लो मात्येचो सोपो. आनी त्या सोप्याचेर चडताव जावन प्रायेसत बसून पानपोड धाडावन गजाली कर्ताले. एक पावटीं गिमाळ्या दिसांनी तो सोपो खाली आसलेवेळार आमी थोडे पोक्री चेडे त्या सोप्याचेर बसून आसल्यांव आनी तेदनांच म्हजी नदर गेल्ली बगलेच्या इसकोलाच्या पाक्यासकयल्या उग्त्या सुवातेचेर. कित्याक म्हळ्यार पयलो एक आनी एका पाटल्यान एक पार्वो त्या उग्त्या सुवातेर रीगल्लें पळेल्ल्या दिसा उपरांत म्हाका कशें तरयी त्या पार्व्यांक धर्ची आशा मतिंत उदेल्ली तरयी इसकोल परत सुरू जावंक थोडे दीस आसले जाल्ल्यान ती आशा मतिंतच लिपयली.

हांव ह्ये पावटीं पास जावन सात्वेच्या क्लासीक पावल्लों. हर्शेंचेपरीं इसकोल परत सुरू जालें, सुर्वेर म्हजेंय गमन नव्या बुकांचेर, त्या बुकाच्या पोराचेर तशेंच भोव चतरायेन पावसान भिजानाये म्हळ्ळ्या चिंत्पान पोत्यांत मांडून दवरचें पळेल्ल्या श्रीधर मासटेरान सांगल्लें आसा; "व्हा! कितें शिसत चेड्याची, कितले दीस ही आसतेली म्हण पळेतां"

श्रीधर मासटेर म्हळ्यार सगळीं भुरगीं कांप्तालीं, हांवयी कांपुंक कारण असलें.

आधलेवर्सा क्लाशिंत मसती करच्या म्हाका मुकार आपवन आपल्या दोन बोटांनी म्हज्या बोंबलेक धरून ताणें मुर्डिताना म्हाका जाल्ली दूक उडास काडताना आतांय म्हज्या आंगाची लोंव उभी जाताली. कडक्क शिसतेचो मेसत्री तो. इसकोलाक तशेंच क्लासीक वेळार येतालो, वेळार वेतालो. होम–वर्क करिनातल्यार पुरो, ताणे दिंवची सजा विचित्र; मिटाकणांचेर दिंबी घालयतालो, इसकोलाच्या माडांक बांयचें उदक वोडून घालुंक कर्तालो, स्टाफ कुडाचीं मेजां नितळ करयतालो.

ह्यो वर्सा नयतीक पाठ शिकवंक म्हणून नवीच कल्पना टीचर आयिल्ली. पयसिल्या गांवाथावन ती सदांय बस्सार येताली देकून इसकोल संपच्यादिंच आपल्या घरा पाटीं वेताली. सर्कारी इसकोल तें, एका थावन सात्वेपरयांत एका क्लासिंत कांय चाळीस भुरगीं, इसकोलांत शिकच्या चडुणें अडेयशीं भुर्ग्यां पयकिंत हांव आनी फकत थोडे क्रिसतांव भुर्गे. बाकिचीं चडताव हिंदू आनी थोडे मुसलीम.

हफ्त्याच्या हऱ्येका सुक्रारा इसकोलांतल्या हिंदू भुर्ग्यांक भजन करुंक आसलें. सांजेर तीन थावन साडे च्यार परयांत भुर्ग्यांचें भजन चल्तालें आनी चडताव शिक्षकां आपापल्या घरा वेतालीं देकून आमकां क्रिसतांवांक त्या भजनावेळार पोक्रिपणां करुंक अपुर्भायेचो आवकास जाल्ल्यान हांव तेंपादीं गुडा आंगडिंत पळयिल्लें पाकें आनी ती उग्ती सुवात कंय आसा तें सोधच्यार पडलों.

सगळीं भुरगीं इसकोलाच्या होलांत जमतालीं आनी भजन ज्योरान चलून आसलें देकून हांव एका पाटल्यान एक क्लासीक रिगोन पाक्याक तिळल्यारी सक्कड क्लासिचीं पाकीं बंध आसलीं. तर तें उग्तें पाकें आसची क्लास खंची म्हळ्ळें समजुंक तरास जाले.

थोड्याच दिसांनी परत एक पावटीं त्या गुडाआंगडेक वचून त्या पाक्यासकयल्या रित्या सुवातेक सोधून पळेताना तें कांय स्टापरूम आसुंक जाय असें भगलें. लांबायेच्या इसकोलाच्या मधेंच आसच्या स्टाफरुमांतलें पाकें एक पावटीं पळेजय म्हळ्ळें चिंतप घेवन दुस्रे हफ्त्याच्या सुक्रारा सांजेर भुरगीं भजन कर्चेवेळार हांव धयर आरावन स्टाफ रुमातेवशीन चमकलों. ल्हान स्टाफ रूम तें. कांय च्यार पोंतांनी च्यार मेजां आसलीं, आनी च्यार वणदेपरीं उभीं केल्लीं काबाटां, तांतूं इसकोलाचीं फायलां आनी बूक.

अर्धें उग्तें आसच्या दाराक लोव उग्तें कर्ताना तें कीर्र आवाज करिलागलें. भितर कसलोच आवाज ना देकून भितर कोणयी मेसत्री ना म्हळ्ळे धयरान हांव भितर रिगोन पाक्याचेर नदर घाली; व्हय, तें मातशें उग्तें पाकें आसचें कूड हेंच जावनासलें. कांय देड फूट उग्तो जागो. म्हजी मत पार्वे सोधुंक चिंतानांच एकच पावटीं भुतापरीं एक सावळी म्हजे बगलेन उभी आसली दिसली; श्रीधर मासटेर तो. उलवंक म्हजी जीब सुटच्याधिंच ताणें म्हज्या पोटाक हात घालून म्हजी बोंबली धर्न मुर्डुंक धरलें. हांव दुखीन पिंर्गतालों.

"तूं कित्याक हांगा आयलोय बोगोळ"

म्हाका कितें सांगचेंच म्हळ्ळेंच कळ्ळें ना, पयलें फट मारली; “सर, व्हडलिमांयची गुडाआंगड उग्ती आसागी पळेवंक आयलों”

“तुवें इसकोलाक येंवचें शिकुंक वा गुडाआंगड पळेवंक?” तो अजून म्हज्या बोंबलेक मुर्डून आसलो. म्हजी दूक सोसची श्याथी संप्तच हांवें सांगलें; “सार्री सर, हांव पार्वे सोधुंक म्हणून आयिल्लों”

तितल्यार ताचे हात वोळ्ळे जायजय. म्हाकाच खातां म्हळ्ळे नद्रेन पळेवन “निकळ हांगाचो” म्हणालो.

दुकां भरल्या म्हज्या दोळ्यांक गयरें दिसतालें. हांव एका हातांत म्हजें पोट धांबून धरून दुकिंत पिंर्गोन पाटीं पर्तताना स्टाफरुमाच्या एका कोनश्यार अपल्या कापडाचो पालंव सार्को कर्ची कल्पना टीचर दिसानासताना गेलिना.

दूसरयाच हफ्त्यांत इसकोलाच्या नोटीस बोर्डाचेर एक नोटीस आसलें; ‘सुक्राराचें भजन सर्वांक कड्डाय’.

◆◆◆

| | |
|---|---|
| गुडाआंगड = ल्हान शोप | पुक्केला = भिवकुरो |
| बाक्यार = गादो | पोत्री = मसतिखोर |
| काळबाण = काळोक पाचार्णी | तिळचें = Peeping |
| गोळिरूक = Banyan tree | बोगोळ = घोंक, भोंक, उलय |

# सयरीक

"प्राय एक अंकडो मात्र, सोभाय फकत तोंडार आनी कातीर आसची न्हय बगर काळजांत आसची, म्हाका तूं पसंद जालाय"

हाणें वाटसापाचेर आयिल्ली ही मेसेज सकाळीं थावन कांय कितलेशेपावटीं वाचल्या म्हळ्ळें होच नेणा.

"तूं प्रायेन एकवीसाची चली, पूण हांव येदोळच तेत्तीस वरसांचो. त्या शिवाय, तूं पळेवंक इतलें सोभीत दिसताय, पूण हांव कातीन सावळो, म्हजे दांत मुकार आनी तोंड मातशें विद्रूप" हाच्या मेसेजीक तिणे दिल्ली जवाब ती जावनासली.

चड म्हळ्यार वीस दिसांची सळावळ हांची.

"मेट्रो शेरांत वसती कर्तेल्यांनी बोयलागाडी सोडचेविशीं चिंतचें न्हय, कारां सोडचेविशीं चिंतुंक जाय. तूं अजून खंच्या काळार जियेवन आसाय? आतांचो काळ डिजिटल काळ. ही सयरीक, म्हालो, चेडूं पळेंवचें, निघंट करचें, दोत–देणें... हें सक्कड सोडन तुज्याच मोबायलाचेर तुका जाय आसलें चेडूं तलास कर, तुज्या नशिबांत तुका म्हणून बगेल्लें चेडूं आसा तर तें तुकाच मेळतलें"

कुडांतल्या सांगातिंनी दिल्ले हिशारे हाच्या कामाक आयलेच म्हण्येत.

नांतर गांवांत सयरिकेचे म्हाले, कमिशन येजंट, सयरीं म्हणून कांय कितलेश्या घरांनी भंवाडो काडल्लो ना ताणें? दुडू विभाड, वेळ विभाड अनी अखेरीक तकली सयत विभाड. कोणाक गांवांत रावुंक नाका, कोणाक आवय–बापूय एक लगेज.. इतलेंच न्हय, हाका सारकें काम म्हळ्ळें ना, आतांच्या काळार शेत्कारी म्हळ्यार कोण चेडूं दीत?

त्या शिवाय हाचें शिकप कांय विशेस न्हय. पळेवंकयी पांच फूट दोन इंच लांब, शिर्पुटी कूड, काळी कात, तोंडार जायतीं मुंबरांचीं काळीं खतां, दरबे वोंट, मुकार आयिल्ले कोंगारे दांत.

थोडेपावटीं ताणें अपल्याय जिण्येंत एक चेडूं अपली जिण्येसांगातीण जावन येत म्हळ्ळीं स्वपणां देकचिंच हाणें बंद केल्लीं.

कितेंगी सनी सनी म्हणून ताचो एकलो बोंबोयचो बापूल भाव एक पावटीं इतलेंच सांगून गेल्लो; 'चेडूं कितें शेतांनी वा रुकांनी पिकून येतावे? गांवांत ना तर तूं बोंबोय ये, तुका चेडवांची लायन मेळतली'

इतलेंच आयकून तो 'अशेंय आसुयेतकाय?' अर्द्या मनान अपल्या क्लाशिंत शिकून आतां बोंबोय काम करून आसच्या इसटाक कागद बरयलें. थोडेच दिसांनी ताका जापयी आयली आनी बोंबोय येवंक आपवणेंय आयलें म्हणतच हाच्या हुमेदिचीं पाकां आतां पाकाटे जावन तो बोंबोय उभलोच.

रावुंक सगळ्या अंकवार इश्टांसवें एका कुडांत रावलो.

बोंबोय येवन हाणें पयलें कामाचीं सोधनां करच्याकी चेडवाचीं सोधनांच पयलें सुरू केलीं.

जायत्या म्यारेज पोर्टलांत नोंदावणी केली.

इश्टाच्या हिशारयांखाल स्टुडियोक वचोन अपुर्भायेचे फोटो काडयले आनी तांतलो एक सोधून काडन प्रोफायलाचेर चिडकायलो.

प्राय ३३ वरसां, अंकवार, लांबाय ५.२ फूट, वजन ५८ किलो, बिडी/सिग्रेट वोडिना, दोत–देणे नाका, एकलोच पूत.

पयल्याच हफ्त्यांत कांय इक्रा भारा चेडवांनी अनी चेडवांच्या व्हडिलांनी संपर्क केलो. फोनार उलवणें चल्लें, थोड्यांनी वाटसापाचेर च्याट करुंक सुरू केलें.

थोडीं फकत क्याजुवल, थोड्यांक मन नातल्ल्या मनांत सयत आतुराय, थोड्यांक प्रोफायलार कळयिल्ल्याचाकी चडीत समजुंक जाय, आसत–बदीक, स्वताचें घर, विदेशांत सेटल जांवचेविशीं... आनी कितें मात्ती गोबोर सर्व.

इतलेवेगीं संपर्कार आयिल्लिंकी तितलेच वेगीं एकेकलिंच मायाग जालीं. फोनार उलंवचें सोड, वाटसाप मेसेजिंक सयत जवाब दिंवच्यो रावयल्यो. थोड्यांनी वाटसापाचेर ब्लोक करुंक धरलें.

तांतूं हें एकलें कशें रावलेंगी म्हणून हाकाय अज्याप.

पूण हांचें उलवणें मुकार पावलें.

खास उलवणें सुरू जालें, खाणाविशीं, हव्यासांविशीं, आसक्तेविशीं.. पूण भोव विचित्र म्हळ्यार हाच्या चडताव खायसेंक तिचीय सय आसली.

“आमचे विचार एकामेका ताळ पडतात न्हय?” एका दिसा हाणें ही मेसेज धाडलीच.

“हांवयी तेंच चिंतून आसलीं” तिचीय जवाब.

“आमी तीन हफ्त्याथावन उलवन आसांव, म्हाका भग्ता आमी एक पावटीं मेळुंक जाय” हाणें सर्व धयर एकटांवन तिका मेसेज धाडली.

“हांवयी हेंच चिंतून आसलीं, आज सोमार, ह्या सन्वारा सांजेर आमी मेळुव्येता” हाच्या संतोसाक आतां गड नातल्ली.

ही गजाल आयकून कुडांतल्या सर्व सांगातिंक हाणें लाडू वांटले.

“म्हज्या जिवितांत एका चेडवाक येशें करुंक तुमिंच कारण देकून म्हज्या संतोसांत सयत तुमकां वांटेली कर्ता”

हाचीं काळजांतलीं उतरां हाच्या पर्वणगेशिवाय तोंडांतून भायर पडल्लीं.

हाची तान–भूक पयस गेली. सकाळीं थावन रातीक परयांत तिचिंच स्वपणां.

परत परत तिची तस्वीर पळेंवची हाणें सवय केल्ली. देकून दीस म्हण ना, रात म्हण ना, हो तिका मेसेज धाडिलागलो.

आनी वीपरयास म्हळ्यार ती सयत चडताव जावन रातीकयी जवाब धाडताली.

“तूं अनीकयी निदुंक नांय?” हाची मेसेज

“म्हज्या चिंत्नांत तुंच आसलोय, तुज्या मेसेजीन जागयलें”

एकेक दीस लांब जायत आयले. हो सन्वाराच्या सांजेक राकून आसलो.

दोगायनी मेळचो जागो नम्यारलो.

एकेक मेसेज हाच्या काळजाउडकेक व्हारें भर्ताशें हाका भग्तालें.

कसोय सन्वार उदेलो. हर्शेंच्याकी पयलेंच उटून बरे कर्न खाड तासून न्हावन आयलो.

पयल्ये भेटेक बरी मुसतायकी येदोळच ताणे आयती करून दवरल्ली.

कुडाचे सांगाती एकेकलेच कामाक भायर गेले आनी हो फकत कशें उलयजय, कितें विचारुंक जाय? हेच विश्याचेर चिंतून आसलो.

पाटल्या तीन हफ्त्याथावन अपणाक मोगाचें अमाल चाकयिल्ल्या चेडवाक कशें अपल्या दोळ्यांनी भरचें म्हळिळंच चिंन्नां ताच्या मतिंत येतालीं.

घड्याळाचो कांटो हर्शेंच्याकी लोव धांवतालो.

कसोय दनपार उत्रलो, आनी हो येदोळच न्हेसून आयतो जाल्लो.

बरी मुसतायकी, गळ्याचेर एक टाय, काळे पोलीश केल्ले मोचे, बरे करून केस उगयले, आंगार पर्फ्यूम सक्कड सांगातिंनी दिल्ल्या हिशारयांपरिंच ताणें केलें.

आनी थोडिंच वोरां आसलीं.

तितल्यार एक मेसेज आयली.

आतां एकेक मेसेज ताच्या काळजाउडकेक मुसळाच्या मारापरीं भग्तालो.

हाणें मेसेज वाचली, पयलें समजलें ना, परत वाचली वेवेगळे अर्थ ताच्या मतिंत उदेवन आयले.

तो मात्सो गुस्पोडलो. एक गोबळो उदक पियेवन, कदेलार बसलो आनी चिंतुंक पडलो.

ह्या मेसेजिचो अर्थ कितें?

तितल्यार कुडाच्या एका सांगातीन हाका बरें मागुंक, हिशारे दीवंक फोन केलो.

हो निसतेज मनांत म्हणालो, 'सायभा, तिच्या गूगली मेसेजीन म्हाका पुर्तें गुस्पडायलां'

"कसली ती मेसेज?"

"तूं वेळार ये, दोन वोरांक पांच हजार. सगळ्या रातीक वीस हजार, तुज्या जापीक राक्तां"

दोगयी उलेयलेनांत.

हो अपल्या गळ्यार भांदलेली टाय सुटवंक लागलो.

◆◆◆

| |
|---|
| सयरीक = Wedding Proposal<br>दरबे = दरग, दाट<br>वीपरयास = विचित्र |

# शीण

पिकोन गेल्ल्या केसांक काळेकरून, मिरियो पडोन आयिल्ल्या अपल्या हाताच्या कातीक लिपंवचाक सगळो हात धांपची बाजू न्हेसून, प्राय पन्नास उतरल्यारी अजूनी वीस वरसांचे चलियेपरीं करच्या अलीसबायेचेर म्हाका तवळतवळ कसलोगी शीण येतालो.

ह्या कुवेयटाक येवन हांवें एदोळच जायत्या सूरयांक देखोन जालां, सुर्वेर हांगा येताना म्हज्या मतिभितर आसल्ल्या सभार सवलांक जापी सोधुंक सकल्लों. पूण कित्याकगी, ही अलीसबाय मात म्हाका एक मिसतेर जावनच ऊरल्ली.

हांवें रांवचा घरामुखल्या बंगल्यांत काम करच्या तिका म्हजी सळावळ जाल्ली आमच्या बिलडिंगादेगेर आसच्या मलबारी अंगडिगाराथावून. तिका तवळतवळ कागदां बरवन दिंवचीं हांवेंच. हांतूं म्हाका कांय शीण ना.

म्हाका शीण फकत अलीसबायेचा आटनेटाचो, तिणें न्हेसच्या वसतुरांचो, तकलेर माळचा शेंड्याचो, कुडिचेर घाल्च्या मेकपाचो, पर्गांवचा मनशांपरीं उलंवचा बटलर इंगलीश भासेचो. पूण तिच्या पुताच्याकी ल्हान प्रायेच्या म्हज्यान येदोळ म्हणासर तिका सवाल करुंक धयर आयिल्लेंच ना.

त्या मजबूत बंगल्यांत आसचीं फकत पांच जणां. मयन्याचा पंचवीस दीस भायल्या गांवांत आसचो अरबी धनी, ताची तिस्री भायल आनी एक बुर्गें, एकलें कामाचें पिलिपिनो चेडूं आनीं पर्नी अलीसबाय. त्या पिलिपिनोच्या प्रायेतितलो अनभोग अलीसबायेक ह्या घरांत जाला म्हळ्ळें तवळतवळ म्हजेलागीं तिणें त्या पिलिपिनो चेडवाविश्यांत सोवून उलयताना समजाल्लें. अलीसबायेक त्या चेडवाक देखल्यार जायनातल्लें. जातीक जातिची दुस्मनकाय आनीं सुण्याक सुण्याची दुस्मानकाय म्हळ्ळेपरीं बायलांक बायलांच दुस्मान म्हळ्ळें म्हाका तवळतवळ भोग्तालें.

हरयेका हाप्त्याच्या आयतारा दनपारां अलीसबायेक अर्ध्या दिसाची सुटी मेळताली. आयताराचें मीस आयकोंक म्हणून ती बस्स धरून मालिया वचोन येताली. तांतलें पयलें वोर तिका तिच्या मेकपाचेर वेतालें. तें लीपस्टीक, गालांक क्रीम, पौडर, मात्यार तोच काळो शेंडो बोसवंक आसा तरी त्या शेंड्यापंदले पिकोन येवन भायर तिळचे केस काळे करुंक, हील्साच्यो व्हाणो आनी तो लांब गाग्रो आनी ताचें सगळो हात लिपंवची बाजू. गळ्यार एक मोटी चेयन, एका हातांत कांकणां अन्येका हातांत भांग्राळ्या रंगाचें घडियाळ, कानार कितेंगी उमकळचें तिच्या चालिपरकार हालोन धलोन तिचेर एकोडी नदर भोंवडायतेल्यांक कसल्योगी कुचुल्यो कर्ताशें भग्तालें. हातांत एक रंगाळ सत्री, दोळ्यांक तेंच काळें वोकल, आनीं मडामेन दिल्लो कसल्यागी सिसलेंतलो सेंट आंगभर घालून, हातांत एक मोभायल घेवन इगर्जेक भायर सरली तर तिणें पाटीं येंवचें सूरयो बूडल्ल्या

उपरांतच. इगर्जेंत मीस जातेच सदांचेपरीं तिका व्हळकिंचाक मेळोंक आसल्लें. भोवशा तांच्यो हांच्यो खबरो उलवंक आसल्लें.

मनीस पळे कितलो कृतक? तकलेर केसनासचे सयत वीग घाल्तात? खाड मिशियो पीकल्ले सयत ते काळे कर्तात. पन्नास वरसां उतरोन मातारपण आयल्यारी तरनाट्यांपरीं चल्तात. तांकां कोणेंय 'अंकल या आंटी' म्हळें तर शिणतात.

एक पावटीं धयरकर्न तिचेलागीं विचारयां म्हळ्ळें चिंतलें. पूण पाटल्या दोन हाप्त्यां थावन ती कागदां बरंवच्याक आयिल्ली ना. तिच्या बुर्ग्यांविशीं गाणां गावंक, तांची व्हडविकाय उलवंक आयिल्लिना. एदोळच तिचेथावन तिच्या बूरग्यांच्या होगळिकेचीं उतरां आयकल्ल्या म्हज्या कानांक परत तीच होगळिकेचीं उतरां आयकोंक कित्याकगी वोंबानातल्लीं. "म्हजीं भुरगीं म्हाका केदाळाय फोन कर्तात. तांकां मोसत शिकोंक आसा देखून तांका हांवेंच कागदां बरंवचीं" म्हणताली.

"म्हजो पूत बुध्वंत, शिकपांत हुश्यार, चुरूक, मोगाळ, मयपासी..... म्हजी धूव जाणती, खाल्ती, बोळी..." म्हळ्ळीं तिचीं उतरां आयकताना म्हाका घड्योन राग चडतालो आनीं "तुजीं भुरगीं जर इतलीं बरीं, खाल्तीं, बोळीं तर तूं कित्याक हांगा कत्तेचाक्री कर्ताय?" म्हळ्ळें विचारयां म्हणोन जाहित्ते पावटीं मनांतच चिंतल्लें आसा तरी तितलें धयर म्हज्या काळजांत कित्याकगी भरोन आयिल्लेंचनां.

***

अशें सभार दीस पर्ताले. अलीसबाय कागदां बरवंक आयलीच ना. भोवशा कसल्यागी कामाच्या राटावळेंत मेतेर जाल्या जायजय म्हणोन लेकलें. मतिंत कसलेंगी समधान भरोन आयलें.

एक दीस तिचेसवें काम करचें पिलिपिनो चेडूं वाटेर मेळ्ळें. कितें तरी उलयजाय म्हळ्ळ्या इराद्यान हावें आलीस बायेविश्यांत विचारुंक चिंतलें. पूण विचारुंक येंवचो म्हजो ताळो, त्या चेडवान म्हजेर घाल्ल्या भिरांकूळ नद्रेंत थंयच सुकोन गेलो. भोवशा तें चिंता जाव्येत हांव अलीसबायेचो खास मनीस म्हणोन, चिंतलें हांवें.

दोन हाप्त्या उपरांत अवचीत अलीसबाय उदेली. परत तोच्च मेकप आनीं आडनेट. आनीं आज म्हज्यान सोसुंक साध्यना, समाजेंत म्हजें म्हळ्ळें स्थानमान म्हाका आसा. हावें चुकोनयी असल्या बायलांसंवें उलंवचें कोणेंय पळेल्यार कितें सांगोंक आसा? अशें म्हज्या मतिंत चिंत्पाचो दाळो वाडल्लोच मतिंतलो उद्वेग चडोन आयलो.

"आलीसबाये, पळे तुवें हांगा येंवचें म्हाका कित्याकगी सोसाना. म्हाकाय ह्या पर्गांवांत कोणीं नांत. म्हाकाय ह्या पर्गांवांत म्हाका जायजाल्लेपरीं जियेव्येत. पूण म्हाका म्हजी म्हळ्ळी शिसत आसा. म्हज्या उलवण्यांत जांव, न्हेसणांत जांव, उलवण्यांत जांव कितेंच पोकोळ ना. म्हाका हो आडनेट पसंद ना. मोरोंक दीस लागीं जाताना कित्याक हे वेस? तुज्या आंगार घाल्ल्या सेंटावर्वी म्हाका म्हजी तकलिफडाफड चडता देखून..."

तिका हावें सांगोंक आसचें सगळें एकाच्च दम्मार सांगलें आनीं अखेर्चीं उतरां तिकाच समजोंक सोडन रावलों. तिणें कितेंच सांगलेंना. फकत्त 'बरें' म्हणोन ती चल्ली.

जांवचें सगळें बरयाकच हांव चिंतालों. अशें पुर्णीं ती म्हजी पाट सोडतेली म्हणोन लेकलें.

***

परत दोन आयतार खबरेवीण पाशार जावन गेले. हांव हर्शेंचेपरिंच दनपारां अडेज वरांक म्हजें काम संपवन कुडाक पाटीं येवन कुजनांत चा करुंक पडल्ल्या म्हाका कोणगी कुडाचें दार बडंवचें आयकालें. खंडीत अलीसबाय जायजय म्हणोन मातें खोर्पून दार उघडलें.

अज्याप!

अलीसबाय एका नव्या रुपार आसल्ली. पीकल्ले केस, तोंडार कसलोच रंग लेपटावंक नातल्ल्यान तिच्या तोंडार आसच्या काळ्याकातीर खोवळांपरीं मोरोन अयिल्ली कात उटोन दिसताली. तिचो बदलाल्लो जिनोस पळेताना म्हाका ही अलीसबाय वयगी म्हळ्ळो दुभाव जालो.

"हांव गांवाक भायर सरलीं" तिणें उलवण्याक बुन्याद घाली.

हावें तिका बोसोंक तिणे हर्शें बोसचें कदेल दिलें आनीं ती बोसली आनीं हावें कितेंच विचारलेंना.

"मोसत जालें घोळल्लें. अडतीस वरसां घोळल्लें पावानाये तर?"

हांव वगोच रावलों.

"म्हाका कागदां बरवंक तुका हावें मोसत तरास दिल्ले तें म्हाका कळ्ळां. आनीं तुका कसलेच्च तरास दिंवचिंना. देखून वेच्याधीं तुका हावें गांवांक वेचेविश्यांत एक सब्ध सांग्यां म्हणोन आयलीं".

चडतीक कितेंच उलयनासतां ती उटली आनीं थोड्याच वेळान कुडांतली गेली.

***

परत दोन मयने उतरले. कामाथावून येवन एदोळच्च म्हजीं वसतरां धुवन भायर आसच्या दोरियेर सुकत घालुंकी ज्योरान व्हारें येंवकी सारकें जालें. कांय पावस येंवची खुणां दिसतातगी म्हळ्ळो दुभाव खिणान म्हज्या मतिंत येवन मोळबाक दीश्ट घाली. 'ना पावस येंवचोना' म्हणोन म्हजी मतीक सांगलें. तरी कसल्यागी दुभावान हांव सुकत घाल्ल्या वसतरांक पळेंवचार पडलों. त्या वसतरां मधें आसचें म्हजें पर्नें कोमीस एदोळच पिंदोन आयिल्लें स्वश्ट कळतालें. ऊरल्ल्या वसतरांसवें ह्या कोमिसाक तुक्ताना म्हाका कित्याकगी त्या पिंजकर कोमिसाचेर शीण आयलो.

तितल्यार कुडाच्या दाराक कोणेंगी बडयलें. उग्तें कर्ताना थंय तें पिलिपिनो चेडूं उभें आसल्लें. तिच्या हातांत आलीसबायेक आयिल्लें एक कागाद आसल्लें. अलीसबायेचो विळास तांचेलागीं नातल्ल्यान त्या चेडवान तें कागाद म्हाका दिल्लें. भोवशा हांव जाणासतलों म्हणोन. हावें कसल्यागी संतोसान तें कागाद घेतलें आनीं वाचुंक उग्तें केलें.

क्रीसताथंय मोगाळ भयण अलीस,

जिवीत संस्थ्याथावून भयण असुंतान बरंवचें कागाद, दिंवचो मोग आनीं देवाचीं विंचणार बेसांवां.

तुज्या मिनतेन आनी आधारान आमचा संस्थ्यांत आसच्या सगळ्या इक्रा अनाथ बुर्ग्यांक आमीं बरें शिकाप दिलें, तांतलीं पांच चेडवां तुजें हें काम मुखार्सून वरुंक कोवेंताक भर्ती जाल्यांत. दोग भुर्गे याजक जावंक मुखार आयल्यात.

तूं काजर जावन दोन महिन्यांनी विधव जांवनयी, धयर सांडिनासतां जीणभर अंकवार रावोन केल्लो त्याग, खंडिती सुफळ जालो म्हणोन म्हाका भोग्ता. तशेंच तुका हावें दिल्ली भास हावें पाळ्ळी म्हळ्ळो संतोस म्हाका जाता. तुजेतसलेंच बरें मन आसच्या हेर थोड्यांचा मिनतेन आमीं प्रायेसतां खातीर 'आस्रो' तयार केला. तांतूं एदोळच तेगां प्रायेसतां, आपल्या उतरप्रायेर तांच्या भुर्ग्यांनी तांकां सांडल्लेववीं, भर्ती जाल्यांत. देखून तूं तुज्या फुडार्चा जीणयेविशयांत कितेंच चिंतिनाका.

'आस्रो' तुका खंडीत स्वागत दितलो म्हळ्ळें तुका सांग्तां आनीं म्हजेतर्फेन तुका ह्या असरयाक स्वागत माग्तां.

मोगासवें अखेर कर्तां

भयण असुंता


मुखेलन, जिवीत संस्थो

इतलें वाचून म्हाका आतां म्हजेरच शीण आयलो. एक घडी म्हज्या मतीन चिंतचें रावयलें. हावें म्हजी नदर कुडाभायर घाली. तें पिलिपिनो चेडूं एदोळच पाटीं गेल्लें. कित्याकगी त्या पिंजकर कोमिसाचेर आर्थनातलेल्या सहानुभूतेन पळेलागलों.


◆◆◆

| | |
|---|---|
| शीण = राग | याजक = पाद्री |
| कृतक = नकली | सहानुभूती = भिर्मत, दया |


# कोंकणगार प्रकाशनाचे बूक



**१. माडा थावन तेलाखणी परयांत**
आंटोनियो वेरोनिका फेर्नांडिसाच्या इंग्लिश बुकाचें कोंकणी अनुवाद
लिपियंतर आनी संपादन – वल्ली क्वाड्रस
मोल: रू. २५०
ISBN: 978-81-944839-0-8




**२. सांकव**
वल्ली क्वाड्रसाचो वेंचीक कथा जमो
मोल: रू. २००
ISBN: 978-81-944839-1-5



**३. मयलाफातर**
राश्ट्रीय कविता संकलन
लिपियंतर आनी संपादन – वल्ली क्वाड्रस
मोल: रू. २००
ISBN: 978-81-944839-2-2

Email: konkonngar@gmail.com | WhatsApp: 7021967880

# वल्ली क्वाड्रस



उडुपी तालुकांतल्या अजेकार गांवांत जल्मून, देस–विदेशांनी काम करून आतां मुंबंयत जियेंवचो वलेरियन क्वाड्रस BCA, MBA तशेंच IIIT Bangalore थावन PG Diploma (Data Science) शिकून ग्लोबल IT कल्सल्टेंट जावन काम करता.

१९८४ इसवे थावन कन्नड, कोंकणी, इंगलीश, तुळू भासेंनी कांय २४० मटव्यो कथा बरयल्यात. **'आशावादी** (२००२)', **'खिळो'** (२००३), **'कंगाल आनी ताची कुक्केहळ्ळी** (२००५)', **'सतां आनीं खतां** (नयतीक काणियो; २००५)', **'बंद'** (२०१७) हे पांच कोंकणी कथा जमे तशेंच **'कंगाल कुक्केहळ्ळी मत्तू कतेगळू** (२०१९)' कन्नड कथा जमो पर्गटला. 'मुखां', 'कथाझर', 'कथादायज', 'कथांकर' हीं मटव्या काणियांचीं अंकणां चलयल्यांत. मंगळूर आकाशवाणिचेर १२ काणियो प्रचार केल्यात. गोंय, मुंबय, मंगळूर, बेळगांव अशें चडताव नेमाळ्यांनी कथा पर्गटल्यात.

**'कथादायज'** – यू ट्यूबाचेर कथाचेर च्यानल चलयता.
**'कथापाठ'** – २००६ थावन चलंवचें कथा अध्ययन कामासाळ.

**'२०व्या शेकड्याच्यो कोंकणी काणियो** (२००६)', **'दरयो उदेता** (२०१९)' हाणें संपादीत केल्ले, कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकाडेमीन पर्गट केल्ले राश्ट्रीय मट्टाचे कथा संकलन. मटव्या काणियांचेर केल्लीं अध्ययनांक गोंय, मंगळूर तशेंच मुंबंयत चलल्ल्या राश्त्रीय सम्मेळनांनी सादर केल्यांत.

सह–संपादक जावन 'काणीक (१९८९–१९९१)', 'उदेव (१९९०–९१)', 'आमचो युवक (१९९०–९१)' पत्रांनी वावर केला.

संपादक जावन **'दायज.कोम** (२००३–२०११)', **'पयणारी.कोम** (२०१५–)' साहितीक जाळीजाग्याचेर वावर करून आसा.

आशावादी प्रकाशन थावन ४६ बूक पर्गट केल्यात आनी हेर काणियेगारांच्या बुकांचेर प्रसतावन बरवन, संपादन, लिपियंतर करून पर्गटल्यात.

**कोंकणगार प्रकाशन**